Price ₹ 20/- (₹ 25/- Outside Goa)

मासिक बिम्ब

कोंकणी समाजाचें पडिबिंब

डिसेंबर २०१३

12 तपपुर्ती विशेशांक

पुर्तुगेज धार्जिणेपण रिगलां आमच्या शिरंतरांनी!

गोंयकारपणाची सया मिरयत ४४वो इफ्फी दबाज्यान उलगलो

PUBLIC NOTICE

The Goa Registration of Tourist Trade Act, 1982 is in force in the State of Goa since April 1985. Under this Act, every person carrying on the business of Hotel-keeper/Paying guest accommodation, Bar & Restaurants, Travel Agent/Tour Operator, Tourist Taxi Operator, Motor Boat/Launch/ Water Sports Operators, Adventure Sports Operator, Dealer in Handicrafts, Tourist Guide, Spice Plantation with lodging facilities etc. has to immediately register the activity with the Department of Tourism and, if already registered, apply for renewal of registration every financial year.

It may kindly be noted that conducting any business related to Touristic Activities not registered under the Goa Registration of Tourist Trade Act, 1982 and Rules 1985, shall be punishable by the prescribed authority with a fine which may extend to 1,00,000/- (Rupees one lakh only) Published in the Official Gazette series I No.11 dated 16.06.2011.

GO GOA
A perfect holiday destination !

The prescribed application form and other details are available at the new premises of

Department of Tourism

Opposite Hotel Nova Goa, Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji - Goa.

or

The Zonal Offices of the Department located at the Tourist Shopping Complex, Mapusa and Margao Residency, Margao, on all working days, during office hours.

The application^{s} can also be uploaded on the state portal

website www.eservices.gov.in

Duly supported by the required documents including details as Telephone Number, Fax, E-mail, Website etc; and apply for registration/renewal for the financial year 2013-2014

Discount offer for Travel Agents on

Dinner Cruise

Live it up on the Mandovi River with an exhilarating Dinner Cruise which takes you along the Mandovi from the jetty in Santa Monica. Enthusiastic youth performing Goa's famous folk dances come together on our cruise to keep you entertained. What's more, you can join in the merriment with music, singing and dancing!

Onboard, dinner is a mix of vegetarian and non-vegetarian culinary delights.

WEDNESDAYS & SATURDAYS
Departure: 8.45 am. Arrival: 10.45 pm
₹650/- per head
₹450/- for child between 5-12 years of age
(inclusive of dinner)

Back Water thrills

Cruise along the riverine tips of the islands of Chorao, Divar and Old Goa. Enjoy the sights and sounds of Mandovi's thick mangroves. Walk among the aromatic plants at spice plantation and partake of a typical Goan meal cooked in earthen pots and served on banana leaf.

TUESDAYS & FRIDAYS
Departure: 9.30 am. Arrival: 4.00 pm
₹900/- per head with dinner
₹300/- for child between 5-12 years of age
(inclusive of refreshment and lunch)

GTDC offers following discount on purchases of ticket book to local tour operators / agencies registered with Goa Tourism

Type of Cruise	No. of Ticket	Rate per Ticket	Total Amount of Ticket	Commission Offered Travel Agents
DINNER CRUISES	10	₹ 650/-	₹ 6500/-	₹ 1000/-
DINNER CRUISES	20	₹ 650/-	₹13000/-	₹ 3000/-
DINNER CRUISES	50	₹ 650/-	₹ 32500/-	₹ 10000/-
BACKWATER THRILL	10	₹ 900/-	₹ 9000/-	₹ 1000/-
BACKWATER THRILL	20	₹ 900/-	₹ 18000/-	₹ 3000/-
BACKWATER THRILL	50	₹ 900/-	₹ 45000/-	₹ 10000/-

Fabulous discounts for group bookings & students

Tickets books are available for sale at GTDC head office, Panaji.

Goa Tourism Development Corporation Ltd.
(A Govt. of Goa Undertaking)
Trionora Apartments, Dr. Alvares Costa Road, Panaji - Goa Tel.: 0832 2224132, 2226728, 2226515
Santa Monica Jetty:- 0832 2438754 / 2437496 **Reservations;** 0832 24246666, 242401-3 **Fax:** 0832 2423926, 2430133 E-mail: **reservations@goa-tourism.com** Website: **www.goa-tourism.com**
Join us on facebook: **www.facebook.com/officialgoatourism.com** Follow us on twitter: **https//twitter.com/TourismGoa**

GTDC GOA TOURISM

GO GOA A perfect holiday destination !

कोंकणी मासिक

बिम्ब

१२ वें वर्स

वर्स: १२ अंक: १२

डिसेंबर २०१३

मोल २० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव

वेवस्थापक
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नायक

वर्गणीचे दर
वर्सुकी ३५०रु./३ वर्सां १००० रु
खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जावं येता. वर्गणीचो चेक 'BIMB MONTHLY' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशीं-गोंय ४०३२०४
दूरध्वनी: ०८३२ २४३८३५५
Email:bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचे कडेन सहमत आसतच अशें ना.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

शीर्षकथा

◆दिलीप बोरकार

४०

मनसंवेदना

◆पी. एन. शिवानन्द शणै
◆अन्वेषा सिंगबाळ
◆राजश्री महाबळेश्वर सैल
◆आर. रामनाथ
◆शेखर पै धुंगट
◆अतुल र. पंडित

५३

भुरग्यांचें आंगण

◆प्रकाश पाडगांवकार
◆किरण म्हांब्रे
◆भिकाजी घाणेकार
◆माया अनिल खरंगटे
◆हर्षा शेटये
◆अलका असोळडेकार
◆शोभा फुलकार
◆सुधीर कोडकणी
◆संगीता बर्वे

संपादकीय / ३
प्रतिबिम्ब / ४
शीर्षकथा - १ - दिलीप बोरकार / ६
पुनर्नवा / ११
कथा - सुधा खरंगटे / १५
उस्तवारी - नं. ध. बोरकार / १९
उत्फर्के - सुषमा तिळवे / २५
परमळ - अपर्णा गारुडी / २७
पडवेर - कुसूम अग्रवाल / ३०
तेफळां - रुपा कोसंबे / ३२
अथ्रेकणी - हर्षा शेटये / ३५
इंद्रधोणू - आशा शानभाग / ३७
शीर्षकथा -२ / ४१
दिका - विन्सी क्वाद्रुस / ४९
उश्णीं वायणां / बबिता सावंत देसाय / ६३
भोंवडी - सुचेता कामत पै / ६६
वोंवळां - शर्मिला वि. प्रभू / ६७
उमाळे - सुशीला निळकंठ हळर्णकार / ७०
पोसो - काश्मिरी पावसकार / ७३
गरनाल - कृ. म. सुखठणकार / ७४
आंकरी - जॉन एम. आल्फोंसो कार्मेलीत / ७७
भलायकी - राज वैद्य / ८२
रवीन्द्र-विचार / रवीन्द्र केळेकार / ८४
उतरकुवाडें - संतोष हळर्णकार / ८६

LG
Life's Good
EXCLUSIVE LG SHOWROOM
ESSENTIAL ELECTRONICS
India's No.1 CONSUMER DURABLES
Cinema 3D / LED / Plasma | Home Theatre
Washing Machines | Refrigerators
Microwave Ovens | Dish Washers
Air Conditioners | Air Purifiers
Vacuum Cleaners | Water Purifiers

5% CASH BACK
30% DISCOUNT
FREE INSURANCE 6 MONTHS
Merry Christmas
Finance Available
FREE LED ON 3D TV
Kamat Arcade, Opp. Animal Shelter, Near Madhuban Complex, Near Ganesh Temple, St. Inez, Panjim.
Tel: 2421219 Mob: 9552926876 Email: essential_electronics@rediffmail.com

सत्तेफुडें शाणपण चलताच चलता...



ह्या डिसेंबराच्या अंका सांगाताक बिम्ब मासिकाक बारा वर्सां पुराय जातात. बारा वर्सां म्हळ्यार एक तप. एक तप केन्ना पुराय जावंक पावता? जेन्ना एखाद्रो आपले नदरे मुखार एक मोख बाळगून, एक निश्चित कार्य करपाचो हावेस बाळगून कसल्याच अडी अडचणींची आनी संकश्टांची पर्वा करिनासतना ध्येय सिध्दी कडेन व्हरता तेन्ना!

आदले काळार ताका तप करप म्हणटाले. ही तपश्चर्या आसताली. आमीय कोंकणींतलें एक दर्जेदार मासिक चलयतले, फक्त नांवा खातीर चलयतले म्हुण न्हय तर तें चडांत चड वाचप्यां मेरेन पावयतले ह्या ध्येयान पिशे जावन तपाक बसले आनी आयज आमकां सांगपाक अभिमान आनी खोस भोगता, आमी एक तप पुराय केलें.

तपश्चर्या ही जंगलांत, रानांत वो खंयचे तरी एकांत सुवातेर वचून करपाची परंपरा आशिल्ली. ताचे फाटलें कारण आसूंये, तपश्चर्या करप्यान संवसारीक जंवजाळांतल्यान, माया-ओडींतल्यान पयस रावचें आनी आपूण जे खातीर तप करतां तातूंत कसलीच बादा उप्रासची न्हय.

एकांतांत तपश्चर्या करप भोव सोपें. थंय आसलीच जाल्यार पशु-पक्षी, जिवाणी आनी असलेच तरेची जिवावळ आसता. तपश्चर्या करप्याक तांची भिरांत आसना. तीं आपूण जावन कोणाचे वाटेक वचनांत. निर्मितल्यान जे नेम घालून दिल्यात आनी त्या नेमांचे वंये भितर रावून जो कितें गिरास गिरासूंक मेळटा तातूंतच हे प्राणी सुखी समाधानान जियेतात. कोण तपाक बसला जाल्यार ताचो तपोभंग करून, ताच्या कार्याक आडखळ हाडपाचें काम ही जिवावळ करिनासली. उरफाटें सवणीं आपल्या मधुर आवाजान वातावरण संगीतमय करून उडयतालीं. हरणां पाडसां तांचे भोंवतणी बागडटालीं. वाग शिंवूय आपली मर्यादा वलांडी नाशिल्ले.

पूण तपाक बशिल्ल्यांक आडखळ हाडटाले ते दैत्यूय आनी देवूय! अमको अमको तप करता तो आपले परस शक्तीशाली जायत म्हुण तांकां भिरांत दिसताली. देखून ते नाना तरेन ताका पिडून ताचे तपश्चर्येक बाधा हाडटाले. ताका ताच्या ध्येया पासून परावृत्त करताले!

त्या काळचे रूशी-मुनी कितें आनी आयचे तन-मनान एखाद्रया वावरांत मग्न जाल्ले, आदर्श समाजनिर्मणेचो वसो बाळगून वावुरपी लोक कितें! तांचीय ती एक तपश्चर्याच. ही तपश्चर्या करप्यांक सुमारा भायल्या संकश्टांक तोंड दिवंचें पडटाच. तांचो तपोभंग जावंचो म्हुण कांय शक्ती नाना तरेचीं आडमेळी हाडीत रावतात. आमचेय हे तपश्चर्येक पिडापीड भोगोवपाचे जायते यत्न ह्या १२ वर्सांमदीं जाले. कोण आपूण साहित्य धाडीनात आनी हेरांकूय धाडूं नाकात म्हुण फितयताले. बिम्ब वर्साक दोन तीन कार्यावळी घडोवन हाडटा त्या कार्यावळींक हाजेरी लावची न्हय म्हुण फोनाफोनी जाता. पूण असल्या करण्यांचो बिम्बाच्या वावराचेर कुस्कूटभर लेगीत परिणाम जावंक पावलोना. कांय गांवभवानी जायराती दिवं नाकात अशें सांगत जायरातदारांच्या दारामेरेन लेगीत पावल्यो. पूण जायराती बंद जावपा बदला घसघशीत जायराती येतात हें दिवाळी अंकाकडेन पळोवन कळटलें. कावळ्यांच्या शिरापान गाय मरना म्हणटात तें हेच पासत.

अशें हें घडपा फाटलें कारण कितें तर बिम्ब ही फक्त आमचीच मक्तेदारी न्हय. बिम्ब हें गोंयच्या दरेक कोंकणी मनशाचें मासिक. फाल्यां कोणेंय जर गोंयच्या खंयच्याय सामान्य मनशाक वो गोंयच्या मुख्यमंत्र्याक लेगीत, तुजे आवयभाशेंतल्यान कितें कितें उजवाडाक येता काय विचारलें जाल्यार बिम्ब मासिक मुखार केल्या बगर तांकां पर्याय नासतलो. हें अशें कित्याक घडूंक पावता तर तपश्चर्येचें एक तेज आसता.

आमी फाटल्या १२ वर्सांत १३२ दर्जेदार मासिकां आनी १२ रंगरंगयाळे दिवाळी अंक वाचप्यां मुखार दवरले. ते पळोवन गोंयचेच न्हय तर गोंया भायल्या आनी देशा भायल्याय लोकांनी आमची भरभरून तुस्त केली. दुस्मानाक लेगीत 'तुमचो वावर बरोऽ चल्ला' अशें म्हणले बगर रावंक जालेंना. जांचें कोंकणीकडेन हे आदीं कसलेंच देणें घेणें नाशिल्लें त्या कितल्या तरी उद्योजकांनी 'भिवपाची गरज ना आमी आसात तुजे फाटल्यान' अशें सांगून आर्थिक भार उभारला. सत्तेफुडें आमचें शाणपण चलना अशें म्हणटात. सत्ता ही तात्पुरती. शाणपण हें अनंत काळाचें. सत्तेफुडें आमचें शाणपण चलता तें आमचो वावर पळोवन आमकां जायरात दिवपी उद्योजकांच्या फाटबळार. वाचप्यांचें, लेखकांचें आनी जायरातदारांचें अशें फाटबळ आसत जाल्यार आमी कितल्याय सत्ताधिशां मुखार हड्डें मुखार काडून उबे रावूं! प्रतिकूल परिस्थिती आसतनाय आमी एक तप पुराय केलां. दुसरें तप पुराय करतलेच अशें सांगू येना. पूण फुडलीं तीन वर्सां नक्कीच बिम्ब चलतलें आनी फाटलीं बारा वर्सां चल्लां ताच्याकूय दर्जेदार चलतलें. चडांत चड लोकांकडें पावतलें. कित्याक लोक फाटल्यान आसत जाल्यार सत्तेफुडें शाणपण चलता आनी चलूंक जाय हो विचार आमकां रुजोवपाचो आसा.

प्रतिबिम्ब

फुडले वाटचालीक शुभेच्छा!

'बिम्ब' दिवाळी अंक आयज मेळ्ळो. तत्काळ वाचच्याक सुरुवात केल्ली. सवंय ना म्होणू वाचूचो वेग हळू आशिल्लो. तरीसुध्दां आमच्या कोंकणी भाशेंतलें साहित्य म्होणू संपूर्ण अंक वाचचें मनांत आस्स. कविता उत्तम आस्सती. बाकी बाब-रामाणीच्या गोयांतले कवी तांच्या सारखेच मनाची पकड घेतात. जे एका लेखांत सांगचें ते चार ओळींत सांगतात. कविता आनंद दिता, विचार करच्याक लायता, काळजाक भिडता. कवितांचीं पुस्तकां फारशी दिसनात. तरीही ह्या कवींनी कविता करीतच आस्सूका. कविता जगण्याचें बळ दिता.

'भोंवडी' वरचे लेखही सुंदर आस्सती. भूतान, दिल्ली, चक्राता, मलेशिया वगैर देश पोळोन आयल्याचें सूख मेळ्ळें. पुनरावलोकन जालें. कथा आनी ललित वाचूचें बाकी आस्स.

''अरे दिलीप, 'बिम्ब' येवंक ना रे हे खेप?'' अशें विश्वासभाई धेंपे विचारतात हेंच बिम्बचें यश. मासिक चलोवपाचें हें व्रत आस्ता. हें तुमी गेलीं १२ वर्स चालयलां, हाजे खातीर तुमचें अभिनंदन!

यंदाचो दिवाळी अंक सर्वांग सुंदर आस्सा. तांतलें साहित्य उच्च दर्जाचें आनी संग्रहणीच आस्स. फुडल्या वाटचाली खातीर तुमकां शुभेच्छा आनी अंक आठवणीन पेटयल्या बद्दल आभार. कामिनी किणी हांकाय नमस्कार!

■

– विठ्ठल प्रभू चोडणेकार
शिवाजी पार्क, मुंबय

झॅन कविता वाचून
काळीज 'झॅन' जालें
स्पर्शमधूर, नादसादूर...
उतरांमृत
जाणिवेंत – नेणिवेंत
पाझरून गेले

– समिर झांटये (एसएमएस)

पुराय अंक एक मेजवानीच

अंदूचो 'बिम्ब' दिवाळी अंक म्हळ्यार दिवाळेचीं हुनहुनीत परबींच! जुस्त दिवाळे दिसा अंक हातांत पडलो आनी तरेकवार साहित्यरुपी फराळान भरिल्लें ताट फुड्यांत आयलें अशेंच दिसलें. दिवाळी, लक्ष्मीपूजन, पाडवो, भाऊबीज हाका लागून आख्खो आठवडो गडबडीच, तरी लेगीत वेळ मेळता तसो अधाशावरी अंक हातांत घेवन वाचून काडलो.

सगळ्यांत चड आवडली ती तुमची भूतानाची भोंवडी. वाचताना तुमचे वांगडा आमी भोंवून आयिल्लेवरी दिसलें. भरपूर चित्रांसयत खोलायेन केल्लें वर्णन वाचून आख्खें भूतान नदरेसमोर आयलें आनी ह्याची दोळां पळोवया अशेंय दिसलें. चक्राताची भोवंडी लेगीत खूब बरी आशिल्ली आनी वेगळीच नदर मेळ्ळी. पुराय अंक म्हळ्यार एक मेजवानीच म्हणू येता. पूण भूतान इज द बेस्ट. देव तुमका बरें आरोग्य दिवं आनी तुमचे नदरेंतल्यान अशेच बरेबरे हेर वाठार पळोवंक मेळूं अशें मागतां.

■

– सुषमा तिळवे
फोंडे – गोंय.

ह्या फुडें अंक फुकट ना!

जानेवारी २००२ सावन 'बिम्ब कोंकणींतलें मासिक सुरू केलें आनी ह्या डिसें २०१३क ह्या मासिकाक १२ वर्सां पुराय जात ह्या बारा वर्सांत आमी खूबश्या वाचकांक आमचेच मनीस, हे कोंकणीचे भक्त, हांचेक अंक पावल्यार ते ह्या कार्याची तोखणाय कर आनी अंक धाडिल्ले बद्दल धन्यवाद दीत एक तरी वर्सुकी वर्गणी धाडटले अशें दिशिल पूण वर्गणी सोडाच आपल्याक अंक पावत लेगीत कळोवपाक तांकां तांकलें ना. तो नांवां ह्या बारा वर्सांत काडून उडयलीं. मेळटा तेन्ना हे लोक वर्गणी दितले हे आ कांय चोखंदळ वाचकांक अंक धाडप च दवरलें. पूण तांचेकडल्यान कसलोच रिस्पो मेळूंक ना. देखून तांकांय अंक धाडपाचें जानेव पासून बंद करतले. ह्या फुडें फुकट अंक धा ना, फुकट पुस्तकां आनी अंक दिवप म्हळ्य कोंकणीचो अपमान अशें धरून आमी हो निण घेतात. तेन्ना जांकां कोणाक 'बिम्ब' आवड आपल्या घरा मेरेन तो पावचो अशें दिस ताणीं ३१ डिसेंबर मेरेन वर्गणी धाडून दिवचें

वर्सुकी वर्गणी गडगंज दिवाळी अं सयत रुपया ३५०/-, तीन वर्सांची रुप १०००/-.

तीन वर्सांची वर्गणी धाडल्यार खो जातली! हजारभर वर्गणीदार आसचे असो हावे फक्त वेवस्थापनाचो न्हय तर बरोवप्यांचो आसूंक जाय.

Your function is as important to us as it is to You!

That is why a we take great pride and personal care to make sure that you relax while we manage every aspect of your function.
We provide high-value meeting packages. Our friendly conference and party planning team is always available to assist you in choosing the right package to suit your specific needs.
Our facilities are fully equipped for all types of events, from awards galas and multimedia presentations to weddings and parties.

Any of our three venues are ideal for all your event requirements.
The Regal Hall: 140 pax Theatre Style / 80 Reception
The River Front Hall & Terrace Gardens: 40 pax Theatre Style / 70 reception
The Pool side gardens: 150 Reception Venue

The Crown GOA
Where hospitality is a tradition

The Crown Goa, Bairo Alto dos Pilotos, Jose Falcao Rd, Panjim, Goa, India 403001. Tel: +91-832-2400000. Fax: +91-832-2400010

पुर्तुगेज धार्जिणेपण रिगलां आमच्या शिरंतरांनी!

शीर्षकथा-१

गोंयचे भोवतेक क्रिस्तांव आमदार आनी हेर लोकप्रतिनिधी आसात तांचेकडेन पुर्तुगेज नागरिकत्व आसा. तांची पुर्तुगेजाकडेन निश्ठा आसा म्हुण ताणीं तें नागरिकत्व घेतलां असो हाचो अर्थ न्हय तर तें घेतिल्ल्यान हेर देशांत सोंपेपणी रिगूंक मेळटा आनी संदीचो लाव घेवपा पासत ताणीं तें घेतलां आसत. तरी लेगीत ही त्या देशावेली निश्ठाच म्हणूंक जाय.

दिलीप बोरकार
आगशी - गोंय

दर वर्सा डिसेंबर म्हयनो लागीं पावलो काय दरेका स्वाभिमानी, सुसंस्कृत गोंयकाराक याद जा ती १९ डिसेंबराची. डिसेंबर म्हयनो हो पुराय संवसारा पासत नातालांचो म्हयनो. ह्याच म्हयन्याचे २ तारकेर संवसाराक सोसणिकायेची देख दिवपी एका म्हामानवाचो जल्म जाल्लो. जो देवरुपा पावलो. ह्या म्हामानवान सगळ्या धर्मांच्या मनशांच्या काळजांत आपली सुवात सासणाची सुर केल्या देखून संवसारभरच्या लोकांनीं डिसेंबरच्या २५ तारकेक याद दवरून परब मनोवप साहजिक आसा. पूण गोंयचे बाबतींत ह्याच म्हयन्यांत नातालां परसूय चड याद उरता ती नातालां पयलीं येव १९ डिसेंबराची. गोंयच्या मुक्ती दिसाची. तेच पासत जांकां स्वतंत्रतायेचें मोल खबर आसा, जाण गुलामपणांतलो अपमानीत अणभव घेतला तांकां भारताचो स्वातंत्र्यदिन आनी गोंयचो मुक्तीदिन हे दी खंयच्याय व्हड परबे-सणा परस व्हडल्या परबांचे दीस.

एका काळार १५ आगस्ट आनी १९ डिसेंबर हे दीस गोंयकारां पासत खूब म्हत्वाचे दिसताले आयज विशेश करून दिसनात अशें दिसूंक लागलां. म्हाका याद जाता ते प्रमाण कांय वर्सां आदी म्हज्या भुरगेपणार हे दीस म्हळ्यार फकत सुटयांचे दीस नासताले तर गोंयच्या सामान्यांतल्या सामान मनशाक लेगीत ह्या दोनूय पवित्र दिसांविशीं मनांत आदरभाव आशिल्लो. आमकां सकाळफुडें उठोव न्हाणोवन धुणोवन, बरे धुल्ले कपडे चडोवन प्रभात फेरयेक धाडटाले. घरचीं मनशां गांवच्या हेर लोक वांगडा पंचायतींत वचून झेंडावंदनाचे कार्यावळीक उबीं रावतालीं. दनपारचें घरांत एक तरी गोड शिजतालें.

हें सगळें कित्याक घडूंक पावतालें तर शिक्षित जावं अशिक्षीत, दरेकाच्या काळजांत देशभक्ती आनी स्वतंत्रताये पासत जाणीं हालअपेश्टा सोंसल्या तांचे विशीं आदर आसतालो. सामान्यांतले सामान्य जनतेक स्वतंत्रतायेचो अर्थ आनी मोल खबर आशिल्लें. देशप्रेमान, राष्ट्रप्रेमान प्रत्येकांचें काळजां भरून आसतालीं. स्वतंत्रताय म्हळ्यार कितें, ती मेळोवपा खातीर कितें करचें पडटा, कसलें मोल फारीक करचें पडटा हाचें भान आशिल्ल्या कारणानूच आमजनते कडल्यान ह्यो गजाली पळोवंक मेळटाल्यो. पूण आज शिक्षीत जावं वो अशिक्षीत जावं, देशप्रेम, राष्ट्रप्रेम बी गजाली लोकांमदी विशेशरूपान पळोवंक मेळनांत. आयज १५ आगस्ट आनी १९ डिसेंबर हे फक्त सुटयेचे दीस इतल्याच पुरते अस्तित्वांत उरल्यात. ह्या दिसांनी रासवळ सुटयो आशिल्ल्यान कित्या खातीर सुटी आसा हाची कल्पना आशिल्ल्यान हे दीस कसले हाची जाणविकाय तरी

उरता. पूण जांकां सुटी नासता तांचे पासत हेय दीस हेर दिसांवरींच पोट भरपाचे, मौज मजा करपाचे आसतात. अशें आसतना ह्या लोकांमदीं राष्ट्रभावना उदेवपाची अपेक्षा तरी कशी बाळगुपाची!

हालींच एका परिसंवादांत उलयतना आयज समाजामदीं राष्ट्रभावना ना अशें हांवें म्हणिल्लें तेन्ना कांय लोकांनी आपल्या भृकूट्यो वयर काडिल्ल्यो. हांगा राष्ट्रभावना म्हळ्यार हातांत तिरंगो घेवन देशाचें गुणगान गावप न्हय, घोशणा दिवप न्हय. राष्ट्रभावनेचें प्रदर्शन करपाचें नासता तर आपले दरेक करणेंतल्यान ही भावना उक्ती जावपाची गरज आसा. ह्या विशयाचेर उलयतना वो बरयतना म्हाका गांधीजींच्या मीठसत्याग्रहाचें उदारण दिल्या बगर रावं नज जाता.

ब्रिटिशांनी मीठाचेर कर बसयिल्लो. मीठ हें सैमीक उत्पादन. तरी लेगीत देशांतली जनता मीठ घेतना ताचेर कर फारीक करताली. आतां पळोवंक गेल्यार ही सर्वसादारण बाब. पूण गांधीजीन हाचेकडेन थेट स्वतंत्रतायेचो संबंद जोडलो. साद्या साद्या गजालींकडल्यान सर्व सामान्य मनशाक थेट राष्ट्रभावनेकडेन जोडपाची कळाशी गांधीजीं सारक्या लोकनेत्याकडेच आशिल्ली. मीठावेलो कर काडचो हे एक नगण्य मागणे खातीर गांधीजीन पुराय देशांत एक क्रांतीचें ल्हार उठयलें आनी नेण्ट्यां पासून जाण्ट्यां मेरेनच्या लोकांमदीं एक चैतन्य खेळोवन दांडीयात्रेंत वांटेकार जावपाक तांकां उद्युक्त केलें. हिकाच हांव राष्ट्रभावना म्हणटां. आयज आमचेमदीं ही राष्ट्रभावना खंय आसा?

देशाच्या स्वतंत्रताये दिसा वो गोंयच्या मुक्तीदिनाच्या नांवान आमकां सुटयो मेळटात. खरें म्हणल्यार ह्यो सुटयो घरा हांतुणाचेर लोळपा खातीर आसनात. हे दीस आमकां लाबल्यात ते कोणेतरी अपार कश्ट आनी हाल अपेष्टा सोसल्यात देखून आमकां फावो जाल्यात. हाचें भान आमकां नासता देखून हे दीस सुटयेचे दीस अशेंच आमी मानतात. जर आमकां स्वतंत्रतायेचें म्हत्व कळिल्लें जाल्यार आमी थोडे वेगळे तरेन जियेतले आशिल्ले.

शाळांनी शिकपी भुरगे शिक्षकांच्या धाकाक लागून ह्या सुटयांच्या दिसांनी बेगीन उठून झेंडावंदना पासत शाळांनी वतात. शिक्षण खात्याच्या धाकाक लागून शिक्षक सुटयेच्या दिसा जिवार आयिल्ल्यावरी शाळांनी वतात आनी झेंडावंदनाचो सोपस्कार पुराय करतात. उच्च माध्यमिक आनी म्हाविद्यालयीन शिक्षणसंस्थानी तर होय धाक नासता. म्हणटकच कोणें वचून बावटो उबोवंक जाय ही सक्ती नासता.

ह्या दोनूय दिसांनी राज्यपातळीर नगरपातळीर आनी गांवपातळीर झेंडा वंदनाची कार्यावळ आसता. राज्यपातळेर मुख्यमंत्री, मंत्री बी मानवंदना घेतात. खरें म्हळ्यार ज्या बावट्याच्या छत्रा खाला भारतीय लोक लोकशाय प्रणालींतली स्वतंत्रताय उपभोगतात त्या बावट्याक सगळ्यांनी नतमस्तक जावन मानवंदना दिवपाची गरज आसता. पूण हांगा सगळें उरफाटेंच दिसता. आयचे वेंचणूक प्रणालींचो गैर फायदो घेवन जे कोण वेंचून आयिल्ले आसात ते ह्या दिसांचो फायदो घेवन आपल्याकूच वंदन करून घेवपाक सरकारी यंत्रणां वापरतात. ह्या अत्यंत भोवमत्वाच्या सुवाळ्याक लोकप्रतिनिधीची हाजेरी आसूंक जाय अशी खंयच सक्ती दिसना. त्या दिसा लोकप्रतिनीधी आसच नांत अशें दिसता. सरकारी अधिकारी मात आपलीं तोंडा दाखयतात आनी तांची एकंदर वर्तणूक पळयल्यार तांकांय हे दिसाच्या सुवाळ्याचें कांयच पडून गेल्लें ना शें दिसले बगर रावना.

खरें पळोवंक गेल्यार ह्या राष्ट्रीय म्हत्वाच्या दिसा जंय राज्यस्तराचेर बी सुवाळे जातात थंय मोठ्या प्रमाणांत जनतेक आसपावन घेवपाची गरज आसता. सरकारी नोकर, जांचो सरकाराकडेन संबंद फक्त नोकरी करून पगार घेवपा पुरतोच आसता, तांकां सुटी दिवन तांच्या मनांत राष्ट्रभावना उदेवपाची ना म्हणपाची कल्पना अजून राज्यकर्त्यांक येना. ह्या दिसा ह्या सगळ्यांक आपोवन स्वतंत्रतायेचें, मुक्तीदिसाचें मोल तांकां समजावपाची गरज आसता. पूण ह्या सुवाळ्यांत हातुंतलो एकलोय तोंड दाखयना. ते फक्त ह्या दिसांच्या नांवान सुटयेचो उपभोग घेतात.

हांगा आनीक एक प्रस्न येता. ह्या असल्या सुवाळ्यांक हाजेरी लावन नागरिकांच्या मनांत राष्ट्रभावना जागोवं येता जाल्यार हांव ह्या सुवाळ्याक कित्याक हाजेरी लायना? राज्यस्तरार जावपी सुवाळ्याक वचप शक्य जायना जाल्यार ज्या गांवांत एक सोपस्कार म्हुण हो सुवाळो आयोजीत जाता, त्या पंचायत घरांत तरी वचून सुवाळ्यांत वांटेकार जावपाचें! गजाल खरी आसा! पूण थंय वचनशें दिसपा सारकी परिस्थितीच आयज उरूंक ना. जे कोण लोकप्रतिनिधी हाजीर रावतात आनी कितें तरी उलयले बगर पर्याय ना म्हुण जमिल्ल्यां मुखार उलयतात तांचीं तीं मुक्ताफळां आयकुपा खातीर कित्याक वचप म्हुण हांव घराच रावून म्हजीं कामां करपाक प्राधान्य दितां. असल्या म्हत्वाच्या सुवाळ्यांत दोन विचार आयकुपाचे इत्सेन वचपा सारकी सद्या परिस्थितीच ना. म्हणटकच हांव जसो विचार करतां तसो विचार हेरूय लोक करतात. म्हणटकच असल्या सुवाळ्याक ताणीं वचचें म्हुण हांवें अपेक्षा बाळगप कितलें समा जातलें?

देशाचो स्वतंत्रताये दीस जावं वो गोंयचो मुक्ती दीस जावं. ह्या दोनूय दिसांक खूब व्हड म्हत्व आसा. ह्या दिसा निमतान लोकांक एकठांय हाडून तांच्या मनांत आदर्श समाज निर्मितीचे दोन विचार घालप शक्य आसात. पूण जे कोण दुडवांच्या नाड्यार लोकप्रतिनिधी जाल्ले आसात, जांचीं नाडेपेन्ना लोकांनी पळयल्लीं आसात, जांकां लोक पुरायेन वळखतात तांचीं

मुक्ताफळां कोणें आनी कित्याक म्हुण आयकप? ह्या दिसाचें औचित्य साधून एखाद्रया विचारवंताक अथवा अजून मेरेन आमचे मदीं हाजीर आशिल्ल्यां मदल्या एखाद्रया सुटकेझुंजाच्याक व्हरून तांचे कडल्यान समाजाक दोन युक्तीच्यो गजाली सांगपाचें आयोजन कित्याक जायना? अशे तरेचें आयोजन जाल्यार चार लोक एकठांय येवन तांकां चार युक्तीच्यो गजाली कळप शक्य जातलें. आयज समाज भोगवादाकडेन, चंगळवादाकडेन संवकता तांकां जागृत करपा पासत हो प्रयत्न जावप गरजेचें आसा.

ह्याच दिसांनीं हांव घरांत साचिल्ली रद्दी विकपा खातीर गेल्लों. रद्दीवालो रद्दी जोखून घेता म्हणसर चाळो म्हुण हांव थंयची रद्दी नियाळटालों. ते रद्दींत म्हाका कांय पुस्तकांय दिसलीं. कोणतरी घरचीं पुस्तकां रद्दीत विकून गेल्लो. त्या पुस्तकांनी म्हाका दोन पुस्तकां मेळ्ळीं जीं हांवें उखल्लीं. एक पुस्तक आशिल्लें गोमंतकवी दामोदर अच्युत कारे हांचो 'नन्दादीप' हो काव्यसंग्रह. ज्या काव्यसंग्रहांत 'स्मरूनी गोमन्त-देवि। मूर्ति सौख्यदा' ही कविता आसा आनी ही कविता स्फूर्ती गीत म्हुण पारतंत्र्यांतल्या दरेक राष्ट्रभक्ताच्या ओंठार सतत खेळटाली त्या कवीचो हो काव्यसंग्रह ते रद्दींत आशिल्लो. घरांत पुस्तकां दवरूंक जागो ना म्हणटकच कोणूय तीं पुस्तकां वाचनालयाक बी भेट दिवन उडयतात. संदर्भ नाशिल्लीं हेर पुस्तकां रद्दीक वचूं येता. पूण आयज दुर्मिळ आशिल्लो एक काव्यसंग्रह रद्दींत सापडप हाचे इतलें दुख्ख आनी दुसरें ना. दुसरी दुख्खाची गजाल म्हळ्यार जे व्यक्तीची ही ग्रंथसंपदा आशिल्ली ते व्यक्तीक खासा कवी अच्युत दामोदर कारे हाणीं १४-१०-४६ हे दिसा आपल्या हस्ताक्षरान 'सप्रेम भेट' म्हुण आपले निशाणे सयत ही प्रत भेटयल्ली. तीच प्रत आयज रद्दीत लोळटाली, जिची सुवात राज्यवस्तु संग्रहालयात आसूंक जाय आशिल्ली!

दुसरें पुस्तक आशिल्लें गोंय मुक्ती खातीर जाणें मुक्तीलढ्यांत उडी घेतली त्या एका स्वातंत्र्यसेनानीचें. पां. पु. शिरोडकार हांचें 'आठवणी माझ्या कारावासाच्या, काळ्यानिळ्या पाण्यांच्या' पां. पु. शिरोडकार हाणीं बरयल्ल्यो आपल्यो बंदखणींतल्यो यादी. अत्यंत सुंदर अशें हें पुस्तक गोंयचे दरेक व्यक्तीन वाचपा सारकें. तें पुस्तक वाचून तातुंतल्यान कितेंतरी बोध घेवपा सारकें, स्फूर्त घेवपा सारकें. पूण ताची सुवात खंय आशिल्ली?

ह्या दोन पुस्तकांचो उल्लेख करपाचें कारण म्हळ्यार ह्या दोनूय पुस्तकांचो संबंद गोंयच्या मुक्तीलढ्याकडेन आसा. राष्ट्रप्रेमाकडेन आसा आनी जे व्यक्तीन तीं पुस्तकां रद्दीक उडयल्यांत ती व्यक्तीय गों राजकी, पत्रकारिता, मराठीवाद, साहित्य बी मळाचेर लुडबुडपी. अ व्यक्ती जेन्ना 'अमुल्य ठेवो' आशिल्लीं पुस्तकां वाचनालयाक दि सोडून रद्दीक विकता तेन्ना गोंयची वैचारीक भलायकी इबाडत च म्हणपाची ही सुलूस आसा.

दुसरी घडणूक ह्याच दिसांनी गाजता ती म्हळ्यार आम लोकप्रतिनिधींचें पुर्तुगेज नागरिकत्व. पुर्तुगेज नागरिकत्वाचो विशय अ मेरेन कोणें गांभिर्यान घेवंक ना. जे कोण गोंय मुक्ती आदीं म्हळ्या डिसेंबर १९६१ ह्या दिसा आदीं, गोंयचेर पुर्तुगेज सरकारची वस आशिल्ल्या त्या काळांत जल्मल्ले ते सै रूपान पुर्तुगेज नागरीक थारतात देखून त आपसूक पुर्तुगेज नागरीकत्व प्राप्त जात नागरिकत्व मेळोवपा खातीर चड खटपट क पडना आनी जांकां तें मेळटा तांकां येवर आनी हेर देशांनी नोकरी धंद्या पासत वच पुर्तुगेज नागरीक म्हुण सोंपेपणी रिगूंक मेळ

जांचो जीवनाचो उद्देश्य हो फक्त भरप होच आसा तांचे पासत पुर्तुगेज नागरि ही खूब गरजेची गजाल. तांकां भारतांत रा कितें आनी विदेशांत रावले कितें कांयच प पडना. जंय विशेश कश्टांविणें चड खावड मे थंय रिगपाचे मनोवृत्तीची ही मोनजात. पू कोण लोकप्रतिनिधी म्हुण वेंचून आयल तांचेकडल्यान असली अपेक्षा नास लोकप्रतिनिधी भारताच्या संविधानाक बांध आसतात. ताणीं गोपनियतेचो सोपूत घेति आसता. तांची निश्ठा दोन देसांकडेन आसूं शकना. जो कोण पुर्तुगेज नागरिकत्व घेता त निश्ठा ह्या देसाकडेन आसुंकूच शकना. एक तर तूं पुर्तुगेज नागरीक भारतीय नागरीक. जर एखाद्रयाक पुर्तुगेज नागरीकत्व लाबलें जा सैमीक रूपान ताचें भारतीय नागरिकत्व आपसूक गोठून वचूंक ज कायदो तेंच सांगता. पुर्तुगेज नागरिकत्व मेळिल्लो गोंयकार गोंयांत रा शकता तो व्हिसाचेर. अमुक अमुक काळाची व्हिसा सोंपली म्हणट ताणें गोंय सोडूंक जाय. सोडिना जाल्यार ताचेर पुलिसांनी कारवाय क जाय. ताका हांगा मतदान करपाचो अधिकार, वेंचणुकेक उबो रावपा अधिकार मेळूंक फावना. नागरिकत्वाचो कायदो भोवतेक हेंच सांग म्हणटकच आमचे लोकप्रतिनिधी खंयच्या नाड्यार आपूण देशाक निश्ठावंत आसात अशें सांगूंक शकतात? ते खंयच्या नितिमत्तेचेर आमदार आनी मंत्रीपद भोगूंक शकतात?

हळदोणेचो भाजप आमदार ग्लेन टिकलो हो २७ नोव्हेंबर २० सावन पुर्तुगेज नागरीक आशिल्लो. १४ जानेवारी २०१३ दिसा ताणें सोडलें. केंद्रीय घर खात्यान गोंय सरकारच्या घरखात्याक ते वि

हळदोणेचो भाजप आमदार ग्लेन टिकलो

बाणावलेचो गोवा विकास पक्षाचो आमदार कायतान सिल्वा

कळयलां. ताचेर ॲड. राधाराव ग्रासियस हाणें अपात्रतेची केस घाल्या. ती कोर्टात चलता. बाणावलेचो गोवा विकास पक्षाचो आमदार कायतान सिल्वा होय पुर्तुगेज नागरीक. तो भारतीय नागरीक न्हय म्हणपाचें केंद्रीय घरखात्यान गोंय सरकाराक कळयलां. हांचे वांगडाच वेळ्ळीचो अपक्ष आमदार बेंजामीन सिल्वा आनी वास्कोचो आमदार कार्लुस आल्मेदा हांचेकडेन पुर्तुगेज नागरिकत्व आसा. ते भायर आनीक जायत्या आमदारांकडेन पुर्तुगेज नागरिकत्व आसा म्हणपाचो बोवाळ चल्ला. गोंयचे भोवतेक क्रिस्तांव आमदार आनी हेर लोकप्रतिनिधी आसात तांचेकडेन पुर्तुगेज नागरिकत्व आसा.

तांची पुर्तुगेजाकडेन निश्ठा आसा म्हण ताणीं तें नागरिकत्व घेतलां असो हाचो अर्थ न्हय तर तें घेतिल्ल्यान हेर देशांत सोंपेपणी रिगूंक मेळटा आनी संदीचो लाव घेवपा पासत ताणीं तें घेतलां आसत. तरी लेगीत ही त्या देशावेली निश्ठाच म्हणूंक जाय. आमचें गोंय साडेचारशीं वर्सां पुर्तुगेजांच्या शेकातळा उरलां. कितल्यो तरी पिळग्यो हे गुलामगिरींत सरल्यात म्हणटकच कांय लोकांच्या रगतांत हें पुर्तुगेज धार्जिणेंपण रिगलां अशें म्हणपाक रजांव आसा. जांचें ह्या देशांत पोट भरना ताणीं हो देश सोडून सासणाचें वचचें आनी हेर खंयच्याय देशाचें नागरिकत्व घेवन थंय पोट भरचें. तांचें स्वाभिमानाकडेन कसलेंच देणेंघेणें ना. ते पळयतात फकत आपलें पोट.

पूण जे कोण लोकप्रतिनिधी म्हुण वेंचून आयल्यात ताणीं तरी भारतीय राजघटनेकडेन एकनिश्ठ रावपाक जाय. जे कोण रावनांत तांकां ह्या मळावेल्यान धांवडावन घालूंक जाय. कायद्यांत तशी तरतूद आसा. मागीर पुर्तुगेज नागरिकत्व घेतिल्ले हे लोक वेंचणुकेक रावलेच कशे? ते वेंचून आयलेच कशे?

पुर्तुगेज नागरिकत्व आनी पुर्तुगेज पासपोर्ट आशिल्ल्यान हे आदीं करमणें पंचायतीचो पंच जर्सन फिगरेदो हाका पंचायतीचें वांगडीपण होगडावचें पडिल्लें. माजोर्डे पंचायतीची आदली सरपंच लक्ष्मी गोन्साल्वीस हिचेयकडेन अमेरिकन नागरिकत्व आशिल्लें. तिकाय पंच वांगडीपण सोडचें पडिल्लें.

पुर्तुगेज राष्ट्रीयत्व कायदो ३७/८१ १९७५ प्रमाण पुर्तुगेज सरकार गोंय, दामांव, दीव, दादरा आनी नगर हवेली ह्या आपल्या आदल्या वसणुकांतल्या लोकांक पुर्तुगेज नागरिकत्व दिता. हाका कार्तांव-द-सिदाद म्हणटात. हो कार्तांव-द-सिदाद गोंयच्या खूब लोकांकडेन आसा. लागीं लागीं पंचवीस-तीस हजार लोकांक हो कार्तांव मेळळा. तो मेळळो काय तांचें भारतीय नागरिकत्व आपसूक ना जाता. अशें जर आसत जाल्यार आमचे विधानसभेंत हो कार्तांव-द-सिदाद घेतिल्ले कितलेतरी पुर्तुगेज नागरीक गोंयचे लोकप्रतिनिधी म्हुण कशे पावले? स्वाभिमानी, राष्ट्रवादी गोंयकारांनी तांकां कशे वचूंक दिले? ते थंय पावले, कित्याक आमचे भितरली राष्ट्रभावना मेल्या. हे कोण वेंचून आयल्यात ते दुडू मोडून मतां विकतीं घेवन आयल्यात. आमकां गोंयकारांक जो कोण चड दुडू दिता तो परवडटा. फाल्यां पुर्तुगेजूय जर गोंय चलोवंक घेता जाल्यार दिवपाची आमची तयारी आसा अशें आयचे एकेंदर परिस्थितीवेल्यान दिसता. तशें पळोवंक गेल्यार पुर्तुगेज सरकार ह्याच आपल्या नागरिकां कडल्यान गोंयचें राज्य चलयता अशें म्हणचें पडटलें. ह्याच लोकांकडल्यान आमी गोंय मुक्ती दीस सुवाळो मनयतात! तांकांच आमी सलाम करतात. हें घडटा तें आमचे भितर पुर्तुगेज

कायतू पुर्तुगालाक केन्ना गेलोच ना : पर्रीकार

बाणावले मतदारसंघाचो आमदार कायतू सिल्वा हो भारतीयच. तो केन्नाच पुर्तुगालाक गेलो ना. केंद्रीय घरमंत्रालयान राजकी हेतून ताचेविशीं घोटाळो केला. कायतूचीं कागदपत्रां हांवें पळयल्यांत. कायतू पुरायेन भारतीय नागरीक आसा अशें प्रमाणपत्र हांवें म्हळ्यार राज्य सरकारान कायतूक दिलां. केंद्रीय घरमंत्रालयान कायतू हो भारतीय न्हय तर पुर्तुगेज नागरीक म्हणपाचें भाश्य करून घोटाळो केला. राष्ट्रीयत्व आनी नागरीकत्व हो दोन वेगळ्यो गजाली. कायतून केन्नाय पुर्तुगालाक वचून आपली जल्मनोंदणी कलंक ना वो थंय पावलम दनपंक ना. जाका कोणाक अशें दिसता ताणें तशीं कागदपत्रां दाखोवंचीं.

हांव अजून आशावादी आसां

– मोहन रानडे



गोंय मुक्ती लढ्यांत हांवें उडी घेतली तेन्ना फक्त परकी सत्ता हांगच्यान धांवडावन घालची आनी गोंयचे जनतेक स्वतंत्र भुयेंत स्वास घेवपाक तांचो हक्क मेळोवन दिवंचो असो कितें विचार घोळटालो. गोंय स्वतंत्र जातकच गोंयांत सर्ग अवतरतलो म्हणपाचें सपन निखालूच बाळगूंक नाशिल्लें. गोंयचो भोवजन समाज तांकां स्वातंत्र्य मेळ्ळें जाल्यार आपली उदरगत करून घेतलो म्हणपाची आस्त दिसताली. कित्याक पुर्तुगेज काळांत फक्त मुठभर लोकांक आपली उदरगत करून घेवपाक संद मेळटाली. भोवजन समाजांतलो कोणूच आपली उदरगत करूंक, शिक्षण घेवंक गोंयां भायर वचूंक शकनाशिल्लो.

गोंय मुक्त जाल्या उपरांत ही परिस्थिती बदल्ली. गोंयच्या भोवजन समाजाची व्हड प्रगती जाली. गोंय सुजलाम सुफलाम जालें. म्हजो सहकारी शंभू पालकार. ताची चली एम. ए. जाल्या. ती धेंपे कॉलेजींत शिकयता. आमी मुक्तीलढ्यांत उडी घेतिल्ली तेन्ना ह्या शंभूक जर हांवें 'तुजी चली एम. ए. मेरेन शिकतली' अशें सांगिल्लें जाल्यार ताका तीं फकणां दिसपाचीं. पूण गोंय सुटके उपरांत ती अशक्य गजाल शक्य जावंक पावली. जर गोंय मुक्त जावंक नाशिल्लें जाल्यार दिलीप बोरकार निर्माण जावंक पावचो नाशिल्लो. रवी नायका सारको गोंयचो मंत्री जावंक पावचो नाशिल्लो.

आयज गोंय मुक्त जाल्ल्यान हें घडूंक पावलें हें आमी मान्य करूंक जाय. अजून हांगा अन्याय आसा. पयशांक म्हत्व आयलां. बाजारीवृत्ती वाडल्या हें खरें आसा. पूण तें बदलतलें. आमी शिक्षणाचो भार सरकाराचेर घाला. पुर्तुगेज काळार असली प्रवृत्ती नाशिल्ली. लोक स्वता शाळा चलयताले. हांवेंय शिकयलां त्या वेळार. हांव पणजे गेल्यार गांवचे अशिक्षीत लोक येतना पुस्तक विकतें घेवन यो म्हुण पयशे दिताले. आज सरकार पुस्तकां दिल्यार शिकतले म्हणुन लोक वाट पळयतात. ही परिस्थिती बदलूंक जाय. बदल जातलो अशी आस्त आसा!

धार्जिणेपण रिगलां म्हुण! केन्ना वतलें काय हें?

आयजचे पिळगेंत आदले पिळगेवरी राष्ट्रभावना तशी विशेश खरायेन दिश्टी पडना. तशी परिस्थिती सद्या ना. देश पारतंत्र्यांत आशिल्लो तेन्ना गुलामीआड झुजपाचें वारें देशांत व्हांवतालें आनी कितले तरी देशप्रेमी देशात निर्माण जाले. सामान्यांतल्या सामान्यामदीं लेगीत राष्ट्रप्रेमाची भावना निर्माण जावन 'सरफरोशी की तमन्ना' काळजांत उफेताली. गोंय जेन्ना पुर्तुगेजांच्या शेकातळा आशिल्लें तेन्ना ते गुलामींतल्यान मुक्ती मेळोवपा पासत फक्त शिक्षितूच न्हय तर आशिक्षित लेगीत पेटून उठ्ठाले. गोंयचे मुक्तीचो इतिहास चाळून पळयल्यार जीं कितें नांवां नदरेक पडटात तीं कसलेच तरेची वैचारीक फांटभूंय नाशिल्ल्यांचीं. तांच्या काळ मात्र धगधगतालें देशप्रेम, मुक्तीचो हावेस. त्याच इंगळ्यांचेर डॉ. मन लोहिया सारख्यांनी फुंक मारली आनी मुक्ततायेचें होमखण पेटलें.

आयज हांव गोंयांकडेन पळयतां तेन्ना हो उजो, ही कीट गेली काय दिसता. गोंय आयज मुक्ती उप्रांत पन्नास वर्सां सरता आसतना भलतेच दिकेन वता तें दिसता. आयची पिळगी चंगळव भोगवाद हेच दिकेन वतना दिसता. आयचे पिळगेक विचार करप संदूच आयचें तंत्रगिन्यान दिवंक सोदिना. जल्माक आयिल्ल्या भु सावन मरणाच्या पंथाक लागिल्ल्या जाण्ट्यां मेरेनच्या एकान एकाक तंत्रगिन्यानान आवळून धरलां. कोणूच आयज मोबायल, स्मार्ट फो आयपॅड, लॅपटॉप, संगणक हाचेबगर दिसना. तांकां ही यंत्रणा हाताळ जेवपा खावपाक, हागपा-मुतपाक लेगीत फुरसत ना. एक प्रचंड ग दिल्या मनीस जातीक ह्या अर्विल्ल्या तंत्रगिन्यानान. ह्या तंत्रगिन्यान लागून रेडियेशन जाता आनी मनीसजात कॅन्सराचे भकीक पडटा, सातल कानाक मोबायल लायिल्ल्यान मेमरी वता हें सिध्द जावन लेगीत क ताचेर लक्ष दिना. आसा तो वेळ सुखांत घालोवया. फायचें कोणें पळयल ह्या तत्वगिन्यानान आयचे पिळगेचेर सांवार हाडला. ही भोगवादी मनीसज आनी हेर मोनजातीमदीं जर फरक उरलोना जाल्यार कितें फायदो तंत्रगिन्यानाचो? अर्विल्लीं तंत्रगिन्यानां ही मनीस कुळयेक उभारी दिन आसत जाल्यार उदरगतीक कसलें मोल आसा? जो मुक्तीदिन अ डिसेंबराक डिसेंबराक मनयतात ताचे फाटलें गांभिर्य कितलें म्हुण आस जाणीं ही मुक्ती मेळची म्हुण उतळताप काडले, हुतात्मे जाले तांका 'हे फळ काय मम तपाला?' अशें दिसले बगर कशें रावत?

आमकां मनीसजातीक उभारी हाडपाची आसा. आमी मुक्त गोंय वावुरतात अशें जांकां दिसता ताणीं तरी आता विचार करून समाज दिका दिवपाची गरज आसा. आयज आमकां आमची भास ना. आसा नांवा खातीर, आयज आमकां आमची भूंय ना. ती लाटल कॅसिनोवाल्यांनी, घुंवळी वखदांचो वेव्हार करप्यांनी, खाण, जमी माफियांनी. गोंयकारांच्या हातांत कांयच उरूंक ना. हें उरूंक ना म्हणप भान आशिल्ली पिळगीय गोंयांत उरूंक ना. हें सगळें जेन्ना नदरेक पड तेन्ना 'आयलां जंय स्वातंत्र्य तें स्वातंत्र्य न्हय स्वातंत्र्य न्हय' म्हणपा ब दुसरो पर्याय दिसना. जाणीं हाचें भान दवरूंक जाय तें सरकार दर व डिसेंबर म्हयनो पावलो काय १९ डिसेंबराची मोख नदरे मुखार दवरू आशिल्ल्या नाशिल्ल्या सुटके झुजाऱ्यांक सोदीत रावता. जो कोण सत्का विणें उरला, मागीर तो हयांत आसूं वो नासूं, ताचो सत्कार करू आपल्या कर्तव्याक पाळो दिता. पूण ज्या सुटकेझुजाऱ्यांनी आपल घरादाराची होळी केली, आपलो प्राण पणाक लायलो तांचो त्याग आ स्वातंत्र्या फाटली संकल्पना नवे पिळगेच्या काळजांत देवोवपाक मा सरकार अपेशी थारलां. हें अशें जर घडत रावलें तर गोंय स्वराज्यांतू गुलाम जावन उरतलें म्हणपाची भिरांत दिसूंक लागता.

स्वामी विवेकानंद

जिवीत आनी कार्य

१३ जानेवारी २०१३ सावन पुराय संवसारार स्वामी विवेकानंदाच्या सार्धशती सुवाळ्याक आरंभ जाला. स्वामी विवेकानंदाची १५०वे जयंती निमतान ह्या वर्सा बिम्ब मासिक स्वामी विवेकानंदाचें चरित्र बिम्ब वाचकां पासत कोंकणींत हाडला. दर म्हयन्याक 'पुनर्नवा' ह्या सदरांतल्यान हें चरित्र खिरती खिरतीनी उजवाडाक येतलें.

नरेंद्राक ताच्या घरच्यांनी, सोयरे दायऱ्यांनी, इश्ट-मित्रांनी लग्न करून गृहस्थीक प्रारंभ करपा पासत नानापरीन समजायलो. पूण विश्वनाथबाबू दत्ताचो हो चिरंजीव, बुध्दीन कुशाग्र आनी अफाट गिन्यानी आसुनय फकत हो विशय आयलो काय सगळ्यांक तोडून दितालो. हाकाच लागून विश्वनाथ दत्ताचें पुराय कुटूंब चिंतेस्त आसतालें.

विश्वनाथ दत्त सोळा वर्सांचे आसतना धा वर्सां पिरायेच्या भुवनेश्वरी देवीकडेन लग्न जाल्ले. विश्वनाथ दत्ताक एकंदर धा भुरगीं. भयण-भावंडांत नरेंद्राचो क्रमांक सवो. सगळ्यांत व्हडलो भाव आठ म्हयन्यांचो आसतना संवसार सोडून गेल्लो. ताच्या फाटली भयण अडेज वर्सां पुराय करून संवसार सोडून गेली. तिसरे भयणीक हरमोहिनीक बावीसाव्या वर्सा मरण आयलें. चवथ्या नंबराची भयण स्वर्णबाला बात्तर वर्सा मेरेन जियेली. पांचव्या क्रमांकाची भयणूय भुरगी आसतनाच मेल्ली. नरेंद्र स वो नंबराचो. ताच्या फाटल्यान दोन भयणी, किरणबाला आनी योगेंद्रबाला. किरणबाला सोळाव्या वर्सा भायर पडली. योगेंद्रबालान बावीसाव्या वर्सा लग्ना उप्रांत आत्महत्त्या केली. नरेंद्रच्या जल्मा उप्रांत स वर्सांनी, म्हळ्यार १८६९ वर्सा ताच्या भावाचो महेंद्रनाथाचो जल्म जालो. ताच्या जल्मा उप्रांत सतरा वर्सांनी, म्हळ्यार १८८० वर्सा भुपेंद्रनाथाचो जल्म जालो. महेंद्रनाथ १९५६ वर्सा जाल्यार भूपेंद्रनाथ १९६१ वर्सा हो संवसार सोडून गेलो. असो हो विश्वनाथबाबू दत्त हांचो संवसार पळयल्यार आपल्या पुतान नरेंद्रानूय लग्न करून संवसार थाटप आनी आपल्या दत्त घराण्याची वंशवेल वाडयत वचप अशें तांकां दिसल्यार अजाप न्हय.

नरेंद्राची आवय ही शंकराची भक्त आशिल्ली. हाकाच लागून ती नरेंद्राक वीरेश्वर ह्या नांवान उलो मारताली. ताच्या शालेय संवगड्यांनी ताका 'बिले' हें नांव दवरिल्लें जाल्यार तागेले परप्रांतीय इश्ट ताचे बंगाली भाशेचो सूर आळयत ताचीं फकाणां उडयत नोरेऽन् म्हुण साद घाली.

नरेंद्राचो आवय-बापूय सुदारक आशिल्लीं. काळाभायल्या धार्मिक रुढींक तांच्या मत्तान कांय अर्थ नाशिल्लो. तांचो तांकां खर विरोध आसतालो. तांच्या घरांतल्याच दोन विधवा बायलांनी पुनर्विवाह केलो तेन्ना ताका समाजांतल्यान खर विरोध जावंक लागलो. ते वेळार विश्वनाथबाबू आनी भुवनेश्वरीदेवी दोगांयनी त्या लग्नाक खंबीरपणान तेंको दिलो.

अशे हे संस्कृतायेंतल्या आवय-बापायक आपल्या पुताचो हुसको लागप साहजिकच आशिल्लें. पूण नरेंद्र कांयच कानामनार घेनाशिल्लो. ताणें तर एका विरागी ब्रह्मचाऱ्याच्या जिविताक प्रारंभ केल्लो. नरेंद्र हो जल्मताच गिरेस्त. गिरेस्तकायेंत वाडिल्लो. पूण जेन्ना तो बी. ए.च्या वर्गांत पावलो तेन्ना ताणें हे गिरेस्तकायेच्या नेटार, हेर तरनाट्यांवरी, ताच्या संवगड्यांवरीं फोल्गां मारपाचें सोडून सामकें सादें जिवीत जियेवपाक आरंभ केल्लो. ताणें फोल्गां मारिल्लीं जाल्यार ताका कोण नांवां दवरचोना आशिल्लो. नरेंद्र तर गिरेस्तालो पूत. गिरेस्तालया भुरग्यांनी फोल्गां मारप ही समाजमान्य परंपरा आशिल्ली. त्या काळच्या सामाजीक वातावरणाक ती गजाल सोबऽसारकीच आशिल्ली.

पूण नरेंद्राक ह्या गजालींत मात्तूय रस नाशिल्लो. देखुनूच ताणें घरच्यान जावपी लग्नाच्या आग्रहाकडेन मात्तूय लक्ष दिलें ना. नरेंद्र त्या वेळार रामतनु बोस लेनीचेर आशिल्ल्या आपले आजयेच्या घरा एके कुडींत वास्तव्य करून आशिल्लो. ताच्या स्वताच्या घराकडेन तर सदचीच वर्दळ आसताली. सोयरे दायरे दीसरात येत आसताले. नोकरां चाकरांची धांवपळ चलताली. त्या बोवाळांत नरेंद्राचें अभ्यासाकडें लक्ष लागऽ नाशिल्लें. देखून ताणें तोडगो काडून आपले आजये घरा, एके बरेऽशे कुडींत आपल्याची पोटली उडयिल्ली आनी सगळ्यां पासून अलिप्त रावून आपले मर्जी प्रमाण जिवीत सारतालो. ताचे हे कुडींत आशिल्लो एक तंबोरो, वाचपा खातीर कांय पुस्तकां आनी न्हिदपा खातीर एक नांवा पुरतें हातरूण! एकांतवास, ध्यानधारणा, कुडीचे कठोर असे नेम नियम पाळप बी असल्या जिविताकूच आपलें खरें जिवीत अशें मानून ताचो दिसपट्टो वेव्हार चलतालो. अदींमदीं श्रीरामकृष्ण थंय येताले आनी ताका उपदेश बी करून वताले. ताचे इश्ट ताका हातुंतल्यान भायर काडपाचो यत्न करताले. तत्वगिन्यानाच्या ग्रंथानी तकली मुंगरून अशें बसप, साधुबैरागी हांचे फाटल्यान धांवून धर्म धर्म करपाची ही तुजी पिराय न्हय आनी हें असलें जिवीतूय खरें न्हय म्हणपाचें ताका ते सांगताले. पूण नरेंद्राच्या निर्णया मुखार कोणाचेंच शाणपण चलऽ नाशिल्लें. तो आपल्या निश्चयाकडेन ठाम आशिल्लो. संन्यास होच मानव जीवनाचो सर्वोच्च आदर्श जाल्ल्यान ताच्याच फाटल्यान वचप म्हळ्यार 'सत्य शिव सुंदरा'ची प्राप्ती करप अशें ताचें मत आशिल्लें आनी देखून तो कोणाच्याच विचारांक बाडग नाशिल्लो. फकत श्रीरामकृष्णांकडेन वचून भासाभास करतालो, वाद घालतालो. ताणीं नरेंद्राचेर वाघरें घालां अशेंच मत नरेंद्राच्या घरच्यांचें आनी आप्तेश्टांचें जाल्लें.

> *श्रीरामकृष्णय नरेंद्राक पळोवंक आशेताले. नरेंद्रानाथाचेर आयिल्ल्या अरिश्टांची खबर तांचे मेरेन पाविल्ली. ती आयकून श्रीरामकृष्णाक अतीव दुःख्ख जाल्लें. ताका आपलेकडेन घेवन येयात अशें ताणीं आपल्या भक्तांक सांगलें लेगीत. पूण आतां नरेंद्रनाथ आदलेवरीं उरंक ना. तो आपलें चारित्र्य, ध्येय होगडावन बसला. ताचें अधःपतन जालां अशें खूब कितें कितें नरेंद्राचेर जळपी ह्या भक्तांनी श्रीरामकृष्णाक सांगलें. नरेंद्रनाथाचेर आशिल्लें श्रीरामकृष्णांचें प्रेम तांकां पयस करपाचें आशिल्लें. हाची जाणविकाय श्रीरामकृष्णांक आशिल्लीच.*

अशे तरेन नरेंद्र आपलें जिवीत सारतालो. ताका कोणाचे टिकेची पर्वा नाशिल्ली वो सल्ल्याची गरज नाशिल्ली. ताची बी.ए.ची परिक्षाय जाल्ली. पूण अध्यात्म आनी धर्म हाचें पारायण चलतालेंच. ह्या मानसिक श्रमान तो थकतालो. ताका तातुंतल्यान भायर काडपा खातीर, थोडो तरी विरंगुळो मेळचो देर ताचे इश्ट ताका फोर्सान भायर घेवन वता नाचगाण्याचे कार्यावळीक घेवन वचून ता मानसीक थकावट पयस करपाचे य करताले.

अशेंच एकदीस कोलकोतांतल वराहनगरांतल्या इश्टान ताका आपल्या व्हेलो. थंय ताचे हेर कांय इश्ट आशिल तांचे वांगडा हांसत गायत वेळ सारतन कोणेंतरी खबर हाडली, नरेंद्रनाथाचो बाप विश्वनाथबाबू काळजाच्या आताका संवसाराक अंतरल्यात. खबर आयकू नरेंद्रनाथान घरा धांव मारली. आपल बापायच्या कलेवरा भोंवतणी कंवडाळे कस रडटल्या, विलाप करतल्या आवयक भावा-भयणांक पळोवन नरेंद्रनाथाचें काळी कळवळें. ताच्या फातरा सारख्य काळजाक त्या कुलकुलाटान पाजर फुटिल्ल

नरेंद्रनाथ आपल्या बापायच्या विश्वना बाबूंच्या सांगण्या म्हणण्याकडेन आडन करतालो. तरी तांचेविशीं ताच्या मनांत खू आदर आशिल्लो. विश्वनाथबाबू हे त्य काळचे नामनेचे वकील. त्या वेवसायां ताणीं हिसपा भायर दुडू जोडिल्लो, पू फोल्गी सभावाक लागून ताणीं इश्ट-मित्र सोयरे दायऱ्यांचेर उदका सारको दु वगडायलो. फुडाराचो हुसको वो फुडा पासत तरतूद करून दवरचें मात्तूय चिंत ना. घोवाच्या मरणा उप्रांत आतां आप आनी आपल्या भुरग्यांचें जातलें कशें अस प्रस्न भुवनेश्वरी देवी मुखार उबो रावलो नरेंद्रनाथ तर जल्मासावन सुखांत आन लाडांत वाडिल्लो. आयिल्ले हे परिस्थिती तो सामको थतरवितर जालो. मूठभर अन्न पासत आपल्या भावंडांक वळवळे काडटन पळोवन तो सामको आकूळ पिकूळ जावंक लागलो. इतलो काळ ताच्या घरांत आन दारांत ज्या सोयऱ्यांची वर्दळ आसताली ते सगळे एकेक करून येवपाचेच बंद जाले.

हो सगळो प्रकार पळोवन नरेंद्रनाथाक सगळें कितें उमगलें. पूण आपूण कोण

आपल्याक कितें करपाचें आसा हाचो विसर मात ताका पडलोना. जे कोण वतात सोडून तांकां वचूं दी. जें कितें दळदीर आपल्या वांट्याक आयलां तें मोन्यानी सोंसप आनी तातुंतल्यान मार्ग काडपाचो यत्न करप अशें नरेंद्रनाथाचे तिख्ण बुद्दीन ताका थातारलो. आपल्याचेर, आपल्या कुटुंबाचेर कितें परिस्थिती उप्रासल्या हाची सुलूस ताणें आपल्या जिवाभावांच्या इश्टांक लेगीत लागूंक दिलीना. हातुंतल्यान वाट काडपाक जाय ती खासा आपणें हें त्या सत्तावीस वर्सांच्या तरनाट्याक होलमल्लें. ताणें एकेवटेन वकिलीची परिक्षा दिवपाचो वावर मोठ्या नेटान आरंब केलो जाल्यार दुसरे वटेन आयिल्ले हे परिस्थितीचेर मात करपा पासत कसलोय कामधंदो वो नोकरी सोदपाचो प्रयत्न चालू दवरलो.

तीन-चार म्हयने अशेच सरले खरे. पूण प्रयत्न आनी धडपड करूनय ताच्या वांट्याक कांयच साध्य आयलेंना. घरांत अन्नाचो कणूय नाशिल्ल्यान एखादल्या दिसा सगळ्यांक उपाशीं पोटारूच रावचें पडऽ! केन्ना केन्नाय अन्न मेळटालें तें सगळ्याच लोकांक पावतालें अशेंय नासतालें. तेन्ना नरेंद्रनाथ 'आयज आपल्याक अमक्या अमक्यान जेवपाक येवपाचो खूबच आग्रो केला. आपूण तागेर जेवपाक वतलों' अशें फटीचें आपले आवयक सांगून नरेंद्रनाथ घरांतल्यान भायर सरून वतालो. केन्ना केन्नाय कडकडीत उपास जाल्यार केन्ना थोडेंभोव पोटांत उडोवन तो दीस सारतालो. असल्या एक सारख्या उपासाक लागून ताच्या आदलींच्या घटमूठ शरिराचेर जावपाचो तो परिणाम जालोच. ताची कूड सामकी सुकून कृश जाली अशें म्हळ्यार जाता. अन्न पोटाक मेळूंक नाशिल्ल्यान भुकेन घुंवळ येवपा सारकी परिस्थिती लेगीत ताचेर उप्रासली. ताचे सामके जिवाभावाचे म्हणटात तसले लागशिल्ले इश्ट ताका आदाराक तयार आशिल्ले. ते मुखार आयलेय बी. पूण जण एकल्यान आपलो खुरीस आपल्याच खांदावेल्यान व्हरूंक जाय ह्या विचारांचो नरेंद्रनाथ कोणाचीच मजत घेवपाक तयार नाशिल्लो. नरेंद्रनाथाच्या इश्टांक ताच्या ह्या मानी सभावाची कल्पना आशिल्ली देखून नरेंद्रनाथाचेर आयिल्ले हे परिस्थितीचेर आपापले परीन उपाय काडूंक वावुरताले. ताका उक्तेपणी मजत दिवप शक्य ना हें पारखून अदीं मदीं एखादलो दुसरो नरेंद्राक आपल्या घराकडेन जेवपाक येवपा पासत आग्रो करतालो आनी नरेंद्रनाथ आपल्याक हांगा काम आसा, थंय काम आसा अशें सांगून जमता तेन्ना तांचो आग्रो टाळपाचो यत्न करतालो. आपल्या घराकडेन आपली आवय, भावंडां उपाशी पोटान वळवळटात आनी आपूण मात आपल्या इश्टांगेर वचून पंच पक्कानांचें भातें मारतां ही कल्पनाच ताका सोंसवना आशिल्ली.

त्या काळार एखाद्रयाच्या घरचो म्हयन्याचो खर्च हजार रूपयां परस चड आसप हें गिरेस्तकायेचें लक्षण आसतालें. नरेंद्रनाथाच्या घरांत हो खर्च जातालो. नरेंद्रनाथान गरिबी, दारिद्रय कितें म्हणटात तें पळोवंकच नाशिल्लें. तो सादेपणान रावपाचो यत्न करतालो तो आपणें स्वता आपूण जावन ब्रह्मचर्याचें व्रत स्वीकारलां देखून. पूण आतां ताका गरिबी म्हळ्यार कितें, उपास तपास म्हळ्यार कितें हाचो अणभव येवंक लागिल्लो. आपलें भुरगेंपण वलांडून जेन्ना तो तरणेपणाच्या हुंबऱ्यार पावल दवरतालो

तेन्नाच ताच्या माथ्यावेलें बापायचें छत्र पयस जाल्लें. कुटुंबाचो भार आपल्या भुजांचेर कसो घेवपाचो आसता हाची मात्तूय कल्पना नाशिल्ल्या नरेंद्राचेर जेन्ना ती परिस्थिती आयली तेन्ना तो हे विचित्र परिस्थितीकडेन अजापीत जावन पळोवंक लागलो. काल पयरूच जे आपल्या घरांत गर्दी करून आसताले, जेवन खावन तृप्त जावन वताले, अडीअडचणी सांगून आपल्या बापायकडल्यान दुडू व्हरताले ते सगळे आप्त-इश्ट म्हणोवपी परिस्थिती बदलल्या बराबर कशे बदलले, हें पळोवन नरेंद्रनाथाचें संवेदनशील मन सामकें थतरवितर जाल्लेवरी जालें. पूण तातुंतल्यान तो गळसणलो ना. जीवनाचें हें सत्यरूप पळोवन, ताचो अणभव घेवन त्या हळशिकावण्या वृत्ती आड बंडखोरी करूंक लागलें. समाजाचे हे वृत्तीचो राग येवपा बदला ताका ताची किळस आयली म्हळ्यार जाता.

नरेंद्रनाथ समाजांतल्या सुवार्थी प्रवृत्तींक लागून दुखावल्लो खरो, पूण ताणें आपलो स्वाभिमान आनी आत्मभान हाचेर संयम दवरिल्लो. आपल्याचेर आयिल्लें अरिश्ट हें आपणेंच पयस करूंक जाय हाचें भान ताका आशिल्लें. नोकरी करूंक जाय, जोडून हाडूंक जाय, ते बगर दुसरो पर्याय ना हें ताणें पारखिलें आनी भर दनपारच्या कडार म्हणूं नाका, सकाळ-सांज म्हणूं नाका तो कोलकोत्याच्या रस्त्यावेल्यान उगड्या पांयांनी नोकरे पासत हांगा थंय व्हळपेवंक लागलो. दिसभर हांगा थंय प्रयत्न करून सांजवेळार तो सामको गळसणून घराकडेन येतालो. अशेच कितले तरी दीस सरले आनी आसा तें उणें म्हुण आनीक एक अरिश्ट ताचेर आयलें. तांच्याच एका सोयऱ्यान ताच्या घराब्याक रावत्या घरांतल्यान भायर काडपा पासत तांच्या आड न्यायालयांत फिर्याद घाली.

ही सगळी परिस्थिती आनी एकार एक आयिल्लीं अवर्शणां पळोवन शांत सभावाची नरेंद्रनाथाची आवय भुवनेश्वरी सामकी

उबगल्ली. हें चल्लां ताचे आड खंभीरपणान कशें उबें रावप हें तिका होलमनाशिल्लें. ती सामकीच गळसणून गेल्ली. तातूंत तिचो भरवंसो आशिल्लो तो धडधाकट नरेंद्राचेर. भुवनेश्वरीदेवी तशी देवभक्त. शिवाची भक्त. पूण तिचोय आतां देवावेलो विश्वास वचूंक लागिल्लो. एक दीस सकाळीं नरेंद्रनाथ सदचेवरी देवाचें नांव घेत घेत हांतुणावेल्यान उठ्ठालो तेन्नाच ती थंय पावली. आदींच ती परिस्थितीक लागून उबगल्ली. तिणें सगळो राग नरेंद्राचेर काडलो, 'मेल्ल्या तोंड धांप थंय! उठ्ठा सुट्टा फकत देव देव करता, कितें बरें केलां तुज्या देवान तें पळयलें ना?'

आवयचीं हीं वितरागाचीं उतरां आयकून नरेंद्राचें काळीज कळवळलें. देवाविशीं ताच्याय काळजांत संताप उफेवंक लागलो. खरेंच काय, हो कोण देव आसा ताका आमचें कांय पडिल्लें ना? ताका आमचे विकळाप आयकूंक येनात काय? काय तो फकत कमरार हात दवरून आमची दैना पळयता? जो कोण हो देव आसा तो आमकां एक दिसाचो गिरास दिवंक शकना जाल्यार तो आसून कितें फायदो? ताच्या काळजाक जर पाझर फुटना जाल्यार मागीर तो मंगलमय, दयामय कसो?

देवाविशीचें आपलें हें नवें मत तो आपल्या कांय इश्टांकडेन उलोवन दाखयतालो. आपल्या मनांत आशिल्ले ईश्वरावेले निश्ठेक अशी वेर वता ती पळोवन तो भितरल्यान सामको दुखावतालो. पूण ताका जिवितांत अणभवूच अशे आयिल्ले जे ईश्वरावेलो ताच्या मनांत आशिल्ल्या विश्वासाक वेरो हाडटाले.

ताच्या मनांतलो हो खवदळ फकत एकलीच व्यक्ती उमजूंक शकताली आनी ती म्हळ्यार श्रीरामकृष्ण. नरेंद्रनाथ आपल्याचेर आयिल्ल्या अरिश्टां आड झुजतासतना ताका तांची याद जाताली पूण दक्षिणेश्वरी वचूंक ताका फावनाशिल्लें. श्रीरामकृष्णय नरेंद्राक पळोवंक आशेताले. नरेंद्रानाथाचेर आयिल्ल्या अरिश्टांची खबर तांचे मेरेन पाविल्ली. ती आयकून श्रीरामकृष्णाक अतीव दुख्ख जाल्लें. ताका आपलेकडेन घेवन येयात अशें ताणीं आपल्या भक्तांक सांगलें लेगीत. पूण आतां नरेंद्रनाथ आदलेवरीं उरूंक ना. तो आपलें चारित्र्य, ध्येय होगडावन बसला. ताचें अध:पतन जालां अशें खूब कितें कितें नरेंद्राचेर जळपी ह्या भक्तांनी श्रीरामकृष्णाक सांगलें. नरेंद्रनाथाचेर आशिल्लें श्रीरामकृष्णांचें प्रेम तांकां पयस करपाचें आशिल्लें. हाची जाणविकाय श्रीरामकृष्णांक आशिल्लीच. शेवटाक तेच उबगले आनी 'पर्थून अशें जर तुमी नरेंद्राविशीं म्हाका सांगलें जाल्यार तुमचें तोंड लेगीत आपूण पळोवपाचों ना' म्हणपाची धपकावणी तांकां दिवची पडली.

श्रीरामकृष्णांचो नरेंद्रनाथाचेर अशीम असो विश्वास आशिल्लो. जगन्मातेन आपल्याक ताचेविशीं जी ओड आयल्या ती अशी उखलापी न्हय. नरेंद्रनाथ एक बुदवंत असो भुरगो. हे पिरायेर ताच्यांत जें कितें पांडित्य आसा, जी नमळाय आसा ती देशाचें कल्याण करपाकूच आसा म्हणपाचें ताणीं पारखिल्लें. आयिल्ले परिस्थितीक लागून नरेंद्रनाथाचेंय मन वादळांत सांपडिल्लें. ताकाय श्रीरामकृष्णांचे भेटेक वचपाचें आशिल्लें. पूण जाचेर श्रध्दा दवरल्या तो ईश्वर आपल्याक आनी आपल्या कुटुंबाक असो वळवळायता जाल्यार श्रध्दा म्हणटात हाका कांय अर्थूच ना अशें ताका आतां खरायेन दिसूंक लागिल्लें. अशें आसलें तरी श्रीरामकृष्णाविशीं ताच्या मनांत जी एक श्रध्दा रिगिल्ली ती मात प्रयत्न करूनय ताच्यान काडून उडोवंक जालीना.

फकत पयसो जोडप, आपल्या कुटुंबीयांचें उदरभरण करप आनी आयजवेर सर्वसामान्यां पासत जी जीवनपध्दत चलत आयल्या तिका समर्पीत जावन आपणेंय तेच वाटेन वचप हें ताका मान्य नाशिल्लें. आपलो ते पासत जल्म जावंक ना अशें ताचें मन ताका सांगतालें. आनी हो विचार ताका ह्या वादळांत फोलेर जावन वाट दाखयतालो. ता श्रीरामकृष्णाकडेन ओडटालो.

ह्याच दिसांनी श्रीरामकृष्ण कोलकोत्य कोणा एका भक्तागेर आयिल्ले. ते आयल म्हणपाचें नरेंद्रनाथाक कळळें आनी गेल्या बगर ताच्यान रावूं नज जालें. धांवटूच थंय गेलो. आपणें घर त्यागप थारायलां हें ताका आपल्या गुरूक सांगप आशिल्लें. पूण अशें घडपाचें नाशिल श्रीरामकृष्णान ताका आपले वांग दक्षिणेश्वरी व्हेलो.

दक्षिणेश्वरी पावल्या उप्र श्रीरामकृष्णान नरेंद्रनाथाक रातचेवेळ एकांतात व्हरून समजायलो. ताच्या मन जी विरागाची भावना उप्रासल्या तिका अ ना म्हणपाचें सांगलें. आपलो देह हे धतरि आसा तो मेरेन तरी तुका संवसारांत राव पडटलें, तुवें हे धतरेर पावल दवरलां तें ए निश्चित उद्देश्यान. त्या उद्देशाकडेन जर तु आडनदर जाली जाल्यार तुज्या जल्मा कांयच अर्थ उरचो ना म्हणपाचें ताका सांग

नरेंद्रनाथाचेर हे गजालीचो परिणाम ज बगर रावलो ना. एका प्रचंड हावेसान थंयच्यान घरा परतलो. जाणें कोणें ताच घराआड फिर्याद केल्ली, ताच्या आ झुजपाचें ताणें थारायलें. भुवनेश्वरीदेवी सामकी गळसणून गेल्ली. नरेंद्रनाथान ति धीर दिलो आनी आपल्या कुटुंबाचें आयिल्ल्या अरिश्टा आड लढपा खात उबो रावलो. नरेंद्रनाथाच्या बापायचो इ बॅरिस्टर उमेशचंद्र बंद्योपाध्यायान ता आपूण जावन मजत केली. नरेंद्रनाथ उलटतपासणेंत ताठ मानेन एकानएक ख गजाल न्यायालया मुखार दवरली आ शेवटाक ती केस नरेंद्रनाथाचे वटेन जाल नरेंद्रनाथ एका अरिश्टांतल्यान भायर सरल सत्याचेंच जैत जाता हाचेर ताचो विश्वा बसलो.

(चलता...

कथा

तो, ती आनी तें



बेळेचाराक रंजू हांसलें खरें, पूण मनांत बरें कांचवेलें. हेदोळ सपनान कितें म्हळें तेंय ताका याद जालें. नरेनाक कोणय सुंदर चली जावं बायल बी दिसल्यार तिच्यो मरकऱ्यो करपाक, आंगलट वचपाक बी खूब मजा दिसप. तातूंत आपूण कितें बायट करतां अशें ताका दिसपच ना. आपलें लग्न जावचे पयलीं आपूण चडसो चलयांच्या घोळक्यामदीं आसतालों... त्यो चलयो आपल्याचेर कश्यो मरताल्यो...

सुधा खरंगटे
आकें, मडगांव-गोंय
२७५०५७३

सदचे भशेन सपना इंटरवलाक स्कुलांतल्यान आयलें... च्या पिवपाक....

''आयलें गो सपना! आज वेळ सो जालो तुका?'' रंजून विचारलें.

''ना गे वैनी! पिरियड सोंपलो तरी भुरग्यांचे प्रस्न विचारप सोंपच ना. अभ्यासांतले न्ही हां.. पिकनिकेक कितें व्हरपाचें! हें हाडल्यार जाता?.. तें हाडल्यार जाता?... खेळपाक मेळटलें काय ना?... हजार प्रस्न...''

''खंय व्हरतात गो अंदूं पिकनीक?''

''हांगा लागींच गे! नेत्रावळी.. थंय 'बुडबुड्याची तळी' म्हणून आसा खंय! ताळयो मारल्यार तळयेंतल्यान बुडबुडे येतात खंय! च्यारी सर आसा न्ही... तो खंयच्या खंयच्यान अश्यो खबरी हाडटा... भुरगीं फुलतात मागीर वचूंक...''

''जावं गो... तेंय जाल्यार पळोवंक जायच न्ही? भुरग्यांक मजा! शिवाय हे बुडबुडे कशे, कित्याक येतात.. प्रस्न पडटलेच न्ही तांकां... शिकूंक मेळटलें...! भोंगूं तें! चल, च्या घे... चपाते बरोबर केळ्यांचो हालवो केला तो खा... काय तुजें गोड लोणचें गो?''

सपनान गोड लोणचें घेतलें आनी तें चपाती खावंक बसलें. वैनीन हाडिल्ली हून-हून च्या पिवंक लागलें.

सपना रंजूली नणंद. बी. ए. जालां. पोरूं बी. एड.य केलें ताणें. स्कुलांत नोकरी मेळळी. आसा वीस वर्सांचेंच! पूण जाण्टुली शी उलयतलें! हरशीं शिटूक! फावल्या वेळांत घरकामांत हातबोट घालून वैनीक खूश दवरतलें.

''वैनी, रत्ना मेळिल्लें गे आज. नोकरी ना म्हणून बेजारलां सामकें! आज भाईन आफयलां म्हणटालें आपल्याक...'' सपना सांगूंक लागलें.

''खंयय लायता जातलो ताका नोकरेक तुजो भाई...! पयर आयताराक आयिल्लें तेन्ना ॲप्लिकेशन बी बरोवन घेवन आयिल्लें...'' रंजून म्हळें.

''पूण भाई म्हणून चडच करता ताचेकडेन... न्ही गे वैनी?''

''आगो, सोयरें न्ही गो? करता अपुरबायो...''

''तशें न्ही गे वैनी.. पूण...''

''कितें गो?... सारकें उलय न्ही...'' वैनीन दटायलें.

''म्हाका सारकें सांगूंक येना गे!... पूण हांव इतली भयण!.. भाईन केन्नाच तकलेर थापटिलें.. फाटीर थापट मारलें.. करूंक ना... पूण रत्नाक मात... तें दिसलें कीं...''

इतल्यांत रत्नाच घरांत भितर सरलें. तें भितर सरतकच सपनाक ओगीच खांकुडिल्ले भशेन जालें... सदचे भशेन!! ताका दिसलें... आपूण कितलें सांवळें... सादें.. कोणाचे नदरेक वचपा सारखें न्ही...! वेळेचाराक ताणें हांसून म्हळें, ''यो गो रत्ना... आप आये बहार आयी...''

''पुरो गो तुजें...'' रत्नान हांसत म्हळें.

''कितल्या दिसांनी गो बाये...! हालीं नाच तूं...!'' रंजून म्हळें.

''फाटल्या आयताराक येवन गेल्लें न्ही गो रंजूताई...!''

''तें कसलें येवप गो? घरांत भितर सरलां - भायर सरलां. आज मात तुका जेवले बगर धाडपी न्ही हांव...'' रंजून म्हळें.

रत्ना हांसलें. गोरें-पिट्ट, सुंदर! रत्नाचे धवेफुल्ल दांत ताच्या गुलाबीच ओठांतल्यान चकचकले सामके!

सपनाक ताच्या सुंदरकायेची ओगीच नसाय जाल्लेभशेन जाली... सदचे भशेन!!!

''वैनी, येतां गे हांव! वेळ जालो म्हजो... बरें गो रत्ना. मेळया मागीर...'' अशें म्हणून सपना पायांत जोतें चडोवन गेलें लेगीत.

''लागींच स्कूल म्हुण बऱ्याक पडटा सपनाक... न्ही गो रंजूताई? मदले सुटयेंत येवन च्या बी घेवन वचूंक मेळटा.''

''हय गो बाये! नाजाल्यार सकाळचो एक च्या चो घोंट घेवन वता तें! भुरग्यांक शिकोवप म्हळ्यार फकाणांचीं कामां गो? आड्डवपाक नाका तांचेकडेन दिसभर? तेंय बी वर्गांत उबें रावन!... इतलें पुरो जावन येता... पूण येवचे येवन म्हज्या आदाराक लागता...''

रंजू नणंदेचे गूण गावंक लागलें.

''रंजूताई, भावोजी केन्ना येतलो?'' मदींच रत्नान विचारलें.

''येतलो गो जेवपाक.. कित्याक गो? कितें काम आशिल्लें?''

''भावोजी म्हणटालो, अशें ॲप्लिकेशन पोस्टान बी धाडून कांय जावपाचें ना. स्वत: वचून ॲप्लिकेशन दिवंक जाय. इंप्रेशन पडटा खंय...! फाल्यां सकाळीं खंयच्या खंयच्या ऑफिसांनी, बँकानीं वचून ॲप्लिकेशन दिवया म्हणटालो...''

''खरें काय कितें? म्हाका म्हणूंक ना... लिव्ह काडटलो दिसता फाल्यां... पूण खंयय पोस्ट रिकामो आसूंक जाय न्ही? नाजाल्यार ॲप्लिकेशन दिवन कितें उपेग? आमच्या वेळार बाये अशें नाशिल्लें गो! परिक्षा जाली.. पास जालें.. अशीऽ नोकरी मेळटालीच खंयतरी!... इतलें शिकलां तूं... खंयतरी बरीऽ नोकरी मेळूंक जाय आसली...'' रंजून सुस्कारो सोडलो.

''आतां देड वर्स जायत आयलें... बेकार आसां...''

''ट्युशनां तरी दिवचीं आसलीं...!''

''तीं आसातच न्ही! फावल्या वेळांत तें करतांच..!''

मागीर रंजून बेगीनच हुमण केलें, शीताक वडयलें आनी नुस्तें तव्यार घालून रत्नाक पयलीं वाडलें. रत्ना जेवंक बसता म्हणसर नरेन भितर सरलो.

''आरे... रत्ना, केन्ना आयलें तूं?'' रत्नाचे तकलेर अशें थापट मारिल्ले भशेन करून ताणें म्हळें.

रत्ना हांसलें. हरशीं कोणय दादले मनशाचो चुकून हात लागल्यार लेगीत ताका सोंसना.. पूण भावोजीलीं फकाणां हांसपाचेर व्हरपाक तें शिकिल्लें.

''म्हाकाय वाड गो रंजू.. हांव हातपांय धुवन येतां...'' नरेनान म्हळें.

रंजून ताट दवरून नरेनाक वाडलें. रत्नाच्या मुखार बसून तो जेवंक लागलो. जेवतना रत्नाच्या तोंडार, हातांचेर नदर...

''रत्नाचीं बोटां पळय गो कशीं... लांबसडक.. शीत कालोवन उंडी तोंडाकडेन व्हरता ती.. आं करून मदले मदीं उंडी तोंडांत घेवची शी दिसता! कालोवप, उंडी करप... तोंडाकडेन व्हरप... सगळें कशें नकसूदपणान...'' नरेनान रत्ना जेवता तें पळोवन म्हळें.

रत्नाक कितें उलोवचें तेंच कळना ज मागीर रंजूच मदीं पडलें - ''येतलो को भाग्यवान... तेन्ना उखाणो घेवन नांव घे आनी ताका भरयतलें तें उंडी... तुजी कित्याक ताचेर?''

रंजून घोवाक दटायलो ना, खडसायलो तापयलो ना... पूण तोंडार थापट पडिल्ले भ नरेन चूप जालो. रत्ना सगळेंच काचाबूल ज रंजूच्या तोंडाक पळोवंक लागलें.

''तूं जेव गो बाय सुसेगादीन. तुज्या भावोजीक मदींच पचकल्ले भशेन केन्ना केन उलोवपाची संवय..'' रंजून हांशिल्ले भ करून रत्नाक म्हळें.

वेळेचाराक रंजू हांसलें खरें, पूण मनांत कांचवेलें. हेदोळ सपनान कितें म्हळें तेंय ता याद जालें. नरेनाक कोणय सुंदर चली ज बायल बी दिसल्यार तिच्यो मस्कऱ्यो करपा आंगलट वचपाक बी खूब मजा दिसप. ता आपूण कितें वायट करतां अशें ताका दिसप ना. आपलें लग्न जावचे पयलीं आपूण चड चलयांच्या घोळक्यामदीं आसतालों... त चलयो आपल्याचेर कश्यो मरताल्यो... सग म्हाका 'गोपींमदीं बोवाळपी कृष्ण' म्हणटा अशें आनी ओर्रान सांगप ताणें...

''आरे, आतां तुजी पन्नाशी लागीं पाव आयली.. आतां सोबना तुका तें...'' अशें रंज कितलेदां ताका सांगलें.

''तुका म्हजी नसाय जाता गो?... ह कितें वायट करतां?.. म्हजो सबावच तसो... नाजाल्यार सिरियस तोंड करून बसप गो तु भशेन!'' अशें म्हणून नरेन रंजूकच वेल्या दटायतालो.

...पूण आतां हें रत्ना! सख्ख्या न्ही जाल्य कितें जालें?... मावस भावालें चली... वय आयिल्लें... कसलोच अणभव नाशिल्लें.. भावोजी, भावोजी करून नरेनाकडेन हांसू उलयलें.. ताचे बरोबर भोंवलें.. तर रोखडें लोकांच्या दोळ्यार येतलेंच!

''... फाल्याचें नक्की हां रत्ना!.. सकाळ बेगीन भायर सरुया... साडेपांच मेरेन ऑफिसां भोंवपाचें... रात मेरेन घरा पावतलीं...''

''...हय! फाल्यां सकाळीं येतां हांव...'' रत्नान हात धुयले. ताट-पेलो घेवन तें घासपाक गेलें.

''...आगो, आगो... रत्ना, ताट तूं घांसता? शे:! शे:!.. रंजू, ताका आयदनां घांसूंक लायता तूं?''

''आमगेर वावराडी ना हें ताका खबर आसा. तुजें जेवन जालें जाल्यार तुजेंय ताट दी... तें घांसून दवरतलें... सदांच सपना पुरो जावन येवन लेगीत सगळीं आयदनां घांसता... तुवें सपना घांसता तें केन्नाच पळोवंक ना कितें?'' रंजून विचारलें.

''आगो, पूण रत्नाक कित्याक? ताचे हात पळय... 'ये हाथ बर्तन माँजनेके लिए नहीं बनाए है खुदाने..'' नरेनान डायलॉग मारलो.

''भावोजी, आमगेर हांव सदांच आयदनां घांसतां... आमगेरय कामाक कोण ना...'' रत्नान म्हळें.

इतल्यांत सपना सामकें जाम जाल्ले भशेन येवन कदेलार बसलें. ''वैनी, आजच्यान आतां सगळो आठवडो स्पोर्टाची तयारी गे! तें भुरग्यांक घेवन ग्राऊंडार वचप, दिस्सभर वतांत उबें रावप...'' ताणें म्हळें.

''भोंगूं पोराचें! वतान वळमलां पळय तोंड सामकें!'' रंजून बेगीबेगीन ताका उदक हाडून दिलें. ''चल, आतां जेव आनी आड पड मात्शें...'' ताणें म्हळें.

''हय! आड पड खंय! आनी मागीर तूं एकलीच सगळो वावर करीत बस!.. हय मगे? आतां जेवनाफुडें रोकडेंच तटमटीत जातलें हांव... भाई जेवलो? रत्ना जेवलें?.. चल तर आमी दोगांय बरोबर बसया...'' सपना हात पांय धुवूंक गेलें.

रत्ना वतकच दोगांय जेवंक बसलीं. स्कूलांतल्यो खबरी सांगत सपना जेवतालें, ''वैनी, कामतील्या बीनाची सोयरीक जाली गे!.. मे म्हयन्यांत लग्न खंय! मुंबय रावपाचें खंय तें मागीर... आनी आतां स्कूल सोडचें पडलें ना ताका? आतां हिंदी शिकोवंक नवी टिचर घेवची पडली ना?''

''...सपना, आतां जेव पळोवया... आतां उरिल्ल्यो खबरो जेवतकच सांग... नुस्तें वाडलां तें सोंपय... नाजाल्यार आतां बीनाच्या लग्नाक खंयचो ड्रेस घालपाचो ही चिंता करूंक लाग...''

दोगांय मागीर हांस-हांस-हांसलीं. जेवन दोगांय कामाक लागलीं.

दुसरे दीस सकाळींच रत्ना बरी चकचकीत शी साडी न्हेसून तांगेर पावलें. येतनाच ताणें म्हळें- ''भावोजी खंय तर? अजून उठूंक ना?''

''उठला तर...! न्हावंक गेला... येतलो रोखडोच तयार जावन..! बस तूं. च्या घेतलें?''

''नाका गो रंजूताई. आईन पोळे केल्ले आज... इतले बेगीन खावपाची संवय ना... पूण आईन खावयलेच! पोट सामकें ढम्म जालां...''

रंजू ओगीच रावलें. मागीर रत्नान म्हळें - ''रंजूताई भावोजी खरेंच म्हाका लागून कितलें करता न्ही? आज भावोजीन म्हाका लागून सुटी घेतली मगो...?''

''नरेनालें तशेंच गो! कोणाकय मदत करपाक सामको तयार! तातूंत बायलमनशांक तर मदत करूंक सामको फुडें!... आनी तुजे सारकें सुंदर चली आसल्यार तर कांय विचारनाका...''

''ईऽऽ! रंजूताई, कितें गो? म्हजीं फकाणां करता?''

''ना गो! सहज सांगलें तुका खरें तें! म्हजो घोव तो! म्हाका आतां संवय जाल्या न्ही!.. बाय गो, दादलेमनशांचें बरें आसा... आमी बायलांनी आपलें नांव जपपाचें! न्ही? कितें म्हणटा?.. आतां तूं तुगेल्या भावोजी बरोबर दीसभर भोंवलें, बसीनी एका सीटार बसून वतलीं... दनपारचीं हॉटेलांत जेवतलीं... तान लागल्यार थंड कितेंय पितलीं... जावं च्या घेतलीं... बरोबर आसात म्हणटकच उलोवप - हांसप जाताच! तुगेलो भावोजी तर खबरी मारूंक ताण सामको!.. ताका कितें?... पूण चली भुरग्यान आपली मर्यादा सांबाळूंक जाय... चार लोक पळयतात... उलयतात... लोक वळखतात न्ही आमकां?''

रत्ना घुसपलें. रंजूच्या तोंडाक पळोवन ताणें म्हळें, ''हांव कितें परक्या दादल्या बरोबर...''

ताका आडायत रंजून म्हळें - ''आपल्या मनांत कांय नासता गो... तूं तर भुरगें!... आमगेल्याचें मन तर सामकें सरळ... तोंडान उलयतलो...मस्कऱ्यो करतलो... ताच्या मनांत कांय नासता... पूण लोकांचें तोंड कोण धरतलो?

अमक्याचें चली त्या अमक्या बरोबर भोंवतालें.... हांवें पळयलां न्ही म्हज्या दोळ्यांनीं... हांसतालें... किटकिटतालें...''

''रंजूताईऽ..!?''

''बाय गो, तूं म्हज्या भावालें चली म्हणून तुका अशें सरळ शिटकायलां हांवें!... अशी ऑफिसांनी भोंवत नोकरी सोदपाक... थंय पोस्ट आसूंक जाय न्ही रिकामे? आनी भावोजीन कितेंय मस्कऱ्यो बी केल्यार तुका ऑकवर्ड जावचें ना मुगो? काल जेवतनाची खबर याद कर. म्हज्या मुखार चलता... म्हाका आतां ताचो सभाव कळ्ळा... म्हाका आतां कांयच दिसना... पूण परक्यां मुखार अशें कितेंय उलयल्यार? हांव जाणां... सुंदर चली दिसलें की तो पगळताच! सभावाक वखद ना म्हणटात न्ही?... पूण तितले पुरतोच गो... मुखार मुखार करपाक... पूण... कळ्ळें तुका?''

''रंजूताई, तकली अकस्मात उसळूंक लागली म्हजी... हांव घरा वचूं?''

''वच... ॲनासिन बी कितेंय घे आनी एक न्हीद काड... आनी एक खबर... सपनाच्या स्कुलांत एक जागो रिकामो जावंचो आसा खंय!.. त्या बीनाची सोयरीक जाल्या.... मे म्हयन्यांत लग्न जावन तें मुंबय वचपाचें... तूं स्वत: वचून मेळ हेडमास्टराक... सांग ताका... तुजीं सर्टिफिकेट्स बी दाखय... आनी... आनी बरेंऽ इंप्रेशन मार ताचेर...''

''...पूण आतां ट्रेनिंग केल्लींच घेतात... हांवें बी. एड्. खंय केलां?''

''आनी तुवें 'हिन्दी शिक्षक सतद' केल्या ती? बीना हिन्दीच शिकयतालें...''

रत्ना एकदम उठलें.. रंजू म्हऱ्यांत गेलें.. रंजून ताका वेंगेंत घेतलें. ताचे फाटीर थापटीलें...

भरून आयिल्ले दोळे पुशीत रत्ना हांसलें. ''बरें गो रंजूताई, येतां हांव... आनी तुजें सांगणें केन्नाच विसरचें ना हांव.''

''म्हजी धूव आशिल्ली जाल्यार सांगतलें आसलें तेंच तुका सांगलें हांवें...''

''जाणां हांव! आनी उपकार बी मानप ते परक्याचे.... तूं म्हजें रंजूताई... तुका आनी थँक्यू बी कितें म्हणप? येतां तर हांव!''

''बरेंऽ करून! यो केन्नाय अशेंच...''

''हय तर! येतलेंच!... जेवणा वेळार पावल्यार तुज्या हातचें जेवनच वतलें...'' रत्नान वतना म्हळें.

थोड्या वेळान भितरल्यान शिळोणी घालीत नरेन आयलो... फेर्राद पँट... लांब हातांचो शर्ट... सामको कडक फेर्र मारिल्लो... भांग काडून केंस सामके बरे करून वळयिल्ले... बुटांचें पॉलिश चकचकतालें...

''आवयस्! व्हंकलेक दाखोवंक भायर काडटात तसो सामको चकचकीत जाला तूं...!'' रंजून हांसत म्हळें.

''मागीर? मनशाचें इंप्रेशन पडूंक जाल्यार सामकें टॅक् वचूंक जाय!... समजलां? आनी रत्ना आयिल्लें न्ही? भितर गेलां?''

''रत्ना?... हय! रत्ना आयिल्लें... त सामकी फोडटा म्हणून सांगूंक आयिल्लें. येता म्हणिल्लें न्ही म्हणून आयिल्लें खंय हांवें ताका ॲनासिन घेवन न्हीद म्हुण सां आरोग्य पयलीं... न्ही? जीव प सांबाळपाचो...''

नरेन रंजूच्या तोंडाक पळयतच उरलो

OLD GOA

Encapsulating The Glorious World Heritage

The book depicts extensively the interior Old Goa once called the City of Goa.

The Indo-Portuguese art, architecture, culture, history and Christian religiosity from the 16th century up to our days have been brought together in an impressive and imaginative blend that evinces admiration for this work. Reading the book will prove to be profitable and stimulating even for those who have seen Old Goa umpteen times and read books on it. The book narrates vividly to readers innumerable pages of Goan history.

Magnificent Monuments of Old Goa - Patrick J Lobo

राजहंस

Publisher : RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji 403 001 Ph. : 2220320 / 2232177
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in | www.rajhauns.com

म्हज्या वाढदिसाच्या हिरक महोत्सवा निमतान...

- तुजी आवय सांगता तातूंत तथ्य आसा. पूण तुजो जल्म जाला तो कसल्या कसलींय कामां करपाक न्हय. तूं तुजी शकत आनी ईश्वरदत्त ताकत फुकट घालयता. तुका बुध्द आसा. तुजे बुध्दीचो उपेग तूं समाजा खातीर कर. समाजाक तुजी गरज आसा. हलकीं कामां करप वायट न्हय. पूण तूं तीं दुसऱ्यांचेर सोंपय.

सात ऑक्टोबर २०१३ ह्या दिसा, हांवें म्हज्या जिविताचीं ७५ वर्सां पुराय केलीं. म्हज्या सारक्या एका सर्वसामान्य मनशान आपल्या जिवीताचीं ७५ वर्सां पुराय केलीं कितें आनी बीस-तीस वर्सां उपरांत आपली जीवनयात्रा सोंपयली कितें, कोणाक फरक पडपाचो आसा? तांतल्या तातूंत हांव एक गरीब कुटुंबांत जल्मल्लों सर्वसादारण मनीस. तरी मंत्री-बिंत्री आशिल्लो जाल्यार वेगळी गजाल आशिल्ली. निदान लोकांच्या दोळ्यांनी भरता तसलें समाजकार्य तरी म्हज्या हातांनीं घडूंक जाय आशिल्लें.

ज्या अर्थान लोकांचे दिश्टीन म्हजेकडल्यान असलें कांयच घडलें ना, त्या अर्थान हांव म्हज्या हिरक महोत्सवी जल्मदीस सुवाळ्याची कल्पना लेगीत करूंक शकनासलों.

मात 'बावकें' हे म्हजे नवलिकेचें लोकार्पण ऑक्टोबर म्हयन्यांत केन्नाय तरी आसपाची शक्यताय आसा, अशें 'बिम्ब' प्रकाशनाच्या हालचालीवेल्यान दिसून येतालें. लोकार्पण सुवाळ्याक चार-पांच दीस आसात म्हणल्यार कादंबरीच्यो दोन प्रती दिलीप म्हाका दिवन गेल्लो. तरी वाडदिसा निमतान पुस्तकाचें लोकार्पण जातलें, हाचो पत्तो लेगीत लागूंक दिलोना ताणें म्हाका. हांवेंय ताका सुवाळो केन्ना दबरला हें विचारलें ना.

स तारकेक आयतार आशिल्लो. सकाळींफुडें 'नवप्रभे'त छापून आयिल्ली चौकटेंतली खबर वाचली. आयज सांजेच्या स वरांचेर, नं. ध. बोरकार हांगेल्या 'बावकें' कादंबरीचें लोकार्पण जावपाचें आसा. पुस्तकाचें प्रकाशन लेखकाच्या, म्हणल्यार श्री. नं. ध. बोरकार हांच्या हिरक महोत्सवी वर्सा निमतान जावपाचें आसा.

हांव समजूंक जाय तें समजलों. म्हाका अजापांत उडोवपाची - 'सरप्रायज' करपाची माण्णी दिलीपान, पुतांनी आनी सुनांनी गुपचूप चलयल्ली तर!

म्हजो जल्मदीस सात ऑक्टोबर. ते दिसा सोमार म्हुण सुवाळो स तारकेक दवरिल्लो. लोकांक अडचणेचें जावंचें न्हय म्हुण.

म्हाका दिशिल्लें, म्हजे 'बावकें' हे कादंबरीचें प्रकाशन आशिल्ल्यान, सदांभशेन साहित्यीक आनी वाचक जमतले. पळे जाल्यार ते लोक जमल्याच, ते भायर म्हजो संबंद आशिल्ल्या दोनूय गांवचे, म्हणल्यार आगशी आनी व्हडले गोंयची मित्रमंडळी आनी हेर प्रतिश्ठीत लोकूय सुवाळ्याक मुजरत हाजीर

नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्यस वाडो,
गोवा वेल्हा.
फोन : ०८३२-२२१८१४७

राविल्ले. ते भायर सोयरे धायऱ्यांचीय व्हड गर्दी जाल्ली. तरी सुवाळ्याक घरगुती स्वरूप न लाबतां, ताका रासवळ सुवाळ्याचो रंग चडिल्लो.

सुवाळो रातीच्या धा मेरेन चालू उरलो. लोक आस्थेन आयले आनी शुभेच्छा दिवन गेले. पूण हांव मात ते रातीकडे आनी दुसरे दिसाय विचारमग्न रावलों. कारण, हिरक महोत्सवी वर्सा निमतान घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यान म्हाका अकस्मात जागो केल्लो. पंच्यात्तरांतलीं पांचेक वर्सां कुशीक काडून दवरलीं जाल्यार, उरिल्ल्या वर्सांतल्या प्रसंगांचो चित्रपट म्हज्या दोळ्यां मुखार सरकूंक लागलो. हो चित्रपट म्हज्या वांगडा केन्ना ना जायत, हें म्हज्यान सांगूं नज! कारण आयज मेरेन हांव पंच्यात्तर वर्सां ह्या जगांत जगलों म्हणजे खूब जगलों, अशें म्हाका दिसता. म्हजे भोवतेक वांगडी म्हाका सोडून गेल्यात. जे कोण उरल्यात तांकां आपलें जिवीत असह्य जालां, अशें तांचे जाल्ले एकंदर अवतिकायेवेल्यान दिसून येता.

मनीस जगलोच म्हणल्यार जायना. ताका जगचेंशें दिसूंक जाय आनी फुडें जगचेंशें कोणाक दिसता? जाच्या मुखार आशेचीं किरणां दिसतात, ताकाच. आनी हीं आशेचीं किरणां ईश्वर खंयच्याय लेच्यापेच्याक दाखयना. जाचेकडे पूर्वपुण्यायेचो सांठो आसता, ताकाच ईश्वर जगपाचे आशेचीं किरणां दाखयता. हो पुर्वपुण्यायेचो सांठो, एक तर मनशाक ताच्या पुर्वजांकडल्यान मेळूंक जाय, ना तर ताणें तो स्वत: मेळोवंक जाय. म्हजेकडे तो आशिल्लो. पुर्वजांकडल्यान मेळिल्लोच आनी तातूंत म्हजेकडल्यान थोडी भर पडिल्ली अशें म्हाका दिसता.

खरें म्हणल्यार हांवें आनी म्हज्या पुर्वजांनीं नवें अशें कांयच करूं ना. जें कितें आमचे कडल्यान घडलां-नगण्य आसूं मागीर तें-तें ईश्वरान आमचे कडल्यान करून घेतलां.

कोणूय म्हणटलो, अशें कितें दिवे लायल्यात तुवें आनी तुज्या पुर्वजांनीं?

ताका प्रामाणीक जाप अशी, की म्हजे पुर्वज कश्टकरी आशिल्ले. कोणाक नागयनासतना, कोणाक फटयनासतना, कसलीच चोरी करिनासतना दीस-रात कश्ट करून जगले ते. चिखलांत-मातयेंत लोळून, शेतां-भाटां जगयलीं तांणीं.

म्हज्या पुर्वजांचे देखीन म्हज्या आवय बापायनूय तेंच केलें. म्हजेकडें शेतां-भाटां आशिल्लीं जाल्यार हांवूय तेंच करतलों आशिल्लों. भुरग्यांकूय तेंच करूंक लायतलों आशिल्लों.

म्हज्या आवय-बापायन फाटल्यान कसलीच गिरेस्तकाय दवरली ना. वाडवडलांनी वसयल्लें एक कुळागर आशिल्लें तेंय सोडून दिलें.

अशें जरी आसलें, तरी म्हज्या गरीब आनी अशिक्षीत आवय-बापायन आपल्या भुरग्यांचेर सुसंस्कार घडयले. ह्या कार्याक म्हज्या बापाय परस आवयचो मोटो वांटो आसा.

ते तेंपार, म्हणचे सत्तर वर्सां फाटीं, गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांक चड करून भोवजन समाजांतल्या लोकांक-शिक्षणाचें म्हत्व मातय कळनासलें. म्हज्या गांवांत तर शाळाच नाशिल्ली. असले परिस्थितींत म्हाका म्हजे आवयन, म्हज्या गांवांपसून सुमार स-सात की. मी. पयस आशिल्ले गांवांतले शाळेंत धाडलो. कुळागरांतल्यान, व्हाळांतल्यान आनी दोंगरावेल्यान पांयवाट माड्डयत आमी तीन-चार भुरगे, एका गांवांतल्यान दुसऱ्या गांवांत झिळमिळट्यार उठून वताले.

ते शाळेंत हांव बिगर आनी मराठी पयली शिकलों. दुसरेक शिकतासतना मदेंच शाळा सोडची पडली. ते उपरांत म्हाका केन्नाच शाळेचें तोंड पळोवपाचें भाग्य लाभलेंना.

आवयन आनी बापायन जर म्हाका ते वे
शाळेक घालूं नासलो, तर म्हजें जिवीत पु
वचपाचें.

हांव तेन्ना पयलीच शिकिल्लों खरो,
ती आतांची पयली नाशिल्ली. वाचप,
आनी पाठांतर खूब जाल्लें पयलेंत. ताका ल
शिक्षणाची बुन्याद घट्ट जाल्ली. पूण उजव
करपाचीं कसलींच साधनां नाशिल्लीं. वर्तमा
नाशिल्लें, वाचनालय नाशिल्लें. एकाद्रें पुस
हाताक लागप खूब कठीण आसतालें. वाचन
गोडी आसुनूय वाचूंक कांयच मेळनाशिल्ले

पूण हो उणाव गांवांत जाल्ल्या मर
नाटकांनीं, काल्यांनी, गौळणकाल्यांनी, भजन
आनी किर्तनांनी भरून काडलो.

बिगर आनी पयली, ह्या दोन यत्तांनी घेति
शिक्षण आनी गांवांतल्या जात्रा-काल्यां
भजन-किर्तनां आनी नाटकांनी म्हजें जिव
सतत समृध्द जायत गेलें. भारतीय संस्कृतये
खूबशें गिन्यान म्हाका १९४८ ते गोंय स्व
जाय मेरेन मेळ्ळें.

म्हजो जल्मच गांवगिऱ्या वाठारांत जाल्
कारणान, म्हाका थंयच्या सैमाचो भरपूर सांग
मेळ्ळो. ह्या सांगाताचें संचीत म्हाका पु
लेखनाच्या वेळार फायद्याक पडलें.

अवेळार शाळा सोडून घरा बस
पडिल्ल्यान, 'पापी पेटका सवाल था'. आवय
बापूय गरीब आशिल्ल्यान आनी फाटीक भावं
आशिल्ल्यान, पोटा-पाणयाचो प्रस्न सतायताल

नं. ध. बोरकार हांच्या वांगडा लेखक कृ. म. सुखठणकार, मंजुषा सुखठणकार आनी कामिनी किणी.

'बावकें' कादंबरीचें विमोचन करतना पर्यावरणतज्ञ माधवराव गाडगीळ, कवी रमेश वेळुस्कार, साहित्यिक आनी संपादक दिलीप बोरकार, लेखक नं. ध. बोरकार आनी प्रकाशक कामिनी किणी.

ताका लागून इत्से आड कुळागरांत काम करचें पडटालें.

म्हजें वांगडी खेळामळार खेळटाले आनी हांव दीसभर कुळागरांत काम करतालों.

हांव वाडत गेलों आनी म्हजीं कामां बदलत गेलीं. गोंय स्वतंत्र जाय मेरेन पोटाखळगी भरपा खातीर म्हाका हांगा-थंय हलकीं-फुलकीं कामां करचीं पडलीं. शेतां-भाटांनी खोरें घेवन काम करचें पडलें. जोत घालचें पडलें, गोरवां राखचीं पडलीं, हॉटेलार काम करचें पडलें, पसऱ्यार कामां करचीं पडलीं. आवय-बापायन म्हाका जंय-जंय धाडलो, थंय-थंय हांव गेलों. कारण आवय-बापायची आज्ञा पाळप, तांकां संवसार चलोवंक मजत करप, हें म्हजें कर्तव्य अशें हांव मानतालों.

हांवें मेळत तीं कामां केलीं, पूण तीं करपाक लज मात म्हाका केन्नाच दिसली ना. कारण म्हजी आवय अशिक्षीत आशिल्ली, पूण ती फिलॉसॉफरय आशिल्ली. तिचें म्हणणें आशिल्लें, मनशान कसलेंय काम करचें. पूण कोणाचें कितेंच चोरचें न्हय, कोणाक फटोवंचो न्हय, कोणाक दुखोबचें न्हय आनी कोणाक नाडचोय न्हय.

म्हजें आवयचो उपदेश म्हाका मानवतालो. आवज मेरेन तिचो उपदेश लक्षांत घेवन जियेलों. म्हज्या फाटलीं दोगां-तिगां भावंडांय आवयच्या उपदेशान प्रभावीत जालीं. पूण म्हाका मात तिचो उपदेश खटकतालो. तो आयकून मन गोंदळटालें. म्हज्या काळजाच्या कोनशाक बसून आशिल्लो नायक - कमांडर म्हजे आवयचो उपदेश म्हाका न्हयकारूंक सांगतालो. तो म्हणटालो - तुजी आवय सांगता तातूंत तथ्य आसा. पूण तुजो जल्म जाला तो कसल्या कसलींय कामां करपाक न्हय. तूं तुजी शकत आनी ईश्वरदत्त ताकत फुकट घालयता. तुका बुध्द आसा. तुजे बुध्दीचो उपेग तूं समाजा खातीर कर. समाजाक तुजी गरज आसा. हलकीं कामां करप वायट न्हय. पूण तूं तीं दुसऱ्यांचेर सोंपय.

काळजांतलो नायक लटकें कांयच उलयनाशिल्लो. म्हाकाय विशेश अशें कितेंय करून दाखोवचें-शें दिसतालें. पूण ताका इलाज नाशिल्लो.

आनी एक गजाल म्हाका हांगा सांगनशी दिसता. पुर्तुगेज तेंपार हांवें पुर्तुगेज शिकपाचो प्रयत्न केल्लो. पूण ही परकी भास म्हज्या काळजा मेरेन पावंक कठीण जावंक लागली. तरी प्रिमेयरग्राव तरी शिकतलों म्हुण हांवें नेट धरलो. पूण शिकतां शिकतांच गोंय स्वतंत्र जालें आनी म्हाका रान मेकळें जालें. हांवें पुर्तुगेज सोडून दिली, आनी हिन्दी शिकपाक सुरवात केली.

दीसभर कसलें ना कसलें काम करप आनी रातीचें बारा-एक मेरेन पेत्रोलाच्या दिव्या उजवाडान शिकप.

अशे तरेन, गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत, चार-पांच वर्सां भितर हांवें हिन्दी प्रबोध, प्रवीण, पंडीत, सिनियर हिन्दी शिक्षक सनद घेवन हांव शिक्षक जालों.

हें सगळें करतां करतांच हांवें समाजकार्यय हातांत घेतलें. राष्ट्रभाषा सभा पुणे, हे संस्थेचें हिन्दी परिक्षा केंद्र आगशी गांवांत सुरू केलें.

नं. ध. बोरकार आनी तांची घरकान्न सुमती हांचें अभिनंदन करतना कवी रमेश वेळुस्कार.

हेत हो की गोंयांत राष्ट्रभाशेचो प्रसार जावंचो आनी ह्या निमतान लोकांच्या पदरांत चार अक्षरां पडचीं. किरिस्तांवांक हिन्दी कठीण लागता, असो तांणी गैरसमज करून घेतिल्लो, तो हांवें पयस केलो. हिन्दी भास कोंकणीक लागीं, हे गजालीचो लाव घेवन, हिन्दींत गोडी निर्माण करपाचें, ल्हान-व्हडांचें तिचेकडें लक्ष ओडून घेवपाचें काम हांवें केलें.

हांवें हिन्दी परिक्षा केंद्र सुरू केल्ल्यान, आगशी, व्हडलें गोंय, नेवरा, डोंगरी-मंडूर ह्या वाठारांतल्या, चड करून शिक्षकांनी ताचो लाव घेतलो.

तेन्ना हांवें सुरू केल्ल्या परिक्षा केंद्रांतल्यान प्रवीण पास जाल्ले कितलेशेच शिक्षक आयज निवृत्त जावन सुखान जगतात. ह्या शिक्षकांक प्रबोध-प्रवीण शिकोवपाचीय वेवस्था हांवेंच केल्ली.

१९६६ वर्सा हांव मॅट्रीक पास जालों. ते वेळार म्हजें वय २८ वर्सांचें आशिल्लें. २४ वर्सांचो आसतना आवय-बापायन म्हाका लग्न केलो. दोगां भुरगींय जाल्लीं आनी अशा योग्य वेळार हांवें सोंपेपणान हिन्दी शिक्षकाची नोकरी हायस्कुलांत मेळयली, तीय कॉन्वेंट हायस्कुलांत.

हांव जेन्ना मॅट्रीक पास जालों, तेन्ना इतल्या वर्सांची तपश्चर्या फळाक आयली, अशें म्हाका दिसलें. असल्या वेळार म्हाका संत रामदास स्वामीची याद जाली. ताणें म्हणून दवरलां, 'केल्याने होत आहे रे, आधी केलेची पाहिजे'

आनी कोणूय जाल्यार, नोकरेची शास्वती मेळिल्ल्यान म्हणटलो आशिल्लो, आतां पुरो. कश्टांचे दीस फाटीं पडले. आतां फुडलें जीवन सुखान जगू या.

पूण काळजांतल्या नायकान, म्हणल्यार देवान म्हाका सुसेग घेवंक दिलोना. ताणें म्हाका फुडलें शिक्षण घेवपाक प्रवृत्त केलो.

फुडें हांवें कॉलेजाक वचनासतना, कोणाचोच आधार घेनासतना खासगीपणान एम. ए. मेरेन शिक्षण घेतलें. फुडें म्हाका बडटे खातीर बी कसलोच उपेग ह्या शिक्षणाचो जावंचो ना, हाची म्हाका पुराय खात्री आशिल्ली. तरी जाण्टेपणांत लेगीत शिक्षण घेवंक येता आनी शिक्षण हें फकत जोडी खातीर, आर्थीक फायद्या खातीर घेवपाचें नासता, तर तें गिन्याना खातीर घेवपाचें आसता, हाची देख लोकांनी घेवची, होय एक उद्देश आशिल्लो, उच्च शिक्षण घेवपाचो.

म्हाका उक्तेपणान आनी अभिमानान सांगचेंशें दिसता की हांवें मुळावें शिक्षण स्वभाशेंतल्यान आनी तांतल्या तातूंत मराठींतल्यान घेतलें म्हुण हांव हें सगळें करूंक पावलों. आयज मेरेन हांव मराठी भाशेचे गोडवे गायतां, ते ह्याच कारणाक लागून!

स्वभाशेंतल्यान - चड करून मुळावें शिक्षण ह्या राज्यांतल्या पालकांनी आपल्या भुरग्यांक दिवचें, अशें म्हजें ठाम मत आसा. ह्याच कारणाक लागून हांवें १९६९ वर्सा नेवरा गांवांत मराठी हायस्कूल काडलें. चोवीस वर्सां हांवें ह्या हायस्कु व्यवस्थापन सांबाळ्लें. तें सांबाळटना म्ह खूब खस्तो काडच्यो पडल्यो. भुरगेबाळ आडनदर करचें पडलें. अर्थीक लुकसाण सो पडलें. समाजकंटकांक तोंड दिवचें पडलें. दी रात फकत शाळेचोच विचार करीत अ चिंतीत, जिवीतांतलीं म्हत्वाचीं वर्सां कशीं प जालीं, हेंच कळनाशें जालें म्हाका.

म्हाका दिसतालें, म्हज्या फाटल्या भावंडां कश्ट काडून शिक्षण घेवचें. पूण शिक्षणा खा कश्ट घेवप हें सगळ्यांकूच जमना. ज ईश्वराची कृपा आसता ताकाच तें जमता..

म्हजी ही इत्सा म्हज्या सगळ्यांत धाक भावान दिलीपान पुराय केली. हांव ताचे बाब खूब समाधानी आसां.

दिलीप मॅट्रीक जायत मेरेन म्हजें ताचेर ल आशिल्लें. ताणें मॅट्रीक पास जावचो आनी नो करून ताणें संवसार थाटचो, अशें म्हा दिसतालें. कारण ताका फुडलें उच्च शिक्ष दिवपाची तांक आमच्या आवय-बापायंत अ म्हज्यांतूय नाशिल्ली. ताका लागून हांवें ता ताच्या नशीबार सोडून दिलो. नशीबार सो दिलो अशें म्हणचे परस तो उसळत्या ल्हार एके दर्यादेगेर चिंतीत बशिल्लो आनी हांवें ता फाटल्यान येवन अशे तरेन विशाळ समुद्र धुकलून दिलो आनी आदेश दिलो की तूं आ हातपांय मार आनी तडीक यो.

उपरांत हांवें ताची वास्तपूस सोडली. खंय वता, केन्ना येता, कितें करता, कि खाता, कितें जेवता हाचो बी पत्तो लागनासल आई उसरां मेरेन जागी रावन ताची वाट पळेताल

उपरांत म्हाका कळून आयलें की दिली नोकरी करून कॉलेजींत शिकता. म्हाका ख बरें दिसलें. ताचे कडल्यान म्हाका हीच अपे आशिल्ली. हांगा-थंय शिकोवन, चाकरी कर ताणें डब्बल एम. ए. केली हाची म्हाका च खोस भोगता.

खरें म्हणल्यार, हांव हांगा दिलीपाची तुस्त तोखणाय करूंक बसूं ना. भविश्यांत ता तोखणाय समाजाकडल्यान भरपूर जावपा आसा. साहित्य मळार ताचे कडल्यान तशें कार्य घडलेलें आसा. फुडेंय घडपाचें आ अशीं चिन्ना दिसतात.

नं. ध. बोरकार हांकां शुभेच्छा भेटयतना तांची भयण वर्षा नायक.

नं. ध. बोरकार हांचो चलो चित्रकार गिरीश बोरकार पुस्तकाची प्रत स्वीकारतना.

विद्यार्थी दशेंत, विद्यार्थी चळवळ, रक्तदान, संप आनी हेर सामाजीक कार्यूय ताचे कडल्यान घडलां. ताच्या कार्याची म्हायती जाग ह्या म्हयन्याळ्यांतल्या उजवाडाक येता.

दिलीपाकडल्यान जें कार्य घडलां आनी आतां घडटा, तें म्हज्या आवय बापायचे पुण्यायेन आनी ईश्वराचे कृपेन हें घडलां अशें म्हाका दिसता.

कुटुंबांतल्या खंयच्याय एका वांगड्यान स्वताची उदरगत करून घेतली, वेगळो संवसार थाटून आपल्या बायले-भुरग्यांक घेवन आनंदान जगपाचो प्रयत्न करूंक लागलो आनी तो आवय-बापायचे बरे देखीन, बऱ्या संस्कारांनीं वाडिल्लो आसलो, तरी तो सुखान जगूंक शकना. तो सुखान जगतलो जाल्यार ताच्या कुटुंबांतले हेर वांगडीय सुखान जगतात हाचें समाधान ताका मेळूंक जाय.

आयज म्हजे हेर भाव आनी भयणां चड शिकलेलीं सवरलेलीं नासलीं, तरी सुखासमाधानान जगतात. भावांक बायलोय बऱ्यो मेळ्ळयात. भयणांक घोवूय बरे मेळ्ळे. सगळ्यांचीं भुरगींय बऱ्याक पावल्यांत. शिकून सवरून बऱ्याच जाणांनी आपल्या आवय-बापायचें नांव वयर काडलां.

व्हडल्या कुटुंबाचो जेन्ना आमी विचार करतात, तेन्ना कुटुंबांतलीं सगळींच मनशां एका सारकीं मेळनात. आडवाद हो कांय जाणांचो आसताच. आतां म्हज्या वेगळ्या कुटुंबाचो विचार केलो जाल्यार हांव सांगीन की ह्या वेळार हांव खूब समाधानी आसां. म्हाका दोन पूत आनी एक धूव. तिगांय आज्ञाधारक आनी पदवीधारक. शिक्षकी पेशांत गुंतिल्लीं.

आनी म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार म्हाका दोगीय सुनो मेळ्ळयात त्यो उच्च शिक्षीत, समजदार, नोकरी करून कमायता तसल्यो आनी मांय-मांवाची काळजी घेता तसल्यो.

म्हजो हिरक महोत्सवी वाढदीस मनोवपाची येवजणूय तांचीच. आयज-काल मांय-मांवाच्या हिरक महोत्सवाची येवजण सुनो करतात, हें पळोवन कोणाकूय अजाप दिसपाचें.

म्हजी पंचात्तरी मनोवपाचे विचार, म्हज्या सुनांच्या मनांत आयले हाचे जाणविकायेनूच हांव धन्य जालों.

म्हज्या नशीबान म्हाका जावंयूय बरो मेळ्ळो. थंड सभावाचो. निर्व्यसनी, आपल्या बायल-भुरग्यांचेर निस्सीम प्रेम करपी, कोणाच्याच अध्यांत ना मध्यांत पडपी.

भांगरा सारकीं गुणी नातरांय देवान म्हाका दिलीं. तांची प्रत्येक कृती सुखदिणी लागता म्हाका.

आतां म्हजे घरकान्नीविशीं म्हाका कितें दिसता तें बरयलें ना जाल्यार तिचेर अन्याय जातलो, अशें म्हाका दिसता. १९६३ पसून तिणें म्हाका फावो तसो वांगड दिलो. आपल्याक हेंच जाय तेंच जाय अशें केन्नाच तिणें म्हाका उलोवन दाखयलें ना. तिका दिसतालें, हेर बायलां भशेन आपणेंय बऱ्यो-बऱ्यो साडयो न्हेसच्यो, भांगरां शिंगरां घालून मिरोवचें, पूण तिणें ते खातीर म्हजेकडेन केन्नाच हट्ट धरलो ना. तिचें मन वळखून, लोकांचेर घालून हांव तिका केन्ना केन्नाय म्हणटालों, उंची उंची साडयो न्हेसल्यो, उंची सॅण्डलां, भांगरां शिंगरां घालून मिरयतल्या बायलांक समाज उच्च कुळांतल्यो आनी श्रीमंताल्यो बायलो म्हुण वळखनात. मनशांचें कूळ आनी शील तांचे वागणुकेवेल्यान आनी कर्तुबांवेल्यान कळटा.

म्हाका एकटीच धूव. एम्.ए. बी. एड. जावन रोजरी हायस्कुल, दोनापावल हांगा शिकयता. नांव नीशा. ताणेंय आपले आवयचेच देखीन म्हाका व्हड आधार दिल्लो. म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार पदव्युत्तर शिक्षण घेवन लेगीत ताका पाश्चात्य संस्कृतायेन स्पर्श केलो ना.

पाश्चात्य संस्कृताय हांव वायट म्हणना, पूण भारतीय संस्कृताय हेर खंयचेय संस्कृताये परस बरी, अशें हांव मानतां. कारण भारतीय संस्कृतायेंत वाडिल्लीं भुरगीं आपल्या आवय-बापायक, कुटुंबांतल्या वडीलधाऱ्यांक आनी गुरुजनांक मान दिवंक शिकयता.

हाचे उरफाटें पाश्चात्य संस्कृतायेच्या प्रभावांत आयिल्लीं भुरगीं, आपल्या आवय-बापायक सरळ विचारतात, आमकां जाय तें दिवंक जायना, सारकें पोसूंक जायना जाल्यार आमकां जल्म कित्याक दिलो काय म्हुण!

हाकाच लागून हांव म्हणटां, की म्हजी एकुलती एक धूव आसुनूय, तिचे सरभोंवतणचें पुराय वातावरण, पाश्चात्य संस्कृतायेचें आसुनूय ताच्या पसून तें पयस रावलें. लग्न जाय मेरेन ताणें आवय-बापायच्या सुखा-दुखांत वांटो घेतलो.

कोणाकूय दिसतलें हो लेखक आपल्या घराब्याचें चडूच व्हडपण गायता, आपल्या भुरग्यांची गरजे भायर तोखणाय करता आनी आपतुस्त करून आपलीच फाट थापटून घेता.

असलो गैरसमज मात कोणें करून घेवंचो न्हय. हांव जें कितें बरयत आयलां तें समाजहीत

आनी राष्ट्रहीत लक्षांत घेवनूच, व्हडा तळमळीन बरयत आयलां.

खंयचेंय कुटूंब, तें मागीर ल्हान आसूं ना जाल्यार व्हड, तें समाजाचो एक घटक जावन आसता. ताचे बरे-वायट परिणाम समाजाचेर जातात. पर्यायान तो राष्ट्राचेरूय जाता. ताका लागून समाजांतले लोक एकामेकांचे देखीन सुधारूंक जाय अशें म्हाका दिसता. एकट्याचें बरें कर्तुब दुसऱ्याक दिसूंक जाय आनी ताका दिसूंक जाय, की असलीं बरीं कर्तुबां आपल्या कडल्यानूय घडूंक जाय आनी आपूण तीं करतलों. पूण एका कुटुंबांत घडिल्ल्यो बऱ्यो-वायट गजाली सांगल्या बगर, बरयले बगर हेरांक कश्यो कळटल्यो? ताकाच लागून, शक्य जाल्यार त्यो बरोवन दवरच्यो पडटात. व्हडपण मिरोवपाक न्हय, तर तें वाचून समाजाक थोडे प्रमाणांत तरी फायदो जालो जाल्यार जालो म्हुण!

हांवें म्हज्या जिवितांतलीं पंचात्तर वर्सां, धडपडत, तळमळत, खस्तो खायत आनी दुख्खांतल्यान सुखाची आस बाळगीत पुराय केलीं. ह्या फुडें कितें मेळटा तो काळ सुखाचो वतलो, अशी आस्त बाळगून, सद्या तरी हांव सुखान जियेतां.

म्हजो पुनर्जल्माचेर विश्वास ना. आनी तो आसलोच जाल्यार, फुडल्या जल्मांतूय म्हाका ह्या जल्मांतलोच आवय-बापूय, भाव-भयणां, भावजो, म्हजे पूत, म्हज्यो सुनो, धूव-जावंय, नातरां बी फुडल्या जल्मांतूय मेळचीं. म्हजो फुडलो जल्मूय ह्याच गांवांत जावचो अशें हांव ईश्वराकडे मागतां. कारण होच म्हजो खरेलो सर्ग!

आतां म्हजे घरकान्नीविशीं आनी थोडें सांगीनशें दिसता. ती लग्न जावन म्हज्या सांगाताक आयली आनी आयज मेरेन तिणें म्हाका संवसार चलोवपाक आधार दिलो. फुडल्या जल्मांतूय म्हाका तीच जोडीदारीण मेळची अशी म्हजी इत्सा आसा. तरी सक्ती ना. इतल्या वर्सांच्या अणभवान तिका जर दिसलें, की ह्या फुडें हो पिसो घोव नाका, तर तिणें तिच्या देवाकडे अवश्य मागचें. 'जन्मोजन्मी हीच अर्धांगिणी मिळावी' अशें देवाकडें मागून हांव तिचेर अन्याय करूंक सोदिना. तिका जाय जाल्यार तिणें तशें कितेंय मागचें!

हांवें आयज मेरेन, म्हणल्यार २०१३मेरेन, आगशी आनी व्हडल्या गोंयच्या गांवांत वट्ट बासश्ठ वर्सां काडलीं, पूण कोणेंच हिरक महोत्सवाच्या निमतान इतलो शानदार सुवाळो मनयल्लो म्हजे यादींत ना. ह्या सुवाळ्याक म्हज्या कुटुंबीयां वांगडा गोंयचे साहित्यीकय हाजीर आशिल्ले, हें सांगूंक म्हाका अभिमान दिसता. प्रसिध्द साहित्यीक आनी पर्यावरणतज्ज्ञ प्रा. माधव गाडगीळ हांच्या हस्तुकीं म्हजे 'बावकें' हे कादंबरीचें लोकार्पण जालें हीय गजाल खोशेची आशिल्ली म्हजे खातीर!

म्हाका दिशिल्लें ऑक्टोबराचो सातवो दीस उजवाडटलो आनी वर्सपध्दती प्रमाण कांय इश्टांचे फोन खणखणटले. म्हजी धूव आनी जांवय, आपल्या भुरग्यांच्या हातांत सोबीत फुलांचो सोबीत तुरो दिवन, कसलीय तरी भेटवस्त घेवन येतलीं. दर वर्सा हेच खोशेची आस धरून बसतालों हांव!

पूण आयज स तारखेच्या सांजवेळार 'धर्म-लक्ष्मी' नटलेली, प्रकाशमय जाल्ली पळोवन हांव अजापीत जालों. 'धर्म-लक्ष्मी'चो सगळ्यांत व्हडलो पूत, सात तारखेक पंचात्तर वर्सां पुराय करतालो ताका लागून हातांत तुरे घेवन आमंत्रीत म्हजी वाट पळेताले.

म्हजो हो लोकांनी सत्कार केलो, तो खऱ्यानीच म्हाका फ जाल्यार गजाल वेगळी आशिल्ली. म्हज्या ह्या सत्काराक लोक स जाल्ले. बऱ्याच साहित्यीकांचीय उपस्थिती आशिल्ली. ताका त सुवाळ्याक रासवळ स्वरूप फाव जालें.

गोंय स्वतंत्र जालें आनी १९६३ पसून हांवें राष्ट्रीय भावनेंत हिन्दीचो प्रसार आनी प्रचार करपाक सुरवात केली. कांय गरजवंत ख्रि शिक्षिकांक, तांच्या घरा वचून, तांचे कडल्यान कसलोच मोबदलो घेनास तांकां हिन्दी शिकयली.

हें काम हांवें सतत १९७० मेरेन केलें.

ते उपरांत १९९३ मेरेन, भुरग्यांक देशी भाशेंतल्यान शिक्षण मे म्हुण सतत झटत रावलों.

आगशी गांवांत सहकारी सोसायटी व्यवस्थिशीर चलची आनि तिगून उरची म्हुण धा वर्सां सोसायटीचें अध्यक्षपद सांबाळ्लें.

सरकारी येवजणे प्रमाण प्रौढसाक्षरता वर्गूय हांवें चलयले.

शिक्षकी पेशांतल्यान निवृत्त जाल्या उपरांत साहित्यीक मळार प दवरून, म्हजे तांकी प्रमाण साहित्य निर्मितीय केली. चार कादंब सयत, सात पुस्तकां उजवाडा हाडलीं.

अशे तरेन हांवें जें-जें कितें केलें, तें पदरमोड करून, देखा विरयत, फळाची आस धरिनासतना केलें.

हांवें जेन्ना म्हजे कडल्यान घडिल्ल्या कार्याचें चित्र म्हज्या दो मुखार हाडलें, तेन्ना म्हजें समाधान जालें आनी म्हाका दिसलें की सत्कारक पात्र थारतां. म्हाका जर तशें दिसूंक नाशिल्लें, समाजान म्ह ह्या ना त्या कारणाक लागून केदोय व्हडलो सत्कार केल्लो, तरी समाधानी आसचों नाशिल्लों. खंयच्याय सत्कारमूर्तीक, आपूण खऱ्यान सत्काराक पात्र आसां अशें दिसूंक जाय, ना तर त्या सत्काराक काड मोल नासता.

आयज हांव पंचात्तर वर्सांचो जालां. एका तेंपार म्हजें भरपूर कव करपी जाण्टेले एक एक करून मरून गेले. जे कोण उरल्यात अ म्हाका वळखतात, तांणीं म्हज्या पुतांचें, आनी चड करून सुनांचें भरभ कवतूक केलें आनी उलोवन दाखयलें, की धन्य तो भाग्यवंत जाका काळांतय असल्यो सुनो फाव जाल्यो.

म्हज्या धाकट्या भावान, म्हळ्यार दिलीपान तर कमालच केल म्हज्या हिरक महोत्सवी वाढदिसा निमतान ताणें 'बावकें' ही चारशेंव पानांची कादंबरी उजवाडा हाडून दाखोवन दिलें की आपुणूय तुजे खोश पुरायेन आसपावल्लों आसां.

हें सगळें अणभवल्या उपरांत, म्हजेंच मन म्हाका विचारूंक लाग की हीं सगळीं सुखां तुज्याच वांट्याक कशीं आयलीं?

ताका जाप एकूच, म्हजे कश्ट, आवय-बापायची पुण्याय आ ईश्वराची कृपा!

क्वालिटी टायम

(गुणात्मक वेळ)

पूण म्हाका दिसता तुजो क्वालिटी टायम तूं वेस्ट करता अशे तरेन. एकतर तूं वावराडी दवरप ॲफोर्ड करंक शकता आनी दवरिना. म्हणजे तूं कोणाच्या तरी पोटार आड येता आनी दुसरी गजाल म्हळयार तुज्या दोन वरांचें आनी वावराडेच्या दोन वरांचें मोल सारकें जायना. ह्या दोन वरांनीं तूं दुसरें कितेंय बरें काम करंक शकतलें. तुज्या वेळेचो बरो उपेग जावंक शकता. बुध्दीजीवी मनशांचो वेळ फुकट वचचो न्ही म्हणून असो कश्टजिवी लोकांचो वर्ग तयार जाल्लो आसता. दोनूय वर्ग अशेतरेन एकामेकांक पुरक आसतात.



हांव बँकेंत नोकरी करतालें. नोकरेची आनीक पांच वर्सां बाकी आसतनाच हांवें खोशयेन रिटायरमेंट घेतली. सगळ्यांनीं म्हाका मुर्खांत काडलें. चलयेचें लग्न जालें, चलो नोकरी करता, घोवूय कामाक वता, घरांत व्हडलीशी जबाबदारी ना. घरांत एकटें बसून कितें करतलें? जण एकलो होच प्रस्न विचारतालो. बत्तीस वर्सां नोकरी केली. सगळें रूटीन जुस्त बशिल्लें. आतां एकदम अशें कितें जावन कितें करतलें हें हांवें अजीबात चिंतूंक नाशिल्लें. म्हजी विचार करपाची दिशा अशी आशिल्ली – केन्ना तरी रिटायर जातलेंच आनी पांच वर्सांनीं जातलें तें आतां जालें. त्या वेळार कम्पलसरी म्हुण जातलें तें आतां म्हजो चॉयस म्हुण घेतां. घरा बसून कितें करतलें? – हो प्रस्न तेन्ना जावं आतां आसाच.

आतां जेन्ना हांव म्हज्या इतर सहवांगड्यांक मेळटां तेन्ना तांचो प्रस्न आसता – 'तुजो वेळ कसो वता?' म्हाका आजून तरी हो प्रस्न पडूंक ना. कित्याक तर म्हजो वेळ कसो वता हें म्हाकाच खबर ना. फक्त इतकेंच की आजून तरी हांव बेजार जावंक ना. वोगीच नोकरी सोडून घरा बसलें अशें आजून तरी म्हाका दिसूंक ना. खबरा खबरांनी उलयताना हांवें म्हज्या वांगड्यांक म्हळें! इतलो तेप वावराडेकडेन सांबाळून घेतना बेजार आयिल्लो. आतां आनी तिच्या तालार नाचपाक नाका म्हणून हांवें तिका काडून उडयली. सगळ्यांनी एकदम 'आवयस' केलें.

''म्हणजे तूं आतां हें काम सोडून वावराडेचें काम करता तर?''

''आगो, तशें न्हय. पयलीं हांव बँकेंत कामाक वतां म्हणून ती सकाळींफुडें येवन णवा पयलीं काम करून वताली. आतां हांव घरा आसां म्हुण आपणाक जाय त्या वेळार येवपाक लागली. केन्ना धा वरांचेर, केन्ना बारांक! वाट पळोवन आयलो बेजार. वेळार खंय भायर सरपाक लेगीत मेळना. ही येवना आनी चुकत म्हुण हुस्को. घरांत कोयर-वारो तसोच उरता. तुंबान आयदनां तुंबून उरतात. तिका जायते फावटीं सांगून पळयलें. वयल्यान हिगेली परती जाप – 'हॅऽ, आतां तूं घरांतूच आसता न्ही भाभी!' आमका तिची गरज आसा म्हुण ती हे गरजेचो गैरफायदो घेता. काडून उडयता म्हुण जायते पावटी तंबी दिवन पळयली. वेचणूक आशिल्ली तेन्ना तर पंदरा दीस दांडी मारून प्रचाराक भोंवताली. दिसाक दोनशें रुपया मेळटा आनी शिवाय खावपा-पिवपाक लेगीत मेळटा. तुगेलो म्हयन्याचो हजार झक मारता. अशें तिणें नेटान उलोवन लेगीत दाखयलें. म्हगेलें भिरकें चाळवलें आनी हांवेंय तिडकीन फाल्यांच्यान येवं नाका म्हुण सांगलें.

सुषमा तिळवे
जेसी नगर,
फोंडे – गोंय.
मो. : ९८२३०५५७५१

''हय गो, पूण फाल्यां तूं, बरें ना जाल्यार मागीर सामकी धांदल जातली मगो तुजी.''

''मागीरचें मागीर पळोवया. सद्यातरी हांव सोपेपणान मॅनेज करतां. तिगेले नखरे काडपा परस हें जायतें बरें. हांवूय पळय कशें सुटसुटीत जालां हांगा येवन. हांगा येवन आमचें बसून काम जातालें. आतां घरांत खूब येरादाऱ्यो जातात आनीक जिवूय मात्सो ल्हव जाला. तिगेलें सगळें काम दाखय-लिपय आसतालें. आनी हांवूय सारकें लक्ष दिवपाक पावनाशिल्लें. आतां सगळ्या घरांत बरें लक्ष दितां. आता खऱ्यानी हांव घर ताकतां-भोगतां अशें म्हाका दिसता. सकाळीं णव वरांचेर घराचें दार बंद जातालें तें सांजे स वरांचेर उगडटालें. आडे कुशीक खंयच नदर मारूंक मेळनाशिल्ली. आतां हांव चड काम करतां तरी लेगीत सुशेगाद आसां.

'हें तुजें बरोबर आसा. पूण म्हाका दिसता तुजो क्वालिटी टायम तूं वेस्ट करता अशे तरेन. एकतर तूं वावराडी दवरप ॲफोर्ड करूंक शकता आनी दवरिना. म्हणजे तूं कोणाच्या तरी पोटार आड येता आनी दुसरी गजाल म्हळ्यार तुज्या दोन वरांचें आनी वावराडेच्या दोन वरांचें मोल सारकें जायना. ह्या दोन वरांनीं तूं दुसरें कितेंय बरें काम करूंक शकतलें. तुज्या वेळेचो बरो उपेग जावंक शकता. बुध्दीजीवी मनशांचो वेळ फुकट वचचो न्ही म्हणून असो कश्टजिवी लोकांचो वर्ग तयार जाल्लो आसता. दोनूय वर्ग अशेतरेन एकामेकांक पुरक आसतात.

म्हाका ताचें हें म्हणणें एकदम पटलें. हांगा वावराडेक पयशे दिवपाचो प्रस्न नाशिल्लो. पयशे दिवन तिच्या तालार नाचप हें म्हाका मान्य नाशिल्लें. पूण हांवें ह्या मुद्याचेर अशे तरेन चिंतूंक नाशिल्लें. बारीकसाणीन विचार करतकच तें म्हणटा तें एकदम बरोबर आसा अशें म्हाका दिसलें.

कुशळ कामगार आनी अकुशळ कामगार हातूंत फरक आसताच. जाचें काम ताणें करचें अशें म्हणलां तें फट न्हय. आतां हांवें दुसरी वावराडी सोदपाचें थारायलां. खरें म्हळ्यार घरांतलें काम करपी बायलांकडेन आमचो चड वैयक्तिक पातळेचेर संबंद येता. ताका लागून हांगाच्यो मेनेजमेंट टेक्टीक्स सामक्यो वेगळ्योच आसतात. वावराडेक हाताळपाक वेगवेगळे डावपेच वापरचे पडटात. हांगा कामाचे नियम न्ही तर मनाचे नियम पाळचे पडटात. तिगेल्या वेगवेगळ्या अस्त्रांचो सामनो करपाक. खरेंच पेशन्स लागता. अडला हरि... म्हणत आयदनां आपटिल्लो आवाज काना आड करचो पडटा. तिणें दरवेळा मारिल्ल्यो फटी तोंडार हांशें हाडून हय हय म्हणून मान हालोवन आयकुच्यो पडटात. एकवेळ घरांतल्या मनशांचेर आ चडयल्यार जाता. पूण तिचेकडेन मात बाब करूनच उलोवचें पडटा. पयशे दिवन वि पिडा म्हळ्यार जाता, तरी पूण आमकां पिडा जावची न्ही म्हुण हे पिडेक घरांत घे पडटा.

तर आतां हांव पर्थून वावराडी सोद लागलां. तीं दोन वरां हांव वाचपाक बरोवपाक दिवंक शकतलें म्हुण हांवें हो नि घेतला.

A great and unique creation in the world of Indian languages



Colossal DICTIONARY

Publication No. : 937
ISBN : 978-81-7810-534-5
Price : ₹ 3700/-
Pages : 2200 Size : A5
(Subsidised Rate for Individuals on request)

Editors
Damodar K. Ghanekar
Suresh J. Borkar

- *Oblique form of each and every noun.*
- *Plural forms with respective oblique forms.*
- *The root of each and every verb.*
- *Verbs provided with negative form.*
- *The antonym of almost every word.*
- *Over 50,000 basic words.*
- *Over 750 illustrations.*
- *Special section, in colour, concerning distinct features of Konkani.*
- *A section on rules of Konkani orthography.*

राजहंस

Publisher : RAJHAUNS VITARAN
1 - Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001 Ph. : 2220320 / 2232177
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in **www.rajhauns.com**



बिम्ब पडबिम्ब

फाल्लीं चार वर्सां बिम्बात बरयत सावन एकूय लेख असो वचूंक ना जाका वाचकांची परंती वा प्रतिक्रिया मेळूंक ना. दरेका लेखाक ७-८ तरी फोन येतालेच. सगल्यांत चड फोन आनी मॅसेज आयले ते 'डायरेचीं तीन पानां' ह्या लेखा खातीर. वाचप्यांचें हांव उपकारी. तशेंच चडांत चड उपकारी बिम्बाचें. हें माध्यम नाशिल्लें जाल्यार हांव वाचकां मेरेन दर म्हयन्याक पावचें नाशिल्लें.

अपर्णा गारुडी
शिवोली - गोंय
मो. : ८८०६३०८०९३

"**हो** अंक तपपूर्ति विशेशांक म्हुण काडटात. बिम्बाक बारा वर्सां पुराय जातात तेन्ना तूं बिम्बाविशीं बरय."

दिलीप बाबाचो फोन आयलो. 'तपपूर्ति' हें उतरूच भारदस्त दिसलें. बिम्बाचो बावटो मळबांत उबयत कोंकणीच्या मोगान बारा वर्सां अखंड तपश्चर्ये खातीर उबो राविल्लो दिलीपबाब म्हाका एकाद्रया रुशीवरी दिसपाक लागलो आनी तो खऱ्यानीच तसो आसा. भारदस्त, दिलदार, हुशार, मायेस्त, व्हड मनाचो तितलोच सडेतोड, तोंडार स्पश्ट उलोवपी असो स्वभाव घेवन वावुरपी. काळजांत कोंकणी भाशेच्या मोगाची पेट्टी मशाल घेवन बिम्बाच्या माध्यमांतल्यान एक तप कोंकणीची अखंड सेवा करपी आनी कोंकणी साहित्य सरस्पतीचें आंगण आपल्या बिम्ब ज्योतीन अखंड पर्जळावपी दिलीपबाब म्हळ्यार मायभाशेच्या निश्ठेचें चलतें भोवतें प्रतीक. देखुनूच असंख्य सामाजीक, साहित्यीक आनी राजकीय धाडामोडींच्या मोडणाक आनी मोडाक तोंड दीत बिम्बाची घुडी गोंयच्या मळबांत निश्चयान उबयत वाटचाल करपी दिलीपबाबाचो झेतूच खेरीत. बारा वर्सां सातत्यान एक सुंदर आनी दर्जेदार म्हयनाळें चलोवप ही सोपी गजाल न्हय. वर्सांतल्यान एक कोंकणीतलो दिवाळी अंक काडपाक आमकां नवें वर्स उजवाडटा. ही खरी परिस्थिती.

जायराती मेळप हें सगल्यांत कठीण काम. तरीकय कोंकणीच्या मोगान आमी वर्साक एक अंक तीन म्हयने उसरां जायना पूण काडटालीं. बिम्बाचें तशें ना. अंक वेळार येता. कसल्योय समस्या येवं. अंकाचो दर्जो हालयनासतना दिलीपबाब सगले प्रस्न सुटावे करता. साहित्याचो दर्जो सांबाळटना प्रस्थापितां वांगडा नवोदितांकय प्राधान्य दिवन नव्या लेखक कवींची तरणाटी पिळगी घडोवपाचें काम बिम्ब करता. ताका लागून तो जाणट्यां पासून नेणट्यां मेरेन सगल्यांचे आवडिचो जाला. सगल्यां खातीर योग्य अशें साहित्य तातूंत आसता. बिम्बातली मांडावळ, संपादकीय लेख, वाचप्यांचीं पत्रां आनी प्रवासवर्णना तोखणाय करी सारकीच आसतात. बिम्ब साहित्याच्या सगल्या आंगाक स्पर्श करून देश विदेशाची भोंवडीय करून हाडटा. ज्वलंत सामाजिक प्रस्न मांडटा. कथा कवितेच्या विश्वाचो प्रवास घडयत मनसंवेदना जागयता. भविश्याचो वेध घेत सुवादीक पदार्थाच्यो रुची काडटा, तेच बराबर भलायकी सांबाळटा आनी उतर कुवाड्यांतल्यान 'ब्रेनटॉनीक'य दिता. साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतिवंत लेखकांच्यो अपुरबायो करताच तेच बराबर दर म्हयन्याक जावपी पुस्तक प्रकाशनाचेर फोट्या सयत उजवाड घालून लेखकांच्योय अपुरबायो करता. सगल्या जाती-धर्माक आपल्याभितर आस्पावन घेवन सर्वधर्म समभावाची शिकवण दिता. असो सकस चौरस, रुचीक आनी दर्जेदार बिम्बाचो आहार घेवन आमी संवेदनशील

आनी घटमूट जातात. त्या बिम्बाक बारा वर्सां तपश्चर्या करून आयज जें जैत मेळ्ळां त्या जैताक आनी बिम्ब परिवाराक परबीं. असो हो दर्जेदार अंक तिगोवन दवरप ही काळाची आनी आमचीय गरज. राजाश्रय मेळ्ळोना जाल्यार लोकाश्रयाचेर तो चलपाक जाय. हें दर एकल्या कोंकणी बरोवप्यांचें आनी वाचप्यांचें कर्तव्य. बिम्बाचो प्रवास तपपूर्ति उपरांत रुप्या उत्सवी. भांगरा उत्सवी असो फुडें चलत रावचो हीच सदित्सा.

बिम्बाच्या पयल्या अंकाचें विमोचन करतना रॅमो फेर्नांडीस

बिम्बान म्हाका एक लेखिका म्हुण कितें दिलें? हो विचार मनांत येता तेन्ना एकूच जाप आसता. ती म्हळ्यार बिम्बान म्हजे भितरले लेखिकेक जितें-जिवें दवरलें. खरें सांगपा म्हळ्यार हांव आळशी न्हय. पूण घर, नोकरी तीय बी शिक्षिकेची (म्हळ्यार २४ वरां टिचर) आनी हेर सामाजीक गजाली हातुंतल्यान वेळ काडून बरोवप वा खंयच्याय साहित्यीक कार्यावळींक वचप सोपें आसना. बरी प्रसिध्दी मेळपाक जाय, खंयतरी कितेंतरी छापून येवपाक जाय वा वाचप्यांनी तोखणाय करपाक जाय अशें दिसपाचें वय आतां फाटीं पडलां. फकत कोंकणीच्या मोगान आनी मनाच्या समाधाना खातीर उमेद म्हुण, कर्तव्य म्हुण हांव बरयतां. म्हजो आनंद, अणभव, संवेदना वाचप्यां वांगडा वाटपाक मेळच्यो म्हुण बरयतां. बिम्बा खातीर बरोवपाक लागिल्ल्यान लेखनांत एक प्रकारचें सातत्य आयलां. केन्नाय वेळ ना म्हुण कूस मारपाचो यत्न केलो जाल्यार रोखडोच दिलीपबाबाचो फोन येता. 'आगो तुजो लेख पावंक ना. आनी तुज्या त्या इश्टीणींक (कुसुमाक आनी काश्मीरीक) जागय. दोन दिसांभितर लेख पावपाक जाय.' मागीर आमी 'हुक्म के बंदे' कशीं

लिखणी हातांत घेवन, आळ
झटकून सडसडीत बरोव
लागतात. अशे तरेन आम
जागोवन आमचे उमेदीक
बावचे पयलीं जागोवन, सारें
घालून लेखनात सातत्य हाड
काम बिम्ब सातत्यान करता
बिम्बाचे उपकार. बिम्बान आ
मेरेन कितल्याश्याच लेखक
'स्वताची वळख' दि
कितलेशेच वाचक आनी ले
घडयले, महिला मेळा
स्नेहमेळावे, बिम्ब पुरस्कार सु
अशीं जायतीं आयोजनां 'बि
परिवार करता. मनशांक जोडप
एकठांय हाडपाचें हें एक सुंदर माध
आसा. बिम्बांतले लेख वाचून वाचक
विचार आनी प्रतिक्रिया आमचे मे
पावतात. तेन्ना आमच्या बरोवपाचो
आनी वाचप्यांच्या आवडिचो अदम
येता. सुदरपाची संद मेळटा.

फाटलीं चार वर्सां बिम्बात बर
सावन एकूय लेख असो वचूंक ना जा
वाचकांची पसंती वा प्रतिक्रिया मेळूंक
दरेका लेखाक ७-८ तरी फोन येताले
सगल्यांत चड फोन आनी मॅसेज आयले
'डायरेचीं तीन पानां' ह्या लेखा खाती
वाचप्यांचें हांव उपकारी. तशेंच चडांत
उपकारी बिम्बाचें. हें माध्यम नाशि
जाल्यार हांव वाचकां मेरेन दर म्हयन्य
पावचें नाशिल्लें. लेख वाचल्या उपर
गोंयच्या लेखकांचे फोन येतातूच. पूण गो
भायल्या वाचकांचेय फोन येतात. ते
अजाप दिसता. बिम्बाचो आवाठ, प्रसिध
आनी लोकप्रियता हाची जाणीव जावपा
लागता. चंदपूरच्यान गोंयचो मायन इंजिनि
प्रभाकर प्रभुदेसाय सदांच बिम्ब वाचता आ
म्हज्या लेखांचेर प्रतिक्रिया दित
रत्नागिरीच्यान राजेश्वरी जोशी आपलें
मांडटा. नागपूर दूरदर्शनचे डायरेक्ट चंद्रमो

'बिम्ब' अंकाचें विमोचन करतना 'मृत्युंजय'कार शिवाजी सावंत आनी आदले शिक्षणमंत्री सुभाष शिरोडकार.

नंदन पवार आपलेपणान म्हज्या लेखासयत बिम्बांतल्या सगल्या बरोवप्यांची आनी अंकाची तोखणाय केन्ना फोन करून तर केन्ना मॅसेज धाडून करतात. चेन्नयच्यान उदय देशप्रभू लेख आवडिल्ल्याचें कळयता. मुंबयचे फामाद आदवोगाद नंदकुमार राजूरकर बिम्बाचो दिवाळी अंक मुद्दम म्हजे कडल्यान मागून घेवन वाचपाचो यत्न करतात. कोंकणी वाचपाक आनी उलोवपाक शिकय म्हुण म्हजे फाटीक लागतात. पुण्याच्यान इंद्रायणी पोतदार आनी मंगळवेढा सोलापूरच्यान इंद्रजित घुले सातत्यान लेख आनी बिम्ब आवडिल्ल्याचें कळयतात.

बिम्ब महाराष्ट्रांत आनी विदर्भांत पावला हें हाचेवेल्यान स्पश्ट जाता. असोच आतां तो भारतभर पावचो. ज्या ज्या जाग्यार कोंकणी मनीस पावला थंय थंय तो पावचो हीच सदित्सा. बिम्ब इंटरनेटार वाचपाक मेळचो, जेणे करून भारतांतल्या आनी भारता भायल्या लोकांक तो वाचपाक मेळटलो.

कांय वेळार सरकारी जायराती उण्यो मेळटात तेन्ना बिम्बाचेर संकश्ट येता काय कितें अशें दिसपाक लागता. तेदेवेळार दिलीपबाब कोंकणीचो निश्ठावान सेवक कसो उबो रावन म्हणटा, 'गरज पडल्यार हांव म्हजी गाडी विकतलों पूण बिम्ब बंद पडपाक दिवंचो ना.' ताची ती निश्ठा पळोवन आमी जणएकल्यान इल्लो इल्लो हातभार लावचो अशें दिसपाक लागता.

वाचक, लेखक, कोंकणी मोगी, गोंयकार समाज आनी जायरातदार ह्या सगल्यांनी मायभाशे कडली आपली लागणूक समजून घेवन बिम्बाचो रथ ओडपाक आपले परीन सहकार्य करचें. कोंकणी मोगाची ही साहित्य घुडी सासणाक उबोवपाचो यत्न करचो. कारण बिम्ब हें फकत म्हयनाळेंच न्हय तर कोंकणी समाजाच्या अस्मितायेचें पडबिम्ब. तें तिगोवप आमच्याच हातांत आसा. बिम्बाकडल्यान वाचकांच्यो अपेक्षा वाडतूच आसात. बिम्बाचो भार पेलपाचें सामर्थ्य आनी बरें आरोग्य दिलीपबाबाक मेळूं इतलेंच देवालागीं मागतां. व्यवस्थापक कामीनीबाय आनी टायपसेटर श्वेता तशेंच समेस्त बिम्ब परिवाराक तपपूर्तिचीं परबीं आनी फुडाराक यश आवंडेतां. ■

लिंगीक सादूरतायेचें एकमेव संग्राह्य पुस्तक

निरामय कामजिवन



जुवानपणांत प्रवेश, लग्ना पयलींचें मार्गदर्शन, लग्न, कामक्रिया, लग्नाची अपुर्तताय, लिंगीक आगळीक, गुरवार जावप, संततनियमन, एड्स, गुप्तरोग, जनननिवृत्ती....

थोडेभितर - कुमारावस्थे पसून जाणटेपणा मेरेन कामजिवनाची सगली माहिती सोंपे, सरळ, सुबोध भाशेंत विवेचन करपी अशें निरामय कामजिवन हें एकमेव संग्राह्य पुस्तक.

लेखक : डॉ. विठ्ठल प्रभू
अणकार : डॉ. नारायणराव प्रभू कोरगांवकार

स्वयंअनुदानीत मोल : ₹ 100/-

सहस्त्रावें प्रकाशन
राजहंस

Publisher :
RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177 E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in
www.facebook.com/rajhauns | www.rajhauns.com

बिम्ब - नवसाहित्यकारांच प्रेरणास्थान

शिवोलकारांचेर तुमचो भोव मोग. तुमच्या साहित्य कार्यावळींक आमकां मनापासून आमंत्रण दितात. तुमच्या आनी कामिनीच्या आदरातिथ्या खातीर आमकां घरगुती कार्यावळ कशी दिसता. जेन्ना जेन्ना आमकां तुमच्या कार्यावळीक हाजीर जावपाक शक्य जायना तेन्ना आमकां मनापासून वायट दिसता आनी बरी कार्यावळ चुकयल्याची खंत भोगता.

कुसूम अग्रवाल
गांवसो वाडो,
शिवोले - गोंय
मो. : ९८६०२०७९७६

'बिम्ब' मासिकाक ह्या वर्सा एक तप पूर्ण जाता आनी ह्याच खातीर तें ह्या वर्सा एक तप केल्ल्याची खोशी मनयता. कुमारीपण सोंपोवन तें आतां जुवानपणांत पावल दवरता. जुवानपणाचे अवस्थ एक वेगळीच धुंदी आसता. होच तो काळ आपलें ध्येय थारावपाचो आनी तें पूर्ण करपा खातीर अवि प्रयत्न करपाचो. ध्येय पूर्ण करपाक तनामनान वावुरपाचो. बिम्ब मासिकाक अरिश्टांतल्यान तारपी प्रस आपल्या भलायकेचो विचार न करतां आशावादी मोख दवरून, साहित्यीकांक, आपल्या मासिकांतल्य समाजाक वळख करून दिवपी अशे धडाडीचे संपादक सर दिलीप बोरकार आनी वेवस्थापन करपी कामि किणी मेळ्ळ्यांत. तांच्या अथक परिश्रमा खातीर हें मासीक दिवाळे पयलींच लोकांक वाचपाक मेळ्ळें

शिक्षिका आशिल्ल्यान भुरग्यां खातीर शाळेंत नाटकुलीं आपउलोवपां, मुल्यांचेर आदारून प्रार्थनासभ सर्तीखातीर निबंद अशें खूब बरोवप जातालें. भुरग्यांक इनामांय मेळटालीं. हें बरोवप खंयच उजवाड आयलें ना. ताका कारण तशेंच आशिल्लें. भुरग्यांच्या कलागुणांक वाव दिवन तांकां मुखार हाडप उद्देश आशिल्लो. म्हजी इश्टीण अपर्णा गारुडीन बिम्बा खातीर लेख बरोवपाक सांगलो. फाटीक लाग म्हजे कडल्यान बरोवनूय घेतलो. विशय ताणेंच दिल्लो.

दिलीप सरांची पाठ्यपुस्तकांतल्यान पयली वळख जाल्ली. कोंकणीच्या मळार वावुरतना संव वाडत गेले. साहित्यीक म्हुण वळखतालेंच तेच बरोबर दाखय-लिपय करिनासतना वायट बरें तोंडार सांग व्यक्ती म्हुण आयकल्लें. घडये 'हें छापपा सारकें साहित्य आसा?' असो शेरो मारत म्हुण भिरांत आसल पूण एक शिक्षक जसो भुरग्यांचें साहित्य आपणायता. तें उच्च श्रेणीचें नासून लेगीत ताची गुठली कस भायर उडयना तशेच दिलीप सर वागले. आसा ते परिस्थितींत म्हजो लेख उजवाडायलो. म्हज्या सारक सामान्य बरोवप्याक माची मेळोवन दिली.

मासिकांत जेन्ना म्हजो पयलो लेख छापून आयलो तेन्ना म्हज्या सहशिक्षकांनीं म्हजी खूब तोखणा केली. तशें हांवें सुनापरांत नेमाळ्यांत दोन तीन लेख बरयल्ले. तुमी म्हजेकडल्यान सातत्यान बरोवन घेतलें मदीं मदीं लेख बरे जाल्यात म्हुण वाचकाकडल्यान फोनूय येवपाक लागले. गोंयची नामनेची कवयित्री नूत साखरदांडेन 'आतां तुज्या शब्दाक वजन आयलां. तुजे लेख बरे जातात' म्हुण लेखांची तुस्त केली. म्हज कॉलेज इश्टीण डॉ. किरण बुडकुलेन 'तूं अणभव विश्व बरेतरेन शब्दांत मांडटा. अशेंच बरयत राव' म्हु म्हाका उर्बा दिली.

बरोवपी जल्मतांच बरो लेखक म्हुण बिरुद घेवन येना. आशीकुशीच्या अणभवानी, वाचनान, तांच्या आंगात आशिल्ले प्रतिभेन आनी जाणट्यांच्या मार्गदर्शनान तो प्रतिभावंत साहित्यकार जाता.

साहित्याचें मुळावण घालपाक तुमी व्यासपीठ दितात. जात-धर्म, ल्हान-व्हड, जाण्टे-नेण्टे हांका सगल्यांकूच तुमी तुमच्या बिम्बांत सुवात दितात. कोंकणी साहित्य वाडोवप आनी ह्याच साहित्यांतल्यान 'अक्षर' साहित्य निर्माण जावप हो तुमचो शुध्द हेतू आसा.

आज सेगीत चार वर्सां हांव बिम्बा खातीर बरयतां. आमकां जिणेंत आयिल्ले अणभव, कोडू-गोड यादी उतरांनी मांडपाची आनी लोकांमेरेन पावपाची संद तुमच्या बिम्ब मासिका खातीर शक्य जाता. आमकां कोंकणीची सेवा करपाची संद तुमी उपलब्ध करून दितात.

आपलो बिम्ब बरो चलताच पूण हाचे परस तो अदीक कसो बरो जातलो हाचेंच तुमचें सतत चिंतन मनन चालूच आसता. जेन्ना आमची भेट जाता तेन्ना तुमी ते विचार उक्तावन दाखयतात. आपल्या भुरग्याक जशें वाडोवचें तशें तुमी बिम्बाचें पालन करतात. बिम्बातल्यान बरोवप्यां खातीर तुमी स्नेहमेळावो दवरतात. त्या निमतान सगल्या बरोवप्यांची भेट जाता. चर्चा-सत्रां घडोवन हाडटात. तुमच्या वास्तूंत काव्यानंद अणभवपाक मेळटा. पोट भरताच पूण बुद्दीक खाण मेळिल्ल्यान मन तृप्त जाता.

शिवोलकारांचेर तुमचो भोव मोग. तुमच्या साहित्य कार्यावळींक आमकां मनापासून आमंत्रण दितात. तुमच्या आनी कामिनीच्या आदरातिथ्या खातीर आमकां घरगुती कार्यावळ कशी दिसता. जेन्ना जेन्ना आमकां तुमच्या कार्यावळीक हाजीर जावपाक शक्य जायना तेन्ना आमकां मनापासून वायट दिसता आनी बरी कार्यावळ चुकयल्ल्याची खंत भोगता.

सर, तुमकां व्हड व्हड साहित्यीकांचें मार्गदर्शन मेळ्ळां. तांच्या मार्गदर्शना खाला तुमी घडल्यात. ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळिल्ले भौ. रवीन्द्र केळेकारांच्या जिणेचो तुमचेर खूब प्रभाव पडिल्लो आसा. विद्यार्थी दशेसावन तुमी तांच्या कोंकणीच्या कार्यान कशे भारावन गेल्यात हें 'जाग' म्हयन्याळ्यांतलो 'म्हजो रवीन्द्र सांगात' हे लेख वाचतकच कळटा. तार्णी कोंकणी खातीर केल्लो वावर तुमचे नदरे मुखार आसा. तें कार्य तुमी मुखार व्हरतात म्हुण आमकां तुमचो अभिमान दिसता.

तुमच्या अंकांत साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार मेळिल्ल्या साहित्यीकांचे लेख, कथा आसतात. तांचें साहित्य नव्या बरोवप्यांक मार्गदर्शक थारतात. बिम्बांतल्या नव्या बरोवप्यांक खातीर मार्गदर्शनपर चर्चासत्र जावचें जेणेकरून बऱ्या साहित्यीकांच्या विचारांची देवाण घेवाण जातली आनी नव्या लेखकांच्या साहित्याक एकप्रकारची चकाकी येतली.

बिम्बाचो परिवार वाडत वचूं, बिम्बाच्या जैताची घुडी संवसारभर पातळूं. काळजांतल्यान उपकार मानून बिम्बाक सदांच येश आवंडेतां.

■



या पुस्तकात पार्वती, चंद्रमुखी, माधवी, कमललता, अभया, कमला, बिंदू, विजया, कुसूम, अनुराधा, वंदना अशा अकरा नायिकांची ओळख करून देण्यात आलेली आहे.

शरदबाबूंच्या कथा-कादंबऱ्यांतील स्त्री-पुरुषांची सुख दुःखे आजच्या काळातील स्त्री-पुरुषांनाही आहेत. पोषाख बदलला तो वरवरचा, आतील माणूस तोच आहे जो हजारो वर्षांपूर्वीचा होता. शरदबाबूंनी चित्रण केले आहे ते माणसाच्या अंतरंगाचे. म्हणूनच आजही त्यांचे साहित्य वाचनीय वाटते.

शरच्चंद्रांच्या मानसकन्या
- पु. शि. नार्वेकर

Publication No. : 1144
ISBN : 978-93-7810-743-6
Price : ₹ 100/- **Pages** : 182
Size : 14.2cm X 22cm

राजहंस

Publisher : RAJHAUNS VITARAN
1 - Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001 Ph. : 2220320 / 2232177
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in | www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

काकस्पर्श

त्या नायजेरीयनांनी गोंयांत घोसोळ घाल्लो त्याच दिसाक कालीज उखलिल्लें ताचें, मागीर तातूंकच प्राण सोडलो जातलो ताणें. बाबा तूं कांयच कालजी करूं नाका. तुवें पागडे खातीर घेतिल्ले ते पयशे खंयच्यानय उबे करून हाडून धांवडावन घालतां त्या नायजेरीयनांक आयचे आयज घरांतल्यान. भाडें बुडलें, पूण आसूं... हांव मागीर वतां लंडन नाजाल्यार कुवेटाक कुजनेर जावचे खातीर

...वायस्, वायस्, वायस्...

...वाऽयस्, वाऽऽयस्, वाऽऽऽयस्...

... येतलो, येतलो आपय मोठमोठ्यान. हो पळय आंब्या रुखाचेर येवन बसला तो दिश्टी पड

... वाऽयस्, वाऽऽयस्, वाऽऽऽयस्...

... दवर तो पिंड थंय आनी यो तूं भितर.

...हय व्हय, तुकाच भिवन कांचवेता आसतलो तो पिंड व्हरपाक...

... न्हय जाल्यार आनीक कितें? हरशिल्लो कावळो दिसलो म्हणटगीर ताका हाडत्-हुडत् व आनी मागीर गरज पडतगीर बोमले देंठाकडच्यान आड्डून आड्डून आपोवप.

... वायस्, वायस्, वायस्...

... कितलो म्हऱ्यान येवन बसला, पूण तोंड लायता जाल्यार पळय!

... सुकत घाल्लें कितेंय व्हरपाक हरशीं फाट पसून करूंक दिनांत.

... कांय इत्सा बी उरूंक ना मूं?

... कोणाच्याय भितर जीव बी घुस्पलो ना मू?

... कांयच हुस्को करूं नाका बाबा, तुजे धाकटे धुवेचें वर्सा भितर लग्न करून दितां. तुवें लाड लक्ष्मी खातीर अर्ज केलाच न्हय?

... अशें कितें धुवेक लागून वयर-सकयल जावपाक वाडून उल्लां तर तें? निकतेंच चोवत सोंपून पस्तीसावें लागलां.

... कितेंय आसूं, बाबा आतां आनी तिष्ठाय नाका. पिंड मात्सो येवन व्हर. आतां तरी ह्या पुता उपकार कर.

... वायस्, वायस्, वायस्...

... कितलो वेळ रावचें पडटलें काय आतां. पोटांत भुकेन कावळे रडपाक लागल्यात.

... चला चलात, पानां घेवपाची तयारी करुया.

रुपा कोसंबे
व्हडलें भाट,
ताळगांव.
मो. : ९४०४९१४४३७

... हय हय, जेवपाक सुरवात केली म्हणटगीर पोटांतल्या कावळ्यांचो आपोआप काकस्पर्श जातलो.

... कितें दिन्या? न्हय त्या वेळार न्हय तीं फकाणां?

... गोटू, पळय याद करून. कांय इत्सा बी उलोवन दाखयली नाशिल्ली मरे तुजेकडेन?

... तश्यो कांयच इत्सा मारपी न्हय तो मनीस. जाय त्या वेळार जाय त्यो इत्सा पुराय करून घेवपाक फाटीं-फुडें पळयलेंना ताणें.

... आरे गोटू, तुका हांवें पयलींच सांगिल्लें. म्हाका डायबिटीस आसा. जेवपाक वेळ जाल्लो म्हाका कोताक येवपाचो ना.

... दामूबाब, मात्शें पळोवया न्ही?

... त्या नायजेरीयनांनी गोंयांत घोसोळ घाल्लो त्याच दिसाक काळीज उखलिल्लें ताचें, मागीर तातूंकच प्राण सोडलो जातलो ताणें. बाबा तूं कांयच काळजी करूं नाका. तुवें पागडे खातीर घेतिल्ले ते पयशे खंयच्यानय उबे करून हाडून धांवडावन घालतां त्या नायजेरीयनांक आयचे आयज घरांतल्यान. भाडें बुडटलें, पूण आसूं... हांव मागीर वतां लंडन नाजाल्यार कुवेटाक कुजनेर जावचे खातीर....

... तुका भाड्याचें पडलां. जेवण दिस्त एकाक म्हण सांगिल्लें न्ही रे तुवें म्हाका? तुजो बापूय घरांतलीं जेवणां जावं ना जावं दिस्त एकाक येवन पानार बसतालो मरे? लोकांक मात वळवळे!

... आतां हे कावळे अशे घोळ घालत म्हण कोण जाणां?

... तें तुजें तूं पळय, म्हाका आनी चड वेळ उपाशीं रावपाक जमत कशें दिसना.

... मात्सो धीर धरात दामुबाब. हो बारावो न्हय? वर्सश्राध्द आशिल्लें जाल्यार एक वेळ भंगू आशिल्लें. कितेंय इत्सा उल्ल्या जाल्यार आत्म्याक मागीर हुमकळपाक नाका. शंकरदाद, तुमकां कितेंय येवजता जाल्यार पळयात.

... आरे तूं कांय भिवनाका नारु, पिंड व्हर एकदांचो. तुजीं सगळीं प्रकरणां हांव जाग्यार घालतां. हो शंकर आसासर भिवपाची कांयच गरज ना.

... प्रकरणां उस्तून काडपाचो हो वेळ न्हय. आतां वाडात पानांनी नाजाल्यार म्हजोच बारावो वाडपाची पाळी येतली तुमचेर आनी हांव मागीर पिंड व्हरचोना.

... थुमेकाल, थुमेकाल, अशें अभद्र उलय नाकात दामूबाब. नाजाल्यार आतां दर्भाचो कावळो करून पिंडाक आफुडया, कशें म्हणटात भटमाम?

... आज मेरेन हांवें इतलेय बारावे केले, श्राद्धां चलयलीं पूण असलो प्रसंग केन्नाच आयलोना रे म्हजेर. कितें तरी खदखदता आसतलें ताच्या मनांत.

... पळयात याद करून... कोणय कितें देवीत बी नाशिल्लो मरे ताका?

... ताका आनी कोण देवीत? ताणेंच कितल्या जाणांक तोपयो घाल्यात आसतल्यो तें तो आनी देव जाणा.

... तें आसूं, आतां मातशें भितर वचून केसराक आफोवन हाडात पळोवया.

... आतां हें आनी कितें म्हणपाचें दिनकरबाब? केसर आनी कितें करतलें? तांगेरच गेल्लेकडेन कासावीस जावन मरण आयलें न्ही ताका!

... केसराक बी कितेंय सांगलां जाल्यार विचारून घेवया.



... हें पळय, हांव हांग आसां. तांका जाय जाय तें हांवें सग दिलें. पूण म्हाका मात कांय

दिवपाक मेळ्ळेंना अशें म्हणटाले ते त्या दीस.

... अशें कितें दितालें तर तूं ताका?

... तेंची भरपूर सेवा केल्या हांवें, तांचीं वस्त्रां पसून हांवेंच उमळिल्यांत. वस्त्रां उमळितां उमळितां हांव तेंचें आंगवस्तर जावूं मागीर. निमणेकडेन पसून म्हाकाच कामाक व्हरपाक म्हण आयिल्ले ते आमगेर.

... कितें उलयता तूं केसर? तकलेन बी सारकें आसा मगो तूं? काय फालयाद बी जालां?

... आंगवस्तर जालें म्हण कितें जालें? खावचें घोवाचें आनी गावचें xxx तसली बायल न्हू हांव. भाटकारान म्हाका भांगरां-शिंगरां दिवनाका पूण तेगेल्याच तोंडावळ्याचीं, अपुरबायेचीं अशीं दोन...

... आयलो हो पळय कावळो भुर्र करून, पिंडाक लागीं बसला.

... उलय तूं केसर, उलय.

... भाटकारा हांव जाणां, त्या शाली आनी ओंवळा परस हांव चड आवडटालें तुमकां. हांवय म्हण वडापुनव तुमचेच खातीर करतालें. लोकांक कितेंय दिसूं मागीर. सात जन्म तुमकां सोडचेंना हांव, हें वचन दितां तुमकां धनयां, पूण आतां पिंड व्हरात.

... तरी पिंडाक आफुडपाचें नांव ना मरे.

... आतां कोणूय बायलेक तरी आपयात रे ताचे, मरतगीर पश्चताप बी जालो आसतलो पोराक. बायलेन माफ केले म्हणटगीर बी एखाद्री मुक्ती मेळत ताका. केन्नाच घरा-दाराक म्हण पांय तिगनाशिल्लो ताचो. हीं भुरगीं कशीं जालीं देवाक खबर...

... नाका आज्या, तिका आनी कित्याक कपलाक आपयता? आतां सुशेग घेवपाचे दीस आयल्यात तिचे. घोव खंय गेला काय म्हणीनासतना हुस्क्यामेकळी बसल्या आसतली ती बावडी लग्न जायतसान्न पयलेच खेपो. आसूं, बसूं दी तिका.

... आतां खूब जालें, वाडपाचें करतात काय हांव वचूं घराकडेन जेवपाक? ताका लागूनच हालींसराक वचना हांव कोणागेर ब्राम्हणाक रावपाक. कितलोय जाल्यार इश्ट पडलो म्हण आयिल्लों हांव. सकाळीं विसवण आनी हुमणाक सुंगटां हाडून दवरून आयलां. घराकडेन वचून मचमचीत जेवतां तळिल्ल्या पोस्तान.

... विसवणाचीं पोस्तां?

... तशें जाल्यार बाबा एक काम कर. हें केंसर सांगता तें केन्नाच फट जावपाचें ना, कोणाकय धाड आनी एक पोस्त हांगा हाडून घे. हांव बरेंऽ वळखतालें तेका. तळिल्लो विसवण म्हळ्यार तेंगेलो जीव काय पराण.

... चल रे गोटू, विसवण ज
विसवण घेवन यो.

.. वायस्, वायस्, वायस्. हो
उपाय नासून आतां विसवण हाडला तळ
आतां तरी पिंड व्हर आनी आमकां मुक्

.. वालोर गो केंसर तुका. सगळ
चड तुवेंच पारखिलो ताका. पिंडाचेर
दवरपाची फुरसद, एटीयमांतल्यान आयि
पयश्यांचेर बचको मारिल्लेवरी येवन घेवन
मगो तो कावळो पिंड चोंच मारून. वें
हेंच खरें पिंडदान.

... चला चलात. आतां सडर
वाडात पानांनी. इल्लें इल्लें उश्टायतां
हांव वतां घराकडेन जेवपाक. पळोवया
उल्लां जाल्यार म्हाका. आनी एक, अ
सांगून दवरतां म्हज्या बाराव्याक मात लो
ताटकळत दवरूं नाकात. म्हळ्यार कितें क
तें समजलें न्हय?

... हय हय दामूबाब, चलात तर
आतां सुरवात.

तोंडाक घास घेतना
नुस्त्याचें नांव घेवचें!
ताळ्यासकयल उंडी देवपाक
गोंयकारांक तें गरजेचें!

रुचीक आनी पथीक

नोवा काजुबियो

गोंयांत सगळ्याक मेळटात

निर्मुपी :

रामकृष्णा कॅश्यू वर्क्स्

साखळी - गोंय.

गोजडी आनी कपयाळें

ते फिरंगी गेले आनी ते उडेय गेले अशी एक म्हण आसा. पूण हांगा तशें जालें ना. उंड्याच्या आकाराच्यो कपयो कापून त्यो गांठावन केल्लें कपयाळें म्हळ्यार त्या तेंपावयल्या बायलांच्या उत्कृश्ट कल्पनाशक्तीची एक झलक. आमच्या आजये पणजेन केल्लीं हीं कपयाळीं कालाच्या चपवयांत थंय तरी ना नपयत जावन वतलीं आशिल्लीं. तांचें डॉक्युमेंटेशन जाल्ल्यान कपयाळयांचो इतिहास सोदतना फुडले पिळगेक निदान तीं पळोवंक तरी मेळटलीं.

हर्षा शेटये
कृष्णप्रेम, अंबाजी,
फातोड्डें - गोंय.
मो.: ९८५०५३०१५२

गोजडी म्हणल्या बरोबर आवयच्या पोरणे साडयेच्या नाजाल्यार आजयच्या णववारी कापडाच्या गोजडेची याद येता. ती गोजडी मांडपी घरांतलीं जाण्टीं मनशां दोळ्यां मुखार येतात. गोजडी हातांत धरून एक एक धागो घालून ती शिवपी म्हजी मावळण याद जाता. गोजडी मांडटना, शिवतना तांची माया त्या गोजडेच्या धाग्याधाग्यांत घुस्पल्ली आसताली. ते खातीर गोजडी हें एक पांगरूण नासतालें, तर तांच्या मायेचो सायदाटो स्पर्श पांगुरप्यां मेरेन पावोवपाचें तें एक माध्यम आसतालें.

फाटल्या कितल्याश्याच पिळग्यांक मायेची उब दिवपी ही गोजडी आज ना जायत चल्ल्या. ताचें कारण म्हळ्यार कोणांक ह्यो पोरण्या साडयांच्यो गोजड्यो पांगुरपाक आवडनात. ते खातीर गोजडी शिवपा सारकी पारंपारीक शिवणकलाय बी दुर्मीळ जायत चल्ल्या. म्हजे सारकेलीं कोणूय जांका पोरण्या वस्तुंचो सोस आसा तीं ह्यो गोजड्यो पांगुरतात आसतलीं.

फाटल्या दिसांनी हांवें वर्तमानपत्रांत वाचलें ४०-५० वर्सां पयलींच्या गोजड्यांचें आनी कपयाळ्यांचें गोंय राज्य वस्तु संग्रहालयांत नारी आर्टीसन मुवमेंट हांच्या सहकार्यान डोक्युमेंटेशन जावपाचें आसा म्हणून. ज्या कोणाकडेन असल्यो गोजड्यो आसात जाल्यार ताणीं त्यो घेवन येवच्यो म्हणून.

आमगेर पोरण्यो गोजड्यो खूब आसात. चडश्यो म्हजे मांयच्या कापडांच्यो. आनी त्यो शिविल्ल्यो कमलमावशेन. नात्यान ती म्हज्या घोवाची मावशी लागता. ह्यो सगळ्यो गोजड्यो चाळीस वर्सां पयलींच्यो. म्हजे आवयचे साडयेच्योय गोजड्यो आसात, पूण त्यो हालींच्यो. पयलीं सुटयेंत सगळीं भाचरां रावपाक येतालीं. तेन्ना आमकां ह्यो गोजड्यो लागतात्यो. आतां त्यो व्हडल्यो शो वापरप जायनात. म्हजे मांयन त्यो सांबाळून दवरलेल्यो. वर्सान एकदां ती वताक बी घालून परत्यो बांदून कपाटांत दवरताली. आमी नव्या घरांत कृष्णप्रेमांत रावपाक येवचे पयलीं ती भायर पडली. आलमार भरून आशिल्ल्या इतल्या गोजड्या

आनी कपयाळ्यांचे हांव कितें करतलें आशिल्लें? हांवें तातुंतलीं अर्दी कपयाळीं कोणा कोणाक गरज आसा त्या ल्हान भुरग्यांक दिवन उडयलीं. तेन्ना आतां म्हजेकडेन खूब कमी कपयाळीं उरिल्लीं. आतां पोरण्या पांगरुणांचें डोक्युमेंटेशन जातलें म्हणतकीच पळोवया तरी म्हळें, डोक्युमेंटेशनाक व्हरपासारकें कितें उरलां जाल्यार! आनी जेन्ना हांवें त्यो गोजड्यो बारीकसाणीन पळयल्यो तेन्ना तातुंतल्या शिवणीची विविधताय पळोवन हांव दिपकावलें. पोरण्या काळांतल्या कलाविश्कारातलें एक एक रत्न म्हजेकडेन आशिल्लें आनी मजा म्हळ्यार म्हाका ताची मात्तूय जाणीव नाशिल्ली. जांबळ्या सुती कापडाची चौकटांनी शिवण-टीप घालून शिविल्ली एक गोजडी. हे शिवणीक कापांनी अशेंय कोंकणी नांव आसा अशें म्हजे आवयन सांगलें.

दुसरी आनीक एक निळी गोजडी. वापरून वापरून झिरझिरल्या. पूण ताचेवयली शिवण तशीच आसा. ही गोजडी शिवल्या त्रिकोणांनी. अशीच आनीक एक जांबळी गोजडी चौकोनांनी शिवल्या. तांबड्या फुलांफुलांच्या मोव पातळाची गोजडी वर्तुळां वर्तुळां काडून शिवल्या. हे शिवणींक खंय लाडवांनी म्हणटात. वेटोळ्या वेटोळ्यांचे शिवणीक चकऱ्यांनी म्हणटात. ते शिवणीन शिविल्लो एक पोळेर. धव्या पातळाची त्रिकोण आनी चौकटाचे शिवणीन शिविल्ली एक गोजडी. उब्यो आडव्यो रेगो मारून शंकरपाळ्यांनी शिविल्लो एक पोळेर. ते भायर पोरण्या चिटाच्या कपड्यांच्योय गोजड्यो आशिल्ल्यो. सामक्यो गोट बी लावन शिविल्ल्यो. ह्यो गोजड्यो ज्यो आमकां इतलीं वर्सां मायेची उब दीत आयल्यात त्या गोजड्यांच्या शिवणीचे इतले प्रकार आसतात हें म्हजेकडेन इतल्यो गोजड्यो आसतना म्हाकाच खबर नाशिल्लें. भुमितीचें कांयच आधुनिक शिक्षण घेना आसतना आनी हातांत आधुनिक साधनां कांयच नासतना दोन शिवणी मदलें अंतर, दोन चौकटांचें सारकेपण, वर्तुळां... सगळें कशें जुस्ताक जुस्त.

दुसरो पोटलो सोडयलो. तातूंत ल्हान भुरग्यांक पांगरूंक वापरतात तसले माणे आनी कपयाळीं आशिल्लीं. ही पोटली सोडोवन पयलोच माणो हातांत घेतलो. तो इल्ल्यो इल्ल्योश्यो बारीक कपयो गाठोवन केल्लो. फिरकें फूल. कपडे पळयल्यारूच कळटालें ते खूब पोरणे म्हणून. दुसरो माणो हातांत घेतलो. हें गिरगिरें-फिरकें फुलापरस मात्शें वेगळें. ल्हान ल्हान त्रिकोणी कपयो गांठोवन केल्लो माणो. बारीकसाणेन पळयलो जाल्यार एके कपयेचेर पेंग्वीन दिश्टी प हो कपडो भायलो म्हळ्यार फॉरेन माल कळटालो. दुसरे कपयेचेर आयफेल टॉ चित्र. आनीक एके कपयेचेर युरोपियन ज वायोलीन वाजोवपी दादलो, विमानां, आगगाडी, स्ट्रॉबेरी, ब्लुबेरी, जपानी क्रो उडट्या घोड्यार बशिल्ली झगो घाल्ली च केन्नाचे काय हे कपडे?

हांवें सोमतो नणंदेक, माईक लायलो. ताणें सांगलें हय, हे सगळे कपडे. ताणीं पयलीं ह्या कपड्यांचे व्हि घाल्या. ताचें कारण म्हळ्यार म्हज्या मो दिवचले कपड्यांचें दुकान आशिल्लें. आशि म्हळ्यार अजूनूय आसा. त्या दुकानांत पु तेंपार म्हळ्यार १९५०-६०त युरोपियन क जपनीज कपडो बी विकताले खंय! हो मकावच्यान येतालो. सॅम्पलाक आयिल्ले वा व्हिस्तीद शिवून उरिल्ले कपडे वापरू माणो केल्लो. दोन वर्सां पयलीं हांव मका गेल्लें. मकावच्यान येवचे वेळार म्हजे तक आयिल्लें, ह्या बंदरांतल्यान गोंयांत माल वता हांगच्यान आयिल्लो तो युरोपियन, चिनी, ज कपडो गोंयांत खूब जाणांनी वापरला जातल

(पान ४७ चेर चलता..

BROADWAY
BOOK CENTRE
KNOWLDGE IS POWER

Goa's Biggest Book Stores

15% discount for **Bimb** Readers, bring this ad, and avail of discount
PANJIM: Ashirwad, 1st Floor, Nr. Caculo Island, 18th June Road, Panaji, Goa.
Tel. 6647037/ 6647038. **Mob:** 98224988564/9860030339.
Email: bbcbooks@rediffmail.com, fahimbbc@gmail.com
CANDOLIM: Landscape Holiday Unit, Ground flr, near Dr. Dukles Hospital & Research Centre, Aguada Fort road, Candolim, Goa. **Tel.** 9860030339
MARGAO: Paulinoes Building, Ground flr, near Popular High School, Comba, Margao Goa.
Tel. 9860030339

वेलकम टू द वर्ल्ड ऑफ इड्स

भोग आनी भोग हांचो घुस्पागोंदळ जालो. तरी आपूण एक ना एक दीस चॅल्सीयाकडेन काजार जावपाचोंच ह्या टेंपररी नात्याक आपूण समाजमान्यतायेन नात्याचें नांव दितलोंच ह्या विचारान रॉक्सी कुडीचें सूख भोगत रावलो. एम. बी. ए. ची डिग्री हातांत पडली की शिर्वीस शेर्त... आनी शिर्वीशेचें जालें की चॅल्सीयाक रितीन मागणी! ह्या सपनांत रॉक्सी गुल्ल जावन जगतालो. एकझामी जाले उपरांत आशिल्ल्या दोन म्हयन्यांचे सुट्येंत चॅल्सीया आनी आवयचें जर्मनीक वचून येवपाचें थारलें.

आशा शानभाग
सादोळशें - काणकोण.
फोन : २६३२२०४/९४०४१४५३३७

रॉक्सी... अठरा-एकोणीस वर्सांचो तरनाटो. आवय-बापायचो एकलो एकसुरो पूत. आवय कॉलेजींत प्रोफेसर जाल्यार बापूय फामाद आदवोगाद. खूबच अर्थ-अपुरबायेन वाडिल्लो रॉक्सी सगल्या वेसनांपसून खूबच पयस उरिल्लो. कारण... ताच्या आवय-बापायन ताका आपले वागणुकेंतल्यान घालून दिल्ले संस्कार. आवय-बापूय ताचीं मतां आयकतालीं. योग्य दिसल्यार मानून घेतालीं. चूक दिसल्यार ताका तें पटोवन दितालीं. रॉक्सीचेर खंयचेय गजालीचें कंपल्शन ताणीं केलें नाशिल्लें तरी ताच्या दरेका गजालीचेर, ताच्या फ्रेंड्सांचेर, तांच्या वागणुकेचेर तांची नदर आशिल्ली. आवय-बापूय, जात-धर्म आपल्याक जाय ते चूज करूंक मेळना पूण फ्रेंड्स मात जाय जाय तेच चूज करूंक येतात हो आवय-बापायचो विचार रॉक्सीच्या मनांत पुराय रुजिल्लो.

पूण अंदू वर्साक मात ताचें मन चंचळ कशें जाल्लें. सैमाचो नेम ताचेरय कम्पलसरी चलतालो. हाका कारण ताचे क्लासींत शिकपी जर्मन चली चॅल्सीया. गोऱ्यापिट्ट तरी पचकट येवरोपियनां भशेन न दिसपी चॅल्सीयाकडेन रॉक्सीचें मन ओड घेवंक लागलें. पयलेच फावट ताचेर नदर गेल्ली तेन्नाच ताचें रूप रॉक्सीच्या काळजाचेर पितारलें म्हळ्यार अतिताय न्हय. लव्ह ॲट फर्स्ट सायट म्हणून आयकल्लें, वाचिल्लें ताचो प्रत्यक्ष अणभव घेवपी रॉक्सी विंगडच जगांत वावरूंक लागलो. हळुहळू दोगांय मदली संवकळ वाडली. आमीदादय वाडली. तातुंतल्यान रॉक्सीन चॅल्सीयाचो सगलो फॅमिली बॅकग्राऊंड जाणून घेतलो. ताचो बापूय एका युरोपेव मल्टीनॅशनल कंपनीचो मुखेली म्हणून अस्तंत भारतभुंयेंतल्या ह्या सर्गांत रावंक आयिल्लो. ताका गोंय इतलें आवडिल्लें की ताणें हांगच्यानच सगळो बिझीनेस सांबाळपाचें थारायलें. आपले फॅमीलीक घेवन हांगा आयिल्ल्या मिस्टर जॉन्सनान आपले धुवेक चॅल्सीकय हांगाच शिकोवपाचें थारायलें.

दोगांयची आमीजाद दोगांयच्याय घरच्यांनी मानून घेतली. त्या वर्साच्या व्हॅलेंटायन डेक तांबड्या गुलाबांचो बुके दितना रॉक्सीन चॅल्सीयाक दिमी मारून प्रपोज केलें. खोशी जाल्लें तें बुकेसयत रॉक्सीच्या

वेंगेंत विरगळ्ळें. इतलो तेंप ओंठाभायर न सरिल्ल्या उतरांनीं आपलो मोग उक्तावन ताणीं व्हेलेंटायन डे मनयलो. अस्तंत देसांतलें चॅल्सीया सहजतायेन रॉक्सीच्या गळ्यांत पडलें... न्हय पुरायपणान सुवादीन जालें. मोगाचो शेवट लग्नांत जावचो ह्या संस्कारांत वाडिल्लो रॉक्सी चॅल्सीयाच्या आवेगा सामकार व्हांवलो. चीज आनी मांसाचेर पोशिल्ल्या चॅल्सीयाच्या धुसमुसळे मस्तेचेर खूश जाल्लो रॉक्सी धुंद जालो. दोन कुडी एकठांय आयल्यो. हाची परती परती पुनरावृत्ती जायत दीस सोंपूंक लागले. उदेंतेकडची 'दमन' परंपरा अस्तंतेकडच्या 'शमन' रितीसामकार हारली. कुडीच्या सुखामुखार हेर सुखां किंकोंत मानपी चॅल्सीयाच्या आकर्शणांत रॉक्सी घुस्पत गेलो.

मोग आनी भोग हांचो घुस्पागोंदळ जालो. तरी आपूण एक ना एक दीस चॅल्सीयाकडेन काजार जावपाचोंच ह्या टेंपररी नात्याक आपूण समाजमान्यतायेन नात्याचें नांव दितलोंच ह्या विचारान रॉक्सी कुडीचें सूख भोगत रावलो. एम. बी. ए.ची डिग्री हातांत पडली की शिर्वीस शेर्त... आनी शिर्वीशेचें जालें की चॅल्सीयाक रितीन मागणी! ह्या सपनांत रॉक्सी गुल्ल जावन जगतालो. एक्झामी जाले उपरांत आशिल्ल्या दोन म्हयन्यांचे सुटयेंत चॅल्सीया आनी आवयचें जर्मनीक वचून येवपाचें थारलें. दोन म्हयन्यांच्या ह्या विरहाच्या दिसांनीं शिर्वीस सोदपाचें मनांत धरून रॉक्सीन जड मनान चॅल्सीयाक रकाद दिलो. लुफ्तान्साचें विमान तांकां घेवन भुर्रकन उडलें. रॉक्सी जड पायांनीं आनी भरिल्ल्या काळजान घरा परतलो.

इमेल, स्कायप, मोबायल, फेसबूक हांचेवयल्यान दोगांय खिणांखिणांक एकामेकांक कॉन्टेक्ट करतालीं. पूण हळुहळू रॉक्सीक जाणवूंक लागलें की चॅल्सीयाची आपलेविशींची ओड कमी जायत वता. तें आपूण जावन केन्नाच फोन करिना जालें. रॉक्सीन केल्यार कितेंय कारण सांगून फोन बंद करपाक लागलें. हळूच आपलो इ. मेल ॲड्रेस ताणें चेंज केलो. मोबायल नंबरूय दुसरो घेतलो. फेसबूक अकाउंट अचकीत बंद केलो. आपूण आनी रॉक्सी हाचे मदलो दरेक धागो चॅल्सीयान कापून उडयलो म्हळ्यार अतिताय न्हय. रॉक्सी सामको बेजारलो, पिसावलो. जीव दिवंचो वा कोणायचो तरी जीव घेवंचो असल्या व्हॉल्तार पावलो. ताच्या सुशिक्षीत आवय-बापायन ताका सांबाळून घेतलो. अस्तंत आनी उदेंत हांचे परंपरांतलो फरक ताणीं ताका समजावन सांबाळून घेतलो. हळुहळू रॉक्सी नॉर्मल लायफ जगपाक लागलो. तरी तो चॅल्सीयाक आनी ताचे घालयिल्ल्या दरेका खिणाक विसरूंक प ना. काळजाच्या एका कुरकुटांत ह्यो स यादी ताणें लिपोवन दवरल्यो. चेऱ्याचे मुखोटो चडोवन तो नार्मल जाल्लें दाख लागलो. अचकीत... सावरतल्या रॉ जिणेंत परत चॅल्सीया आयलें... एका पत्र रुपान. दोन-चार पानांचें तें पत्र वाचून रॉ शेळो घाम फुटलो. ताका कुलकुलून आयलो. जबरदस्त मानसीक धक्क्याचो थारिल्लो रॉक्सी मिटरभर दोरयेच्या कुड मानेभोंवतणी वेळावन जीण सोंपोवन बसत

पोस्टमॉर्टेमाचो आयिल्लो रिपोर्ट व रॉक्सीच्या सुशिक्षीत आवय-बापायक क नाक बुडोवन जीव दिवंचो काय जालो. र एच. आय. व्ही. पॉझीटीव्ह आशिल्लो. अ जरी एड्स जावंक नाशिल्लो तरी पॉझिटीव्ह उतराचे भिरांतेन रॉक्सीन आपली उ हुमकळायली. कांय तेपा उपरांत रॉक्सी आवय-बापायक ताचे डायरेंत दवरि चॅल्सीयाची निमणी चीट मेळ्ळी. ते चि चॅल्सीयान मेकळेपणान रॉक्सीन दिल कुडीच्या सुखा खातीर ताचे उपकार मानि ताणें कबूल केल्लें की तें स्वत: एच. अ व्ही. पॉझीटीव्ह जाल्ल्यान ताच्या देसांत तें सुखा पासत पयस उरिल्लें. ताच्या देस दरेकाक हेल्थ कार्डाचें कंम्पल्शन जाल्ल तें आपले पॉझीटिव्ह चिन्नाचें हेल्थक कोणाकच दाखयनाशिल्लें. आनी देखून दाद पासून पयस उरिल्लें.

चीट वाचतनां रॉक्सीच्या प्रोफे आवयक आनी आदवोगाद बापायक स्वत:च लज दिसपाक लागली. गोरे चामडेक भुलि रॉक्सी कितेंय सुरक्षित साधनां वापरूंक लेग विसरिल्लो. आनी चॅल्सीच्या 'वेलकम टु वर्ल्ड ऑफ एड्स' ह्या येवकाराक भियेव आपली जीण सोपोवन मेकळो जाल्लो.

श्राद्ध

श्राद्दाक पित्रांक
खाण जेवण वळे
तें सगट अग्नीन गिळे
दवर्लेली वयास्पट
कैळान खेली
परत
उबून वताना
कैळान सांगलें
अनि अमी वर्ष
पुराय उपाशी !

पित्रांक कितें कळ्ता?
सबाव येवन घावनु
पोट भरुन वचूका
श्राद्दाक पित्रांक
खाण जेवण वाडून काडचे
कष्ट नष्ट !

तें तनीं घेव्चें
जिविताचें सौख्य

– पी. एन. शिवानन्द शेणै
कोची.

ताण रे व्हडें

ताण ताण ताण रे व्हडें
तारया व्हडें ताण
म्हाका पलतडीं पावय
तुजेकडेन पावपाची
आतां लागल्या रे ताळण
भंवसागर हो
दुखाचो कश्टाचो
कसो हुपचो सांग
तूं पार्थ परमेश्वर
व्हडें बेगीन ताण
पयस पयस पलतडीं
म्हजेखातीर सजला पळय
देवरंभेचो धालां मांड

आयज खूब तेंपान
म्हजे दर्याक
सांसपून आयलें
ताचे मायेची
उब घेवन आयलें
तो हुंडकेतालो खरो
म्हजे खातीर
काय
आमचे खातीर
तें मात कळ्ळें ना
थाव कसोच
लागलो ना...

– अन्वेषा सिंगबाळ
मडगांव – गोंय.
मो. : ९९२३४४२७४६

– राजश्री महाबळेश्वर सैल
फा. आग्नेल कॉलेज,
पिलार.

मळब

मळब फुटलें
आनी काळजांत ओतलें
काळीज निर्वस्त्र जालें
तें अनंत झऱ्यांनी व्हावलें
तातुंतल्यान अग्नी जल्मलो
ताणें सगळेंच पेटयलें
हांवूय नानपयत जालों
आतां तूं फूट
आनी ओत म्हज्या थड्यार
हांव परतून जल्मतां
मागीर हांव फुट्टां
आनी ओततां तुजेर दडकांनी
तुका नानपयत करतां... सासणाचो

विध्वंस असोच जल्मता...

– आर. रामनाथ
एम-ओ-६,
गोवा हाऊजींग बोर्ड,
कुर्टी – फोंडा, गोंय.
मो.:९८५०४५८७६३

सैमाचो खेळ

शेतांतल्या बांदावयले माड, एके लायनीन हालतात
जशे काय वाऱ्या वांगडा, ते खो खो खेळटात

न्हंयचें उदक खळखळत, एके दिकेन व्हांवता
धरचेल्यांनी खेळावरी, कोणाक धरूंक धांवता

मळबांतलीं कुपां लेगीत, अदींमदीं लिपतात
घडये तीं आपलेमदीं, आपा-लिपा खेळटात

दर्याचीं ल्हारांय बी, रेंवें फाटल्यान येतात
कबड्डींतल्या खेळावरीं, रेंवेक ओडूंक सोदतात

सैमाचो असलो खेळ, सदांच चालू आसता
तो तोखेवपाक आमचेकडें, वेळ मात नासता

– शेखर र. पै धुंगट
करंजाळें – गोंय
मो. : ९३२६०१७०५५

पयस सारूं नाका

तुका पळोवन म्हाका
अर्थ कळ्ळो मोगाचो
ल्हवूच आंगणांत म्हज्या
चंद्रीम देंवलो पुनवेचो
खिणयाळे भेटेन तुजे
पिसो म्हाका केलो
सपनां मनांत रंगयत
धुंद हांव जालों
याद तुजी येता मोगा
तुजेविणें कोण ना म्हाका
म्होंवाळ तुजे यादींनी
अचळय दोळ्यां येतात दुकां
यो मोगा तूं म्हाका
पयस केन्ना सारूं नाका
तूंच म्हजी मोगा-देवी
पंचप्राण दिल्यात तुका
ओंठा वयलो हांसो तुजो
दोळ्यां येवन लिपलो
मोग कुड्डो आसता सांगून
काळीज म्हजें जिखून गेलो
आयज...
लिंबोणीच्या झाडा फाटल्य
चंद्रीम आपालिपा खेळट
आयुश्याची जुळयत सप्तप
हांव जिणे गणीत मांडटां

– अतुल र. पंडि
मडगांव – गो
मो. : ९६२३२६९०१

गोंयकारपणाची सया मिरयत ४४वो इफ्फी दबाज्यान उलगलो

४४वो इफ्फी म्हळ्यार ४४वो भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव मोठ्या दबाज्यान उलगलो. आंतरराष्ट्रीय स्तराचेर ४४वो आनी गोंयचे फाटभूंयेर १०वो इफ्फी जाका म्हणू येता त्या इफ्फीक २० नोव्हेंबराक आरंब जालो. इफ्फीची नविदाद आतां गोंयकारांक उरूंक ना. इफ्फी म्हळ्यार गोंयकारां पासत आतां एक वर्सुकी फेस्तूच जालां. गोंयच्या सायबाचें, पणजेचे सायबिणीचें जशें फेस्त आसचें आनी फेरयेवाल्यांनी त्या फेस्ताची नोंद आपल्या मनांत दवरून दरवर्सा २० डिसेंबराक इफ्फीथळार गर्दी करची ही गजाल आतां संवकळीची थारल्या.

२००४ वर्सा गोंयांत इफ्फीचें आगमन जालें त्या वेळचे मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हाणीं इफ्फी गोंयांत येवचो म्हुण खूबूच तकालस घेतिल्ली. युध्द पातळीचेर साधन सुविधायो उबारिल्ल्यो. तांची ते खातीर सगळ्या थरांतल्यान तोखणायूय जाल्ली. आयज लेगीत इफ्फी गोंयांत हाडिल्ल्या पासत पर्रिकाराकडेन लोक गोंयचे इफ्फीचो जनक म्हुण पळयतात.

इफ्फी कोणे हाडलो आनी ताचें श्रेय कोणाक वचूंक जाय ताका तसो व्हडलोसो अर्थ नासलो तरी इफ्फीक लागून गोंयचें नांव आयज संवसारभर गाजता. कान्स म्हळ्यार कितें? हें जांकां खबर नाशिल्लें तें थंय आयोजीत जावपी चित्रपट महोत्सवाक लागून 'कान्सच्चें नांव आयज जगभर जालां. तशेंच इफ्फीक लागून गोंयचें नांव संवसारभर पातळ्ळां. आतां इफ्फीचें कायम थळ गोंय जाल्ल्यान फुडाराक इफ्फीच्या नांवान गोंयांत उदरगतीचे विंगविंगड प्रयोग जातले आनी गोंयचो पर्यटनथळ म्हुण आयज जितलो फायदो आसा ताचे परस कितले तरी पटीनी चड फायदो गोंयाक जावपाचो आसा. फाटल्या १० वर्सांत इफ्फीच्या वावराचो नियाळ घेत जाल्यार हें नदरेक भरता.

गोंयांत इफ्फीचें आयोजन करपाचो निर्णय जालो, तेन्ना वेगवेगळ्या स्तरांतल्यान वेगवेगळे सूर ते काळार आनी उपरांत दर वर्सा येवंक लागिल्ले. कोणाक तें भाजपाचें राजकारण दिशिल्लें तर कोणाक गोंयचें दिवाळें काडपी धवो हत्ती! पूण आयज जेन्ना जाणकार हाचेर भासाभास करतात तेन्ना इफ्फी फाटलो उद्देश्य गोंयांक 'फिल्म डेस्टिनेशन' म्हुण मुखार हाडप, थळाव्या पर्यटनाक उर्बा दिवप, जमता जाल्यार राज्यांत सिनेमा संस्कृतायेचें मुळावण घालून चित्रपट उद्योगाक चालना दिवप इतले पुरतो मर्यादीत आशिल्लें म्हणपाचें दिसून येता. फाटल्या धा वर्सांत इफ्फींत सुदारणा घडत वचून आयज धावो इफ्फी उलगलो तेन्ना हें

उद्दीश्ट पुर्णायेकडेन वता म्हणपाचें मान्य करूंक जाय!

अंदूचो इफ्फी म्हळ्यार गोंयकारांनी इफ्फीविशीं जीं कांय सपनां बाळगिल्लीं ताची पुर्तताय म्हळ्यार अतिताय जावपाची ना. हो धा-इकरा दिसांचो गोंयांत घडपी धावो इफ्फी एकंदर महोत्सवाचेर गोंयकारपणाची कुरू दवरून गेलो अशेंच म्हणूंक जाय.

दर वर्सा इफ्फीक आरंब जालो आनी थारिल्ले कार्यक्रम गती घेवंक लागले काय ह्या महोत्सवांत वांटेकार जाल्ल्या प्रतिनिधींच्यो, समिक्षकांच्यो आनी वेगवेगळे हितसंबंध बाळगून आयिल्ल्या प्रत्येकाच्यो तक्रारी आनी अपेक्षा गती घेवंक लागतात. आतां इफ्फी म्हळ्यार गोंयां पुरतो आनी भारता पुरतो मर्यादीत आशिल्लो सुवाळो न्हय. तो भारतान आयोजीत केल्लो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव. ह्या महोत्सवांत पुराय संवसारांतले चित्रपट वेगवेगळ्या विभागांत आसपावन घेतात. तांचो आस्वाद घेवंक संवसारभरचे चित्रपट निर्माते, दिग्दर्शक, कलाकार, तंत्रज्ञ आनी आस्वादक मोठ्या प्रमाणांत येतात. हे खेप धा हजारां परस चड प्रतिनिधींची नोंदणी जाल्ली. ह्या धा-इकरा दिसांमदी स-साडेस हजार प्रतिनिधी ह्या महोत्सवाक येवन गेले. ते भायर आपले चित्रपट घेवन आयिल्ले लोक वेगळेच. हे सगळे लोक समविचारी आसतलेच अशें ना. जणएकल्याचो ह्या चित्रपट महोत्सवाच्या आयोजनाकडेन पळोवपाचो दिश्टीकोण वेगळो आसतलो, अपेक्षा वेगळ्यो आसतल्यो आनी आसूंक जाय. ते प्रमाणे तांचें ह्या महोत्सवाविशीं मुल्यांकनूय तांचे नदरेप्रमाण आसतलें.

इफ्फीचें उक्तावण नामनेची हॉलिवूड अभिनेत्री सुसान सारांडॉन हांचे हस्तुकी जालें. आता ही अभिनेत्री कितले तांकीची ती आमकां गोंयकारांक कळपाचें ना. पूण जाणकारांक खबर आसा. आमका व्हडले ते, आमी पळयतात त्या हिन्दी वेवसायीक चित्रपटांतले नायक आनी नायिका. आमचे हे मानसिकतेंत आनी अज्ञानांत महोत्सवाचें यश कशेंच ताळमेळ जुळोवपा सारकें ना. हिन्दी सिनेमाभायर देशविदेशांत चित्रपट मळावेले दिग्गज आसात आनी तांच्या वावराची जांकां कल्पना आसा तांकां आमचे हिन्दी कलाकार कितले ल्हान तें कळटलें. म्हणटकच उक्तावण सुवाळ्याक कोणाक हाडलां? अशें विचारप्यांक जाप दिवपांत अर्थ ना.

आमी भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव कित्याक आयोजीत करतात हें सांगतना उक्तावण सुवाळ्याच्या भाशणांत केंद्रीय म्हाय आनी प्रसारण राज्यमंत्री मनिष तिवारी हाणीं समर्पक उतरांनी संवसार संदेश धाडलो. 'चित्रपट महोत्सव आमची विविधताय, लोकशा विचार आनी अभिव्यक्ती स्वातंत्र्य आनी परंपरेचीं मुल्यां घटमूट करत अशे तरेचे महोत्सव आयोजीत करून भारताचीं हीं मुल्यां संवस मुखार हाडपाचो हो यत्न आसा.' आमचो चित्रपट महोत्सव हो फोल मारपाचो उत्सव न्हय तर ताचे फाटल्यान एक निश्चित मोख आस तीच मोख ह्या उक्तावण सुवाळ्यांत लोकां मुखार आयली.

इफ्फींत दर वर्सा एक मुद्दो चर्चेक येताच. गोंयाक हो महोत्स परवडटा व्हय? गोंयकारांमदीं तो घडोवन हाडपाची तांक आसा व्हय हो महोत्सव दुसरेकडेन हालोवंक जाय बी. पूण आतां हे मुखार ही च जावपाची गरजूच ना अशें वातावरण दिसूंक लागलां. फाटल्या धा वर्सा इफ्फी गोंयांत रुजला. थिरावला. ह्या महोत्सवाचें उत्कृश्ट पध्दतीन दर्जेदार स्वरुपांत आयोजन जावंचें देखून गोंय सरकार दर वर्सा प्रय करता. तातूंत सरकाराक येसूय आयलां. ह्या वर्साच्या उक्ताव सुवाळ्यांत उलयतना गोंयचे मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारान फुडल्या वस सावन स्वतंत्र सिनेमा सभाघर आसतलें म्हणपाचें घोशीत केलें. फाटल्य सगळ्या इफ्फीं परस ह्या वर्साचे इफ्फीक लोकांक चड सुविधाय उपलब्ध जाल्यात आनी फुडल्या वर्सा तातूंत आनीकय सुदारणा जातल अशें मुख्यमंत्री सांगता. हाचोच अर्थ ती जातली हातूंत दुबाव ना म्हणटकच अंदू धा वर्सांचो काळ पुराय केल्लो इफ्फी फुडाराव चडांतचड प्रगल्भ जायत वतलो आनी ताचो गोंयांक नक्कीच फायद जातलो.

'इफ्फी ४४' तसो भोवतेक लोकांक आवडला. आयोजनांतल्ये ल्हान-ल्हान चुको आडनदर केल्यो जाल्यार सिनेमा ऑफ द वर्ल्ड उक्तावण आनी समारोपांतले सिनेमा, उक्तावणा वेळावेलें पं. बिरज महाराज आनी तांच्या पंगडाचें दोळे दिपकावपी नृत्य, सतींतलो विभाग हेर विदेशी भास विभाग, भारतीय सिनेमाची निवड हें सगळेंच नविदादीचें आशिल्लें. 'सिनेमा ऑफ द वर्ल्ड' बिभागांत आशिल्ले सगळे म्हळ्यार ६७ चित्रपट 'प्रीमियर' आशिल्ले. ह्या महोत्सवांत ते पळोवपाचें भाग्य रसिकांक मेळ्ळें. ईशान्य भारतांतल्या चित्रपटांचें विभाग पयलेच खेप हे इफ्फींत केल्लो पळोवंक मेळ्ळो. तातूंत ईशान्य

वाठारांतल्या ८ राज्यांतले १९ चित्रपट वांटेकार जाल्ले. फुडले वर्सा सावन देशांतल्या दरेक राज्यांखातीर अशे वेगवेगळे विभाग आसतले अशें मनरिजवण संस्थेचे उपाध्यक्ष विष्णू वाघ सांगतात. म्हणटकच गोंयचोय खाशेलो विभाग आसतलो आनी त्या विभागांत अंदू परस चड गोंयचे चित्रपट चित्रपट रसिकांक पळोवंक मेळपाची आस्त आसा.

मती तितली भिन्नता जरी इफ्फींत दिसली तरी अंदूच्या इफ्फींत पुराय महोत्सवाचेर गोंयकारपणाची सया दिसली हीय तितलीच खरी गजाल. म्हजो मित्र, ह्या वर्साच्या फिचर फिल्म विभागाचो एक ज्युरी श्री. अशोक राणे म्हाका दर इफ्फीक मेळटा तेन्ना सांगता, गोंय हें फक्त आयोजक म्हुण उरूंक फावना. हे मातयेंतले चित्रपट तयार जावंक जाय, कलाकार, निर्माते, दिग्दर्शक, तंत्रज्ञ जावपाक जाय, हांगा जावपी इफ्फी हो गोंयचे भुंयेचो प्रभाव आशिल्लो इफ्फी जावंक जाय. शॉर्ट फिल्म विभाग जो बंद जाला तो पर्थून सुरू करूंक लावंक जाय.

गजाल खरी आसा. शॉर्ट फिल्म सेंटर आनी छोटा सिनेमा हें माध्यम नव्या लोकांक चित्रपट माध्यमांत हाडटा. ल्हान ल्हान फिल्मा करूनच व्हडलीं फिल्मां करपाची स्फूर्त फावो जाता. बंद केल्लें शॉर्ट फिल्म सेंटर पर्थून सुरू करपाचो विशय अंदूचे इफ्फींत चर्चेक आयलो. शॉर्ट फिल्म सेंटर कित्याक बंद केलें. तें बंद करपाक गोंय सरकाराचेर कोण दबाव हाडटा हाचीय चर्चा जावंक जाय आशिल्ली. तरी फुडले इफ्फीक शॉर्ट फिल्म सेंटर सुरू जातलें ही एक खोसयेची गजाल. म्हज्या सारख्या ह्या मळार वावरूंक सोदपी गोंयकारांक तरी!

जशें हांवें वयर सांगलां तशें अंदूचे इफ्फीक वता थंय नदरेक पडटालें तें गोंयकारपण. हें गोंयकारपण देश-विदेशांतल्या प्रतिनिधींच्या नदरेक भरचें म्हुण वावुरपी पड्ड्या फाटल्या कलाकारांचें मनरिजवण संस्थेचे उपाध्यक्ष विष्णू वाघ हाणीं हेच इफ्फींत भोवमान केलो. फाटल्या णव वर्सांच्या गोंयच्या इफ्फीच्या इतिहासांतली म्हाका दिसता ही पयलीच घडणूक. नातर 'फिल्म संस्कृती' ही अशी जंय मनीसपणाक व्हडलोसो अर्थ नासता. मनीसपण बी उप्पाट दिसता तें फकत पड्ड्याचेर सिनेमांतले कथेंत. पूण वास्तवांत हे संस्कृतायेंत 'पैसा फेंको तमाशा देखो' मुखेलपणान अणभवाक येता. दाम उडोवप आनी काम करून घेवप. तो मागीर केदोय व्हडलो कलाकार आसूं वो एक ल्हानसो तंत्रज्ञ आसूं.

अंदूचो इफ्फी चडांत चड आकर्शक जावंचो देखून खूबशे कलाकार पड्ड्या फाटल्यान वावुरल्यात. विष्णू वाघ सांगता त्या प्रमाणे ताणीं उण्या दामांत काम केलां. आपलें काम म्हुण वावुरल्यात. कला अकादमीच्या आवारांत काजूफेणीची भाटी, काजू पुंजावप, त्यो मळप हाचो देखावो केल्लो. पुराय दयानंद बांदोडकार मार्ग विद्युत रोशणाईन सजयल्लो. माचयेची मांडावळ नदरेक भरपा सारखी आशिल्ली. गोंयचो पारंपारीक वेवसायीक नुस्तेकान्न, पदेर, रेंदेर हांच्यो प्रतिकृती दिसताल्यो. गोंयची सैमीक गिरेस्तकाय सांगपी माटोळी मिडिया सेंटरच्या भायर तयार केल्ली. ह्यो असल्यो गजाली देश-विदेशांतल्यान जे कोण प्रतिनिधी येतात तांचे पासत अप्रूपाच्यो आसतात. तांका हांगचे संस्कृतायेची वळख जावंक पावता.

फाटले इफ्फी सावन अरूणा वाघान इफ्फींत गोंयचे अन्न संस्कृतायेचो बावटो उबयलो आनी तो इफ्फी प्रतिनिधीनी तोखेलो. गोंयांत जे कोण भायले लोक येतात तांकां थळाव्या जेवणाची रूच चाखपाची आसता, हांगची अन्नसंस्कृताय समजून घेवपाची आसता. हॉटेलांत तें शक्य ना. हॉटेलां वेवसायीक. नेपाळचो रांदपी गोंयची शीत-कडी, ताल्ल्यांचें, तिसऱ्यांचें सुकें रांदूंकच शकना. तांकां जाय गोंयच्योच सुगरणी. अरूणा वाघाच्या फुडारपणा खाल 'गोवन आस्वाद' बॅनरा खाला गोंयच्यो सुगरणी इफ्फीच्या आवारांत सोयऱ्यांक तरातरांचे रूचीक पदार्थ वाडटालीं. हय, ताका वाडपूच म्हणपाचें. दिल्ल्या अन्नाचे पयशे जरी घेवप जातालें तरी गोंयकार आनी विशेश करून खेड्यांतल्यान आयिल्ली गोंयकार बायल मनीस, जावं ती हिन्दू वो जावं किरिस्तांव, सोयऱ्यांच्या पानार अन्न घालतना काळीज ओतूनच घालतली. गोंयची सरबराय संस्कृताय ती!

अशया ह्या गोंयकारपणांत मुखेल लक्ष ओडलें तें गोंयचे फाटभूंयेर तयार जाल्लीं वो कोंकणींतल्यान तयार जाल्लीं फिल्मां. सर्ती खातीर आशिल्लें 'कॉफीन मेकर' हें ह्या महोत्सवांतलें चर्चेतलें फिल्म. ह्या फिल्मांत पुराय गोंयची संस्कृताय पावला पावलाक दिश्टी पडटा. कोंकणी, हिंदी, इंग्लीश अशी भाशीक मिसळ आशिल्लें हें फिल्म आसलें तरी कोंकणी फिल्म, गोंयचें फिल्म, गोंयचे मातयेंतलें फिल्म असोच ताचो छाप हें फिल्म पळयतल्याच्या मनाचेर पडटा.

ते भायर मनरिजवण संस्थेन गोंयच्या चित्रपटांचें खाशेलें प्रदर्शन इफ्फीच्या निमतान केल्लें. मोर्तु, सुरींग, गुणाजी, बागा बीच ह्या सारख्या कोंकणी फिल्मांचो आस्वाद इफ्फी प्रतिनिधींनी घेतलो. कोंकणी फिल्मनिर्मणेचें मोस्त्र ताणीं पळयलें. ह्या सगळ्या गजालींची सया अंदूचे इफ्फीचेर पडिल्ली भावताली.

इफ्फीचो लाव संवसारभरच्या चित्रपट मळावेल्या लोकांक जाता. ज्या गोंयांत हो महोत्सव भरता थंयच्या पर्यटन उद्योगाकूय ताचो हातभार लागता. ह्या इफ्फीच्या निमतान जर गोंयच्या सर्वसामान्याच्या जिविताक उभारी मेळ्ळी, कलाकारांक आपली कला दाखोवंक संद मेळ्ळी जाल्यार इफ्फीचें हेंच यश म्हणपाचें! अंदूच्या इफ्फीत ताची सया जाणवताली. ❑

बिम्ब पुरस्कार २०१३

ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार यादस्तीक पुरस्कार

(रु. २५,०००/- शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली

नं. ध. बोरकार

नं. ध. बोरकार म्हळ्यार कोंकणी साहित्याच्या मळार, विशेश करून कादंबरीच्या मळार आपलें खाशेलेंपण निर्माण केल्लें व्यक्तीमत्व! कोंकणी साहित्यांत तांणी जरी उसरां पावल घाल आसलें तरी तांच्या पावलांच्यो कुरवो ह्यो साहित्य जाणकारांक आडनदर जायनात.

सुर्वेक मराठींतल्यान लेखन करपी नं. ध. बोरकार हाणीं 'बिम्ब' मासिकांतल्यान ललित आनी कादंबरी लेखनाक आरंब केलो. आतां मेरेन तांचीं मम्मी, वावराडी अशीं दोन नाटकां, पोको, समर्पण, गोंदू आनी बावकें ह्यो चार कादंबऱ्यो तशेंच कुळागरांतलो सर्गानंद हो ललित निबंदाचो झेलो उजवाडाक आयला. तांचे 'पोको' हे कादंबरीक मणिपालच्या डॉ. टि. एम्. ए. पै फाऊंडेशनचो २००६ वर्सांचो उत्कृश्ठ साहित्याचो पुरस्कार लाभला.

बिम्ब मासिकांतल्यान सातत्यान जावपी तांच्या लिखाणान खाशेलो वाचकवर्ग निर्माण केल

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय यादस्तीक लोककवी पुरस्कार

(रु. १०,०००/- शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली

माधव बोरकार

माधव बोरकार फाटलीं चार दसकां सातत्यान कविता बरयतात. 'चंवर', 'वताच्यो सावळ्यो', 'उजवाडाचो रूख', 'पर्जळाचें दार', 'यमन', 'अव्यक्ताचीं गाणीं' आनी 'सिम्फनी' अशे सात कविता संग्रह आतां मेरेन उजवाडाक आयल्यात. ते भायर अणकाराचीं २ पुस्तकां प्रसिध्द जाल्यांत.

'यमन' ह्या कविता संग्रहाक आनी रवीन्द्रनाथ टागोरांच्या कवितांच्या अणकारा खातीर साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.

पद्मश्री डॉ. र. वि. पंडित यादस्तीक काव्य चेतना पुरस्कार

(रु. ५,०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली

नुतन साखरदांडे

पूर्वाश्रमीच्यो नूतन सुखठणकार. कोंकणी कवितेच्या मळार फाटलीं तीन दसकां एक आघाडेची कवयित्री म्हुण वावुरतात.

तांचो 'जीण जाली कस्तुरी' आनी 'पासवर्ड' अशे दोन कविता संग्रह उजवाडाक आयल्यात. 'जीण जाली कस्तुरी' ह्या संग्रहाक अखिल भारतील कवयित्री संमेलनाचो कविता पुरस्कार फावो जाला.

बिम्ब पुरस्कार २०१३

विजयाबाय सरमळकार यादस्तीक बालसाहित्य पुरस्कार

(रोख रु. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्ह)

मानेली

नयना आडारकार

नयना आडारकार ही कोंकणींतली एक नामनेची कवयित्री. कविते भायर ताणी ललित लेखनूय केलां. तांचो 'पोवना' हो निबंद संग्रह उजवाडाक आयला. 'स्पंदन' हो अणकारीत कथांचो संग्रह उजवाडाक आयला. सुनापरान्तांत उपसंपादक म्हुण पत्रकारिता करपी नयना आडारकार सातत्यान ललित लेखन करतात. पूण तांचें योगदान चड बालसाहित्य निर्मितींत आसा. तांचीं आतां मेरेन १३ बालसाहित्याची पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. ताणीं गोंयांत आनी गोंयां भायर काव्य संमेलनानी वांटो घेतला. तांच्या 'मनसांवर' ह्या काव्यझेल्याक डॉ. टि. एम. ए. पै फाऊंडेशनाचो पुरस्कार लाभला. त्या भायर कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादेमी, डॉ. चंपा प्रसाद पुरस्कार, काव्य सेवा पुरस्कार, श्रीमान अरविंदाश्रम पुरस्कार, राष्ट्रभाशा गौरव पुरस्कार अशे साबार पुरस्कार फावो जाल्यात.

शंकर भांडारी यादस्तीक विनोदी साहित्य पुरस्कार

(रु. ५,०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्ह)

मानेली

सुमेधा कामत देसाय

सुमेधा कामत देसाय कोंकणी आनी मराठी साहित्यांत प्रवासवर्णन, ललित लेखन विशेश करून विनोदाची सया मारपी लेखन करपी म्हुण वाचकां मदीं नामनेक पावलां. ताचीं 'विवेकानंद पुरमात' प्रवास वर्णन जाका गोवा कला अकादमी तशेंच डॉ. टि. एम. ए. पै फाऊंडेशन मणिपाल हांचो पुरस्कार फावो जाला.

'शेवण्या पिपुश्या' ह्या ललित निबंदाच्या पुस्तकाक केरळच्या भाशा परिशदेचो सरस्वती पुरस्कार लाभला. मराठींतल्या 'रानभूल' ह्या ललित लेखनाच्या पुस्तकाक गोमन्तक मराठी अकादमी आनी महाराष्ट्र राज्याचो पुरस्कार लाभला. 'नैनी डेज' हें तांचें आनीक एक प्रवासवर्णन. 'उपवन' ह्या ललित लेखनाच्या पुस्तकाक गोमन्तक मराठी अकादमीचो पुरस्कार. तशेंच 'चित्रंगी' ह्या ललित लेखन संग्रहाक बेळगांवचो सांगाती पुरस्कार लाभला.

निमंत्रण

'बिम्ब' मासिक तपपुर्ति आनी 'बिम्ब' पुरस्कार भेटवण सुवाळो

नमस्कार,

'बिम्ब' मासिक ह्या वर्सा एक तप पुराय करता. हे नदरेन ह्या सुवाळ्याक एक आगळें म्हत्व आसा. तुमी बिम्ब परिवाराचे एक घटक. तुमी वर्गणीदार म्हुण, सातत्यान बिम्बात बरोवपी म्हुण, आर्थिक घटाय दिवपाक जायरातदार म्हुण आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार बिम्ब मासिकाचे वाचक म्हुण आपलें नातें दर म्हयन्याक घट करीत रावल्यात. तुमका सगळ्यांक ह्या निमतान एकठांय मेळपे देखून हो सुवाळो आमी आयोजीत केला.

ह्या पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याक नामनेचे चित्रपट दिग्दर्शक आनी लेखक सईद अख्तर मिर्झा, उद्योजक आनी एनआरबी उद्योग समुहाचे अध्यक्ष नाना बांदेकार आनी गोवा कला अकादमीचे अध्यक्ष आनी सांत आंद्रे मतदार संघाचे आमदार तशेंच नामनेचे साहित्यिक विष्णू सुर्या वाघ हाजीर आसतले. तुमीय हें निमंत्रण व्यक्तीशा दिलां अशें मानून आयतार ता. २२ डिसेंबर २०१३ ह्या दिसा सांजेच्या ६ वसांचेर 'धर्म-लक्ष्मी, सांत लॉरेन्स, आगशी-गोंय हांगा हाजीर रावन आमचे वांगडा ही सांजवेळ सारवी.

तुमी कोणकोण येतले हें जर पयलीं एसएमएस करून कळ्यशात जाल्यार आमका आयोजना खातीर मजत जातली.

आमचो संपर्क नंबर : ९८२२१३६८८५/९८२२१६५२४०

दिलीप बोरकार
संपादक

कामिनी किणी
वेवस्थापक

Reaching new heights in Excellence

The House of Dempo, since its inception has been a pioneer in leading the industrial and social development of Goa and its people.

Maintaining a high level of "**Excellence**" in all its fields of endeavour has always been the guiding principle for the Group.

While the **Dempo Group** has been a leader in the field of Trade, Commerce, Industry, we have also channelised resources towards social responsibility with our commitment to the community in the fields of education, sport and environment.

The Group continues to evolve, creating and passing new goals with each successive year.

- Esmeralda Investments Pvt. Ltd.
- Sindhudurg Mining Corpn. Pvt. Ltd.
- Goa Carbon Ltd.
- Dempo Industries Pvt. Ltd.
  - Navhind Papers & Publications
- Aparant Iron & Steel Pvt. Ltd.
- Hindustan Foods Ltd.
- Dempo Shipbuilding & Engineering Pvt. Ltd.
- Marmagoa Shipping & Stevedoring Co. Pvt. Ltd.
- Dempo Travels Pvt. Ltd.
- Dempo Charities Trust
- Dempo Sports Club

DEMPO

DEMPO GROUP OF COMPANIES

Corporate Office: Dempo House, Campal, Panaji, Goa - 403001, India.
Tel.: 91-832-2226281-86 / 2441300 **Fax:** 91-832-2225098 / 2228588
Web: http://www.dempos.com **Email:** mail@dempos.com

DEMPO - PLACING GOA ON THE WORLD MAP

(पान नं. ३६ वेल्यान)

गोंयांत वतकीच कोणांकूय विचारचें पडटलें आनी म्हजो तो मकावा वयलो लेख वाचून खूब जाणांनी म्हाका आपणें मकावच्यान आयिल्लीं फस्कां, माराण, सेतीचो कपडो बी वापरला म्हुण मुजरत सांगिल्लें. पूण म्हज्या घरांत म्हज्या आलमारींत हो कपडो आशिल्लो आनी हांव भायर सोदतालें.

म्हजे मांयन आनी नणंदेन गांठयिल्लीं आनीकूय सुंदर सुंदर कपयाळीं आशिल्लीं. नखेत्रांच्या मोदीचो माणो तर सुंदरच दिसतालो. तो माणो पळयल्यार कपयो गाठोवन तयार केला अशें दिसच नाशिल्लें. तीं नखेत्रां म्हळ्यार कपड्यांवयलो प्रींट कसोच दिसतालो. हाचे भायर आनीकूय कपयाळीं आशिल्लीं.

म्हज्या चल्याच्या बारशाकूय ताका खूब कपयाळीं आयिल्लीं. म्हजे आवयन तर म्हज्या बारश्याक म्हजे आजयेन, मावशेन, आवयचे मावळणीन दिल्लीं कपयाळीं जीं तिणें इतलीं वर्सां सांबाळून दवरलेलीं तिंवूय दिल्लीं. ते भायर नणंदांनीं, मावश्यांनी दिल्लीं कपयाळीं खूब आशिल्लीं. तातुंतलीं थोडीं हांवें चल्याखातीर वापरलीं आनी उरिल्लीं कोणाक कोणाक दिवन उडयलीं. नवीं कपयाळीं जीं मशिनाचेर गांठायल्लीं तीं कोणाकूय दिवन उडयल्ल्याचें पिकासांव जालें ना. पूण ४० वर्सां पयलींचीं कपयाळीं गेल्ल्याचें मात खूब वायट दिसलें. तरी थोडीं पोरणीं कपयाळीं हांवें काळजाक खंय तरी लागींची म्हुण दवरिल्लीं ती याद जाली. तातूंत म्हाका म्हजे आजयेन केल्लें एक कपयाळें, मावशेन केल्लो फुलपाखो, नणंदेन आपल्या भुरग्यांक केल्लीं कपयाळीं, माजर, पोपट, कोंबडी आशिल्लीं. जावं म्हळें डॉक्युमेंटेशनाक व्हरपाक कितें तरी हातांत आसा. सगळींच पोरणीं कपयाळीं दिवन उडोवना.

डॉक्युमेंटेशन जालें आनी एक दीस गोंय राज्य वस्तुसंग्रहालयांत चाळीस वर्सां पयलींच्या गोजड्यांचें आनी कपयाळ्यांचें प्रदर्शन भरलें. म्हज्या घरांतल्यो गोजड्यो, कपयाळीं प्रदर्शनांत आशिल्लीं म्हणटकच हांव मुजरत प्रदर्शन पळोवपाक पणजे गेलें आनी सामकें भारावन गेलें. आमच्या जाण्ट्यां बायलांनी केल्लीं हीं सोबीत कपयाळीं म्हळ्यार गोंयच्या संस्कृतायेचें एक आंग म्हळ्यार जाता. भारतांत गोंयाभायर आनी खंयच असल्या मोदीचीं कपयाळीं करपाची पद्धत ना. प्रदर्शनांत आशिल्लीं कपयाळीं सामकीं पळोवण्या सारकीं. ७५ वर्सांपयलींचे बावल्या बावलेच्या मोदीचें कपयाळें थंय आशिल्लें. म्हजे आजयेन केल्लें उंड्याच्या डिजायनाचें कपयाळें कोणाक दिलें म्हणून म्हाका वायट दिसतालें. पूण कातऱ्या पाव म्हणून तेच मोदीचें कपयाळें थंय आसा तें पळोवन म्हाका खूब बरें दिसलें. ना जाल्यार गोंयचे मातयेचो सुवाद आशिल्लो एक नमुनो शेणून वतलो आशिल्लो.

ते फिरंगी गेले आनी ते उंडेय गेले अशी एक म्हण आसा. पूण हांगा तशें जालें ना. उंड्याच्या आकाराच्यो कपयो कापून त्यो गांठावन केल्लें कपयाळें म्हळ्यार त्या तेंपावयल्या बायलांच्या उत्कृश्ठ कल्पनाशक्तीची एक झलक. आमच्या आजये पणजेन केल्लीं हीं कपयाळीं काळाच्या चपक्यांत खंय तरी ना नपयत जावन वतलीं आशिल्लीं. तांचें डॉक्युमेंटेशन जाल्ल्यान कपयाळ्यांचो इतिहास सोदतना फुडले पिळगेक निदान तीं पळोवंक तरी मेळटलीं.

व्हडीं, ल्हारां, साळकां, पापलेटी, अनसां, बदकां, कासव, दिवल्यो, रांगोळ्यो, कोंबयो, बुडकुले हे नमुने तर खासा गोंयची प्रादेशीक अस्मिताय दाखयताले. गाढव, चॉकलेटी, फुलापाखे, मोर, पतंग, बॉल, कलश... पन्नास, साठ वर्सांपयलींच्यो गोजड्यो सगळेंच सामकें अवर्णनीय. पऱ्यांच्या देशांत बी गेल्लेभशेन! हय, खरेंच म्हाका हांव ॲलिस बी आशिल्ले भशेन दिसूंक लागलें आनी वन्डरलॅन्डांत भोंवता म्हणून! थंय प्रदर्शन पळोवंक आयिल्ल्यो कपयाळ्यांच्यो जाणकार बायलो तर 'आवयस्स! हो डिजायन हांवें केन्नाच पळोवंक ना. कसो केला कांयच कळना. हेवटेन पळयल्यार दुसरोच डिजायन दिसता. पळय डिजायनात भितर आनीक एक डिजायन तयार जाला. सामकें ३-डी पिक्चर कशें!' 'ना गो ह्यो कपयो पयलीं गांठायल्या.'

असलीं उतरां कानार पडटालीं. दोगी बायलो तर एक डिजायन कागदाचेर पितारपाक लागिल्ल्यो. 'जमना गो काडपाक. कपयाळें पळोवनूच करचें पडटलें. कोणें केल्लो काय हो? सकयल हें पळय नांव आसा.' फास्केच्या मोदीचें कपयाळें तीं तोखेतालीं. सकयल म्हजे आजयेचें नांव आशिल्लें. 'म्हजे आजयेन केल्लें तें कपयाळें' हांवें व्हडा नेटान सांगलें. 'खंयची गो तुजी आजी, साखळेची? हांवूय साखळेचें मगो! आज्याचें नांव कितें तुज्या? आं, हांव वळखतालें तिका. तूं तिची नात?' आयकून म्हाका खूब खोस जाली. विस्मृतीक गेल्ल्या शिवणकलेक आनी ती केल्ल्या ते बायलेक आज प्रतिश्ठा मेळटाली. म्हाका सामकें भरून आयलें. म्हजे आजयेचें अस्तित्व त्या कपयाळ्यांत जाणवलें. पोरण्यो गोजड्यो आनी कपयाळ्यांचो पोटलो घेवन मडगांवच्यान पणजे म्युझियमांत दोन तिनदां फावट मारिल्ल्याचें सार्थक जाल्लेभशेन जालें.

ल्हान भुरग्यांक वापरूंक केल्लीं कपयाळीं तरी कोणूय सांबाळून दवरतात. पूण हांगा आवयन, आजयेन, पणजेन केल्ल्यो पोरण्यो गोजड्योय सांबाळून दवरलेल्यो पळोवंक मेळ्ळ्यो. पोरण्या पुडव्या पासून केल्ल्यो गोजड्योय थंय आशिल्ल्यो. १९३५त केल्ल्या पुडव्याच्या पोळेराचेर सुंदर चित्रां भरिल्लीं. वोल्तेराचेर बशिल्लो दादलो आनी बायल. कुशीक दोन ल्हान भुरगीं. बारीक फुलां फुलां... कितें फावो तिका धव्या पुडव्याचेर हळदुव्या आनी तांबड्या सुतान भरपाक! आनीक एके बायलेन तर दुकानावयले उरिल्ले पेन्टपिसाचे कुडके गांठोवन गोजडी केल्ली. आमचे कमलमावशेनूय केल्ल्यो दोन गोजड्यो थंय लायिल्ल्यो. तांचेर सामकी बारीक सुंदर शिवण. तिवूय बी जोमेट्रीकल डिजायनांनीं. हालींच्या साडयांचेर बी प्रिंट्स आसतात तसलें. हे गोजडेवयली शिवण जर तिणें एखाद्रे साडयेचेर बी केल्ली जाल्यार आज ते साडयेक वालोर येतलो आशिल्लो.

पयलींच्या तेंपार सांजवेळ जातकीच भुरग्यांक च्या, खावपाक दिवन मेकळीं जातकीच घरांतल्यो बायलो गोजड्यो मांडपाक, कपयाळीं करपाक बसतालीं. म्हाका याद जाता आमी सुटयेंत आजोळा जमतकीच म्हजी आवय आनी मावश्यो गोजड्यो मांडटालीं. ते खातीर तीं आपलीं घरांत न्हेशिल्लीं पातळां सांबाळून दवरतालीं. तातुंतल्या बऱ्याश्या पातळाचीं दोन अर्दां करून एक अर्द वयर आनी दुसरें अर्द पोंदा मांडटालीं. मदीं खूब वापरलेल्या पातळाचो नाजाल्यार आज्याच्या पुडव्याचो फोर्र घालतालीं. आडसाट्यो चलयो तांका मदीं मदीं दोरे बी घालपाक मजत करताल्यो. अशे तरेन पळोवन पळोवन गोजडी मांडपाक शिकप जातालें. हांवेंय भुरगेंपणांत गोजडी मांडपाक हात बोट घालां. आतां तें चित्र म्हज्या दोळ्यां मुखार उबें रावता. म्हजी माँ आज्याच्या व्हडल्या सालांत गोजडी मांडटा. माईमावशी दुसरे वटेन बसल्या. बाईमावशी त्या पातळावयल्यान हात भोंवडावन भोंवडावन ताचेर पडिल्ल्यो मिरयो काडटा. मागीर सुय, सूत घेवन हेवटेन तेवटेन दोरे घालतात. एक गोजडी जातकीच दुसरी गोजडी मांडपाक घेतात. मागीर ह्यो मांडिल्ल्यो गोजड्यो एकदम गोजडी शिवतलेकडेन शिवपाक धाडटात. कपयाळ्यांचें तशेंच. पयलींच्या तेंपार चडश्यो चलयो घरांत शिविल्ले स्कर्ट, ब्लाऊज, व्हिस्तीद घालतालीं. तांचे उरिल्ले कपडे एकठांय करून दवरतालीं. मागीर तें जाय तश्या मोदीन कापून कपयाळें करतालीं. म्हजे आजयेक माया म्हयन्यांत कपयाळीं बी करपाक फाव नाशिल्लें. पूण हरशिल्या दिसांनी सांजवेळ जातकीच ती आपलो वेताचो पाटलो घेवन बसताली. एकदीस बसून जाय तश्यो कपयो कापून घेताली. मागीर वेळ मेळटा तेन्ना त्यो कपयो गांठायताली. वे केन्नाय म्हजी बाईमावशी त्यो गांठावंक बसताली. हीं कपयाळीं कर शिकपाक तांकां खंयच्याच क्लासाक वचपाची गरज नाशिल आकाशदिवो, वण्टीक लावपाचें घड्याळ, हत्ती अंबारी, ग चिक्रपिरी, आयणे, पेपारें वाजोवपी भुरगो... असल्या तरेकवार मोद कपयाळीं ती करताली आनी हीं कपयाळीं सामकीं पोरणीं जाल म्हणून हांवें तांचो वालोर खबर नासतना अशींच कोणाकोणाक दि उडयलीं. तांचें डोक्युमेंटेशन जावंक पावलेंना म्हणून खूब वायट दिसत

आतां राजस्थानी रजयो, पंजाबच्यो फुलकारी केल्ल्यो चाद बंगाली काथा वर्काच्यो गोजड्यो आमी व्हडा नेटान विकत्यो घेत आमच्या आवयच्या, आजयेच्या पोरण्या साडयेंतल्यान मायेची दिवपी गोजड्यांक मात आमी विसरल्यांत. ते खातीर गोंय राज्य व संग्रहालय आनी नारी आर्टिसन मुवमेंट हाणीं विस्मृतींत गेल्ल्या शि कलेची आनी कलाकारांची दखल घेतली हीच गजाल म्हाका र मोलाची दिसली. ह्या प्रदर्शनांतल्यान खूब बऱ्यो गोश्टी घडल्ल लोकांभितर पोरण्यो गोजड्यो सांबाळून दवरून तांचें डोक्युमेंटे जावप गरजेचें आसा हाचे बद्दल जागृताय जाली. म्हजे बाबत सांगपाचें जालें जाल्यार फक्त गोजड्योच न्हय जाल्यार हेर पोरण वस्तुंकडेन पळोवपाची एक वेगळीच नदर आयली. आतां फट्ट कस पोरणी वस्त वापरप जायना म्हणून हांव काडून उडयना. फुडले पिढ खातीर ती राखून दवरन दिसता. सगळ्यांत मोलाची गजाल म्हळ्य हांव आतां कपयाळीं करतां. ❑



इतलो वेळ शांत आशिल्ले बायलेन आपलें पेंपारें वाजयलें. अस्वस्थ आशिल्लो निलेश आनीक अस्वस्थ जालो. ताच्या मनांत तिडकेचें ल्हार व्हांवलें, पूण पासियेंस काडून बोगी रावलो. कितली म्हण तिका समजावची? तो खंयसरय वेचो आसल्यार तिका तें आवडनासलें. आपलें काम आसूं वा नासूं, तिका ताचे बराबर वचन दिसतालें. आपल्या बराबर व्हेली जाल्यार आपलें काम आसतना ती कितें करतली, ह्या विचारान तो तिका व्हरपाचो वळवालो. देखून ती रागार जाताली आनी मेकत तशी निलेशाक उलयताली.



दांडिया – रास

दीस शेनवार आसलो. सामके बेजार अवस्थेंत निलेश कामावेल्यान घरा आयलो आनी कपडे काडून धोलतेराचेर बसलो. आज कित्याचेरूच ताचें मन नासलें. कामाचेरूय तो तिडकल्ल्या सारको वागून आयिल्लो. ह्याच खातीर एक-दोग जाणां कडेन ताचें किजीलूय जाल्लें. हातूंत ताका आनीक चाळयतालें तें ताच्या घराफाटल्यान चालू आशिल्लें संगीत.

तकली मात्शी शांत करूंक ताणें टी.वी. चालू केली. टी.वी.चेर अमिताभ बच्चनाचो 'मजबूर' हो पोरणो सिनेमा चालू आसलो. ताका सिनेमा पळोवपाची खूब आवड. तातुंतल्यान मेळपी देखी वरवीं ताणें आपल्या जिवितांत जायतें सुधारप केल्लें. ताची विचारसरणी नोंद घेवपा सारकी आशिल्ल्यान आपल्याच जिविताकडें पळोवपाची ताची विचारधारा खूब गिरेस्त आसली. गरिबींतल्यान वयर सरिल्लो निलेश आपल्या जिवन मुल्यांकडेन सदांच शिटूक नदरेन पळेतालो. पूण कांय दीस आदीं ताचे शिटूकसाणेक काजळ लागिल्लें आनी तो अस्तव्यस्त आसलो.

ताणें कडेक आशिल्लें कदेल लागीं ओडलें आनी ताचेर पांय सोडले. हालींच पळयल्लो 'आरक्षण' हो सिनेमा ताका खूब आवडिल्लो. गरीब आनी पयशेकारां मदीं शिक्षणा खातीर जाल्लो संघर्श आनी जांका समज ना अशा मनशां खुस्तार, पयशां नेटार कोणतरी समाजांत आपलें वर्चस्व दाखोवंक सोदता हो सिनेमांतलो सिध्दांत ताका मानवल्लो. तेच प्रमाणे आपल्या कामदारां मदीं एकवटाची भावना जागोवन कंपनी कडल्यान ताचे खातीर जायतें कितें मेळोवन घेतिल्लें, चड करून गरीब कामदारांच्या भुरग्यांक शिश्यवृत्ती आनी वखदां येवजण.

विन्सी क्वाद्रुस
'स्नोज कृपा'
आर्ले राय,
सालसेत-गोंय
मो. : ९८२२५८७४९८

तो एक सामान्य मनीस. ताका शिकप चड नासलें पूण एका मंत्र्याक धरून सुपरवायझराची नोकरी मेळयल्ली आनी तातूंत तो खुशाल आसलो. हिकमतीन नोकरी करपा शिवाय सांस्कृतीक क्षेत्रांत वावुरपाचो ताका वर्गूण आसलो. एक बरो संघटक आनी निवेदक म्हण ताका नामना आसली. कंपनींतल्या कार्यावळीं शिवाय तो वेवसायीक माचयेर निवेदन करूंक वतालो. हेच कंपनींत ताणें कितलेच फावट फुडाकार घेवन कामदारां खातीर कार्यावळी घडोवन हाडिल्ल्यो.

फाटल्या वर्साक कंपनीच्या प्रशिक्षणा खातीर तो गुजरात गेल्लो. थंय ताणें गुजरातचो मुखेल आनी लोकप्रीय दांडिया-रास नाच पळेलो. ताका तो खूब आवडलो. ताणें थंयच थारायलें हो नाच आपले कंपनीच्या कामदारां खातीर घडोवन हाडूंक. त्या प्रमाणें ताणें कंपनीच्या वेवस्थापनाकडेन प्रस्ताव दवरून तो पास करून घेतलो. ताचो मालक गुजरातचो जाल्ल्यान ताणें रोकडोच हयकार दिलो. हाचोच परिणाम म्हण नवरात्रीच्या निमतान ताचे कंपनीच्या प्रांगणांत आज दांडिया-रास नाच आयोजीत जाल्लो. पूण आपले भलायकेचें कारण दिवन तो मात्सो पयस राविल्लो आनी हे कार्यावळीचो ताबो दुसऱ्यान घेतिल्लो.

आट वरां जावन गेलीं, निलेश आजूनय धोलतेराचेर बसून आसलो. मदीं बायलेन हाडून दिल्ली च्या तो पियेल्लो पूण कांयच उलयलो ना. ताचीं दोग जाणा भुरगीं, व्हडलें सात वर्सांचें निलीमा आनी धाकटो पांच वर्सांचो निलकंठ भितरूच खेळटालीं. कार्यावळ पळेवंक वचूंक दोन-एक फावट ताणीं विशय काडिल्लो पूण निलेशान तें कानार घेवंक नासलें, ना म्हण तांकांय वचूंक परवानगी दिल्ली. आज्ञाकारी भुरगीं म्हण ताणीं सिध्द केल्लें. कोणेंतरी फ्लॅटाचें बॅल वाजयलें.

''कोण थंय?'' म्हणीत निलेशान दार उगडलें. चार-पांच तरनाटे दारांत उबे आसले.

''पात्रांव आयला आनी ताणें पयलो तुका विचारला. तूं येवंक ना म्हण तो अस्वस्थ जालो आनी ताणें आमकां धाडल्यात तुका आपोवंक.'' एकल्यान निलेशाक सांगलें.

''बरें बरें येतां हांव.'' पात्रांवाचें नांव आयकना बराबर निलेशान तयारी दाखयली.

''नाच सुरू जाला देखून तुका घेवनूच यो म्हणलां.'' दुसऱ्यान सांगलें.

''भुरग्यांक तयार करतां आनी तांकां वांगडा घेवन येतां.''

''पळे, धा मिण्टांचो वेळ दितात तुका. सगलें करूंक तूं आनी तूंच असो कडेक रावल्यार कशें जातलें? तूं ये पासून आमी माटवा भायरूच रावतात. चलात रे.... '' एक तरेची मोगाळ शिटकावणी दिवन ते गेले.

''हांवूय येतां हां, पयलींच सांगतां तुका... बरो एकलो भोंवता हांगा-थंय आमकां घरांत दवरून... सगली खबर पावल्या म्हाका. आजूच सोदून काडटां तुज्या कामाचेर तुका कोण भुल्लातें. म्हाका कळत म्हण आतां थंय वचना जावपाचें नाटक करता? बरो आसा... हांवें फकत तुमकां रांदून घालपाचें, म्हाका खंयसरूय वचन दिसना? आतां तुका सांगतां, म्हाका व्हरना जाल्यार तुकाय वचूंक मेळचें ना.''

इतलो वेळ शांत आशिल्ले बायलेन आपलें पेंपारें वाजयलें. अस्वस्थ आशिल्लो निलेश आनीक अस्वस्थ जालो. ताच्या मनांत तिडकेचें ल्हार व्हांवलें, पूण पासियेंस काडून वोगी रावलो. कितली म्हण तिका समजावची? तो खंयसरूय वेचो आसल्यार तिका तें आवडनासलें. आपलें काम आसूं वा नासूं, तिका ताचे बराबर वचन दिसतालें. आपल्या बराबर व्हेली जाल्यार आपलें काम आसतना ती कितें करतली, ह्या विचारान तो तिका व्हरपाचो टाळटालो. देखून ती रागार जाताली आनी मेळत तशी निलेशाक उलयताली.

''तयार जा आनी भुरग्यांकूय भायर काड. इतलो वेळ खबर नासली दिसता वचूंक जाय म्हण.'' निलेशान निर्शेणेच्या आवाजान म्हणलें.

''म्हाका व्हरूंक पडटा म्हुण तूं सोंड मारून बसून आसलो न्हय थंय? वा आपलो भेद उगडत म्हण व्हरूंक सोदिनासलो?''

''हांव भायर रावतां, तयार जावन येयात.'' बायलेचें आनी आयकूंक नाका म्हण तो भायर येवन बसलो. फाटले दोन दीस ती ह्याच खातीर फुलून फुगून आसली. मदींच म्हणूंक लागली आपूण येना म्हण. देखून निलेशानूय थारायल्लें आपुणूय वेचोना म्हण. तशें तो कंपनींत सांगूनय आ[illegible] आतां पात्रांवाचें उतर सकल दवरूंक [illegible] म्हण तो तयार जाल्लो.

थोडच्या वेळान सगलीं भायर स[illegible] दांडिया-रास नाचाचें संगीत लागीं लागीं जा[illegible] लागलें. भुरग्यांक इतली उमेद नासली पूण [illegible] मुरगटूंक लागलो. चलतां-चलतां ताचे [illegible] कुंपासार येवंक लागले.

गोसलिया ॲण्ड सन्स कंपनीच्या उ[illegible] मळार व्हडलो माटोव घाल्लो. माटोव लाय[illegible] सजयल्लो. मदींच माटवाचे एके कडेक सादा[illegible] शी माची घाल्ली. तिचेर आशिल्ल्या [illegible] कदेलांचेर मानेस्त बसून आसले. नवरात्री[illegible] ह्या उत्सवा निमतान दांडिया रास खेळूंक [illegible] आयोजन केल्लें. लावड-स्पीकराचेर गुज[illegible] लोकगीत चालू आसलें. बसपा खातीर घाल[illegible] कदेलांचेर कंपनीचे कामदार आपल्या कु[illegible] सयत बसून आसले. नाचपाखातीर मदीं [illegible] वेवस्था केल्ली, थंय दांडिया चालू आस[illegible] वर्सान वर्स हांगा जावपी कार्यावळीक या वर्स[illegible] चड म्हत्व आसलें. कित्याक कंपनी[illegible] मालकान राजकोट थावन बारा जाणांचो ख[illegible] पंगड हाडिल्लो. तांचे बराबर तांचीं वाजंत्रां अ[illegible] गावपीय आसले आनी त्या शिवाय आठ [illegible] आदीं गुजरातची नामणेची नाचपीण काजल त[illegible] हिका हाडून कंपनींतल्या कांय चेड्यां-चेडव[illegible] दांडिया नाच शिकयल्लो. थोडे दीस आदीं जां[illegible] दांडिया म्हणल्यार कितें तें खबर नासलें, अ[illegible] तांच्या तोंडार उमेदिचें ल्हार आसलें आनी ए[illegible] नव्या नाचान वा खेळान तीं आपल्या आंगमोडि[illegible] प्रदर्शन करतालीं. हातूंत आशिल्ली निलेशा[illegible] मिसळटाय ताचे बायलेक आवडूंक नासली म्ह[illegible] ताणें हातुंतल्यान आंग काडून घेतिल्लें.

माटवा भायर वाट पळेत आशिल्ल[illegible] तरनाट्यांनी निलेश येतांच, ताका माचये क[illegible] व्हेलो. ताणें पात्रांवाक जाप केली. ताका पळेव[illegible] पात्रांव खुशाल जालो आनी ताका आपण[illegible] फुड्यांतूच बसूंक विनंती केली. पूण आपल्[illegible] बराबर आपली फामील आसा म्हण सांगून त[illegible] थंयच्यान कडेक गेलो. मागीर त्याच तरनाट्यां[illegible] ताका दुसरे एके कडेन बसूंक दिलें. तेन्[illegible]

पात्रांवाची बायल भावना तांच्या फुड्यांत आयली.

''यो न्हय प्रतिक्षा.'' हिंदी भाशेंत उलयत ती निलेशाचे बायलेच्या हाताक धरून ओडूंक लागली. ती तिका वळखताली.

''ना ना. म्हाका कळना तें.'' प्रतिक्षान आपलो हात तिच्या हातांतल्या सोडयत म्हणलें.

''हांव तुका शिकयतां.'' हे फावट भावनान प्रतिक्षाक फोर्सान ओडली आनी आपल्या सांगाताक घेवन गेली. निलेशान कसलीच हरकत दाखयली ना. भुरगीं आपल्या वळखिच्या भुरग्यां फुड्यांत खेळूंक लागलीं आनी निलेश एकलोच पडलो.

मदेंच राजकोटवाल्यांनी सिनेमांतलें रिमीक्स गाणें दांडिया बिट्सांचेर सुरू केलें. माटवांत एका कोनशाक बसून आशिल्लीं कंपनींतलीं कितलींच उमेदवंत तरनाटीं नाच-मांडार भितर सरलीं आनी आपली खुशालकाय दाखोवंक लागलीं. चेडवांनी दांडियाची पारंपारीक मुश्तायकी घाल्ली. घागरा-चोली, ताचेर सोबता असो श्रृंगार धरून गळ्यांतलीं, कानांतलीं, कपलाक टिको, हाताक काकणां बी, जाल्यार चेड्यानीय चोळी सारकें जॅकेट्स घाल्लें. लायटीच्या उजवाडांत तांचे कपडे चकचकताले. हातांत आशिल्ल्यो रंगयल्ल्यो बडयो सुंदर दिसताल्यो. मदें मदें खावपाक पियेपाक वांटपाची कार्यावळूय चालू आसली.

दांडिया नाच बरोच रंगार आयलो. रात जुवान जाली. राजकोटच्यान आयिल्ल्या कलाकारांनी गोंयच्या कलाकारांकूच न्हय तर पळेवप्यांकूय उमेदीन भरले. नाचपी तशेच आस्वादक मंत्र-मूग्द जाल्लेवरीं पयलेच फावट नवें कितेंतरी अणभवताले. प्रतिक्षा हातांत रंगयल्ल्यो दोन बडयो घेवन भावना बराबर नाचपाचो यत्न करतालें. मदेंच एक घोशणा जाली आनी नाचाची कसलीच फाटभूंय नासतना मांडार येवन नाच शिकपाचें धाडस दाखयलें म्हण प्रतिक्षाक एक इनाम जाहीर केलें. ती खुशाल जाली. सगल्यांनी ताळयो मारून तिची उमेद आनीक वाडयली. अशें मदें मदें कोणा-कोणाक 'सर्प्रायज गिफ्टस' मेळटाले.

बऱ्याच वेळान प्रतिक्षाक पुरो जालें. घामाघूम जावन तें बसूंक आयलें. थंय निलेश नासलो. तें काचाबूल जालें आनी ताका सोदूंक लागलें. 'आरे! ताका हांवें एकल्याक सोडलोच कसो?' प्रतिक्षान आपणाकूच प्रस्न केलो. तें बेगी-बेगीन निवेदका फुड्यांत गेलें आनी निलेशाक आपूण रावता म्हण निवेदन करूंक मागलें. तें थंयच उबें रावून ताची वाट पळेवंक लागलें. निवेदन आयकून माटवांत खेळपी भुरगीं ताच्या फुड्यांत आयलीं. ताणें तांका विचारलें, तांकांय खबर नासली. 'कोणा बराबर गेला दिसता हांव नाचता ती संदी घेवन. आज ताका सारकें शिकयतां हांव. घोवान म्हण आपले मर्यादेंत रावूंक जाय.' प्रतिक्षा मनांतल्या मनांत बडबडूंक लागलें. सगली उमेद आनी थोड्या वेळा आदीं जोडिल्ली खुशालकाय खिणांत मातये भरवण जाली. तें भितरल्या भितर फुगार जावंक लागलें आनी कितें पावल मारचें ते विशीं चिंतूंक लागलें. 'आज कोण त्या रांडलाक सोदून काडटलेंच हांव.' प्रतिक्षान एक गाळ सोडली. ताचो चेहरो बदल्लो. कितलें बरें संगीत वाजतालें. राजकोटवाली आनी गोंयकारां काय बरीं नाचतालीं, तें लेगीत ताका पडून गेलें ना.

भुरग्यांक घेवन नेटान पावलां मारीत घरचे वाटेक लागलें. ताच्या मस्तकांत देंवचार रिगिल्लो.

'आज हो म्हाका घरांत मेळना जाल्यार हांवूच वचून खंय तरी जीव दितलें.' म्हणीत एके राक्षिणीवरीं ताणें दारार खोंट घाली. दार उक्तेंच आशिल्ल्यान तें सारकें नेटान वाजलें. एक व्हडलो आवाज आयकून शेजारच्यो नदरो निलेशाल्या फ्लॅटा वटेन वळ्ळ्यो. कोण कोण आपल्या फ्लॅटांतल्यान भायर सरूंक लागलीं.

प्रतिक्षा घरांत भितर सरलें आनी ताणें लायट पेटयली. पळेत जाल्यार... ताचे दोळे घट्ट मिटले, तोंड 'आं' जावन तशेंच उरलें. जिविताची गती थंयच थांबिल्ल्यावरीं प्रतिक्षा एक खुंटो कसो जालें. निलेश सालांत फॅनाक हुमकळटालो. ताच्या तोंडांतल्यान एकूच किळांच भायर सरली आनी लागीं आशिल्ल्या भुरग्यांनी ताका वेंग मारली. शेजारच्या फ्लॅटांतले लोक तांगेर भितर सरूंक लागले. सवका सवका रातचो वेळ आसूनय निलेशाचें घर भरूंक लागलें. कोणेंतरी पुलिसांक फोन केलो. भायल्यान दांडियाचें संगीत आजून चालू आसलें.

थोड्या वेळान पुलीस आयले. ताणीं लोकांक कुशीन काडीत घरांत रीग घेतली. वातावरणाचो ताबो घेतलो आनी ताणीं निलेशाक

सकल देंवयलो. इंन्स्पेक्टरान घरा भोंवती नदर मारीत हाजीर आशिल्ल्यां कडें विचारपूस केली. कितें घडलां तें कोणूच सांगूंक नकळो आसलो. प्रतिक्षाचें तोंड एक भशेन धरिल्लें. थोड्या वेळा आदीं ताणें निर्णय घेतिल्लो आपणें जीव दिवपाचो पूण हांगा परतें जाल्लें. इन्स्पेक्टराक मेजाचेर एक चीट दिसली. ती ताणें उगडली. चीट आजूच बरयल्ली आसली.

''हांव निलेश, सिंतीदांत रावनू ही चीट बरयतां. देखून म्हज्या मरणाक कोणाकूच जबाबदार धरचो न्हय.

हांव एक कलाकार, संघटक आनी निवेदक. ह्या म्हज्या गुणांक लागून हांवें जायती नामना जोडली, हे कंपनींत आनी कंपनी भायर. हेच नामनेक लागून प्रतिक्षा म्हज्या मोगांत पडलें. सवका सवका म्हाकाय ताचो मोग जालो आनी आमचें लग्न जालें. म्हजी परिस्थिती गरीब आसली आसत पूण हांव निराधार नासलों, कमकुवत नासलों, फोल्गी नासलों आनी फटींग नासलों.

वर्सां गेलीं आनी आमकां दोग भुरगीं जालीं. म्हजें प्रामाणीकपण आनी पावित्र्य हांवें केन्नाच इबाडूंक दिलें ना. समाजाच्या मोगाक लागून म्हाका बदलचें पडलें आनी म्हजो थोडो वेळ समाजाक दिवंचो पडलो. राजकारणी म्हज्या दारांत येवंक लागले आनी वेंचणुकेक बसपाचो प्रस्ताव दिवंक लागले. पूण त्या चिखलांत ना वचपाचो बरो निर्णय हांवें आदींच घेतिल्लो.

म्हजेर गरजू लोकांची नदर आसली. बायल जावं दादलो, म्हाका आपल्या आधाराक व्हरतालो. म्हजे जोडींतलो थोडो वांटो हांव तांचे खातीर खर्चीतालों. ह्या कामांनी घुस्पून केन्नाय घरा येवपाक उशीर जातालो. केन्नाय कोणा बराबर दोन पेग जाताले. एक वटेन हांव जिवीत भोगतालों, म्हज्या अंतरमनाक शांत करतालों, समाजाकडेन जुळटालों. हें ना तें घेवन लोक घरा येताले. 'ना' म्हणल्यार धा जाणांक वायट दिसता. 'हय' म्हणल्यार घरकान्नीक वायट दिसता, अशे तारेवेले कसरतींत केन्नां केन्नां लवंडतालों. 'सगलो लोक वेळार घरा पावतात, म्हाकाच कित्याक वेळ जाता? कोण कोण ऑफिसांत फाटल्यान आसतात? ऑफिसांत कोण कोण मेळूंक येतात? आपणाक वेळ दिनासतना समाजाक वेळ दिता.' अशे म्हजेर आरोप जाताले. ताकाय हांव म्हाकाच जबाबदार धरतां.

कितेंय जालें तरी वालोर नाशिल्ल्या किड्यावरी म्हाका जियेवंक नाका आसलें. ह्या खातीर वेळांत वेळ काडून हांवें म्हजी एक अभिव्यक्ती तयार केली. पूण हेच अभिव्यक्तीक लागून म्हज्या संवसारांत चड प्रस्न निर्माण जाले. आज तें म्हाका सोंसना जालां. म्हजे अभिव्यक्तीक वेर वेची न्हय म्हण हांव खूब वावुरलों. म्हजे कलेक, म्हज्या गुणांक, म्हज्या सभावाक सांबाळटां-सांबाळटां ह्या समाजाचेर आनी म्हजे घरकान्नीचेर पाप करतां अशें म्हाका होलमूंक लागलें. ह्या पापांत जियेतना उणेच १०० फावटी हांव मेलों. हांव विसरलों हांव ह्या संवसारांत थोड्याच काळाचो प्राणी म्हण. समाजाचो उदेतो सुर्या कुटूंबा खातीर पडटो सुर्या जालो. हांव जिवो आसां पासून समाज म्हाका सोडचो ना आनी हांव तांचे बराबर आसप बायलेक खपचें ना. कोणाक थारूं? हें जिविताचें घ सोडोवंक हांवें देवाकडें मरणाची भीक माग ताणें आयकलें ना. म्हजे फाटल्यान स जियेवंचो ना? जियेतलो पूण समाजा प जियेपाचो म्हाका लागिल्लो वसो वचचें म्हण हांव म्हज्या जिविताक पूर्णविराम लाव इतलीं वर्सां घुस्मटत आशिल्ल्या म्ह आत्म्याक हांव शांत करतां. दांडियाची घेवन, म्हज्या मना सारक्या संगीताच्या ता हांव देव शरण येतां.

पुलीस अधिकाऱ्यांनो, प्लीज, म घरकान्नीक म्हज्या मरणाच्या भोवऱ्यांत घुस नाकात. तिका खुशाल जियेवं दी. म्हज्या भु खातीर हांव बापायपण राखूंक शकलों ना खंत घेवन वतां, सदां-सदांकाळ. सगल्य निर्भागी, निलेश.''

दांडिया-रास संगीत बिट्सांचो व्हडलो आव आजूनय चालू आसलो आनी थंय आपले मस नव्या नाचाचो आस्वाद घेत नाचतात अ बोवाळटात हाचोच आवाज येतालो. हांगा म रडणें आनी विलाप आसलो. सासणाची न्ह न्हिदिल्ल्या निलेशाक पोस्ट मॉर्टेम करूंक व्ह खातीर पुलिसांनी उबारलो तेन्ना प्रतिक्षाचो व परत एक फावट फुटलो. तिचीं भुरगीं घुस्पल्ल सारकीं केन्ना निलेशाक जाल्यार केन्ना आप आवयक पळेवंक लागलीं. तिणें तांकां घ धरलीं आनी चडूच व्हडल्यान बोबाटूंक लागल पूण त्या बोबाटाक कितें अर्थ आसलो? लोका गर्दीतल्यान वाट काडीत पुलीस निलेशाचें म घेवन भायर सरले.

सुपरमॅन

आमी माणकुले
विचार HIGH
आमकां सुपरमॅन
जावंक जाय

जावन सुपरमॅन
दिव्य नदरेचे
आपले आपूण
उडून सगल्याक
विश्व सोबीत
घडोवंक जाय

आतांच हांगा
रोकडेच पयस
देशादेशांच्यो
मोडून सरादी
सगल्या मनशांक
जोडूंक जाय

दुकळ खंयय
पडलो जाल्यार
शक्तीन व्हरून
पावशी कुपां
दडकांनी पावस
घालूंक जाय

खवदळीलल्या
म्हासमुद्रांचेर
बांदून म्हासेतू
सदभावनेचे
विशाल देगांक
सांदूंक जाय

भांगरा यूग
भुंयेर हाडूंक
आडखळींचे
फोडून दोंगर
मार्ग ध्येयाचे
बांदूंक जाय

जाणा मरे बाबू आयक
सांगतां तुका एक काणी
आपणें आपली तुस्त करून
लावंक जायना आंगाक लोणी

एक मरे आसलो कावळो
आनी मोर गर्विश्ठ भोळो
मोर आपलीच तुस्त करून
कावळ्याक न्हय रे चाळयतालो

म्हणटालो तो कावळ्या मामाक
काळो मरे तूं कुळकुळीत
पळय म्हजो सोबीत शेंपो
राजा कसो हांव आकर्शीत

कावळ्या मामान सांगलें मोराक
खरें गा मोरा तूं भोव आकर्शीत
हांव कावळो काळो कुळकुळीत
तरी तुका सांगतां जिणेचें गुपीत

मोरान कावळ्याक सांगलें गर्वान
पळय सगले म्हाका तोखेतात
सोबीत म्हजो नाच पळोवन
खोशयेन कशे ताळयो मारतात

तूं गा कावळो बेकार वाळेस
गांवार सारको उडत आसता
मेळटा तितलेंय पोटांत भरून
समाज सेवा मात बरी करता

मोरा म्हज्या भोळ्या इश्टा
मनशांक गा तूं पातयेंव नाका
केन्ना तुका जाळ्यांत आडकावन
चेटणी करतले कळचेंना तुका

कावळो अशें उलयतनाच
दुश्ट मनीस दोग थंय आयले
मोराक अचळय बांदून घालून
साकान भरून पयस गेले

कावळ्यान हें पळयलें आनी
उडत वचून झाडार बसलो
दुखख ताका जबर जालें
सोंपलो म्हुण इश्ट आपलो

देखून बाबू सांगता तुका
फुको गर्व मिरोवंक जायना
सादुरतायेन वागून जगांत
कोणें कोणाक हिणसावंक जायना



– प्रकाश पाडगांवकार
'मातृकलश',
पर्वरी – गोंय.



प्लास्टीक विल्याचो अभिनव प्रयोग

शाळेचें नवें वर्स सुरू जालें. सवेचीं भुरगीं सातवेंत पावलीं. वासू सवेक पयलो आयिल्लो. आतां सगल्यांक नवीं पुस्तकां, नव्यो चोपड्यो, नवीं पेनां, पेन्सिली, नवे युनिफॉर्म, नव्यो कापोती, नव्यो सत्र्यो आनी नव्यो उमेदी. आतां नवें कितें शिकपाचें? नवें कितें करपाचें?

बाईन पयलोच स्वाध्याय दिलो – प्लास्टीक.

बाईन सांगलें, ''तुमच्या घरांत वो तुमी वतात थंय प्लास्टीकाचें कितें आसा तें पळयात. प्लास्टीक कशें उपकरता तें पळयात. तें वापरून जातकच तुमी ताचें कितें करतात? ताचो विलो कसो लायतात? प्लास्टीक सगलेंच बरें करता काय वायटय करता? ताका लागून वायट कितेंय जाता जाल्यार तें कितें? हाचेर आमी कितें उपाय करूंक शकतात? सगल्यांच्यो जापो सोदून काडात आनी फोटे बिटे, चित्रां बित्रा लावन वेवस्थीत बरोवन हा एका म्हयन्याची मुजत दितां.''

चडश्या भुरग्यांनीं हें स्वाध्यायाचें वजें ट्यूशन टिचरी माथ्यार मारपाचें येवजून हुस्कारो सोडलो. ट्यूशन टिचरीक आयत्या फोट्यां बरोबर इंटरनेटाचेर मेळूंक कठीण नाशिल

पूण बाबूच्या मनांत तो विशय घोळत रावलो. प्लास म्हणटकच ताच्या दोळ्यां मुखार पयलीं आयल्यो त्यो रस्त कुशीक जळामळा पडिल्ल्यो पोतयो. ताका सदांच तांची येताली. पोतयांक लागून सगलो वाठार बुरसो जातालो. कुसून मातये भरवण जायनाशिल्ल्यो जावं उदक जमनींत जिरूं दिनाशिल्ल्यो.

तीं सुर्वेक हांगा रावंक आयिल्लीं तेदेवेळार पप्पान भोंवतणच वाठाराचेय फोटे काडिल्ले. ह्याच रस्त्याच्या दोनय कुशी तायखिळो वाडटालो. रस्त्याक बरी पांचवीचार देग मेळटाल पप्पान काडिल्ल्या कांय फोट्यांनी तायखिळ्याचीं हडवीं फु लेगीत दिसतालीं. खंयतरी पोपटी तण वाडिल्लें दिसताल वेगवेगळ्या काळांत काडिल्ले फोटे. केन्ना तण आशिल्लें, केन नाशिल्लें, केन्ना झोपां पांचवींच दिसतालीं. केन्ना सुकिल्ल पूण आतांचे भशेन बुरशें दिसनाशिल्लें. प्लास्टीकच्या पोतयां कोयर खंयच दिसनाशिल्लो. आतां मात दुर्गाभायर पावल घाल्य दोंय वशीन प्लास्टीक पोतयो. नुस्तें हाडिल्ल्यो, भाजी हाडिल्ल्य दुदाच्यो पोतयो, बिस्कुत्यांचीं, चॉकलेटींचीं वेस्टनां. तांचेर रेबे चिखोल. तणाची एक पात ना. तायखिळो लेगीत शेणलो. इतल वीट येताली बाबूक कित्याक हाडटात काय हें प्लास्टीक?

आज बाईन विचारतकच ताची नदर घरांत प्लास्टीक खं खंय आसा तें सोदूंक लागली.

प्लास्टीक बाल्दी, मग, प्लास्टीकच्यो प्लेटी, रांदचे कुडीं जिनस भरून दवरिल्ल्यो प्लास्टीकच्यो बाटल्यो, प्लास्टिक

डबे, टब, मेजां, कदेलां. ताका वचत थंय प्लास्टीकच दिसूंक लागलें.

सगलेकडेन तर प्लास्टीकच प्लास्टीक आसा. प्लास्टीक नाशिल्लें जाल्यार हें सगलें कशें जातलें आशिल्लें? पूण तें पप्पाल्या फोट्यांनी रस्त्यार कित्याक दिसना?

ताणें विचारलें तेन्ना आजयेन म्हळें, ''आमचे मुस्तींत नाशिल्लें रे बाबा अशें पालास्टीक.''

''मागीर तुमी बाजारांतल्यान सामान कशीं हाडटालीं तर?''

''आमी पसऱ्यार वतालीं आनी पसरकाराक सांगतालीं, अमकें अमकें जाय. तो, तो म्हाल कागदाच्या पुड्यांनी बांदून दितालो. तो आमी आमच्या कपड्याच्या पोतयांनीं घालून हाडटालीं. आतांवरी सुपरमार्केटांय नाशिल्लीं ते वेळार. देखून जिनस पोतयांनी घालून दवरचे पडनाशिल्ले आनी तो कसलो जिनस हें वळखूंक पारदर्शी पोतयो वापरच्यो पडनाशिल्ल्यो. दूद गोरवांकारांगेर वचून आयदनांतल्यान ना जाल्यार बाटल्यांतल्यान हाडटालीं. जेवणावळींनीं केळीचीं पानां नाजाल्यार पत्रावळी आसताल्यो. त्यो मागीर भायर उडयतकच गोरवां खातालीं. आतां बुफे जेवणां, ताटां हातांत घेवन जेवपाचें. केळी पूण खंय उरल्यात?''

आजी आपले यादींनीं घुस्पली. बाबूक लक्षांत येवंक लागिल्लें. एक म्हळ्यार कांय वर्सां आदीं प्लास्टीक वापरिनाशिल्लीं आनी आतां धातू, लाकूड, कपडो, कागद सगल्यांच्या जाग्यार प्लास्टीक वापरतात.

कित्याक काय? वस्तू तरेतरेच्या रंगांत आनी आकारांत मेळटात म्हणून? ताका व्हडल्या घरांतल्या आयदनांची याद जाली. सगलीं जड जड. त्या जाग्यार प्लास्टीकच्यो बालद्यो, टब कितले ल्हव.

ते भायर प्लास्टीक कळमेना, कांचेवरी जमनीर पडल्यार फुटना. ताका वाळटी लागना. व्हडल्या घरांतले आरमारीक आनी पेटेक वाळटी लागून सगले कपडे आनी पुस्तकांचो पिठो जाल्लो.

पूण एक प्लास्टीकची पोती मात तशीऽ आशिल्ली.

पळोवंक गेल्यार प्लास्टीकची कापोत घाल्यार भितरले कपडे भिजवात. प्लास्टीकचे मुठींक लागून आयदन हून लागना.

प्लास्टीक कपड्या भशेन झिरझिरना.

''म्हळ्यार प्लास्टीक आमकां बरेंच उपकरता न्ही?'' ताणें जेवतना म्हळें.

''नासतनाच वापरतात तें?'' ताचे व्हडले भयणीन ताका तिडायलो.

''पूण रस्त्यार प्लास्टीकाक लागून जाल्या ती घाण, घाण न्ही तर?'' ताणें आपलो मुद्दो स्पश्ट करूंक म्हळें.

''ती जाता आमच्या कर्मांक लागून.'' मम्मान म्हळें. ''आमी वापरून जातकच तें भायर उडयतना भान दवरलें ना. काड काडून अशेंच उडयलें जाल्यार खंय वतलें तें? वतांत कडना आनी पावसांत कुसूनय वचना.''

''आमी पयलीं घराभोंवतणीं झाडून उजो घालतालीं. सगल्याक निवळ जातालें. पूण प्लास्टीकाक उजो घालपाची माणसुकी आसा? ताचो जाता तो धुंवर आसत्यांत विखारी.'' आजयेन फुडें सांगलें.

''मम्मा, प्लास्टीक खावपी कोण ना?'' बाबून विचारलें

''ना कित्याक? जल्ले कितेंय खातात. ही दुदापोती पळय कशी जाळंदर करून दवरल्या.'' आजी भितर निवळ करताली. तिका त्याच वेळार ती जल्ल्यांनी खाल्ली दुदा पिशवी खांचींत आशिल्ली मेळिल्ली. तिका जल्ल्यांची तिडक आशिल्ली. कितलेंय निवळ दवरलें तरी जल्ले जावपाचे राविनात. तांकां मारूंक वखदां हाडटात तांची आपल्याकच ॲलर्जी जाता. जल्ले मात रोखडेच भरतात.

''आजये, जल्ले प्लास्टीक खायनात. ते ताका लागिल्लें दूद, तेल खातात तेन्ना पिशव्यो कातरतात.'' बाबूचे भयणीन म्हायती दिली.

''आयडिया!''

बाबूक एक युक्ती सुचली. रोखडोच ताणें एक बंद डबो सोदून काडलो आनी त्या दिसाच्यो दुदाच्यो पोतयो त्या डब्यांत भरल्यो. मम्माक आनी आजयेकय सांगलें, ''आयच्यान सगल्यो प्लास्टीकच्यो पोतयो भायर उडयनासतना ह्या डब्यांत घालया. आनी जल्लो तेल, दूद खाता जाल्यार तें मात्शें फाफुडया ह्या डब्यांत.''

मागीर ताणें सगल्याक सोदून दोनचार जल्ले हाडले आनी डब्यांत घालून डबो बंद केलो.

बाबूचो प्रकल्प आतां चालीक लागिल्लो.

हो प्रयोग जालो जाल्यार सगलेच फायदे जातले अशें बाबूक दिसता.

एक म्हळ्यार प्लास्टीकच्या पोतयांचो विलो लागतलो.

जल्ल्यांचो उपेग जातलो.

जल्ल्यांच्या लेणयांचें सारें जातलें.

वाठार सगलो नितळ उरतलो आनी आदलेवरी झाडां झोपां वाडटलीं.

पळोवया कितें जाता तें.

■

– किरण म्हांबरे
२०६, कैलाश दर्शन,
आकें – मडगांव.

हुंदीर

पप्पा पप्पा पयलीं
हुंदीर शेतांनी भाटांनी
कोठये कुडींत बी
आसताले खंय रे?

आतां ते
इंटरनेटासरेन
कंप्युटरा सरेन
कशे पावले?

शेतां भाटां
रानां वनां
कापलीं म्हणून रे?

– भिकाजी घाणेक
राज कॉम्प्लेक्
ताळगांव – गो
फोन : २९०४२६

शिंवासन बत्तिशी

धावी काणी

णव मुर्तींच्यो गजाली राजा भोजान आयकल्ल्यो. ताका आतां विक्रमराजाच्यो आनीक गजाली आयकुपाची उमळशीक लागली. धावी मूर्त कितें सांगता तें आयकूंक राजा शिंवासना म्हऱ्यांत आयलो. ताणें हळूच शिंवासनाक हात लायलो. ते बरोबर धावी मूर्त सजीव जाली. तिणें म्हळें, ''म्हजें नांव मदनमंजिरी. राजा भोज तुका विक्रमाच्यो गजाली आयकूं जाय मू? दुसऱ्याच्या बऱ्याक झटपी विक्रम कितलो पराक्रमी आशिल्लो तें हांव तुका आतां सांगतां.''

विक्रमादित्याच्या आलाशिऱ्याखाला जायते पंडीत, भट, पुरयत आशिल्ले. तातूंत एक शंकर शर्मा नांवाचो पुरयत आशिल्लो. ताका कमलाकर नांवाचो एक पूत आशिल्लो. पूण अभ्यासांत ताचें मन लागनाशिल्लें. शंकर

कमलाकर आनी नरमोहिनी

शर्मा ताका तरेतरेन उपदेस करतालो, पूण पूत ताचें मात्तय आयकनासलो. करतां करतां कमलाकराचें शिकपाचें वय सोंपलें. तो जुवान जालो. ताका कोणच मान दियनासलो. ताच्या वांगडच्या ब्राह्मण भुरग्यांक राजसभेंत मान मेळटालो. भरपूर दक्षणा मेळटाली. शंकर शर्मा काकुळटेन ताका सांगतालो, ''विद्या आनी पयसो नाशिल्लो मनीस कितलोय कुलीन आसलो तरी ताचो कितें उपेग? हाच्या उरफाटें विद्वान मनीस सादया कुळांतलो जरी आसलो तरी ताका सगळे जाण मान दितात.''

ताच्या चल्याक हें बापायचें सांगणें पटलें. पूण आतां खूब वेळ जाल्लो. आपल्या देशांत रावन शिकचे परस दुसऱ्या देशांत रावन शिकचें अशें ताका दिसलें. बापायची मान्यताय घेवन तो काश्मीराक गेलो.

थंय विश्वंभर भट नांवाचो एक व्हड पंडीत आसलो. कमलाकर तागेर रावलो. ताणें भटाची बारा वर्सां मेरेन सेवा केली. ताचे कृपेन कमलाकराक सगळ्यो विद्या कळ्ळ

विश्वंभर पंडिता कडल्यान विद्या मेळोवन कमलाकर अवंती नगराक परत येतालो. वाटेर तो कां ह्या शारांत रावलो. थंय ताका एक कलेची उपासक वेश्या मेळ्ळी आनी कांयच उपाय नाशिल्ल्यान तिक धंदो करचो पडटालो. हे वेश्येचेर सदांच एक संकश्ट येत तिगेर येवपी मनशांक एक राकेस मारून उडयतालो.

कमलाकर आनी ते वेश्येचे विचार एकामेकाक सा पटले. ते वेश्येचें नांव नरमोहिनी अशें आशिल्लें. कमलाक जेन्ना कळ्ळें की राकेस तिगेर येवपी मनशांक मारून उड म्हणून तेन्ना ताका वायट दिसलें. मागीर तो अवंती नग परतलो. ताणें आपल्या बापायक आपूण खंयच्यो खंय विद्या शिकलां तें सांगलें. शंकर शर्मान म्हळें, ''पुत आतां वचून राजाक मेळ.''

बापायची सांगणी आयकून तो विक्रमाच्या दरबा गेलो. राजान ताची सगळी सांग आयकली. नरमोहिनी वेश्येच खबर ताणें राजाक सांगली. ति खबर सांगतना कमलाकराचें त जशें जाल्लें तें पळोवन राजा कळ्ळें, कमलाकर नरमोहिनीच मोगांत पडला. राजान कमलाकरा फाव तें बक्षीस दिलें आनी धाडल

मागीर राजा कांतीपुराक गेलें थंय नरमोहिनीगेर वचून ता राकेसाक आव्हान केलें. राके रोखडोच आयलो. राजाक वेताळाच आदार आशिल्लोच. राजा वेताळाच्या आदारान त्य राकेसाकडेन झूज केलें आनी ताक जिवेशीं माल्लो.

मागीर राजान नरमोहिनीक म्हळें, ''तुजेवेलें अरिश्ट हांवें न

केलें. हांव अवंतीचो राजा विक्रम. तूं कमलाकर नांवाच्या तरनाट्या पंडिताक वळखता मू? ताचेविशींचें म्हजें एक काम आसा तें तूं पुराय कर. ते बदला हांव तुका खूब इनाम दितलों.''

नरमोहिनीन म्हळें, ''म्हाराज, म्हाकाय तो तरनाटो खूब आवडला. तरीय तुमी सांगतात तशें हांव वागतलें.''

विक्रमान म्हळें, ''तो तरनाटो पंडीत तुज्या मोगांत पडून आपलें आयुश्य पेड्यार करून घेतलो. तुजेविशीं ताच्या मनांत वीट भरतलो अशें रूप तूं घे.''

राजान नरमोहिनीक आपणें सांगिल्ले प्रमाण सगळीं भांगरां-शिंगरां काडूंक लायलीं, केंस मेकळे करून पिसुडिल्लेवरी करपाक लायले. कशाकशेय बुरशे कपडे घालून अजागळ कशी रावंक लायली. मागीर राजान कमलाकराक नरमोहिनीकडेन व्हेलो. तिचें तें बुरशें रूप पळोवन कमलाकराक तिचो वीट आयलो.

विक्रमान ताका बायलो आनी धन-संपत्ती हांचे पसून पयस रावपा-पासत बरो करून उपदेश केलो.

नरमोहिनीन राजाचें काम केलें म्हणून राजान तिका फाव तें इनाम दिलें आनी कमलाकराक घेवन राजा परत अवंती राज्यांत आयलो. आतां कमलाकराचें मन थीर जालें. मुखार तो व्हड पंडीत जालो.

निमणे परीन म्हळें, ''भोजराजा तुका अशी दुसऱ्यांच्या हिताची चिंता आसा?''

राजान म्हळें, ''हांव कितलो सुवार्थी तें म्हाका जशे जशे दीस वतात तशें कळूंक लागलां.''

राजाची जाप आयकून मदनमंजीरी परत मूर्त जावन शिंवासनाक दसली.

■

- माया अनिल खरंगटे
सी-४-१, वैभव अपार्टमेंट,
मारुती देवळा लागीं,
दवर्ली-नावेली, गोंय.

बालकवनां

१

चिमणे चिमणे
यो म्हज्या घरां
तुका दितलों हांव
गोड गोड बोरां
कावळ्या कावळ्या
यो उडून
चपातेचो कुडको
घे ओडून
चानये चानये
दोगांय आमी खेळुया
वाज आयलो जाल्यार
झाडामुळांत लोळुया

२

एक आशिल्लो बेबो
आंगाक ताच्या लागलो रेबो
बेबो गेलो न्हंयचेर न्हावंक
बेबकी आयली ताका पावंक
थंय उबो आशिल्लो बैल
बेब्यान केले कपडे सैल
बेब्याक दिसलें जायन बैलावरी
फुगून फुगून जालो बुकल्यावरी
फुग, आनीक फुग बेबकी म्हणटा
बेबो बाबडो घाम गाळटा
फुगून फुगून ढुम्म जालें
बेब्याचें सोमतें पोट फुटलें

- हर्षा शेटये
मडगांव - गोंय.

हुंदीर, बेबो आनी कावळ

एक आशिल्लो हुंदीर. तो एका दाट रानांत तळ्याचे कुशीक एका बिळांत रावतालो. थंयच लागसारच्या तळ्यांत एक बेबोय रावतालो आनी तो सदांच वता खातीर वयर येवन न्हिदतालो. तेन्ना हुंदीर आनी बेबो एकमेकांक मेळ्ळे आनी दोगांयची इश्टागत जाली. पूण दोगांयची इश्टागत सोबऽ सारकी आनी पटपा सारकी नाशिल्ली. कित्याक म्हळ्यार बेबो उदकांत रावपी आनी हुंदीर जमनीचेर रावपी. ही इश्टागत एक दीस दुखेस्त अंताक निमित्य थारतली हाचीं चिन्नां दिसतालीं. ही इश्टागत जायतो तेंप चालूच उरली आनी एक दीस बेबो हुंदराक सांगूंक लागलो 'आमी एकामेकांक सोडून केन्नाच रावचें न्हय. त्या खातीर आमी एकमेकांच्या पांयाक दोरी बांदून घेवया.'

'सामको बरो विचार तुगेलो हांऽऽ' हुंदरान म्हळें आनी हुंदीर उमेदीन नाचूंक लागलो आनी दोगूय इश्टांनीं आपले पांय एकमेकाच्या पांयांक दोरयेन बांदून घेतले. हे दोगूय जमनीवेल्यान भोंवताले तेन्ना ही तांची वेवस्था बरी येशस्वी जाताली आनी ते एकमेकांक गजाली सांगून उमेदीन भोंवताले. कांय दिसांनी अशेच भोंवतां भोंवतां बेब्यान हुंदराक म्हळें, 'आतां आमी उदकांत पेवन उमेदीन भोंवया.'

हुंदरान म्हळें, 'हांव उदकांत कसो पेंवतलों?'

बेब्यान म्हळें, 'तातूंत आनीक शिकपा सारकें किदें आसा? तुवें शेपडी आनी पांय हालयल्यार पुरो. कांय वेळान हुंदरान विचार करून मान हालयली.

बेबो उमेदीन हुंदराक घेवन तळ्या देगेर आयलो आ
हुंदराक घेवन उदकांत देंवलो. मात्शे वेळान हुंदीर उद
घुस्मटलो आनी रोखडोच मेलो. मरतकीच कांय वे
ताची कूड उदकांत उफेवपाक लागली.

मळबांत अशोच हेवटेन-तेवटेन पासयो मार
कावळ्यान हुंदराक उफेतना पळयलो आनी तो सक

आयलो आनी आपले चोंचीन ताणें हुंदराक धरलो अ
उडून गेलो. ताचे वांगडा बेब्याकूय घेवन गेलो.

कित्याक म्हळ्यार बेब्यान आनी हुंदरान एकमेक
पांय धरून बांदिल्ले. बेब्यान म्हळें, 'हांवें कसली इश्टा
केली हीऽऽ? हुंदरा वांगडा म्हाकाय आतां मरण येता! प
फायदो मात कावळ्याक जालो.' अशें म्हणून बेब्यान डर
डरांव करून आपलो प्राण सोडलो.

तात्पर्य : जणएकल्यान आपल्याक दिल्ले शक्तीप्रम
वागचें.

■

– अलका असोळडेकार
बड्डें, मडगांव – गोंय
मो. ९८२२९८११०७

सांग म्हाका

हांव धांवतां धांवतां तसो
फाटल्यान म्हज्या धांवता
सांग रे चांदीमाम कित्याक
कुटुंब्यांनी खेळटा?

कुपां फाटल्यान लिपून तूं
कोणाक रे पळयता?
मुमुरख्यानीच हांसता म्हाका
चाळयतासो दिसता!

वाटकुळेंच आंग तुजें
बारीक बारीक जाता
म्हज्याच सारखो जेवना तूं
अशेंच म्हाका दिसता

– शोभा फुलकार
मो. : ७८७५२३७४७८

चान्नी

येद्दे येद्दे एक्कडे करता
बेजार नासतना
धांपेना आनी घाबरेना
ती रुकार धांवतना! – १
हांगा आनी थंय चोयता
'चुक-चुक' करतना
बाल कश्शी हाल्लयता
ती जांभूळ खाचना! – २
चान्नी मगेली मोग्गाची
इत्याक दणून वच ना?
उल्लय नासतना शिकयता
कश्शी सांग नासतना? – ३
येद्दे येद्दे एक्कडे कोरका
आम्मी बेजार नासतना
दुडू जावो, पुण्य जावो
खुशींत जिणे जगतना – ४
चान्नी मगेली मोग्गाची
सगडांगेल्या भाग्याची
साह्य केल्ले रामाक
तिन्ने, सेतू बांदतना! – ५
सान जावो, होड जावो
सगळीं काम करतना
सगडानी आम्मी हातभार
लांवका, माकशे नासतना! – ६

गोमटो बाबला

गोन्नो गोमटो बाबला
हात सोण्ण उबरला
कितलो वेळ राबला
वग्गी पळैया! – १
''अय्यो! कुर्टु हाल्लयता!
कतले कतले उल्लयता!
मात्तें धोल्लयता!
हांगा पळैय्या! – २
''मम्मी खंय तागेली?
ही आतां आयली!
कितलीपुणी वाट पळैली!
उब्बार्नू घे, पळेवया!''

– सुधीर कोडकणी
सांताक्रूझ (प), मुंबय ५४.
ई-मेल :
kodkanisudhir@hotmail.com

म्हजो इश्ट कोकीळ

आतां कोकीळ साऽरखो पळयलो. तो म्हजो बरोऽ इश्ट जाल्लो. जनेलाकडचे खांदयेर तो धिटायेन येवन बसतालो आनी म्हाका उलो घालतालो, कुहूऽ कुहूऽऽ!

म्हाका तो जुस्त आयकूंक येतालो. 'पियूऽ पियूऽऽ' हांव म्हणटालें, 'आयलें, आयलेंऽऽ'

ताणें उलो केलो काय हांव जनेलाकडेन वतालें. ताका पळोवन दोळे मोडटालें. तोय तसोच करतालो. मागीर हांव

ताची नक्कल करी, 'कुहूऽ कुहूऽऽ' तो आनीक नेटान आड्डतालो. मागीर तर कितें, आमची जुगलबंदीच सुरू जाताली. एकदां तो, एकदां हांव. व्वा! कितें खेळ रंगतालो म्हुण सांगचें!

एक दीस आईन खबरांपत्र हातांत दिलें. म्हणूंक लागली, ''हें वाच. हातूंत कोगळाचो फोटो आसा आनी तिची म्हायतीय आयल्या. सारकें वाच.'' हे दिसांनी म्हजे ती बरीऽ वागताली. म्हाका दिसता जनेल रंगयतसावन

म्हज्या मता प्रमाण म्हजे वागणुकेंत तिका जा फरक जाल्लो दिसूंक लागला जावंये! कित्याक तिच्या प्रमाण पयलीं सारकें हांव वाटेवयल्या सुण्यांक मा भोंवनाशिल्लें.

मुखेल म्हळ्यार तिची दनपारची न्हीद सारकी जाता आमचो बोवाळ, भायल्यान टर्रर करून बेल वाजोवप, स करून घरांत घुसप, झट्ट करून भायर वचप, ह्या गजाली तिका त्रास जातालो. आसूं! आमचें उलोवप चलिल्लें कोग विशीं. हांवें खबरांपत्राचें तें पान हातांत घेतलें. तातूंत कोगळा अप्रतिम फोटो आशिल्लो. 'अप्रतिम' हें बाबाचें आव उतर. कितेंय आवडलें काय 'अप्रतिम' म्हणटा. 'भजीं क जाल्यांत?' आईन विचारतकच 'अप्रतिम' बाबांची क उतरां हांव सर्रास वापरतां. तांतलें एक अप्रतिम आनी दु सर्रास.

कोगळाविशीं म्हायती तर खासूच आशिल्ली. वाचून आनी तांतली कोगळाचो फोटो पळोवन झाडावे खरो कोगूळ पळोवंचोसो दिसूंक लागलो. ■

– संगीता बर्वे
पर्वती, पुणे
फोन : ०२०-२४२२००७

अक्करमाशी

सोमाराक अक्कलकोटाचो बाजार भरतालो तेन्ना पोटाखातीर तो खावपाचे जिनस चोरतालो. केन्ना केन्ना कांयच मेळनासलें तेन्ना लोकांनी केलीं खावन उडयल्ल्यो केळयांच्यो साली एकनांय करतालो. न्हंयचेर व्हरून धुतालो आनी खातालो. इतली ताची आर्थीक परिस्थिती वायट आशिल्ली.

बबिता सावंत देसाय
कोंकणी विभाग,
पश्चिम विभागीय भाषा केंद्र,
डॅक्कन कॉलेज कॅम्पस,
येरवडा - पुणे
मो. : ८५५१०१५५९५

हेर दलित साहित्याचे तुळेन 'अक्करमाशी' हेंय पुस्तक म्हळ्यार एक आगळी-वेगळी रचना. लेखक शरणकुमार लिंबाळे हाणें गांवांतली भास हे कृतींत केळयल्ली दिश्टी पडटा. लेखकाचो गांव महाराष्ट्र-कर्नाटक सिमावादांतलो. ताका लागून आपूण महाराष्ट्राचो की कर्नाटकचो, आवयभास कन्नड वो मराठी हो ताका प्रस्न पडटालो.

ताची आवय 'म्हार', बापूय 'लिंगायत', आवय 'खोपींत' तर बापूय 'माडीत'. बापूय 'सावकार' जाल्यार आवय 'भुमिहीन' आनी लेखक 'अक्करमाशी'. मराठा सोडून हेर जातींतले चलये वांगडा लग्न जावन जाल्लें भुरगें म्हळ्यार अक्करमाशी.

जाच्या बापायचो थाव ना, कोण तेंय बी खबर ना तो अक्करमाशी. गांव भाशा, आवय-बापूय, जात-धर्म ह्या सगळ्याविशीं लेखक दुभंगलेलो. स्वताचें व्यक्तिमत्व शेणिल्लो. आगळीक जाल्ले वा आगळीक केल्ले बायले सारकी ही जीण. थंयचे नितीन ताका गुन्यांवकारा सारको वागयलो. लेखकाचो जन्मूच अनैतीक थारायलो.

आवयन जल्माक घातलो पूण त्या जल्मदात्याचें नांव-गांव कांयच खबर नाशिल्लें. केन्ना केन्ना आवय बापूय कर्मां करतात आनी ताची ख्यास्त भुरग्यांक भोगची पडटा. हीच गत लेखकाची जाल्ली दिश्टी पडटा. खंयूय गेलो जाल्यार ताका 'बापूय कोण?' 'बापायचें नांव कितें?' ह्या प्रस्नानी अर्दो जीव जातालो. लेखक म्हणटा अश्या ह्या हिणसावपी जगण्या परस मेल्लें बरें.

पुस्तकांतली भास गांवगिरी आसा. भाशेचें प्रमाण रूप दिश्टी पडना. ताका लागून पुस्तक वाचतना कांय कडेन शब्दांचो अर्थ समजना. गांवगिरी भाशेंतली खरी गिरेस्तकाय ह्या पुस्तकांत दिश्टी पडटा.

देखीक :-

१. 'त्या दिशी शाळंची सगळी पोरवं वनभोजनाला निगाल्ते आन् आमीमातूर पाठीवर शाळंच्या पिशव्या टाकूनशानी शाळंत आल्तो.'

२. 'न्हैय तर उपाशी मारील दिसभर.'

३. 'सांच्याला आल्यावर तुझं खाडं घालील, चल.'

दुर्बळांचेर हल्लो करतना, शोशण

करतना, बायलमनशेचेर अत्याचार करतना ह्या समाजांतल्या पुरुशाच्या व्यभिचाराच्या समर्थना खातीर तांकां तांची सत्ता, संपत्ती, समाज संस्कृती आनी धर्माचें फाटबळ आसता. पूण बायलमनशेचें कितें? तिचेर आगळीक जाल्यार तिकाच आपल्या पोटांत वाडोवचें पडटा.

लेखक आपल्या आवय-बापायच्या अनैतिकेक आगळीक समजता. ताच्या बापायकडेन वर्ग-वर्णवेवस्थेन दिल्ले जन्मसिध्द अधिकार आसले. तांच्या संभोगाक संस्कृतीन प्रतिश्ठा मेळोवन दिल्ली. हाचे विरुध्द लेखकाची आवय अस्पृश्य वा दारिद्री. ती जरी उच्च कुळांत जल्माक आयिल्ली, गिरेस्त आशिल्ली, तर तिचेर ही परिस्थिती येवची नासली. हो व्यभिचार नासून ताची आवय समाज वेवस्थेची बळी जाली. हाची समज लेखकाक दलित चळवळ आनी दलित साहित्यांतल्यान जाली. दलित चळवळ महायुध्द आसा, तर दलित साहित्य महाकाव्य आसा, अशी लेखकाची श्रध्दा आसा. खंयूय वा खंयचेय बायलेचेर जाल्लो अन्याय ताका ताच्या आईचेरूच जाल्लेवरी दिसतालो.

Who am I? हो निग्रोसारकोच Identificationचो प्रस्न लेखकाक सतायतालो. ल्हानपणा सावन पळयत-आयकत आयिल्ल्या लेखकाच्या मनाचेर घायासारके आसा म्हुण ते उतरांतल्यान व्हांवतना दिश्टी पडटा. लेखक भुतकाळाकडेन माजरा दोळ्यान पळयता. तेन्ना निमण्या उगडासा मेरेन पळयल्ले, जे ताका सांगन दिसलें, तें ताणें सांगलां.

ताच्या रगताच्या नात्याचे भयणीन ताचें हें बरोवप पळोवन, कित्याक बरयता, हें बरोंव नाका बरयता जाल्यार आमचो उल्लेख लेगीत करूंक नाका अशें सांगलें. लेखकाचे बायलेनूय आपल्या भुरग्यांच्या हुसक्यान ताका म्हळें, हें सगळें कित्याक बरयता? कितें फायदो बरोवन? हें लोकांनी वाचलें जाल्यार आपल्या भुरग्यांचें कशें जातलें? तांचे कडेन कोण लग्न जातलो? अशे हजार प्रस्न.

लेखकाकूय तिचें म्हणणें पट्टालें तरी आसतना दर गांवांत पाटील, जमीनदार, सावकार आसतात. तांचीच रांड आसता. हे रांडेच्या भुरग्यांच्यो व्यथा, वेदना लोकांक कळपाक जाय. कोणाचोच विचार करिनासतना लेखकान स्वताच्या मनांतले कडू-गोड अणभव उतरांनी मांडपाचो यत्न केलो.

शिक्षणाक लागून ताका घरासावन पयस वचचें पडलें. शिक्षण घेता आसतना ताका पयशांचीय अडचण येताली. तेन्ना ताका आदार जायसो दिसतालो. आवयचो ताका खूब उगडास येतालो. लेखकान बरयलां, म्हाका आवयचो मोग केन्नाच मेळ्ळो ना. ती म्हजी पुराय आवय न्हय, ती म्हजी अर्दीच आवय, तर अर्दी पाटलांची. तिका पाटलांची मर्जी सांबाळची पडटाली. म्हाका दूद जाय आसतना तिचे हात मात पाटलांचे मर्जेखातीर गुतिल्ले आसताले. लेखकाची आवय शेणिल्ली. केन्नातरी चुकून ताचे आवयन ताचे फाटीवेल्यान हात भोंवडायल्यार तो स्पर्श ताका जीण दिवपी थारतालो.

लेखकाची आर्थिक परिस्थिती खूब वायट आशिल्ली. पिकाच्या दिसांत जनावरां शेतांत चरतालीं. ज्वारीचीं कणसां खावन दाणें हागतालीं. शेणांत फुगलेले हळडुवे दाणें आसताले. दाणें आशिल्लें शेण संतामाय घेताली. न्हंयेचेर तें शेण धुताली, मागीर दाणें सुकयताली आनी जात्यांत घालताली, त्या पिठाची भाकरी करताली. भाकरीचे ते कुडके चाबतना लेखकाक शेण(सुकिल्लें) चाबिल्ल्याभशेन दिसतालें.

तशेंच एकदां गांवांतल्या बायलेकडल्यान पिठाचो डबोच जमनीर पडलो. मातयेंत पडिल्लें पीठ ती बायल वयलें काडून घेवन गेली. लेखकान मिस्तुराद जाल्ली माती एकठांय चाळणीन पीठ चाळ्ळें आनी भाकरी खाली.

व्हडल्या सावकाराच्या घरांत जर मडीं बी मसणांत व्हरतना फाट पयशे उडयल्ले दिसले तर ते लेगी पुंजायतालो.

सोमाराक अक्कलकोटाचो ब भरतालो तेन्ना पोटाखातीर तो खाव जिनस चोरतालो. केन्ना केन्ना क मेळनासलें तेन्ना लोकांनी केळीं ख उडयल्ल्यो केळ्यांच्यो साली एक करतालो. न्हंयचेर व्हरून धुतालो अ खातालो. इतली ताची आर्थीक परिसि वायट आशिल्ली.

वाचतना आंगार कांटो येता. दिसता कितली गरिबी आनी गरि लाचार जाल्लो लेखक आनी लेखक समाज. दरिद्रच ह्या समाजांतल्या बायल भोगाक प्रवृत्त करता. सोबीत आसप ह्या दलित जातींत बायलांक शिराप धर्मान दिल्ली वर्णश्रेश्टतायेची शक्त अ बापायची मिरास जाचेकडेन आसा त दलितांक भोगलां. गांवां-गांवां जमीनदार, पाटलांनी शेतमजूर दलि बायलांक आपल्या जाळ्य अडकयल्यांत. तांकां रांडेसारकीं वापरता गरिबांचीं वयांत आयिल्लीं पोरां हां वासनेची शिकार जातात.

लेखकाची जिणूय आ भोगावळीतलोच असो जल्म. लेख फाटल्यान वनी, सुनी, पमी, तम्म इंदिरा,सिद्रमा अशीं भावंडां जालीं. सग एकाच गर्भांत एकाच रक्ताचेर वाडिल्ल आवय एकूच पूण बापूय बदलत गेल्ले

हातावयलें पोट, दादा एकटो हमाली करतालो, सदांच कमोवपाचें आ

खावपाचें. पाव आटव, ज्वारी, धा पयशाचें गोडें तेल, चार आण्याची दाळ. च्या पुरती हमालीची जोड जाताली. सोमार अक्कलकोटचो बाजार. ताका लागून ताची पांच स रुपया हमाली जाताली.

सगळे लोक गांवांतल्या देवळांत वताले, पूण तांकां देवळांत वचपाक बंदी आशिल्ली. तांकां गांवाभायलो कोयर मानताले. गांवांतूच परक्यासारके ल्हानाचे व्हड जाले. पिराये वांगडा हें परकेपण वाडत गेलें. ताका लागून तेन्ना सावन ते आयज मेरेन लेखकाक स्वताच्या भुरगेपणाचो उगडास आयलो की खूब भिरांत दिसता.

लेखक, ताची आजी, दादा पयलीं प्रासा फाटल्यान उगड्यार रावताली. फातरांची चूल, उगड्यार रांदप, खावप आनी न्हिदप. पावसा दिसांनी सगळें गळटालें तेन्ना चार पत्रे लावन आडोस केल्लो. कशेंय जावं! तेंच तांचें घर आशिल्लें. इतलें ल्हान की रातचे पांय सरळ केल्यार लेगीत चूल मोडटाली. प्रास म्हळ्यार लेखकाचें घर. कॉलेजच्या चैनीच्या विश्वांत ताची गरिबी पचनासली. गरिबीचें दूख खूब खोल आसता. दुखूच मनशाक अमर्याद करता. दूख मनशाक मनीस म्हुण उबो करता. जाच्या दुखाची नाळ कणखर आसता तो अविचल आसता. दुखाचीं अठरा विश्वां आंगा-खांद्यार खेळयत लेखकान शिक्षण घेतलें.

अश्या ह्या गरिबिच्या चिखलांतूय लेखकाक संतामायन आनी दादान खूब आधार दिलो. तांणीं केल्लो लेखकाचेर मोग ताचें साहित्य वाचतना दिश्टी पडटा. दादा एकटोच जोडटालो. उपाशी पोटार माथ्यार वजें घेवन पयस पयस वतालो, चार पयशे मेळोवपा खातीर.

जेन्ना लेखक गिमाच्या दिसांनीं गांवांत येतालो तेन्ना संतामाय आनी दादा

ताका कांयच उणें करिनासलीं. वेळ पडल्यार दोगांय उपाशीं रावतालीं पूण लेखकाक पोटभर जेवण तरी दिलेबगर धाडिनासलीं. जेन्ना दादा सोरो पिये नासलो तेन्ना तो लेखकाक कुशीन घेवन न्हिदतालो. खीणभरयाक हांव आवयकुशीनूच न्हिदलां काय कितें? अशें लेखकाक दिसतालें.

लेखकाची 'टेलिफोन ऑपरेटर' म्हुण अहमदपुराक नेमणूक जाली तेन्ना दादा ताका बापायसारको मेळपाक येतालो. तांच्या नात्यांत धर्म, जात आडवी येवपा सारकी वेळ दादान हाडली ना. ताका 'बापूय ना' अशें केन्नाच भासूंक दिलें ना.

मनीस जरी हाडां मांसाचो, तांबड्या रक्ताचो आसलो तरी ताचीं रुपां, सभाव, गूण वेगळे आसतात.

ह्या पुस्तकांत सोबीत उतरावळींचो, वाक्यरचनेचो आस्पाव केल्लो पळोवपाक मेळटा.

देखीक :-

* हळशीकेन बुडिल्लीं कागदां आनी आमची भूक!

रद्दी तागडेंत जोखतना दिसतालें, ते तागडेंत आमची भूक दवरिल्लेवरी.

उपरांत पळोवप कितलें किलो वजन जाता ते भुकेचें! भूक जोखप, पोट जोखप, स्वताक जोखप - दिसभर जमिल्ल्या रद्दी इतलें तरी वजन आसा काय मनशाचें!

* कोणीतरी म्होंवामालें मारचें, ताचें म्होव काडचें, पोळें इबाडचें आनी म्होंवामूस भणाणत दुसऱ्या माल्याच्या शोधांत वचप तसो हऱ्या घराकडेन गेलो.

* केन्ना केन्ना हमाली मेळनासली तेन्ना गर्भपाता उपरांतचें पोट सांबाळ्ळ्यावरी आमी आमच्यो आशा सांबाळीत रावताले. थंड चूल, रिकामी दुर्डी, हमाली नाशिल्ली. फकत काळीज चिरतात.

* कांय क्रियापदां देखीक :-

हुती, आल्तो, देयाचे, घाल्ते व्हनार, हाणल्तं, येत्याती, हैच

* कांय उतरां देखीक :-

म्या, निजलेल्या, डल्ल्या, ठोणा, त्येला, आवतान, अगूदर, न्हैय, वंगाळ, आंगी, अन्यांदा, इड, मिडकणे, सडी, खोंड, मासकंड, हाजरणे, बळ्ळ मांदं, चिंधं, सपलं, खर्चणे, गुर्दुळा, उरवुंड, कडूसन, पाडेवारकी, गुडीत, भादरणे.

आनीक अशी कितलीशीच उतरावळ मेळटा. वाचतना गिन्यान वाडटाच पूण असोय एक समाज आसूं येता हाची जाणीव म्हाका जाली.

अक्करमाशी ही एक गाळ आसा. अक्करमाशी म्हळ्यार 'इकरा माशे : बारा माशाचो एक तोळो जाता.' 'अक्करमाशी' मनशांचे बाबतींत अशेंच. तांचो जल्म लग्न जायनासतनाच संभोग घेवन जाल्लो आसता.

'कोल्हाट्याचं पोर', 'उपरा' आनी 'अक्करमाशी' हीं दलित साहित्यांतलीं आत्मचरित्रां. आनी कितलींशींच आसात पूण म्हज्या मना-काळजाक हात घालून बरोवपाक लावपी आनी पर्थून वाचपाक लावपी.

■

यात्रा विवेकानंद स्मारकाची

गेल्या मार्च म्हयन्यांत विवेकानंदाच्या सार्धशती महोत्सवा निमतान गोंय सरकारच्या शिक्षण खात्यान भुरग्यां खातीर कन्याकुमारीची एक यात्रा आयोजीत केल्ली. ते यात्रेक ४० भुरग्यांबरोबर वचपाचो योग म्हाका आयलो. ते यात्रेच्या निमतान हो लेख...

जानेवारी म्हयन्यांत शिक्षण खात्याचें एक परिपत्रक आयलें की ४० भुरगीं आनी ३ टिचरी कन्याकुमारीक वचपाक तयार रावात. सरकार प्रत्येक भुरग्या फाटल्यान १५०० रुपया दितलो. वचपाचो-येवपाचो खर्च तो, बाकी सगळो खर्च आमी करपाचो. असलीं परिपत्रकां आयलीं की म्हाका उमेद जाता. हांव खुशालभरीत जातां. यात्रेक वतना कडू-गोड अणभव मेळटात. ताचे पयलीं हांव फेब्रुवारी म्हयन्यांत 'भारत यात्रा' योजनेच्या अंतर्गत औरंगाबाद, अंजिठा वचून आयिल्लें आनी भुरगींय उमेदींत आसलीं.

हांवें म्हजी तयारी केली. ४० जाणांचीं नांवां रोखडींच घेतलीं आनी त्या परिपत्रकाक जाप धाडली. परत जाप आयली, तुमी पयलीं वचून येयात मागीर तुमकां पयशे मेळटले, आतां बोंबाबोंब जाली, खंयच्यान पयशे उबे करपाचे, तेन्ना आमच्या इश्टाचें आनी बऱ्या मागत्याचें नांव याद आयलें. शैलेश कामत आनी तांची अष्टविनायक यात्रा कंपनी. तो तयार जालो, पयशे मागीर दियात म्हणपाक लागलो. उरिल्ले पयशे भुरग्यांकडल्यान एकठांय केले आनी आमी वचपाक भायर सरलीं.

भोंवडेचो दीस उजवाडलो. ४० भुरगीं आनी आमी तीन टिचरी. तातूंत एक वयस्क सिस्टर, एक वयस्क टिचर आनी हांव भायर सरलीं. पूण बरोबर शैलेश आनी चटर्जी आशिल्लो म्हुण व्हडलेशे त्रास पडले नात.

विवेकानंद म्हजो आदर्श, युवकांचो शिल्पकार, तांची प्रत्येक ग देखदिणी. आपल्या ल्हान आनी म्हान आयुश्यांत ताणीं लोकांक भर दिल्लें आसा. 'ARISE, AWAKE - till goal is not reac ह्याच उद्देशान परत एकदां म्हाका कन्याकुमारीक वचचें आशिल्लें. भार दक्षिण तोंकार आशिल्लें हें स्मारक हांवें पयलीं ८६-८७ त पळय थंयचो सुर्यास्त पळयल्लो. पूण आतां थंय वता म्हुण एक वेग उमळशीक म्हाका लागिल्ली.

सांजवेळार कन्याकुमारी पावलीं. आमचें हॉटेल बरोबर बाजारांत वे तोंड करून उबें आशिल्लें. आमकां सुर्योदय बरोबर दिसतलो म्ह प्रगती, अंकीता, लक्ष्याक खूब आनंद जालो. पावल्या उपरांत च्य घेवन सांजेचीं दर्यावेळेर भोंवपाक गेलीं. थंय पळयल्यार शंख, शिंपल्य कितल्योशोच वस्तू - माळो, व्हडले व्हडले शंख, शोभेच्यो वस्तू पळोवंक मेळ्ळ्यो. ल्हान ल्हान वस्तुंनीं बाजार भरिल्लो. सांज ज आनी रातीकडेन मात लायटीची कपात दिसली. थोडेकडेन लायटूच नाशि

दुसऱ्या दिसा सगळीं भुरगीं बेगीबेगीन साडेचारांक टेर्रेसार धां सुर्योदय पळोवंक. पूण आमच्या सगळ्या लोकांच्या आगमनाचेर लागली. सात जालीं तरी सूर्यान आमकां तोंड कशेंच दाखयलें ना. पावस पडून गेल्लो आसुंये, तांबड्या कुपां आड तो भितरूच बसलो अ आमकां ताचें प्रसन्न मुखामळ पळोवपाचें भाग्य लाभलें ना.

त्या दिसा विवेकानंद स्मारक पळोवंक गेलीं. लॉचींतल्यान वचप खूब मजा येता. लायफजॅकेट घालून आमी बशिल्लीं. खंय तरी प वतात असो भास जातालो. लाँच स्मारकाच्या फातरांक लागना जा परत परत टायराक आपटपाक लागली. कारण त्या वेळार दर्यार भ आशिल्ली. एकदांचें आमी फातराचेर पावल दवरलें. हेच शिळेचेर स्वामी

(पान नं. ७२ पळयात..

अनपेक्षीत मोड

हेवटेन जया जल्माक आयलें तरी निर्मलाचें मन त्या घरांत कशेंच रमनासलें. निर्मल आपली नोकरी सोडूंक कशेंच तयार नासलें. ताका हांगा उमेशाच्या गांवांत म्हळ्यारच गोंयांत नोकरी करपाची नासली आनी गोंयांतय रावपाचें नासलें. स म्हयन्यांचे चलयेक त्या घरांत सोडून तें नोकरेच्या निमतान आपल्या गांवांत गेलें. पयलीं-पयलीं म्हयन्यांतल्यान ना तर पंदरा दिसांतल्यान जयाक भेटूंक निर्मल घरा येतालें. कांय तेंपान तेंवय खूब कमी जालें. उमेश आपले बायलेक म्हळ्यार निर्मलाक समजावपाचो खूब यत्न करतालो. पूण तें कशेंच आयक नासलें.

शर्मिला वि. प्रभू
आगाळी-फातोर्डा.
फोन : २७४०६४०

''कशें आसा तूं बाय?'' हांवें जयाक फोन केलो.

''हांव बरें आसा आतू. पूण तुवें कित्याक केलो फोन?'' जयाचो सदांभशेन व्हड प्रस्न.

''कांय ना गो. बेठीच चिंता कशी जाली गो. ओन्दू तुजें नवें वजें न्हय? पयलेंच वजें म्हणटकच ह्या आतुचेरय चिंतेचें वजें. तुका कितें जाय नाका सगळें सांगलां मगो पापाक?''

हांवें हुस्को परगटायल्लो पळोवन जया बिनधास्त हांसलें. ल्हानपणासावन ताचें हांसप अशेंच बिनधास्त. खळखळून! ताच्या हांशांत एक समाधानाचें किरण फांकतालें, ''आतू तूं कांयच भियेवं नाका. खरें म्हळ्यार आत्तू म्हजे मांयन वजेंच नाका वायणां आनी एक साखरेची पुडी नातर धाडल्यार पुरो अशें म्हजे मांयन सरळ सांगिल्लें. पूण पापा खंय आयकता? काका-काकीय बी आयिल्लीं. आमच्या घरांत घालून, च्या गजाली बी करून मागीर आत्तू, काकीन म्हाका वजें सामान धाडलां. तें सामान फकाणांच करूंक आमचो आखवो चवथीचो सगळीं खाणां आवडलीं. पुनीताक काकीन केल्लीं आवडटात.'' जया फोनार जयाचीं तीं उतरां आयकून थाकाय गावली.



हय, जयाचें पयलेंच ओंदूच लग्न जालें. जया हांसत्या मुखामळाचें, लांब ताचो रंग ताच्या रुपाक म्हुण सांगिल्लें. फक्त पांच कितेंय गोड खाण पापाकच फोन करून कालच येवन गेलो. वांगडा गाडयेनसून पुराय सामान बी घेवन माँ-डॅडी वांगडा वचपाक भायर सरलीं. म्हुण एक गाडीभर सुमार पळोवन आमचो डॅडी तर लागलो, 'जयाच्या पापान खर्च वांटयलो.' माँ-डॅडीक तिखट जावं गोड! म्हज्या सगळीं खाणां भोव भरभरून उलयतालें. म्हाकाय काळजाक बरीच नवें चवथीचें वजें! जयाचें आमचें नाजूक शिडशिडीत, केंसांचें! रंगान काळें सावळें, फावो तसोच आसलो. ताच्या खळखळून हांशांत तें सगळ्यांचेंच मन पेलयतालें. तशें ल्हानपणासावन जयाक कांयच कमी नासलें. एका घरंदाज नांवास्तीक घराब्यांत ताचो जल्म जाल्लो. आयजमेरेनची घराण्याची प्रतीश्ठा, नांव ताच्या आज्या-पणज्यान तशेंच ताच्या बापायनय सांबाळून दवरिल्लें. गांवांतल्या देवळांत उत्सव आसूं नातर गांवच्या चावडेवयल्या बाजारांत सार्वजनीक गणेशोत्सव आसूं. वर्गणिची सुरवात जयाच्या घरा पसुनच सुरू जाताली. तिवय जयाच्या आजाच्या हातांतल्यान, घसघशीत देणगेन. मागीर किदें सांगता गांवची वर्गणी एकठांय करपी पोरां उमेदीन आनी खोशयेन गांवभर वर्गणी मागूंक वतना 'पातय-वाड्यावयल्या तात्यान कितली वर्गणी दिली पळयात.' अशें हड्डें फुलयत गांवकारांच्या दारांत पांय दवरतनाच बरी कॅसेट लायतालीं. तात्यान वर्गणी दिली म्हणटगच ही वर्गणी मागपी पोरां, 'बरेंच खंयचेंतरी काम करतात आसूंये!' ह्या बिनधास्त विश्वासान वर्गणी दिताले. तात्या जरी सदळ हातान वर्गणी दितालो तरी तो शिस्तीन मात कडक आसलो. रेक्त मनीस, ताका कोणेंच देवांच्या, समाजसेवेच्या नांवार फटींगपणां केल्लीं अजीबात आवडनासलीं. अशा ह्या घराब्यांत खोशयेचे उमाळे सजयत जल्माक आयिल्लें जया कालपयर तर व्हिस्तीद, घागरो-

चोळी आनी पांयांत पांयजणां घालून घरभर नाचतालें. आपल्या चुणचुणीत उतरांनी तात्याक माया लावपी, दिसूयभर सगळ्या घरच्यां वांगडा तात्याकय हांसोवपी जया केन्ना व्हड जालें तें म्हजें म्हाकाच समजलें ना! हांव, मदल्या काळांत भुरगीं-बाळां संवसार हातूंत गुरफटील्ल्यान म्हजें तर कुळारा जवळ-जवळ वचपच बंद जाल्लें. 'कार्य-कारण जायनाका कुळारा वचनाका' अशीच किदेंतरी म्हजी गत जाल्ली. मात जयाच्या 'बाललीलांची' खोस अणभवपाक हांवय आतां धांवन-धांवन परत्यान-परत्यान कुळारा वतालें. म्हजेसारखेल्ली मायेची, अपुरबायेची कुळारची धूव आतां आपले खबरेक जया-बायच्या निमतान पावता हें पळोवन खोशी जाल्लो तातो जयाची आनीकय अपुरबाय करतालो. एकंदरीत जया सगळ्या घरच्या मनशांचे जिणेंत खोशयेचे उमाळे पेरीत व्हड जालें. जया आपल्या आवय-बापायवरी शिकपाक हुशार. जयाचो बापूय तसो पयलीं पासून शिकपाक हुशार. खेड्यांत रावन लेगीत शारांत वचून आपले बुध्दीमत्तेचो बरो उपेग ताणें केलो. इंजीनेर म्हुण डिग्री संपादन करतना वांगडा 'गोल्ड' मॅडलय ताणें मेळयलें. एम्. ई. चें शिकप घेवपाक तो गोंयाभायर गेलो. एम्. ई. शिकून जाता म्हळ्यार एका नांवास्तीक मल्टीनेशनल कंपनींत ताका नोकरीय गावली. तात्यान तर सगळ्या गांवभर दुदफेणे वाटले!

जयाचो बापूय म्हळ्यार उमेशभय्या. ताच्या फाटलो म्हजो धाकटो भाव 'श्रीशय'. शीकपाक हुशार. तोवय 'बि. फार्म' मेरेन शिकलो. तात्यान मात ताका गोंयांभायर वचूंक दिलो ना. ताची आवड पळोवन गांवातच ताका फार्मास घालून दिली. फार्मास सांबाळटना तो घरदार, भाट-बेस सगळ्यांचेरूच तात्या वांगडा लक्ष दवरूंक लागलो. आपले दोगूय पूत जोडकार जावन आप-आपले ऐपती नुसार स्वताच्या पांयार उबे राविल्ले पळोवन तात्या भोव खोशी जालो. उमेशाच्या फाटल्यान आनीकय एक धाकटो पूत लग्नाचो आसा देखून तात्याक आतां उमेशाच्या लग्नाचो हुस्को जावंक लागलो. उमेश भय्याच्या ऑफिसांत काम करपी एक हुशार चली म्हळ्यार निर्मल. दोगांयचींय मनां, विचार

खूब मेळटा जुळटाले. कांय दिसां भितर दोगांयचीं काळजांय एकामेकांक जुळोवन घेवंक लागलीं. आतां उमेश-निर्मल फुडाराच्या संवसाराचीं सपनां चोवंक लागलीं. जाती-धर्माच्यो वणटी तर केन्नाच कोसळून पडल्यात हें सामाजीक परिवर्तनाचें गिन्यान आशिल्लो तात्या जाणा आसलो. जातीचो विचार करिनासतना, आपल्याच धर्माची, शिकिल्ली सवरिल्ली चली. मुख्य म्हळ्यार शिक्षणान आपल्या पुताच्या तोलामोलाची चली आपल्या घरांत सून म्हणून निर्मलाक हाडपाक तात्यान उमेशाक हयकार दिलो. पर्थून एक फावट आपलें मन कितलें व्हड हाचो तात्यान पुरावो दिलो. उमेशभय्या वांगडा घरचीं सगळीं भोव खोशी जालीं. कांय दिसांनी तात्यान देवा-ब्राह्मणाचे साक्षीन उमेश-निर्मलाचें लग्न केलें. निर्मलान हक्कान सून म्हुण तात्याच्या घरांत पावल दवरलें. ल्हान भुरगीं पदराक आसतनाच बायलेचें सूख खोवसून बशिल्लो तातो आपल्या व्हडल्या पुताचो फुलतो संवसार पळोवन भोव खोशी जालो. चार दीस लग्नाच्या घरांत सारून उमेश आपल्या घरकान्नीक म्हळ्यार निर्मलाक घेवन नोकरेच्या गांवांत गेलो.

गोंयाभायर रावलो तरी उमेशाचें मन मात आपल्या घराब्यांतल्या मनशां भोंवतणीच घुटमळटालें. कांय दिसांनीं तशी संद ताका गावली. जे कंपनींत उमेश काम करतालो तेच कंपनीची एक शाखा गोंयांत सुरू जाली. हे शाखेचो मुखेली, जापसालदारकी सांबाळपी म्हुण उमेश ग पावलो. इतलेंच न्हय तर आनी एक खोशयेची गजाल घेवन उमेश-निर्मला आ गांवांतल्या घरांत आयिल्लीं. निर्मलाक च म्हयनो सोंपून पांचवो लागिल्लो. तात्या आपले सुनेक खंय दवरूं खंय नाका अ जालें! ताणें चंपूक सुनेची रात-दीस कु करूंक घराच दवरून सोडलें. निर्मल उमेशाच्या घरच्यांमदीं कशेंच मिसळना वोग्गी एकटें-एकटें शें, पेल्यान-पेल्या रावतालें. गांव नवो, मनशां नवीं, त भरिल्ल्या आंगाचें. ताचे आवयचो गांव ख पयस. अशावेळार सगळ्यांमदीं मिसळून वा कांय दीस वतलेच अशें तातो सगळ्या घरच समजायतालो. उमेश मात आपल्या निर्मल भोव मोग करतालो. 'आपल्या घरचीं म खूब मायेस्त आसात. तांकां समजून घे. सग वांगडा मायेन वाग. मेळून-मिसळून राव.' अ तो निर्मलाक समजायतालो.

तात्याच्या घराब्यांत नातीच्या रुपान ज जल्म घेतलो आनी तांचो घराबो खोशये किरणांनी भरून गेलो. सात-आठ म्हयने पु जाता म्हळ्यार जयान काकीय घरांत हाड टिटू काका आनी काकीचें जया तर सामक मोगाची धुवडी! हेवटेन जया जल्माक आ तरी निर्मलाचें मन त्या घरांत कशेंच रमनास निर्मल आपली नोकरी सोडूंक कशेंच त नासलें. ताका हांगा उमेशाच्या गांवांत म्हळ्या गोंयांत नोकरी करपाची नासली आनी गोंयां रावपाचें नासलें. स म्हयन्यांचे चलयेक त घरांत सोडून तें नोकरेच्या निमतान आप गांवांत गेलें. पयलीं-पयलीं म्हयन्यांतल्यान तर पंदरा दिसांतल्यान जयाक भेटूंक निर्म घरा येतालें. कांय तेंपान तेंवय खूब कमी जा उमेश आपले बायलेक म्हळ्यार निर्मला समजावपाचो खूब यत्न करतालो. पूण तें कशें आयक नासलें. सगळें सोडून चलयेक घे आपल्या गांवांत यो म्हुण उमेशाक सांगपी निर्म हट्टाकच पेटिल्लें. मुळांतच निर्मलाचो सभा हट्टी आसलो. उमेशान ताका समजायलें तात्यानय ताका खूब समजावपाचो यत्न केलें आतां उमेशाचीं आनी निर्मलाचीं झगडीं जावं

लागलीं. उमेश येदें व्हडलें चार पिळग्यांचें राजआंगणाचें घर सोडून वचपाक तयार नासलो. घरांत नोकर, चाकर हाडपा-पावोवपाक ड्रायवर सगलेंच किदें आसलें. तरीय ह्या सूख-साधनांचो आनंद घेवंक निर्मल तयार नासलें.

म्हणटां-म्हणटां जया वर्साचें जालें. पयलो वाढदीस मनोवंक निर्मल खासा आपल्या घरा आयलें. तें आयलें तें पळोवन सगळीं घरचीं भोव खोस जालीं. सगळ्यांनीं मेळून जयाचो वाढदीस व्हडा दबाज्यान मनयलो. उमेशाक दिसलें निर्मल सुधारलें. आतां तें आपल्याक आनी जयाबायक सोडून वचचें ना. पूण तशें जालें ना. निर्मल येतासतना घटस्फोटाचो अर्जच आपल्या वांगडा घेवन आयिल्लें. थंडपणान ताणें तो कागद उमेशाच्या हातांत दिलो. दुसऱ्याच दिसा तें आपल्या कुळारच्या गांवांत वचपाक गेलें. उमेशाच्या संवसाराक कोणाची तरी नदर लागिल्ली. हाचो वायट परिणाम मात जया भोगतालें. ताका आवयची माया म्हणटात ती मेळूं नासली. चंपूनच ताका व्हड केलें. सगळें भुरगेंपण ताचें टिटूकाका आनी काकीच्या आंगा-खांद्यार खेळत तांचेच मायेचे उबेर सोंपलें. टिटू काका-काकीन आपलो पूत आरव आनी जया हांचेमदीं केन्नाच भेदभाव केलो ना. आपल्या पुता परस चड माया तीं जयाचेर करतालीं. जयाक लागून आपणाक आनीक भुरगीं नाकात हो निर्णय ताणीं खासा जयाक त्रास जावनये देखून घेतलो. जयाच्या सुखा खातीर तशेंच आपणें एका तेंपार निर्मलाचेर भोव मोग केला देखून उमेशान घटस्फोटा उपरांत निर्मलाक मागता तो दुडू दिलो. पर्थून लग्नय जावंक ना.

उमेशाचे जिणेंतलें व्हड पर्व सोंपिल्लें. जयाय आतां वयांत आयिल्लें. आपल्या बापायचे जिणेंत जें कितें घडलां तें समजुपा इतलें तें समजुतदार आसलें. जसो उमेश आपली धूव जयाचेर मोग करतालो तशेंच जयाय आपल्या बापायचेर भोव मोग करतालें. धुवेच्या मोगा खातीर उमेशान परत लग्न जावंचो ना असो निर्णय घेतलो. तातो तर ह्या सगळ्या गजालींनी खूबच खचून गेलो. भांगरा सारक्या आपल्या पुताचे जिणेंत आयिल्ल्या ह्या वादळाच्या वाऱ्याची झळ साहजीकच तात्याच्या आरोग्याक लागली. ताची

भलायकी आतां पयलींवरी उरूंक नासली. जया मन लावन अभ्यास करतालें. आपल्या बापायक-आज्याक म्हळ्यारूच तात्याक खूब सांबाळटालें. आतें ह्या नात्यान जया सुखादुखाच्यो गजाली म्हजेकडेन शॅर करतालें. जया बापायवरीं शिकपाक हुशार आसलें. घरांतल्या सगळ्यांक सांबाळत, प्रत्येक गजालींचेर वेवस्थीत लक्ष दवरीत तें अभ्यासय त्याच नेटान करतालें. 'एम्. एस. सी.'ची, पोस्ट ग्रेज्युयेशनाची डिग्री जयाच्या हातांत पडली. तशें तात्यानय जयाचें नक्षत्र सोयरीगती पळोवंक भायर काडलें. तशो जयाक केन्ना सावन मागण्यो येताल्यो पूण तात्या मात जयाच्या मताकडेन सहमत आसलो. 'पोस्ट ग्रेज्युयेशन' जाल्याशिवाय आपूण लग्न कशेंच जावचें ना अशें जयान तात्याक पयलींच सांगून दवरिल्लें.

तात्याच्या इश्टानूच पुनीताची सोयरीगत जयाखातीर आमकां दाखोवन दिली. तसो पुनीत सगळ्या गुणांनी बरो हें जयाय जाणा आसलें. 'पुनीत' बापायचो काजुबियांचो कारखानो वेवस्थीत सांबाळटालो. बापाय वांगडा खांद्याक खांदो लावन धंद्यांतल्या प्रत्येक गजालीची जापसालकी बेस बरी पार पाडटालो. इतलेंच न्हय तर आपले फॅक्टरींतल्या काजुबियांचो 'एक्स्पोर्टय' ताणें सुरू केलो. पुनीताचे व्हडले भयणीचें लग्न जावन तें आपल्या संवसारांत रमिल्लें. इतली सगळी म्हायती जयाक पुनिताबद्दल गोत आसली देखून जयान पुनिताक हयकार दिलो. पळोवंक गेल्यार तसो पुनीत जयापरस कमीच शिकिल्लो. तरीय पुनीत जया खातीर योग्य आसा अशें जया वांगडा आमकांय दिसतालें.

जयाची आवय निर्मल घटस्फोटानंतर लग्न जावन आपल्या संवसारांत रमिल्ली. जया तर आपल्या आवयचो दुस्वास करतालें. ल्हानपणांत आपल्याच मायेच्या पोराक सांडून वचपी आवय ती कसली! 'माता न्ही तूं वैरीणी' हे म्हणी प्रमाण जया आपल्या रक्ताचे आवयचो दुस्वास करतालें. तें तर आपले काकीकच आवय मानतालें. आपल्या लग्ना बद्दल आपले आवयक कांयच सांगूं नाकात, इतलेंच न्हय तर निर्मलाक लग्नाक लेगीत आपोंव नाकात हें ताणें तात्याक आनी आपल्या बापायकय सांगिल्लें.

सगळ्यांचो आशिर्वाद घेत जया एका बऱ्या म्हुर्तार पुनीताची घरकान्न जाली. टिटून जयाचें कन्यादान केलें. लग्न जावन जया जेन्ना आपल्या नव्या घराब्यांत सून म्हुण वचपाक भायर सरलें तेन्ना उमेशा वांगडा आमच्या सगळ्यांच्या दोळ्यांत दुकां भरलीं. हातूंत तातोय आसलो. तांतलीं कांय दुकां समाधानाचीं आनी खोशयेचीं लेगीत आसलीं हेंय तितलेंच खरें. पुनीताची आवय तर जयाक आपली सून मानीनासतना धूव मानताली. ताणेंय पुनीताच्या घरच्यांक खूबच माया लायिल्ली. खोशयेच्या उमाळ्यांनीं दीस कशे उडून गेले तें आमकां कोणाकच कळळें ना. अकस्मात आयिल्ल्या वावटळीच्या मोडान स्वताक सावरून जयान सगळ्या घरच्यां वांगडा तात्याकय व्हड सूख समाधान दिलें. मनाची आनी संस्कारांची व्हड गिरेस्तकाय घेवन जया त्या ताच्या नव्या घराब्यांत वावुरतालें.

ओंदुची चवथ तर म्हज्या घराब्या वांगडा जयाच्या दोनय घराब्यांनीं खोशयेचें उधाण घेवन आयिल्ली. फोनार जयाचें निखळ, खळखळटें हांसप आयकून हांवूय भोव खोशी आनी समाधानी जालें. हांव दोट्टी उमेदीन चवथीचे तयारेक लागलें.

■

दवाखान्यांत भितर सरनाफुडें दोतोरान हांसत्या मुखामळानच आमकां येवकार दिलो. म्हज्या मनांत नकळत हयकाराची भावना निर्माण जाली. ताच्या उलोवपांतल्यान तर सकारात्मक अशे विचार जाणवलेच. दोन तीन म्हयन्या उपरान्त इल्लो इल्लो चलयेचो त्रास कमी जावन ताचो तो दागय कमी जालो. दोतोरान तशें ताका बरें जावपाक कांय म्हयने लागतले हें सांगिल्लेंच. ल्हवू ल्हवू चलयेक सामकें बरें दिसलें. केन्नाय करत्या वखदाची गरज लागली, थंडी बारकुणी जाल्यार ताचेकडेन वचपाची आमकां संवय लागली.

सुशीला निळकंठ हळर्णकार
'शिवकृपा' १३५/के/२ वासुदेवनगर,
दवर्ली, नावेली-मडगांव -४०३७०७
फोन : २७५२९१७

समाजसेवेचे व्रत आपणावपी दोतोर शिरोडकार

मडगांव शार म्हणल्यार श्री दामोदराचें प्रांगण. त्या प्रांगणांत उब्यो आशिल्ल्यो मळबाक ह तेकोवपाची सर्त करपी मन भुलोवण्यो, उंच उंच इमारती. येत्या वत्या लोकांची गर्दी, वाहनांची येराद लायटी दिव्यांचो झगझग आनी ह्या झगझगाटांत भुल्लुसून वचपी हांगाचो मनीस. हें सगळें पळयतव मडगांव शाराचो थाटमाट लक्षांत येता. कितल्याशाच वर्सांच्या इतिहासावरवीं आमकां ह्या शाराची व्हडविक दिसून आलयेबगर रावना. इतलेंच न्हय तर परंपरांची, संस्कृतायेची जतनाय घेवन वावुरपी ह्या शार भायरसून या शारांत पोट भरपाक येवपी खंयचेय व्यक्तीक आदारच दिला. मागीर ती व्यक्ती कोणूय अ दी. तशें पळोवंक गेल्यार आयज लेगीत ह्या शारान आपली 'शान', आपली आस्मिताय तशीच रा दवरिल्ली आमकां दिसता. समाजांत एकामेकांकडेन वेव्हार करतना 'निखटो वेव्हार' अशें म्हणनासत मनीसपणाचे नदरेंतल्यान विचार करून वावुरपी व्यक्ती गेल्या पन्नास वर्सां फाटीं जे तरेन दिसतात तश्योच आयजय आमकां दिसतात. अश्यो व्यक्ती समाजाचेर नकळत उपकार करतातच आनी त्य वांगडा समाजाक नवी प्रेरणाय दिता. म्हणून तर समाज सदांच तांचो आदर करता. मनशाक आप भलायकी इबाडली, दुखलें-खुपलें, हाता भायर वचपी परिस्थितींतल्यान ताण-तणाव निर्माण जावन अस्वस्थ जालें जाल्यार लेगीत मार्गदर्शन करपी, दुयेंस बरें करपी दोतोराकडेन धांव मारचीच पडटा. माग तो दोतोर कसोय आसूं. दोतोरागेर वचून आपल्याक बरें दिसचें, आपले त्रास ना जावंचे, आपली भलाय बरी जावंची हीच त्या दुयेंत मनशाची अपेक्षा आसता. मागीर अशा वेळार तो कितले पयशे घेता वा घेत हाचोय विचार त्या वेळार करिना. केन्ना केन्ना हेरांकडेन निर्शेवन अमूक एका 'विशिश्ट' दोतोराकडे वचून जर ताका बरी वागणूक मेळ्ळी जाल्यार त्या मनश्याक मनाक जी उमेद आनी प्रेरणा मेळूंक पावत तें वयले वयर सांगून कळपाचें नासता. ते ते अणभव आयिल्लो मनीसूच तुमकां बरे तरेन समजून घेवं शकतलो.

अशाच एका मडगांवच्या मदल्या वाठारांत हरिमंदिराकडल्यान वयले वटेन आदर्श व्ही. व्ही. हायस्कूला लागीं आशिल्ले 'गुरूसाई' बिल्डिंगेंत फाटलीं कितलीशींच वर्सां आपल्या दवाखान्यांत दोतोरकी करतनाच नकळत समाजसेवा करपी, समाजाक आदार दिवपी अशी ही एक व्हड व्यक्ती म्हणल्यार डॉ. नारायण शशिकांत शिरोडकार. एक होमियोपाथी दोतोर. ते मूळ कुडतरी गांवचे. तांचें शिक्षण मुंबय आनी बेळगांवांत जालें. तांच्या कामाच्या खंयच्याय वेळार आमी गेलीं जाल्यार दवाखान्यांत कोण ना कोण तरी पेशंट थंय बशिल्लो आसताच. हे पेशंट खंयच्यान खंयच्यान येतात हें कळटकच तर अजापच जाता. दिसाच्या न्हय तर रातीच्या ८ वरांचेर पेशंट म्हूण येवप आनी त्या दोतोरानय तितकेच तळमळीन, आपलेपणान तांकां येवकार दिवप ही खऱ्यानीच तोखणायेची गजाल. हरशीं तशें पळयल्यार दोतोर म्हणटकच दोतोराची वेगळी प्रतिमा आमच्या दोळ्यांमुखार उबी रावता. पूण ह्या दोतोराकडेन पळयतकच आमच्या लक्षांत येतलें की, दिसपाक एक सादो-सुदो, झेत नाशिल्लो अहंकाराचो वारोय लागूंक नाशिल्लो, बारीकसो असो मनीस. पूण हाचे दोळे मात पेशंटाकडेन रोकडेच उलयतात अशें म्हणपाक जाता. होमियोपाथी दोतोर जाल्ल्या कारणान पेशंटाच्या मनामेरेन पावपाची ताची कलाच ताका तशे तरेन प्रेरीत करता आसूंक जाय. पेशंट भितर सरनाफुडें ताका हांसत येवकार दिवप हरशीं दोतोराक तितलेशें जमना. पूण ह्या दोतोराक मात तें बरे तरेन जमलां अशें म्हणू येता. दुयेंतीच्या बारीक बारीक सगळ्या गजालींची नोंद करून ताच्या दुयेंसाचेर वखद दिवप, ताचेर उपचार करप ही तर ताची वेगळीच हातचालाकी. हातूंतच ताचे कलेचें यश दिसता. कारण सहसा ताचेकडेन आयिल्लो खंयचोच पेशंट निर्शेवन, वाजेवन, उबगोन दुसऱ्या दोतोराकडेन गेल्लो दिसना. होमियोपाथी हे उपचार पद्धतींत थोडो वेळ लागताच हें खरें. आमी कशे तरेन मनापासून ही उपचार पद्धत आपणायता ताचेर हें जैत आदारून आसता.

म्हाकाय अश्याच एका वेळ, काळ प्रसंगार म्हजे चलयेक घेवन ताचे कडेन वचचें पडलें. कांय वर्सांफाटीं एक दीस खेळटां खेळटां म्हजे चलयेच्या धोपरा वयले वटेन काळोच दाग मात्शें उंच दादड कशें आयलां हें लक्षांत आयलें. वेळ वगडायनासतना ३-४ दोतोरांक दाखयतकच तांणी ऑपरेशन (शस्त्रक्रिया) करचीच पडटली अशें सांगलें. इतलेंच न्हय तर शस्त्रक्रियेची तारीक आनी शस्त्रक्रियेच्या पयलीं करपाच्यो सगळ्यो चांचण्यो केन्ना आनी कशे तरेन करपाच्यो हें वेळापत्रकय थारायलें. आनी योगायोगान म्हज्या कॉलेजांतच म्हाका एका मनशान दोतोर शिरोडकराचें नांव सांगलें. हांवें घरा येनाफुडें म्हज्या घरकाराक ही खबर सांगली आनी त्याच वेळार दोतोराक वचून मेळपाचो निर्णय घेतलो. आमी चलयेक घेवन पयलेच फावट गेल्लीं खरी, पूण मनांत मात्सो दुबाव आशिल्लो. दोतोर कसो आसत काय? म्हजें चली तर ५-६ वर्सांचें आशिल्ल्यान ताचेकडेन पळयतकच वायटशें दिसतालें. केन्ना केन्ना जिणेंत अशे तरेचे प्रसंग येवन उबे रावतात की मनीस सामको हताश जाता. कितेंय जालें तरी कांय गजालींक ज्याचे ताणेंच तोंड दिवंचें पडटा. आमी त्या मनशाचो आत्मविश्वास वाडोवपाचें काम करूं येता. आनी ह्या दोतोरानय सगळ्यांत पयलीं हेंच केलें. दवाखान्यांत भितर सरनाफुडें दोतोरान हांसत्या मुखामळानच आमकां येवकार दिलो. म्हज्या मनांत नकळत हयकाराची भावना निर्माण जाली. ताच्या उलोवपांतल्यान तर सकारात्मक अशे विचार जाणवलेच. दोन तीन म्हयन्या उपरान्त इल्लो इल्लो चलयेचो त्रास कमी जावन ताचो तो दागय कमी जालो. दोतोरान तशें ताका बरें जावपाक कांय म्हयने लागतले हें सांगिल्लेंच. ल्हवू ल्हवू चलयेक सामकें बरें दिसलें. केन्नाय कसल्या वखदाची गरज लागली, थंडी बारकुणी जाल्यार ताचेकडेन वचपाची आमकां संवय लागली. ताचें काम, ताचें वागप, ताचें पेशंटाकडेन पयशांचे नदरेंतल्यान वेव्हार हें सगळें पळयतकच म्हाका ताचें वेगळेंपण जाणवलें हें सामकें खरें.

एक दीस अकस्मात म्हज्या घरकाराक अस्वस्थ दिसपाक लागलें आनी अशा वेळार वेळ वगडायनासतना योग्य तपासणी करून वखद दिवपच योग्य आसता म्हणूनच दोतोर शिरोडकराकडें वतकच ताच्याच सल्ल्यान तेच बिल्डिंगेंत कुशीकच आशिल्ल्या दोतोराकडेन वचपाचें थारायलें. तिनसांजेचीं ७.३० वरां जावन गेल्लीं. अकस्मात त्या दोतोराकडेन?... म्हाका हरशींच दोतोर म्हणल्यार मात्सो भंयच दिसता आनी अशा वेळार दोतोर शिरोडकरान तुमी भियोवं नाका, हांवूच ताचेकडेन उलयतां अशें सांगून आपूण स्वत: त्या दोतोराकडेन उलयलो. ५-६ दिसां उपरांत म्हज्या घरकाराक बरें दिसलें आनी परत एकदां तपासणी खातीर गेल्लेकडेन त्या दोतोरान म्हाका प्रस्न केलो, दोतोर शिरोडकर तुमगेलो कोण लागता? म्हणल्यार तुमचें ताचे लागीं नातें? त्यावेळार हांवेय ताका सहज अशी जाप दिली. 'दोतोर, प्रत्येक पेशंट हो दोतोराचो हेर नात्यापरस लागीचें नातें दाखोवपी नातेवाईकच आसता.' दोतोरकेच्या पेशाक न्याय दितलो जाल्यार मुखावयलो पेशंट हो नातेवाईकच आसता हें सामकें खरें. मनीस कोणूय आसूं, खंयच्याय हुद्याचेर, पदाचेर आसूं मनीसपण हेंच सगळ्यांत लागीचें आनी वेगळें. मनाक नवी उर्बा, नवी प्रेरणा दिवपी नातें आसता. खरें म्हणल्यार दोतोर शिरोडकाराच्या उतराखातीरच म्हज्या घरकाराची ट्रिटमेंट वेळ वगडायनासतना जावंक पावली. हे तर जल्मभराचे उपकारच जावन आसा.

फाटल्या वर्सांचीच एक गजाल. पावसाचे दीस आशिल्ले. रातीचीं ८- ८.३० वरां जाल्लीं. अकस्मात थंडी आनी जोराक लागून दोतोराक मेळून आयल्यार बरें अशें थारावन म्हजो घरकार दोतोरागेर वचपाक भायर

सरलो आनी ताका सांगात म्हूण हांवूय ताच्या वांगडा गेलें. म्हाका दिशिल्लें, निदान ह्या वेळार तरी कोणूच पेशंट आसचो ना. पूण दवाखान्यांत भितर सरनाफुडें पळय जाल्यार एका १३-१४ वर्सांच्या भुरग्याक घेवन ताची आवय बशिल्ली आसा. त्या भुरग्याचो बापूय भितर दोतोराकडेन उलयतालो. ती बायलमनीस सहज म्हाका हांसली. हें पळयना फुडें म्हाकाय खूब बरें दिसलें. आनी हांवेंच तिका आपलेपणान जाप केली. तिणें आपली आपल्या भुरग्याची आनी आपल्या घरकाराची वळख सांगली. इतलेंच न्हय तर पयलेच वळखींत तिणें आपलें घरदार, नातेवाईक आनी विशेश म्हणल्यार ह्या दोरोकडेन तीं भुरग्या खातीर फातर्पेच्यान कशेतरेन पावलीं आनी आपल्या चल्याच्या भुरगेपणासावन आयज लेगीत साखळेच्यान भुरगो बरो नासत जाल्यार कशे तरेन ह्याच दोतोराकडेन येता तें आयकून तर म्हाका अजापच दिसलें. त्याच खिणाक नकळत म्हज्या जिणेंतल्या प्रत्येक निर्णयाक देवाची कशे तरेन साथ आसता हाची जाणविकाय म्हज्या मनांत जावन हांवें देवाचे थंयच उपकार मानले.

तो भुरगो आनीक खंयच्याच दोतोराकडेन वचपाक तयार जायना. ताच्या आंगांत जोर आशिल्लो आनी साखळेच्यान इतल्या पयस मडगावां दोतोराक मेळपाक ताचे आवय-बापूय ताका घेवन आयिल्ले. थंडपणान वाज, उबगण येनासतना पयशांकडेन व्हडलेशें लक्ष दिनासतना, कार्यतत्पर रावून आपलें काम प्रामाणिकपणान करतना, वेळाकाळाचें लेगीत भान दवरीनासतना आपल्याच कामांत गुल्ल जावन समाधानान आपलें काम करीत रावप हें खरेंच कठीण आसता. पूण दोतोर नारायण शिरोडकाराक ही कला खूब बरेतरेन जमल्या.

उलयतां उलयतां सहज एकदां हांवें तांकां विचारलें, हेर दोतोर होमियोपाथीचीं वखदां आनी दुयेंतीक तपासपाची फी चड घेतात. तुमची फी कमी कित्याक? तांची जाप अशी आशिल्ली की, ''दोतोर पयशे जोडपाखातीर दोतोरकी करतात पूण म्हाका तशेतरेन फकत पयशेच जोडचे अशें दिसना. कारण म्हजे आनी म्हज्या बापायचे नदरेन आमकां जण एकाक समाजांत वावुरतना समाजाकडेन आशिल्ले बांधिलकेची जाणविकाय आसपाक जाय. जाल्यारूच आमी खरें कितें, फट कितें हाचो विचार करून योग्य काय, अयोग्य हें थारावंक शकतात. मागीर मनाकय त्रास जायना. म्हजे नदरेन हीच खरी समाज सेवा.'' दोतोरकीच्या पेशांतल्यानय समाजाची जाणविकाय दवरून आपलें सत्कर्म करीत रावपी अशे दोतोर आयज हांगा थंय खूब कमी दिसतात. खरें म्हणल्यार दोतोरकीचो वावर म्हणल्यार समाजसेवेचेंच व्रत आसता. ही जाणविकाय दोतोराक आसचीच पडटा.

अशे हे व्यक्तिक समाजाखातीर चडांत चड वर्सां सेवाकार्य करपाखातीर शक्त आनी प्रेरणा मेळची अशी म्हजी देवाकडेन नमळायेची प्रार्थना!

■

(६६ पानावेल्यान – यात्रा विवेकानंद स्मारकाची)

२०व्या शेकड्यांत ध्यानस्थ जाल्ले आनी भारताच्या भूत आनी भविश्
ताणीं विचार केल्लो. अशें म्हणटात की जगभर आपले विचार
करपाची प्रेरणा स्वामीजींक हांगा साकूनच मेळ्ळी.

वयर सरलीं. ध्यानमंदिरात गेलीं. तो परिसर इतलो शांत, मनभुल
आसा की एका कोनशांत वरांचीं वरां ध्यानस्थ जावपाक येता.
आशिल्ल्या पुस्तकांच्या दुकानावयल्यान कांय पुस्तकां विकत घे
भुरगीं हांगा थंय भोंवन सगळें जाणून घेतालीं. स्वामी विवेकानंदानी आ
ल्हानशा आयुश्यांत खूब कितें युवकांक, समाजाक दिल्लें आसा.
भारता बद्दल खूब प्रेम/आदर आशिल्लो.

स्मारकावयल्यान परत आयलीं आनी वेळेर भोंवपाक गेलीं.
काडले. थंय तीन तरांची रेंव पळोवपाक मेळटा. तांबडी, धवी
निळ्या-शेबच्या रंगाची. तिनूय सागराचें मिलन हांगा जाता तें पळो
मेळटा.

थंयच्यान गांधी स्मारक पळेलें. दर वर्सा २ ऑक्टोबराक गांधीजी
जयंती दिसा बरोबर बारा वरांचेर ह्या स्मारकाच्या मदल्या गोलांतल
वताचीं किरणां भितर येतात आनी तीं त्या चौथऱ्याचेर पडटात,
१९४८ वर्सा गांधीजीचे अस्थींचो कलश हांगा दवरिल्लो. थंय आम
एक कार्यकर्तो मेळ्ळो. ताणीं सगळ्या ४० भुरग्यांकडल्यान गांधीजी
भजनां म्हणून घेतलीं. दनपारचो वेळ आसुनय भुरग्यांनी तीं भजनां उमे
म्हळीं.

सांजेचीं आमी विवेकानंदपुरमांत गेलीं. ह्या विवेकानंदपुरमांत वेगवेग
शिक्षणीक पात्रता आशिल्ले लोक आपलें काम, नोकरी सोडून हांगा
दितात. कोण भुरग्यांक शिकयतात, तर कोण सेवाव्रती म्हणून बाकी
सेवा करतात! ह्या पुरमात स्व. एकनाथजी रानडे हांचो पुतळो आसा अ
तो बरोबर विवेकानंद शीला स्मारकाकडेन तोंड करून उबो आसा.
दर्यावेळ लागता. हांगा आमी मुक्त विहार करपी मोर, हरणां पळयत
वेगवेगळीं, तरातरांचीं सवणीं पळयलीं. स्व. एकनाथजी रानडे महाराष्ट्रां
एक व्यक्तिमत्व. ताणीं १-१ रुपया एकठांय करून विवेकानंद शि
स्मारक कशें उबारलें ताचें प्रदर्शन हांगा पळोवपाक मेळटा. आमी
प्रदर्शन पळोवन सारकीं भारावन गेलीं. थंयच्यान केन्ना भायर सरपा
वेळ जालो तें कळ्ळेंच ना. ह्या सगळ्या परिसराबद्दल बरयत तितलें थ
आसा. तरी पूण मनाक दिसलें तें बरयलें.

स्वामीजीच्या १५०व्या जयंती निमतान हो एक त्या परिसराचो
उगडास आसा...

– सुचेता कामत
म्हापसा – गो
मो. : ९४२१२४२८५

बिम्बाच्या नांवान म्हजी जोड

बरोवप्यांची आनी वाचप्यांची तान भागयतना नवोदितांक मुखार व्हरप ही बिम्बाची मोख. म्हाका दिसता हीच मोख दोळ्यांमुखार दवरून दिलीपबाब हें म्हयनाळें नेटान चलयता. गाडी चलयतना सुर्वेक जशीं आडमेळीं येतात तशीं जायतीं आडमेळीं बिम्बाच्याय वाट्याक आयलीं हें आमी दर म्हयन्याचो अंक वाचतना 'संपादकीय' लेखांत वाचलां. पूण आयज आडमेळ्यांच्या पावसांत चिंब भिजून बिम्ब आपली तपपूर्ती करता ही सामकी खोशयेची गजाल.

काश्मिरी स. पावसकार
बामण वाडो,
शिवोले - गोंय.
मो. : ९४२११९२८५८

'बिम्बाच्या तपपूर्ती निमतान तुमचे उमाळे आमचे मेरेन पावोंवचे' हो दिलपबाबाचो उलो आयकून म्हज्या पदरचीं उमाळ्याचीं हीं चार उतरां. तसो म्हजो आनी बिम्बाचो फकत पांच वर्सांचो अल्प असो सहवास! ताका लागून फाटल्या बारा वर्सांत 'बिम्बान कितें जोडलें, कितें मोडलें' हाचो हिशोब हांवें तरी मांडप समा न्हय! पूण ह्याच बिम्बाक लागून एक वाचक, एक बरोवपी ह्या नात्यान हांवें स्वता कितें जोडलें तें सांगपाचो हो सुपुल्लो यत्न.

'बरोवप' आनी 'मनशां जोडप' हे भुरगेपणांतले म्हजे दोन आवडीचे छंद. सुर्वेक शाळेंत शिकतना आनी उपरांत शाळेंत शिकयतना मनाक मारता तेन्नाच बरोवप जातालें. पूण उपरांत २००५ सालांतल्यान 'सुनापरान्त' ह्या दिसाळ्याक आनी आतां 'बिम्ब' म्हयनाळ्याक बरयतना म्हज्या लेखनाक सातत्य येत गेलें. मुखार बिम्बातलें 'पोसो' हें सदर म्हज्या नांवार करीत पसून बरोवप सामकें अनिवार्य जालें. हें बरोवप करतना दिसपट्टे जिणेंत म्हज्या वांट्याक आयिल्ले बरे-वायट अणभव हांव कपयाळ्याच्या रुपान केन्ना गांठींत गेलें म्हजें म्हाकाच कळ्ळेंना. बिम्बांत वेळावेळार प्रसिध्द जाल्ल्या लेखांच्या मालवजार आयज म्हजो 'कपयाळें' नांवाचो लेखसंग्रह प्रसिध्द जावपाचे वाटेर आसा. ते भायर म्हजे लेख वाचून फोनावेल्यान अपुरबायेचीं, तोखणायेचीं दोन उतरां कानार घालपी म्हजे इश्ट-सांगाती हांचीय वळेरी वाडत आसा. अशा म्हज्या बरोवपाच्या छंदाक पोसवण दिवपी आनी इश्टागत वडोवपाक आदार दिवपी 'बिम्बा'क हांव कशें विसरन? देखून वाचकाच्या नात्यान बिम्बाक म्हज्या आनी म्हज्या घरच्यांचे वतीन हुनहुनीत परबीं!

दिलीपबाब असो तसो एक सामाजीक जाणीवेचो बरोवपी. देखून कोंकणी ही गोंयची लोकभास आनी राजभास हाची सदांच जाणविकाय दवरता. हे भाशेचो अभिमान बाळगून तिका फावो तो मान दिवंक 'बिम्ब' म्हयनाळें नेटान पावलां मारता. हीं पावलां उबारतना केन्ना बिम्ब एक नवो विचार, एक नवो आयाम घेवन येता हें ह्या म्हयन्याळ्याचें खाशेलेंपण! तशें पळयल्यार लेखक आनी वाचक हांचेमदीं मेकळेपणाचो लिखीत आनी वाचीक संवाद वाडोवपांत बिम्बाचो मोलाचो वांटो आसा. बरोवप्यांची आनी वाचप्यांची तान भागयतना नवोदितांक मुखार व्हरप ही बिम्बाची मोख. म्हाका दिसता हीच मोख दोळ्यांमुखार दवरून दिलीपबाब हें म्हयनाळें नेटान चलयता. गाडी चलयतना सुर्वेक जशीं आडमेळीं येतात तशीं जायतीं आडमेळीं बिम्बाच्याय वाट्याक आयलीं हें आमी दर म्हयन्याचो अंक वाचतना 'संपादकीय' लेखांत वाचलां. पूण आयज आडमेळ्यांच्या पावसांत चिंब भिजून बिम्ब आपली तपपूर्ती करता ही सामकी खोशयेची गजाल. अशे तरेन 'बिम्ब' प्रकाशनाचो धनी म्हुण वावुरतना तांकां जायत्यो उस्तवारी काडच्यो पडल्यो आनी काडीत आसा. तरीकूय एक यशस्वी प्रकाशक म्हुण प्रामाणीकपणान काम करतना ते केन्ना-केन्ना आपले भलायके कडेन आडनदर करूनय हें म्हयनाळें चलयता ही खऱ्यानीच कौतुकाची बाब.

दुसरी गजाल दर म्हयन्याक 'बिम्ब' आमचेमेरेन पावयतना बरोवप्यांचे, जायरातदारांचे, वर्गणीदारांचे आनी मुखेल म्हळ्यार वाचकांचे उपकार आठोवपाक केन्नाच विसरनात, देखून हांव ह्या बिम्बाचें वाचक, एक ल्हानशें बरोवपी ह्या नात्यान तांचे उपकार आठोवंक हो सगलो प्रपंच!

एक प्रकाशक म्हुण काम करपाची तांची तराच वेगळी! केन्ना ते पुस्तक प्रकाशनाच्या निमतान तर केन्ना 'बिम्ब' परिवाराच्या मेळाव्या निमतान आपल्या बिम्ब परिवाराक एकठांय हाडूंक धडपडटात. दाखय लिपय करिनासतना आसा ना तें तोंडार उलोवपी अशा व्यक्तिमत्वाक लागून गोंयकारांचो राग, हावेस, मोग, उमेद केन्ना तिडक दिलीपांत पळोवंक मेळटा. देखून ते केन्ना मोगरे कळ्यावरी परमळटात, तर केन्ना कट्टेच्या इंगळ्यांवरी धगधगतात. दिलीपाचे हेच सगळे उमाळे तांच्या बिम्बातूय होलमतात म्हळ्यार अतिताय जावची ना.

अशें हें बिम्ब म्हयनाळें सदांच तोखणायेक फावो जावचें आनी असोच आमचो विश्वास वाडोवचो अशी प्रार्थना करून तांचे यत्न सदोदीत फळादीक जावचे होच आमचो सगल्यांचो हावेस. ■

नेहरु, भुरगीं आनी हांव

भुरग्यांचें सदांच कवतूक जाता अशें ना. म्हजें केन्नाच जालें ना. आमगेल्या वाड्यावेलो बाबसो श्रावणांत गेलो. हांव तेन्ना ल्हान. हांवें बाबश्याल्या पुताक, भोलानाथाक 'सांग सांग भोलानाथ आज पाऊस पडेल काय' अशें नाचत विचारिल्लें. भोलानाथ बाबडो बाबश्याच्या कुडी म्हऱ्यांत रडत बशिल्लो. 'म्हाकाय तोच प्रश्न पडला.' तार्णे म्हाका म्हळ्ळें आनी पावसान घालून घेतलें. बाबश्याक मसदेंत व्हरपाक कळाव जालो. सगल्यांनी म्हाका गाळी घाल्यो.

नेहरुक भुरगीं खूब आवडटालीं, म्हाकाय आवडटात. नेहरुगेर एकूच जालें म्हगेर तीग जाणां. हाचेवेल्यान भुरगीं कोणाक चड आवडटात तें कळटा. भुरग्यांच्या तें केन्नाच ध्यानांत आयलें ना. तीं म्हाका म्हणपाचें सोडून ताका चाचा म्हणपाक लागलीं, प्रत्येकाचें नशीब. म्हजीं भुरगीं म्हाका बाबा तरी म्हणटात तें नशीब. ही म्हाका डेडी म्हणटा. नेहरुचो जल्मदीस बालदीन म्हणून साजरो करतात. म्हजो बारसो साजरो केल्लो तितलोच. मागीर आनीक कितें साजरो केल्ल्याचें म्हाका याद जायना. म्हजी पन्नाशी हांवें म्हज्याच बोल्सांतले दुडु मोडून साजरी केली (पन्नास हजार). व्हडा मनशाच्यो सगल्योच गोष्टी व्हडल्यो. आतां नेहरुची धूव एकलीच. नेहरून तिचें खूब कवतूक केलें. तिका पत्रां बरयलीं. तीं आमी मागीर छापलीं. हांव घरांतूच पडिल्ल्यान, हांव म्हज्या भुरग्यांक, पत्रां कित्याक बरयतलों? म्हजी मेवणी लग्न करुन माहिमाक संवसार करता (अजून मेरेन), ताका हांवें खूब पत्रां बरयल्लीं. तीं पत्रां तार्णे सांबाळून दवरल्यांत. तीं केन्नाय छापूं येता "LETTERS TO NALU'.

नेहरु आकाशांत कबुतरां सोडटालो म्हणून त शांतीदूत म्हणटाले. हांवें खंयच कांय सोडलें भाग्यश्रीन 'मैने प्यार किया'न पयऱ्यान कबु सोडलीं. तिका खंय कोणे शांतीदूत म्हळ्ळें? अ नाका आशिल्ले प्रस्न म्हजे तकलेंत येवन तक मागीर जड जाता. मागीर हांव नाका आशिल्ले प्र विचारुन सावळ्याची तकली जड करतां. ने भुरग्यां सारकोच भुरगेपणां करतालो. व्हडल मनशांक INNOCENT म्हणटात. एकदां त 'हिंदी चिनी भाई भाई' अशें म्हळ्ळें. हांव आ बापायलो एकलोच. म्हणटकच म्हजेर कोणा भाई भाई म्हणपाचो प्रसंग आयलोना.

गांधीजीन नेहरुचीं सगलीं भुरगेपणां माफ केल व्हडले अशें करतात तेन्ना ताका GROOMIN म्हणटात. कारण गांधीजीकूय भुरगीं आवडटाल गांधीजीक, सूप धरिल्ल्या एका भुरग्या बरो उबो राविल्लो, पोन्न्या गोंयां, तुमी पळेलाच आसतल गांधीजीन, एका भुरग्या खातीर, गोड खावप बंद केलें आनी त्या भुरग्याक गोड खाव ना अशें सांगलें. हांवेंय असो प्रयोग आमच्या भुरग्यां केलो...

"आरे हांवें साखर खावपाची बंद केल्या आ तुमीय बंद करात."

"तुवें बंद केल्या ती डायबेटीस जाल्या म्हु आमकां ती जातकच आमीय बंद करतात." अ

कृ. म. सुखठणकार
रायबंदर – गोंय
मो. : ९८५०५३०७५६

जाप म्हाका म्हज्या भुरग्यां कडल्यान मेळ्ळी. त्या मानान आमचो गांधीजी भाग्यवान म्हणून तो महात्मा जावपाक पावलो! हांव बाबाच उरलां. सोड.

'मुलं देवा घरची फुलं' अशें म्हळ्ळां म्हणून नेहरु आपल्या कोटाक गुलाब लायतालो जांवये. 'मुलं देवा घरची फुले' जाल्ल्या कारणान हांव तांकां पुजेक फुलां काडपाक धाडटां. चड करुन श्रावणी आयताराक. पावसा दिसांनी म्हाका सकाळीं उठपाक जायना. म्हजें वयूय जालां अशें ही म्हणटा. भुरग्यांनी फुलां चोरुन हाडल्यार तांकां चोरयेचें पाप लागचेंना अशें म्हाका तरी दिसता.

आतां नेहरुन 'DISCOVERY OF INDIA' पुस्तक बरयलें. म्हाका तें शक्य जालेंना हाची म्हाका खंत आसा. मदीं हांवें वाड्यार भोवन वाडो तरी डिस्कवर करपाचें थारायलें, तें लोकांक आवडलेंना. हांव हांगाचें थंय करतां अशे नस्ते आरोप म्हजेर जाले आनी म्हजें बरोवप थंयच उरलें. आमच्या वाड्यावेले लोक एका संशोधनात्मक पुस्तकाक मुकले अशेंच म्हणचें पडटलें. समेस्त भुरग्यांचेंय खूब नुकसान जालें अशेंय म्हणू येता.

भुरगीं ल्हान आसतना बाल क्रिडा करतात. कृष्णानूय केल्या.

वनी खेळती बाल ते बल्लवाचे
तुरे खोवुनी मस्तकी पल्लवाचे

ही कविता तुमी वाचल्याच आसतली. नेहरुची एकुलती एक कन्या इंदिरा हिणेंय अश्योच बाल क्रिडा केल्यो. तिणें देश स्वतंत्र करपाक एक वानर सेना स्थापित केली. ही तातुंतलीच एक क्रिडा अशें सावळो म्हणटा. (ताणें माकड चेष्टा म्हणिल्ली, आसूं). म्हगेले मेवणेल्या चल्यान अशीच बाल क्रिडा करुन चार आण्याचें नाणें खालें (नलू माहिमाक आसता). दोतोरान सांगलें काळजी करुं नाका. सकाळ मेरेन तुमकां तें परत मेळटलें, मात्शें लक्ष मात दवरा. मागीर केन्नाय नलूगेर वतकच आमकां सकाळीं एकूच कॅसेट आयकूंक मेळटाली,

''आरे राजा पडलं का रे?''

''नाही अजून.'' -- राजा संडासांतल्यान.

हे गोष्टीक इतली प्रसिद्धी मेळ्ळी की दुदवालो भैया सकाळीं दारा वयली बेल वाजोवन दुद घालच्या पयलीं 'पडलं का रे ' अशें विचारतालो. पोरुं चार आण्याचें नाणें चलनांतल्यान भायर पडटकच नलुलें 'पडलं का रे' बंद जालां अशें हांव आयकतां.

भुरगीं आपले बुद्धीचे कुवतीनुसार जाण्ट्यांक प्रस्न विचारतात. केन्ना केन्ना हे प्रस्न जाण्ट्यांक टायट स्पॉटान घालतात. इंदिरेन (तिका प्रियदर्शनी अशेंय म्हणटात) असले प्रस्न चाचा नेहरुक विचारिल्ले जाल्यार खबर ना. तिका स्वताकूय प्रस्न विचारिल्ले आवडनाशिल्लें. हें आमकां १९७५त कळ्ळें, सोडा. पयलींच्या भुरग्यांचे (म्हणचे आमचे) आवय बापायक ठरावीक प्रस्न आसताले. देखीक,

''वयर आवाज कसलो जाता गे?''(गडगडटकच)

''वयर फोटू कोण काडटा गे?'' (जोगलावतकच)

हाच्यो जापोय बी ठराविकूच आसताल्यो. वयर म्हातारी दळटा बी. आवय बापायक हॅन्डल करपाक सोपें पडटालें. आतां तें दीस उरुंक ना. भुरग्यांचो हट्ट हिसपा भायर वाडला.

''भुरगीं कशीं जाता गे?'' ----- शेवत्यालें धाकटें (इयत्ता चवथी)

''बाय देव वयल्यान धाडटा. तुका कशें धाडलें?'' शेंवतें आयदना घांसत. हांव सालांत आड पडून आयकतां.

''कुरियरान धाडिल्लें काय स्पीड पोस्टान गे?''

''पोस्टान.''

''अशें? मागीर मॅटर्निटी हॉस्पिटलां कपलाक बांदल्या तीं? सरकार ३.९% OF GDP तांचेर खर्च करता.'' शेवत्यालें धाकटें कमरार हात घेवन. म्हाका ताचें कवतूक दिसलें. हांव हरशीं एकदां न्हिदतकच उठना. पूण हांवें उठून ताका एक चॉक्लेट दिली.

भुरग्यांचें सदांच कवतूक जाता अशें ना. म्हजें केन्नाच जालें ना. आमगेल्या वाड्यावेलो बाबुसो श्रावणांत गेलो. हांव तेन्ना ल्हान. हांवें बाबुश्याल्या पुताक, भोलानाथाक 'सांग सांग भोलानाथ आज पाऊस पडेल काय' अशें नाचत विचारिल्लें. भोलानाथ बाबडो बाबुश्याच्या कुडी म्हऱ्यांत रडत बशिल्लो. 'म्हाकाय तोच प्रस्न पडला.' ताणें म्हाका म्हळ्ळें आनी पावसान घालून घेतलें. बाबुश्याक मसंडेंत व्हरपाक कळाव जालो. सगल्यांनी म्हाका गाळी घाल्यो. ही जाली घरा भायली खबर. घरांत म्हण म्हाका खंय कोणे एप्रिशियेट केला? 'दिवार' आमच्या भुरगेपणातलो खूब गाजिल्लो सिनेमा. हो सिनेमा पळोवन दत्तान म्हज्या हातार 'मेरा बाप चोर है' पितारलें. हांवें मार नेटान अमिताभाचे स्टायलीन आमगेले निरुपा रॉयक व्हरुन दाखयलें. आमगेले निरुपा रॉयन म्हाका तुजो दुसरो हात दी म्हणून सांगलें आनी त्या हातार 'तुम्हारा

बाप सब कुछ है' अशें पितारलें. अशें आमचें भुरगेंपण.

कवी, गितकार भुरग्यां खातीर अपुरबायेन पदां बरयतात, तीं, ताणीं म्हणचीं म्हणून. म्हाका ह्या पदांचो व्हडलो फायदो जाला सो दिसना. 'गोरी गोरी पान फुला सारखी छान दादा मला एक वहिनी आण' हें पद म्हजे खातीर वेस्ट अशे म्हाका दिसता. हांव म्हज्या आवय बापायलो एकलोंच. हें पद फुडें फाटीं म्हाकाय कोण म्हणचोंना. हांवूय कोणाक म्हणचोंना हें ठरिल्लेंच. 'झुकु झुकु अगिन गाडी धुराच्या रेगा हवेत काडी पळती गाडी पाहुया मामाच्या गांवाला जाऊया' हें पद सगलीं भुरगीं मे म्हयनो लागलो की म्हणपाक लागतालीं. म्हजो मामा आमगेरुच पडिल्लो आसतालो (पडिल्लो आसतालो हे आईचे शब्द म्हजे न्ही हाची वाचप्यांनी नोंद घेंवची). आतां तो आमगेर कितें करतालो तें हांवें केन्ना विचारलें ना. हो प्रस्न विचारपाक जाण्टेलीं आशिल्लीं. 'पप्पा सांगां कुणाचे पप्पा माझ्या मम्मींचे' हें सामकें गाजिल्लें पद. तें हांवें आई सामकार एकदांच म्हळ्ळें....

'पप्पा माझ्या मम्मींचे हो कर्माचो भोग म्हज्या. म्हाका कितल्यो सोयरिको सांगून येताल्यो. शेवटाक पप्पा माझ्या मम्मींचेच जावपाचें आशिल्लें. नशीबूच फुटकेंआनी कितें.'

हे आईचे शब्द ल्हानपणांत म्हज्या कानार पडले. म्हाका त्या वेळार तांचो अर्थ कळ्ळोना. फकत म्हजें पद आईक फावो तशें रुचलेंना इतलेंच कळ्ळें. म्हज्या भुरग्यांनी हें पद म्हज्या सामकार केन्ना म्हळ्ळेंना. म्हणिल्लें जाल्यार हांव आईचो डायलॉग फावो तसो बदल करुन इतल्या वर्सांनी मारतलों आशिल्लों. 'बच्चे मन के सच्चे' एक पद आसा. पयलीं केन्नाय लागतालें. पयलीं भुरगींय तशीं आसतालीं. आतां भुरगीं तशीं उरुंक ना. म्हणटकच पदय वाजपाचें बंद जालें. म्हाकाय तशेंच दिसतालें भुरगीं सामकीं निरागस आसतात म्हणून! कारण हांवूय तसोच आशिल्लों. हावको येतलो अशें म्हणल्यार म्हाका तें खरें दिसतालें. हो प्रयोग हांवें सावळ्याच्या धाकट्याचेर केलो...

''आरे तुजी मस्ती चड जाल्या आं काळखांतल्यान हावको येतलो.'' हांवें दोळे मोठे करत म्हळ्ळें.

''तूं आसा तो पुरो ना? आनी आनीक हावको कित्याक जाय?'' ताणें म्हाका आपल्या लुडब्या बोलानी सुनायलो. त्या दिसा हांवें म्हजें तोंड हारश्यांत पळेलें. हांवूय म्हाकाच भिलों. फटी कित्याक उलोवया?

आनीक एक म्हजो अणभव आसा तो सावंताले नातीचो. हांवें फकाणांनी ताका म्हळ्ळें,

''आगो तुज्या आज्या कडेन बरो पोटलो आसा.''

हांवें अशें म्हळ्ळां मात, तें भातुकली खेळटालें तें अर्ध्यावरती डाव टाकुनी घरा धांवलें. कित्याक तें अर्द वरान कळ्ळें. तें आपले आवयक म्हणचे सावंताले सुनेक घेवन परतें आयलें,

''पोटलो खंय आसा तो सांगां न्ही PLEASE.'' सावंताली सून आतां धाकटें भुरगें जाली

''हांवें ताचीं फकणां केल्लीं.'' हांव आतां आबूज जावन.

''असलीं म्हण फकणां करतात? पोटलो खंय इन्वेस्ट केला तो सांगात न्ही?''

''आगे खऱ्यानीच हांवें फकणां केल्यांत. पोटलो हो शब्द वापरला ताचे वेल्यान कळना?''

''शब्दां कडेन खेळपाक बेस बरें जमता तुमकां म्हाका खबर आसा. म्हाका सांगपाचें ना जाल्यार सांगूं नाका पूण म्हजे जावेक मात सांगूं नाका.'' अशें म्हणून ती तोंड घेवन गेली. केन्नाय सांगटांचें आंबट तीख केल्यार बी धाडटाली तें बंद जालें इतलेंच.

भातुकली वेल्यान याद जाली, एकदां हीच सावंताली नात आनी शेवत्यालें धाकटें भातुकली खेळटालीं. पयलीं चलयो भातुकली खेळटना एकटो घोव, बायल बी जातालीं तें हांवें पळेल्लें. पूण हीं कितें तरी विचित्र खेळटात तें पळोवन हांवें तोंड उगडलें...

''आगो तुमी पयस पयस शीं बसून खेळटात गो?''

''हांव घोव, ती बायल.''---सावंतालें चुतड.

''मागीर तूं त्या कोनशाक तें त्या कोनशाक शें?''

''हांवें ताका डायवोर्स दिला आनी सेपरेट जालां.'' सावंताली नात म्हाकाच बी डायवोर्स दिल्ल्या भशेन तोंड करत

''हांव आतां मेन्टेनन्स टायमार मेळन केस फायल करपाक वतां.'' अशें म शेवत्यालें धाकटें हाताक पर्स लावन भा गेलें. आनी हांवूय थंयच्यान तोंड घेवन गे

आतां भुरगीं निरागस उरलीं ना तरी म तीं आवडपाचीं बंद जावंक ना. अजुनूय बसीन जनेला कडेन बशिल्लों आसल्यार जनेला कडेन बसपाक जागो दितां. कारण जनेला कडेन बसपाक आवडटा हें म्हाका आसा. पूण हें तांच्या आवयांक खूब प कळना. हांव तांकां जनेला कडेन बसूंक दि पसून तीं तांकां आपल्या मदीं बसयतात. म तीं चिडुल्यार जाता. भुरगीं फुला सारकीं. त चिड्डूंक जायना. हें तांच्या अजाण आव कोण सांगतलो?

म्हज्या भुरगेपणांत जेन्ना आवय बापा पेट्टालें तेन्ना तीं एकामेका कडेन उलोव भुरग्यांचो उपेग करतालीं. (म्हजीं तरी)

''आरे तुज्या बापायक शेण खावपाक भ केन्ना वतलो तें विचार.'' - आई.

''शेण खावपाक भायर केन्ना वतलो रे हांव.

''शेण खावपा खातीर भायर कित्य वचपाक जाय ही घरान आसतना?'' बापू

''आगे तो म्हणटा तू घरा आसतना शे खावपाक भायर कित्याक वचूंक जाय क म्हणून. शेण हांगाच मेळटा तें ताका दिसना? -हांव म्हजें इल्लें घालून.

आतां ही मजा उरुं ना. आतां ही आम झगडीं जातकच, म्हाका एसएमएस धाड भुरग्यांकूय रकाद दिवपाक टायम ना. तीं BSN जाल्यां, सदांच आपल्या कामांत मग्न आसता सोडा.

कितेंय सांगा चाचा नेहरुक आनी म्हा जशें भुरग्यांचें कवतूक आशिल्लें तशें आत कोणाक उरुंक ना. ना जाल्यार 'दोन किं तीन मुले पुरे' वयल्यान 'हम दो हमारा एक कित्याक जांवचें.

कारणां सोदलीं म्हुण प्रस्न सुटावो जायना. कसलींय कारणां आसूं. दुसऱ्यांचे कुडिचेर हल्लो करपाचो अधिकार कोणाकूच ना. बलात्कार करप्यांची आनी आमची जायत्या जाणांची वृत्ती आमी बदलूंक जाय. दुसऱ्याची आवय वा भयण आमचीच आवय वा भयण म्हुण आमच्या मनांक आमी सांगल्यार कसलोच अंतर करिनासतना आमी दुसऱ्यां अस्तुऱ्यांक मान दिवंक आपोआप शकतले.

जॉन एम्. आल्फोंसो कार्मेलीत
पेडें, म्हापशें - गोंय.
मो. : ९०९६६४७३४०

ती म्हजी भयण

'आमच्या गोंयांत चल्लां तरी कितें? बलात्कार वाडत आसात. आदीं अशें घडनासलें. आतांच अशें कित्याक घडटा?' अशें दोग दादले बसींत प्रवास करतना उलयताले. हांवूय तेच बसींत आसलों. तांची चर्चा खूबूच गंभीर जाल्ली. 'सरकार कितें करता म्हुण समजना.' एकल्यान मदींच म्हणलें. 'पूण सरकार करतलो तरी कितें?' दुसरो उलयलो. 'खर ख्यास्त दिवंक जाय तांकां.' फुडल्या सिटाचेर बशिल्ल्यान आपलें तोंड घालून म्हणलें. हांव हें सगळें कान दिवन आयकतालों. म्हाकाय हो विशय खूब गंभीर दिसलो. कोणाचीय भयण वा आवय ती जावं. तिका मान आसा तो दिवपाचें आमचें कर्तव्य. तांच्या विचारांक लागून म्हज्या मनांत असलीं घडितां जिवीं जालीं. दोळे भरून आयले. गोंयांतूच न्हय पुराय भारतांत बलात्काराच्यो घडणुको वाडत आसात.

दादले अस्तुऱ्यांचेर बलात्कार कित्याक करतात? हो एक म्हत्वाचो प्रस्न. म्हजे वांगडा साबार जाणांक हो प्रस्न सतायता आसूं येता. मानसशास्त्री (psychologist) तर ह्या प्रस्नाकडेन पळयतना, बलात्कार करप्यांक ती एक पिडा अशें म्हणटात जाल्यार समाजसास्त्रीयांचे (sociologist) नदरेन बलात्कार करपी सारके आसात. अस्तुऱ्यो वो चेडवां अशक्त लिंगाच्यो अशें समजून तांचेर आक्रमण करतात तशेंच समाजांत लिंगा विशीं आशिल्लो गैरसमज आनी सोंशीकपण हीं कारणां समाजशास्त्री दितात. बलात्कार करप्यांच्यो भावना दुखवल्यात वो हेर जिणेंतल्या व्यक्तिमत्वाच्या उणेपणाक लागून ते असलें वायट कर्तुब आधारतात म्हुण मानसशास्त्री सांगतात. ताणीं दुसऱ्यां लागीं सांबाळिल्ल्या संबंदांत जायती अस्कताय आसूं येता आनी हेंच ते लिंगी अहिंसेतल्यान दाखल करतात.

आयच्या समाजांत दादल्यांचो अधिकार चलता म्हुण बलात्कार करपी हेच नदरेन चिंतून अस्तुरी आपणा सकल, तिच्यान कांयच जायना समजून बळान लिंगी भोग घेता. थोड्यांक घडये लिंगा कडेन वायट नदरेन पळोवचें एक व्यसन. आयज संपर्क साधना, आपल्या चडश्या कार्यावळींनी लिंगी अहिंसा दाखयतात.



बलात्काराचीं जायतीं घडितां चलचित्रांनी पळोवंक मेळटात. हांचो प्रभाव कसो हें घडूं येता. थोड्या बलात्कार करप्यांक, तांच्या भुरगेपणांत म्हणत्यारूच ते खूब ल्हान आसतना विचित्र घडितांचो अणभव मेळ्ळा आसतलो आनी आतां व्हड जातच तांका अस्तुऱ्यां लागीं सरळ आनी सोबता तसलो संबंद दवरूंक जायना. असल्या जायत्या कारणांक लागून आयज बलात्कार वाडटात म्हणपांत हरकत ना. पूण बलात्कार करपीच आपलो अणभव कारणा सयत दिवंक शकतलो.

कारणां सोदलीं म्हुण प्रस्न सुटावो जायना. कसलींय कारणां आसूं. दुसऱ्यांचे कुडिचेर हल्लो करपाचो अधिकार कोणाकूच ना. बलात्कार करप्यांची आनी आमची जायत्या जाणांची वृत्ती आमी बदलूंक जाय. दुसऱ्याची आवय वा भयण आमचीच आवय वा भयण म्हुण आमच्या मनांक आमी सांगल्यार कसलोच अंतर करिनासतना आमी दुसऱ्यां अस्तुऱ्यांक मान दिवंक आपोआप शकतले.

एकदां, मदले सुटयेंत एका चेड्यान वर्गांत बसून आसतनाच चेडवाचे कुडीचेर कागदाचो गुटलो मारलो. तें चेडूं रडत म्हजेशीन आयलें. कोणें मारला तो सांगूंक ना. पूण फाटल्यान बसून आशिल्ल्या चेड्यांनी मारला हें सत कळयलें. मदली सुटी जातच हांव त्या वर्गांत वचपाचों आसलों. हांवें वर्गांत भितर सरून गंभीरतायेन प्रस्न मांडलो. त्या दिसा हांवें अशें म्हणिल्लें : *जरी रस्त्यान आमची भयण वो आवय चलता आनी कुशीक आशिल्ले चेडे/दादले तिचीं फकणां करतात वो ल्हान फातर मारतात. हो देखावो आमी पळयलो जाल्यार आमकां बरें दिसतलें? आमकां कितें भोगतलें? कोणूय जावं आमी दुसऱ्यांक मान दिवंक जाय.* इतलें सांगून हांवें म्हजो अभ्यासक्रमाचो भाग शिकोवंक लागलों. हांव वर्गांतलो भायर गेल्या उपरांत त्या चेडवाचेर कागदाचो गुळो मारिल्लो भायर आयलो आनी रडून आपली चूक सांगली. त्या दिसा सावन तो तरणाटो अस्तुऱ्यांक मान दिवंक शिकलो.

आमी ल्हान आसतनाच आमच्या भुरग्यांक दुसऱ्यांक मान दिवंक शिकयल्यात फुडाराक आमकांच फायदो जावपाचो. दर एके श लिंगी शिक्षणाचे वर्ग आसुंकूच जाय. मन आनी खास तरेन चेडवां/अस्तुऱ्यांकडेन ख नदरेन पळोवंचें हाचेर खोलायेन भासा जावंकूच जाय. आमच्या फाटल्यान जिवी कितें वायट घडलां तें मसलतदाराचो आ घेवन पेकोवणी मेळोवंक जाता जाल्यार पळो जाय. दादलो समाजांत अधिकार चलोवपी अ अस्तुरी ताच्या पांयां खाला रावपी अस तर्का आड चिंतप आसा जाल्यार भायर घा आमकांच तशेंच समाजाकूय बरें.

दुसरो आमचे परी मनीस. ताका भा आसात हें आमी विसरूंक फावना. आम एक चिमटो काडल्यार वो थापट फुलयल आमकां वो आमची प्रतिमा उबयल्यार दि भोगता तें घेतलोच जाणा. बलात्कारा सारखे कुडिचेर आक्रमण करपी घडणुको कितल दुखच्यो नात? मनाची बदलणी आनी फावो शिकवण गरजेची.

महाबळेश्वर सैलांक 'दमाणी पुरस्कार'



गोंयचे नामनेचे साहित्यिक महाबळेश्वर सैल हांका मराठी साहित्य विश्वांतलो प्रतिश्ठेचो 'भरूरत्न दमाणी साहित्य परस्कार' फावो जाला. सैल हांच्या 'तांडव' कादंबरीची ह्या पुरस्काराखातीर निवड जाल्ली आसा.

'दमाणी पुरस्कार' लाबिल्ल्या पासत आपणाक खोस भोगल्या, गोंयच्या कोंकणी आनी मराठी भाशेंतल्या समन्वयाचो हो पुररस्कार आशिल्ल्याची प्रतिक्रिया सैल हांणी दिली. हो एक प्रतिश्ठेचो पुरस्कार आसून तो आपले कादंबरीक फावो जाल्ल्यान आपणाक अभिमान भोगता म्हणपाचेंय ताणीं सांगलें.

ह्याच म्हयन्याचे १६ तारकेक सांज वेळार ६ वरांचेर सोलापूरच्या डॉ. निर्मलकुमार फडकुले सभाघराच्या प्रांगणांत ह्या पुरस्काराचो वितरण सुवाळो जावपाचो आसा. सासवड हांगा जावपी अखिल भारतीय मराठी साहित्य संमेलनाचे अध्यक्ष फ. मु. शिंदे हांचे यजमानके खाला जावपी ह्या सुवाळ्याक डॉ. सदानंद मोरे हेय हाजीर आसतले.

सैल हांणी 'तांडव' ही कादंबरी कोंकणींतल्यानूय 'युगसांवार' ह्या नांवान बरयिल्ली आसा. त्या उप्रांत ताणीं ती मराठींतल्यान 'तांडव' ह्या नांवान बरयली.



पुंडलीक नायक, वसंत जोसलकार हांकां संगीत नाटक अकादमीचे पुरस्कार

गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष आनी नामनेचे कोंकणी साहित्यिक पुंडलीक नारायण नायक आनी नावास्ते नाट्य अभिनेते तशेच दिग्दर्शक आनी कला अकादमीच्या नाट्यशाळेचे संस्थापक संचालक वसंत जोसलकार हांका केंद्रीय संगीत नाटक अकादमीचे २०१२ वर्साचे पुरस्कार जाहीर जाल्यात. पुंडलीक नायक हांकां नाट्यलेखना खातीर जाल्यार वसंत जोसलकार हांका अभिनया खातीर हो पुरस्कार फावो जाला. दरेकी १ लाख रुपया, शाल, ताम्रपत्र अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरूप आसा.

प्रकाशकांच्यो अडचणी समजून घेवपा पासत आनी कोंकणी मासिकां चलोवन ताचेर वेवसाय करूं ये काय कितें असल्या विशयांचेर कोंकणी भाशा मंडळान मडगांवच्या रवीन्द्र भवनाच्या पालवान हालींच नोव्हें म्हयन्यांत एका दिसाची कार्यावळ आयोजीत केल्ली. ताचें दिवली पेटोवन उक्तावण करतना रवीन्द्र भवना अध्यक्ष, आदले आमदार दामू नायक, वांगडा राजहंस वितरणाचे प्रभाकर भिडे, बिम्ब प्रकाशनाचे दिलीप बोरकार, जैत प्रकाशनाचे भिकू बोमी नायक, संजना प्रकाशनाचे दिनेश मणेरकार आनी कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष चेतन आचार्य.

अंदुच्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचेर गोंयकारपणाची सया पडल्या म्हणपाची दिसताली हे इफ्फींत गोंयकारांनी निर्माण केल्ले वेगवेगळ्या विशयावेले कोंकणी चित्रपट सिने रसिकांक पळोवंक मेळ्ले गोंयकारांनी ह्या मळावेल्यो अडचणी आनी अपेक्षा उक्त्या मंचारूय उलोवन दाखयल्यो. अश्याच एका उक्त्या मंचार भासाभास करतना चित्रपट दिग्दर्शक ज्ञानेश मोघे, लक्ष्मीकांत शेटकार, सचिन चाटे आनी साहित्यीक दामोदर मावजो.

कोंकणी लेखक संघाचें रक्तदान शिबीर

गोंयचे कोंकणी लेखक संघ साहित्या वांगडा रक्तदानय करता म्हुण पणजेचे म्हापौर सुरेंद्र फुर्तादान समाधान व्यक्त केलें.

पणजेच्या गोवा फार्मसी कॉलेजाच्या सभाघरांत कोंकणी लेखक संघान केल्ल्या रक्तदान शिबिराचें श्री. फुर्तादोन दिवली पेटोवन उक्तावण केलें. तेन्ना ताणीं उलयतना कोंकणी लेखक संघाच्या ह्या कार्याची तोखणाय केली.

ह्या कार्यक्रमाचें आयोजन लेखक संघाच्यो सचीव सुफला रुद्राजी गायतोंडे हांणी केल्लें ह्या वेळार लेखक संघाचे आदले अध्यक्ष प्रकाश पाडगांवकार आनी हेर लेखक हाजीर आशिल्ले. बऱ्याच रक्तदात्यानी आपलें रक्त दान केलें. रक्तदान करप्यां मदीं लेखक बबन भगत हाणीं रक्तदान केलें. कपील म्हार्डोळकार, सचीन सुर्लकार, वेदीता हेगडे देसाय हाणींय ह्या वेळार रक्तदान केलें.

ह्या कार्यक्रमात दो. उल्हास नासनोडकार, अजय बुवा, अरूण काकोडकार, ॲन्थनी व्हाज, देवश्री प्रभू, श्री. हेगडे देसाय, मिलन प्रभू इत्यादी हाजीर आसलीं.

केंद्रीय साहित्य अकादमीचो २०१३ वर्साचो बालसाहित्या खातीर आशिल्लो पुरस्कार स्वीकारल्या उपरांत आपलें मनोगत उक्तायतना लेखिका माया खरंगटे.

दोतोराक मेळटना



खंयच्याय दोतोराकडेन वो वैजाकडेन आपली तपासणी करून घेवंक वचचे आदीं सकयल दिल्ल्या गजालींची म्हायती करून घेवप समजिकायेचें थारतलें –

इंडियन मेडिकल कोंन्सिल वो राज्य मेडिकल कोंन्सिल वो दुसऱ्या खंयच्याय अधिकृत कोंन्सिलाकडेन ह्या दोतोराची वो वैजाची नोंदणी आसा आनी ताका ताणीं मान्यताय दिल्या व्हय?

विशिश्ट पिडे खातीरचो दोतोर म्हुण ताका मान्यताय आसा?

- त्या दोतोराचें शिक्षण कितें? हें शिक्षण ताणें अधिकृत आनी लोकमान्य अशे वैजकी शिक्षण संस्थेंतल्यान फैदासलां?
- ह्या दोतोराचो खंयच्या थळाव्या हॉस्पिटलाकडेन संबंद आसा?
- ह्या दोतोरान आपली प्रॅक्टीस/ट्रेनींग खंय केल्या?
- कितलीं वर्सां तो आपली वैजकी प्रॅक्टीस करता? कितलो काळ तो त्या वाठारांत आसा?
- तो दोतोर लोकांक सोंपेपणी मेळटा?
- पिडेस्तांक तपासपाक दोतोर फावो तो वेळ दिता?
- रातच्या वेळार वो सुटये दिसा वो गंभीर परिस्थिती वेळार हो दोतोर रोकडोच उपलब्ध जाता?
- आपूण नासता तेन्ना हो दोतोर दुसऱ्या दोतोराची वेवस्ता करता?
- हो दोतोर फकत रुग्णांक तपासून वखदां दिवपाचोच वेवसाय करता काय ताचें हेर तपासणी केंद्र (क्लिनिकल लॅब/ रेडिओलॉजी सेंटर) वो हॉस्पिटल आसा जंय तो सेवा दिता?
- दोतोर साधारण कितली फी घेता?

दोतोराक मेळूंक वता तेन्ना कितें करचें?

- दोतोराक कितें सांगपाचें वा विचारपाचें तें बरोवन व्हरात. चड गरजेचें पयलीं बरयात. अशें करीत जाल्यार तुमी विसरूंक शकनात आनी दोतोराकूय तुमकां जाप दिवपाक सोंपें जातलें.
- तुमच्या आदल्या दुयेंसाचो इतिहास घेवन वचात. कसलीं, केन्ना आनी कितलीं वखदां घेतल्यांत हाचो रेकॉर्ड बरोवन व्हरात.
- सद्या जर तुमी कसलीं वखदां घेतात जाल्यार दोतोराक सांग तुमी आपले आपूण वखदां घेतात, विटामीन, आयुर्वेदीक कसलेय दुसरे उपाय करतात तें लेगीत सांगात.
- तुमचे पिडे बाबतींत पयलीं सांगात. उपरांत चड गरजेचें तें.
- कांय गजाली दोतोराक सांगपाक लज दिसत! पूण तुमचे तुमी जितली म्हायती दितलीं तितलेंच तुमकां सल्लो दिव दोतोराक बरें पडटलें.
- आदीं तुमी कसल्योय तपासण्यो केल्ल्यो आसत जाल्यार दोतोराक दाखयात (X-ray, Lab Report आदी)
- बरे तरेन समजून घेवंक दोतोराक चित्रावन दाखोवंक सांग
- दोतोर सांगता ती म्हत्वाची म्हायती बरोवन घेयात.
- दोतोराकडे चड वेळ उलोवंक जाय जाल्यार तांकां सांग दोतोराक वेळ नासल्यार नर्स वा दुयेंसाची म्हायती आशिल्ल्या उलोवपाची परवान्गी घेयात. ना जाल्यार दुसरे फावटी ये दोतोराकडेन वेळ थारावन घेयात.
- दोतोराकडे तुमचे पिडेविशीं पुस्तिका वा विडियो आसूं येता. जाल्यार अदीक म्हायती खंय मेळूंक शकता तें विचारात.

– राज वै
इंडियन फार्मास्युटिकल ॲसोसिए
ईमेल : ipacpd@gmail.co

Goa Rajee

Now Get Ready to Fly with Honda Vehicles

HONDA
The Power of Dreams

Honda Scooters Now Gives 60 kmpl HET

*Ex-Showroom Price Rs. 49,310/-
110cc
Activa 3G ON&ON

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 50,334/-
AVIATOR
Live your style

*Ex-Showroom Price Rs. 47,220/-
Dio
Live free

*Ex-Showroom Price Rs. 46,305/-
Activa i
ready to fly

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 66,758/-
150cc/60 Kmpl*
CB UNICORN
BE A WING RIDER

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 50,508/-
110cc/70 Kmpl*
CB TWISTER
WAKE UP TO A DREAM

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 46,901/-
110cc/72 Kmpl*
DREAM YUGA
EK NAYA DREAM EK NAYA YUG.

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 58,704/-
125cc/65 Kmpl*
Stunner
Absolute Sensation

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 50,535/-
125cc/65 Kmpl*
CB Shine
Winner's choice

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 122,713/-
150cc
CBR 150R

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 158,696/-
250cc
CBR 250R
KNOW THE UNKNOWN

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 44,092/-
110cc/74 Kmpl*
Dream NEO
APNI FILM KA SUPERSTAR

*Ex-Showroom Price starts from Rs. 69,179/-
150cc/60 Kmpl*
CB Trigger
UNLEASH YOURSELF

*Conditions Apply.
Prices prevailing at time of delivery will be applicable.

Honda Shield 5 Up to 5 Years Warranty*

2 Years Standard Warranty
+
*Extended Warranty upto 3 Years(optional)

HONDA | सच कर देंगे सपने

HONDA EXCLUSIVE AUTHORISED DEALER
Goa Rajee
NUVEM-2791751-55, PONDA-2314180,2311420,
VASCO-2510592,2519685, MARGAO-2706864,2710084

Come. Discover India with...

YATRIK TRAVLES

Announces Christmas Holiday Tour to

Rajasthan Marwad

Jaipur, Mandawa, Bikaner, Jaisalmer & Jodhpur

For more details & bookings contact

Margao: Yatrik Travels, Baboy Commerce Center, Ph: 2734968 / 2713455
Panaji: Sarathi Travels, Sindhur 'B', S. V. Road, Ph: 2436943 / 66452561
Canacona: Travel People, Mangalvan Complex, Chawdi. Ph: 2643934

रवीन्द्र-विचार



रवीन्द्रबाब आमचे मर्दी नासले तरी तांचे विचार ताणीं खंय खंय बरोवन ढवरिल्ले आसात तांची आयज लेगीत गरज आसा. ताणीं वेळावेळार जे विचार मांडले ते तांच्या कालावेल्या समस्यांचेर आनी पिळगे खातीर आसले तरी तो काळ सरलो तरी समस्या अजून आसा तश्यो आसात. तेच पासत तांचे विचार आयचे कालारूय नवेताल्ले आसात. रवीन्द्रबाबान आमचें गोंय, आमचो देश आनी इतलेंच न्हय तर ह्या पुराय संवसाराचें एक सोबीत सपन रंगयल्लें. तें पुराय करपाची जापसालदारी आतांचे पिळगेची देखून तांचे विचार हे पिळगेमुखार वचप गरजेचे आसात.

नातालांच्या निमतान

किरिस्तांव जावपाक येवरोपेव जावंक जाय?

किरिस्तांव तशे मानतात. गोंयचेच न्हय, संवसारभरचे.

पूण ती तांची चूक!

खासा ख्रिस्त येवरोपेव नाशिल्लो. तो फात मारिनाशिल्लो. दांस करिनाशिल्लो.

इंग्लीश कातरिनाशिल्लो. ताचो भेस, ताची भास, चाल, रीत सगळें आशियायी आशिल्लें.

तो ज्यू परंपरेंत जल्मा आयिल्लो. 'हांव आयलां तो आमचे परंपरेंत जें कितें उणें उल्लां तें भरून काडपा खातीर; परंपरा मोडपा खातीर न्हय' अशें खासा तोच म्हणी. ताणें आपली परंपरा मोडूंक नाशिल्ली.

धरूंया,तो पालेश्तिना बदला हिन्दुस्तानांत जल्मा आयिल्लो. जाल्यार तो कितें करतलो अशिल्लो? वेदांची परंपरा हीच आपली परंपरा लेखतलो आशिल्लो आनी हे परंपरेंत जें कितें कुसकें, नश्टें, पाडें आसा तें कातरून तातुंतलें उणें भरून काडटलो आशिल्लो.

म्हळ्यार वेदीक परंपरेकूच तो नवें रूप दितलो आशिल्लो.

मागीर,हिन्दुस्तानांत जे कोण किरिस्तांव जाल्यात तांणींय हेंच करूं नाका आशिल्लें? ते मुळचे हिन्दू .वेदीक परंपरेंतले. भायल्यान आयिल्ले न्हय. ज्यू धर्म हो जसो ख्रिस्ताचो 'ओल्ड टेस्टामेन्त' तसो हांगासल्ल्या किरिस्तांवांचो हिन्दूधर्म हो 'ओल्ड टेस्टामेन्त'. तो ताणीं सोडप समा न्हय.

परंपरा सपसप सुटनात.

हांगासल्ल्या किरिस्तांवानीं हिन्दू 'कल्चर' सोडलें. पुणून हिन्दू संस्कार तांणीं सोडल्यात व्हय? तांच्यांत जो जातिभेद दिश्टी पडटा तो कितें दाखयता? तो हिन्दू संस्कार न्हय? असले कितलेशेच 'हिन्दू' संस्कार तांच्यात आसात जे तांकां किरिस्तांव जावनूय सोडूंक येवंक नात.

खरें म्हळ्यार, तांणीं हे संस्कार सोडूं जाय आशिल्ले. ते सोडले नात. सोडलें 'कल्चर'. कित्याक?

येवरोपेवांनी किरिस्तांव धर्म आमकां हाडून दिलो म्हुण? दिवं. तांचे, त्या खातीर, आमी उपकार मानुंया. पुणून आमचें जें निजाचें आसा तें कित्याक सोडुंया? तें ख्रिस्ताक antagonistic व्हय तर? निखालस न्हय .

ख्रिस्ताचें करूण-गंभीर आनी उदात्त-कोमल जिवीत फातरिचें काळीज लेगीत विरगळावपी. ईश्वराक सर्वशक्तिमान मानपी जायते आसात. पुणून ताका क्षमावान मानपी एकलोच हो. हें 'आश्वासन ' जो दिता तो हांगा कोणाकूच 'परकी' दिसचो ना. मागीर, तो जल्मा खंयय आयिल्लो आसूं. आनी हिन्दुस्तानांत खंयच्यानूय आयिल्लो आसूं.

ख्रिस्त पुरायेन आमी घेवंचो. काळजांत थीर करचो. ताचो आधार घेवन आमी आमचेंय जिवीत ईश्वराचे सेवेक ओंपचें. ख्रिस्ताची परंपरा समजून घेवपा खातीर ज्यू धर्मसूत्र समजून घेवंचो. पुणून- आमचो 'ओल्ड टेस्टामेन्त'आमी कित्याक सोडचो ?

तो सोडिल्ल्यान किरिस्तांव आपल्याच देशांत परकी जावन रावल्यात. परिणाम:लोक तांचे पसून पयस रावतात. तेवूय लोकां पसून पयस रावतात.

लुसकान ख्रिस्ताचें जाता.

ख्रिस्ती धर्माक येवरोपेव संस्कृताये पसून आमकां वेगळो काडूंक आयलो ना जाल्यार एक दीस ख्रिस्ताक ख्रिस्ती धर्मा पसून आमकां वेगळो काडचो पडटलो.

दुसरी वाट ना. ख्रिस्ताक 'आमचो'करपाची.

■

उतरकुवा

संतोष शिवराम हळर्णकार
बांदिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१



ह्या डिसेंबर अंका वांगडाच बिम्ब मासिक बारा वर्सां पुराय करता. फाटलीं कितलींतरी वर्सां 'उतरकुवाडें' बिम्बांत येता आनी तें लोकप्रिय आसा. उतरकुवाडें सोडोवप ही एक नशा. तो एक खेळूच न्हय तर तातुंतल्यान शब्द संग्रह वाडटा. तेच वांगडा उतरकुवाडें सोडयत जाल्यार मेंदवाक व्यायाम मेळून मेंदवाचीं बरींचशीं दुयेंसां पयस रावतात. हें सदर जानेवारी २०१४ सावन आमी पुरस्कृत करून घेवंक सोदतात. उद्योजकांनी ही संद घेवंची.

- व्यवस्थापक

आड

१. माजरा सारक्या मोनजातीचें बोचकूल, ४. विधानसभेचो वांगडी, पटी घेवन भोंवपी, ८. धा (हिंदी), १०. रुशी, सन्याशी, स्वामी, १ देणे-घेण्याविशींचो विस्वास, १३. त्रिगुणांमदलो एक गूण, १४. डा पत्रां, १५. आपली म्हणणी, मत वा सुचोवणी आशिल्लें बरयल्लें छापिल्लें कागद, १६. जिरप, जिरवण जावप, १८. उत्सव, गांवच देवाचो म्हत्वाचो दीस, २०. शरीर, कूड, देह, २१. वर्सानवर्स घडप २२. रूच, सुवाद नाशिल्लें, २३. बगलांट, किचांट, २४. चा पद्दत, २६. दोन, २७. व्हड आनी उथळ ताट, २८. लग्नात क घेवन येवपी न्हवऱ्याची भयण, ३२. पांचवो म्हयनो, ३३. म्हाल हाडप व्हरपाचो बैलांचो गाडो.

उ

१. वास्को तशेंच जांबावलेचें दैवत, २. ढग, ३. कडकडप, ४. आ (मराठी), ५. दान केल्ल्याचें लिखीत, ७. वडे, पुरयो आनी हेर व तळपाचें आयदन, ९. भस करप, नटप, १२. तुळतुळीत, निव लकलकीत, १५. पानांचें जेवणाचें ताट, १७. उजवाडान भरिल्लें झगझगीत, १९. खातकच वा जेवतकच तोंड धुंवप, २०. खोल मनांतल २५. उपेवप, संकश्टांतल्यान सुटप, वांचप, २८. रामायणाचो नायक संतेंचो घोव, ३०. केसांत जाल्लें उवेंचें तातीं, ३१. शराब, ३ जिवांक बरो.

In Harmony with Nature

Living in harmony & not at odds with nature has been at the core of our operational philosophy.

Syngenta is a world-leading agribusiness committed to sustainable agriculture through innovative research and technology. With products in Seeds, Seed Care, Crop Protection and Home Care, Syngenta helps growers around the world increase their productivity and address the world's growing demands for food, feed and fuel.

The Santa Monica Works at Goa, our global supply base, manufactures high quality, safe and technologically advanced plant protection agents and shows unflinching commitment to safety and environment protection of the site and the surrounding communities. We take pride in the fact that the site is home to several birds and aquatic animals who find the serene environ and clean & pure water bodies, irresistible.

Santa Monica Works - A living testimony to nature and chemistry thriving in harmony !

Bringing plant potential to life

syngenta

Syngenta India Limited, Santa Monica Works, Corlim, Ilhas, Goa

www.syngenta.com

Are you looking to scale up?

- Preference given to Micro and Small enterprises, units involved in R & D, technical oriented units and units run by women entrepreneurs
- Capital contribution upto Rs. 1 crore!

The Capital Contribution Scheme

For application forms and more information: **www.goaditc.gov.in**
OR Contact: Mrs. Bertha Gracias, Mr. Satish Gaonkar OR
Mr. Tushar Sawant AT 0832 2222241
The Facilitation Counter, First Floor, Udyog Bhavan, Panaji, Goa.

सत्यमेव जयते

GOVERNMENT OF GOA

Directorate of Industries, Trade & Commerce

PARTNERING INDUSTRIAL GROWTH

Buy a Luxury Villa with its Own Private Plot



PLOT SIZE
280 TO 425
Sq. Mts

The Highland Villas

PORVORIM - GOA

SavoirFaire

The Highland Villas is a residential enclave that is unique in its very concept of private, independent plots within a secure complex with all amenities. The beautifully designed villas, combined with our very central location and the concept of plot ownership assures you of lasting asset value.

Design Combinations

- 3BHK + Car Porch + Open Terrace
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Family Lounge + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters

MEMBER OF CREDAI GOA

Club House

Classy Streetscape

Well-equipped Gym

Tennis Court

Children's Park

Basketball Half-Court

Project approved by leading Housing Finance Institutions

Construction work in full swing and some villas nearly ready for possession

HIGHLAND CONSTRUCTIONS PVT. LTD.

www.highlandvillasgoa.com

501, Citicentre, Patto Plaza, Panjim, Goa 403 001 INDIA.Tel/Fax: +91-832-2437296
Mobile: +91 99234 12021 & +91 80077 42020 E-mail: highlandvillasgoa@gmail.com

NATIONAL AWARD WINNER FOR **BEST HOLIDAY HOMES 2010**

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa & Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in

POSTAL LICENCE NO.: G-2/RNP.Goa/01/2009-11

RNI Regd. No. GOA KON/2008/304

NARAYAN (NANA) BANDEKAR GROUP

Our business has grown.
Our clients have multiplied.
Our values however have stayed the same.

A leading business group in Goa, NRB has always stayed true to its core values of integrity and social responsibility. Today, these values extend into our hospitality chain- Palette Hotels, our manufacturing division- Bandekar Speciality Valves Corporation (BSVC), retail and entertainment businesses. In short our transparent business associations, professional employee relations and strong commitment to community welfare make NRB a modern dynamic company with good old-fashioned values.

10 CALANGUTE
An Exclusive Boutique Hotel
Calangute - Goa
9011056625
www.10calangute.com

THE HQ
Vasco - Goa
250 0015 / 16 / 17 / 18
www.thehq.in

NRB-Norbert's fitness Studio
Vasco - Goa
9822120180

PanAsian BOWL
Miramar - Goa
645 5547

MEKONG
Miramar - Goa
645 5547

NRB GROUP©

MINING & EXPORT | MANUFACTURING | HOSPITALITY | EVENTS & CONCEPTS | WELLNESS

Redg. Office: 601, 6th Floor, Dr. Ozler Forum, Near St. Andrews Church, P. O. Box 31, Vasco-da-Gama, Goa – 403 802.
T: +91-832-2512563/2848 F: +91-832-2501997 www.nrbgroup.biz